दिवाळी १९८८

१५ रुपया

चित्रांगी

Klick Goa '88 - All India Photo Contest.

Join the 4th All India Photo Contest to be organised by Directorate of Tourism, Government of Goa.

I - THEMES OF CONTEST.

(1) Customs and Costumes of Goa.
(2) Architectural Heritage of Goa.
(3) Crafts and carvings of Goa.

II - PRIZES (For each Theme)

1 st prize	.....	Rs 2, 000/-
2 nd prize	.....	Rs. 1 000/-
3 rd prize	.....	Rs. 500/-

20 consolation prices of Rs. 100/- each.

For details contact/write to :-

Directorate of Tourism,

Govt. of Goa,

Tourist Home,
Patto - Panaji. 403 001.

दिवाळेचीं परबीं

सेझा गोवा लिमिटेड

आल्तीन्यू पणजी गोंय

THE TRAIL OF EXCELLENCE

SALGAOCARS

A name that is synonymous with the industrial growth of Goa. And among the foremost names that have strengthened the national economic scene.

The success story of Salgaocars spans over three decades. Today our business interests encompass a wide range.
Mining and Export of Iron-ore, Shipping, Barge Building, Industrial Gases, Chemicals, Hotels and Travel.
With more to follow.
Excellence in every field is the hallmark at Salgaocars.
We set the trend in the past. We still do.

V. M. SALGAOCAR & BRO. LTD.

Salgaocars House
Vasco da Gama
Goa - 403 802

Grams :
VIMSON

Phones :
2111 (4 lines)
3241 (3 lines)

Telex :
0191-211/265

Offices at :
* Bombay * New Delhi * Bangalore

'चित्रंगी' क आमचीं परवीं !

ता ल क

तालक होम्स ॲन्ड इस्टेट्स
तालक ॲन्ड एसोसिएट्स
रामराज इंटरप्रायजीस
आर. आर. कन्स्ट्रक्शन

आशियाना
कोंब - मडगांव - गोंय
फोन : २०६७५

"गिरायकांनो तुमच्या हक्कांची जाणीव दवरात"

तुमी विकतो घेतात त्या खंयच्याय बंद स्वरुपांतल्या मालाचेर ह्यो गजाली छापिल्ल्यो आसात म्हणपाची खात्री करून घेयात – जिनसाचें नांव, एकूण प्रमाण, तयार करप्याचें नांव आनी पुराय नामो, जिनस तयार केला त्या म्हयन्याची आनी वर्साची नोंद.

त्याभायर माल तयार करप्यान सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका मोलाचो उल्लेख करपाक जाय.

१. **चडानचड मोल - थळावे कर ज्यादा :-** ह्या मोलांत थळावे कर सोडून मालाचो एकूण खर्च आसपावता.

२. **किरकोळ विक्रीचें चडानवड मोल :-** सगळे कर धरून आनी चडानच मोलान तो जिनस गिरयकाक विकूं येता तें मोल.

बंद जिनसांचेर जे थळावे कर लागू जातात ताचें दरपत्रक किरकोळ विकप्यांनी आपल्या दुकानांत गिरायकांचे नदरेक पडटा अशे सुवातेर लावूंक जाय.

माल विकतो घेवन दुकान सोडचेपयलीं गिरायकान आपणे घेतिल्ल्या मालाचें मोल आनी ताचेवयल्या थळाव्या करांची रक्कम आपणे जुस्ताजुस्त फारीक केल्या म्हणपाची खात्री करून घेवंक जाय.

हे संबंदी कसलोय तक्रारीखातीर उपकार करून वजन आनी माप खात्याच्या संबंदीत निरीक्षकाकडेन संपर्क सादात.

गोंय सरकाराच्या

वजन आनी माप खात्याच्या नियंत्रकाची कचेरी

पणजी गोंय

दिवाळी अंक १९८८

वर्ष : ९ अंक : १०

चित्रांगी

बायलांच्या जिवितांचें पडींबिंब

संपादक
हेमा नायक

मुखचित्र
श्रीधर कामत बांबोळकार

जायरात वेवस्थापक
पुंडलीक नारायण नायक

छापपी
हिरु नारायण नायक
अपुरबाय प्रिंटर्स
वळवय - फोंडे - गोंय

अुजवाडावपी
हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय फोंडें
गोंय ४०३ ४०१

मोल :
१५ रुपया

लेख

'गुरुचरित्र' आनी बायल
रवीन्द्र केळेकार

सहजीवना खातीर मोगाचो कायदो
चंद्रकांत केणी

हिंदु धर्म आनी आयची हिंदु बायलमनीस
प्रा. सुमंत केळेकार

दादले – बायलो संबंध : संघर्श काय समन्वय
डॉ. तानाजी हळर्णकार

बायलमनीस स्वतंत्र जाल्या ?
कमलाकर द. म्हाळशी

कोंकणी कवितेंतलें बायलांचें स्थान
नीला तेलंग

बायलांनी रचिल्लें कोंकणी साहित्य
संध्या शेटये

कथा

शीला कोळंबकार
मीना सुरेश काकोडकार
जयमाला दणायत
सुशिला टी. भट्ट
शांता कंटक
जयंती नायक
माया शेळडेकार
रजनी भेंब्रे
सुनीता धेंपे

मांडावळ

oooooooooooooooooo

शिंवर : सतितल्यो जैतीवंत कविता

कमलादेवी राव देशपांडे
शर्मिला केळेकार
अमिता सुर्लकार
सुधा च्यारी
ज्योती कवठणकार
शर्मिला प्रभु देसाय
शोभा फुलकार
चंद्रलेखा नायक

नवोदितांच्यो कविता

लींदा शेणवी केरकार
नूतन सुर्लकार
प्रमिला होबळे
अंजू वांयगणकार

बायलांचे साहित्य मेळ : नियाळ

हांसयाळीं

अंकांतलीं मतां त्या त्या बरोवप्यांचीं.

– संपादक

सगळ्यांक दिवाळी आनी नवें वर्स
सुखासमाधानाचें लाबूं
अशी प्रार्थना !

अंकांतले

आमचे मानादिक बरोबपी, कविता सतित भाग घेतिल्ल्यो कवयित्री, आर्थिक घटाय दिवपी जायरातदार, जायराती मेळोवन दिवपाक कश्ट काडपी आमचे बरें मागते, चित्रकार श्रीधर बांबोळकार, कविता सतिचे परीक्षक श्री. राजू नायक आनी श्रीधर कामत, अपुरबाय प्रिंटर्सचे धनी आनी तांगेले कुशल कामदार तेचपरी आमचे असंख्य बरें मागपी हांचे काळजानथावन अुपकार !

चित्रंगी

बायलांचो अधिकार तांकां मेळूंकच जाय

हिंदु धर्माची परंपरा पांच हजार वरसांची सांगतात. ह्या पांच हजार वरसांचे संस्कार आमच्या समाजाचेर आसात. शिक्षणान आमी सुदारल्यात आनी फाटल्या प्रतिगामी संस्कारांचें चेंपण आमी कडेक सारलां अशें आमी मानतात. पुण तें खरें न्हय. पुरुष प्रधान संस्कृती आशिल्ल्या आमच्या हिंदु समाजांत दादल्यांच्याच विचारांक प्राधान्य आसा. घरांत दादलो जें कितें सांगता तेंच घडटा. गळ्यांत आशिल्ल्या बायलेच्या मंगळसुत्रांत आनी कपलावयल्या कुकमांत तिचें बंदेपण ठसठशीतपणान पडबिबीत जाता. आयचे बायलेक ह्या बंदेपणाची जाणीव जावंची आनी तिणे हातूंतल्यान मुक्त जावपाचो हावेस धरचो हो हेत मनांत दवरून आमी आमचे परीन वावरत आयल्यांत.

पुण फकत बायलांक हें दिसप आनी ताणी दादल्यांकडेन झगडप हातूंतल्यान कांय सादपाचें ना. हो प्रश्न संघर्शा परस समन्वयान कितले वरेतरेन सोडोवं येता हाचेर विचार जावंचो म्हण बायलांच्या साहित्य मेळांत आमी कांय विचारवंतांक आमंत्रीत केले आनी तांचे विचार जमिल्ल्या साहित्यिक बायलां मुखार दवल्ले. तांचेर मेकळेपणान चर्चा जाली. मेळाव्याचो नियाळ ह्या अंकांत दिला. श्री. चंद्रकांत केणी, डॉ. तानाजी हळर्णकार, प्रा. सुमंत केळेकार, श्री. कमलाकर म्हाळशी हाणी जे पेपर ह्या मेळाव्यांत वाचले तातूंत व्यक्त जाल्लीं तांचीं मतां वाचप्यांमेरेन पावचीं हचा हेतून ते पेपर आमी ह्या अंकांत उजवाडायल्यात.

घोव म्हळचार बायलेची पुराय जीण, तो नासल्यार बायलेक जगप कठीण हो विचार तिच्या मनांत रुजोवपाचें काम वर्सांसकिनी चलत आयलां. घोवाच्यो व्हडविको गावपी 'गुरुचरित्रा' चीं पारायणां घरा घरांनी चलतात. देवाधर्माचें कार्य म्हण हें जें कितें चलता तें आमी तोंड धापून सोसतलीं काय ताची दखल घेतलीं ? निर्णय घेवपाचो वेळ आयज आयला. बायलेक घोवाची दासी जावन रावपाचे जे धडे गुरुचरित्रांत दिल्यात ते श्री. रवोन्द्र केळेकार हाणी आपल्या लेखांतल्यान दाखल्या सयत मांडल्यात. आयच्या सुशिक्षीत आनी स्त्री–स्वातंत्र्याची चाड आशिल्ल्या बायलांनी हाचेर मुजरत विचार करचो.

आपले बुद्धीमत्तेन बायल आयज दादल्यापरस फाटीं ना पुण तिचें वर्चस्व मानपाची दादल्याची आजून तयारी जावूं ना आनी तशें वर्चस्व गाजोवपाची बायलेन सवंय करूं ना. हाचें कारण म्हळचार बायलेन दादल्याचेर केन्नाच शेक गाजयलो ना आनी आतां ती गाजोवंक लागली जाल्यार दादल्यांक नाकसुरें गेल्यावगर रावना. हें थांबतलें जाल्यार चडानचड बायलांनी राजकारणांत येवप गरजेचें आसा. ग्रामपंचायत, विधानसभा, पार्लमेंट हातूंत चडानचड बायलांचो सहभाग घडपाक जाय. एकदां बायलांच्या हातांत सत्ता आयली कीं, ते सत्तेक फावो तो मान सगळ्यांकूच दिवंचो पडटलो. आजवेर सातत्य आनी चिकाटी हाका लागून शिक्षणीक, साहित्यिक आनी कलेच्या मळार बायलांनी कर्तुत्व जोडलां. त्यो कर्तुत्वी बायलो राजकी मळार देंवल्यो जाल्यार फाटीं कित्याक उरतल्यो ?

देखून आयच्या राजकी पक्षांनी वेंचणुकां वेळार बायलांखातीर कांय जागे राखून दवरपाक जाय आनी बायलांनीय ते मागून घेवपाक जाय. इतलीं वरसां जी बायल दादल्यांच्या आदाराचेर अवलंबून आशिल्ली ती आतां तशी ना आनी तो स्वतंत्रपणान वेवहार करुंक शकता म्हणपाचें तिणे आपल्या सामर्थ्यान सिद्ध करून दाखयलां. अशा वेळार वेंचणूक लडोवन मतां मेळोवपाचो पुराय अधिकार दादल्यांभशेन तिकाय आसा. हाची जाणीव राजकी पक्षांक येन्नादर जावंक जाय. आनी ही जाणीव जाली ना जाल्यार हो अधिकार झुजून घेवपांत बायलेन मातूय अनमनूक फावना. आयज तो वेळ आयिल्लो आसा.

– हेमा नायक

IRRIGATION DEPARTMENT

GOVERNMENT OF GOA,

Participates in the development of the state by executing the developmental works under water resources :-

THROUGH CONSTRUCTION OF :-

1. Salauli Irrigation Project.
2. Tilari Irrigaton Project.
3. Anjunem Irrigation Project.
4. Command Area development works in both anjune and salaulim irrigation projects.
5. Minor irrigation schemes, such as construction of Bandharas, Tanks and lift irrigation.

And many other schemes under water resources development.

Issued by :-

IRRIGATION DEPARTMENT.

PANAJI GOA

'गुरुचरित्र' आनी बायल

रवीन्द्र केळेकार

पत्र पावलें.

बायलांच्या प्रस्नाचेर म्हाका जें कितें सांगपाचें आशिल्लें तें हांवें हांगा थंय, खंय खंय वरयलां. सांगपा सारकें नवें कितेंय म्हजे कडेन अुल्लां जायत अशें दिसना. त्या भायर, हालिच्या काळार, हचा विशयाचेर अदीक खोलायेन कांय जाण बरोवपाक लागल्यात. तांचो हो अधिकार. तो तांच्याच हातांत अुरिल्लो बरो. म्हज्या हातांत हांव तो घेवंक सोदिना. 'चित्रंगी' खातीर दुसरेंच कितें बरोवन धाडचें अशें येवजितालों.

अवचित 'गुरुचरित्र' हातांत आयलें. हालीं तें मात्शें गाजलां. केन्ना वाचूंक नाशिल्लें. म्हळें, भितर कितें आसा तें मात्शें पळोवया. कित्या खातीर लोक तांचीं पारायणां करतात तें अिल्लें समजून घेवंया. मुजरत विकतें घेतलें. आनी वाचपाक लागलों. खरें सांगतां, तीन अध्याय वाचतासर म्हाका नाका-पुरो जालें. म्हाका शिको येवपाक लागल्यो. अितलो घयरांव भितर भरिल्लो पळेलो. 'पुरो, खूब जालें' अशें म्हणून तें बंद करपाक वतालो. अितल्यांत जिस्त अेकलो अिश्ट आमगेर पावलो. ताच्या मुखार हांवें म्हजी ही अडचण दवल्ली. ताणे 'गुरुचरित्र' वाचिल्लें, तो म्हणपाक लागलो, 'भितर कितें आसा, अितलेंच पळेवपाचें आसत जाल्यार, सगळें वाचपाची गरज ना. ताचो निमाणो, बावन्नावो अध्याय वाच. अदमास येतलो. ताका 'अवतरणिका' म्हणटात. अवतरणिका म्हळचार index ...'

म्हळें, बरें जालें. तशें करून पळोवया.

अवतरणिकेच्या आधारान अेकतिसावो अध्याय वाचपाक घेतलो.

कितें मेळचें ?

बायलांनी घोवाकडेन कशें चलचें हें तातूंत आयलां. पळे कशें तें –

"पतिची सेवा निरंतरी । मनीं भाविजे
हाचि हरि । शयनकाळीं सर्व रात्रीं ।
सेवा करावी भक्तीने ॥ ...
पतिपूजा करणे नित्य । सदा घ्यावें
पादतीर्थ । चरणावरी ठेवूनि माथा ।

म्हणावें तूचि शंकर ॥
पति निष्ठुर बोले जरी । आपण मनीं
कोप न करी । क्षमा म्हणोनि चरण
धरी । राग न धरिजे मनांत ॥
जरी असेल अभाग्य पुरुष । अथवा
दुष्ट नपुंसक । असे व्याधिष्ट पुरुष
अंक । देवा समान मानावा ॥
तैसा पुरुष असेल जरी । तोचि मानावा
श्रीहरी । त्याचें बोलें रहाटें जरी । परमेश्वरा
प्रिय होय ॥
तीर्थयात्रेसी जाती लोक । म्हणोनि न
जावें कवतुकें । पुरुषाचें पादोदक ।
तेंचि तीर्थ म्हणावें ॥
भागीरथी समान देखा । पतीचें चरणतीर्थ
अधिका । पतिसेवा करणे सुखा ।
त्रयमूर्ति संतुष्ट होती ॥
पतिसी क्रोधें उत्तर देती । श्वानयोनी
जन्म होती । जंबुक होऊनि भुंकती ।
ग्रामाजवळीं येवूनियां ॥
नित्य नेम करणे नारी । पुरुषोच्छिष्ट
भोजन करी । पाद प्रक्षाळूनि तीर्थ
धरी । तीर्थ घेऊनि मग जेवावें ॥
आपुले पुरुष दुर्बळ असती । समर्थांची
न करावी स्तुती । पति असेल
अनाचारवृत्ती । आपण निंदा करूं नये ॥
कैसा तरी असो पती । आपण करावी त्याची
स्तुति । तोचि म्हणावा लक्ष्मीपती ।
अेकोभावें करूनियां ।
गुरु धर्म देव तीर्थ समस्ती । सर्व
जाणावा आपुला पति । अैसी
जे निश्चये सती । पतिव्रता तेचि जाणा ॥

तात्पर्य : गुरुचरित्र वायलांक देख दिता ती अशी – तुमचो घोव कसलोय आसूं, कपलफुटको आसूं, दळदिरी आसूं, दुष्ट आसूं, अनाचारी आसूं, नपुंसक आसूं, पिडेस्त आसूं, ताका तुमी साक्षात देव, म्हादेव, विष्णू वा हरी धरचो आनी ताची तुमी भक्तीन सेवा करची, पुजा करची, ताच्या पांयांचें तीर्थ घेवचें, अुपरांतूच जेवंक पाटार बसचें. आनी ताणे पानार सांडिल्लें अुश्टेंच खावन रावचें. घोव जाल्ल्यान तो तुमकां केन्ना तापोवन काडटलो, केन्ना खोंट मारतलो, केन्ना मार घालतलो, तरूय तुमी ताका परतें अुतर दिवचें न्हय. ताचेर राग धरचो न्हय. परती, ताच्या पांयार तकली दवरची आनी म्हणचें, 'म्हजें चुकलें ... म्हाका क्षमा कर ...' असली पतिव्रता बायल परमेश्वराक प्रिय.

अितल्यान सोपूंक ना, घोव सट्ट करून धरूंया, मेलो. जाल्यार बायलेन कितें करचें तेंय 'गुरुचरित्रा' न विस्तारान सांगलां –

"चंद्रासवी चांदणे जैसें । मावळतां
सवेंचि जातसे । मेघा सवें विज्जू अमे ।
तैसे पतीसवें जावें ॥
सहगमन करणे मुख्य जाण । धर्म थोर
श्रुतिवचन । बेचाळीस कूळ अुद्धरण ।
पतिव्रता परियेसा ॥
पुरुष प्रेत झालियावरी । सहगमन
करती ज्या नारी । अेकेक पदें पादचारी ।
अश्वमेधसहस्रपुण्य ॥
पापी पुरुष आपुला असे जाण । त्या तें
आलें असेल मरण । यमदूत नेती जरी
बांधून । नरकाप्रति परियेसा ॥
पतिव्रता त्याची नारी । जरी आपण
सहगमन करी । जैसी सर्पासी नेती
घारी । तैसी पतिसी स्वर्गा नेअी ॥
सहगमन केली नारी येतां । यमदूत
पळती मागें न पाहतां । तिचे
पतीसी सोडोनि त्वरिता । जाती आपले
यमापाशीं ॥
पतिव्रता शिरोमणी । पतीसी बैसवी

विमानी । पावें त्वरित स्वर्गभुवनी ।
देवांगना करिती आरती ।।
येणेपरी स्वर्गभुवनी । जाय नारी
संतोषोनी । आपुले पतीसे घेऊनि ।
राहे स्वर्गी निरंतर ।।
ऐसे पुण्य सहगमनासी । व्हावी कन्या
ऐसी वंशी । बेचाळीस कुळें कैसीं ।
घेऊनि जाय स्वर्गातें ।।
धन्य तिचीं मातापिता । अेकविसांतें
अुद्धार होता । धन्य पुरुषवंश
ख्याता । बेचाळीस अुद्धरिले ।।
घरोघरी स्त्रिया असती । काय करावी
लावण्यसंपत्ति । जिचेनि वंशा
अुद्धारगती । तैसी स्त्री घरीं असावी ।।

कळ्ळें ? घोव जितो आसतना ताची मर मर मरून सेवा करची आनी तो मेलो म्हणटकूच 'सहगमन' करचें. ताच्याच सरणार घालून घेवन वायलेन जीव दिवचो. कित्या खातीर ? तो नीट स्वर्गार पावचो म्हूण. सहगमन करतल्या वायलांक हजार अश्वमेघ यज्ञ केल्ल्याचें पुण्य मेळटलें. तिगेल्या बेचाळीस कुळांचो अुद्धार जातलो. वायल आसची जाल्यार असली आसची – आपणे अुज्यांत घालून घेवन घोवाक स्वर्गाची 'थ्रू' तिकेट काडून दिवची. धूव जावची जाल्यार असली जावची – सती वचून कुळारच्या अेकवीस (काय अेकशें वीस ?) पिळग्यांचो अुद्धार करपी !

घोव केन्ना केन्ना बायल गुरवार आसतनाच मरून घेतात. अश्या वेळार बायलेन कितें करचें 'गुरुचरित्रा' न तेंय वारीक वारीक सांगलां. तें हांगा दिना. आंग शिरशिरून येतलें ... तिका बोडकी करची, तिका अुपाशीं अुडोवची, तिचे हाल हाल करून तिका मारची असलेंच सगळें सांगलां.

भिरभिरो मारता. सगळें वाचतकूच. गुरुचरित्राचोच न्हय - गुरुचरित्रांत सांगला तोच हिंदूधर्म आसत जाल्यार हिंदुधर्माचोच लासून गोवोर करचो अशी तिडक मारता. अितली 'अंधश्रद्धा' भल्या ह्या पुस्तकांत.

आतां सांग, असल्या संस्कारांत जो समाज वाडला त्या समाजांत 'स्त्रीमुक्ती' तुमी कशी घडोवन हाडटलीं ? जे मेरेन धर्माचीं असलीं चेपणा भिरकावन भायर मारपाची शक्ती वायलांच्या आंगांत येवची ना, ते मेरेन त्यो 'मुक्त' जावपाची म्हाका अिल्लीय आस्त ना.

अेक वेळ हरिजन - गिरिजन मुक्त जातीत. पुणून हिंदु बायल ? च्ये ! जे मेरेन असलो हिंदुधर्म आसा, तेमेरेन ती कशीच मुक्त जावपाची ना. मुक्त जावपाचें सोडात, समान अधिकारूय घेवंक ती केन्ना पावपाची ना.

'स्त्रीमुक्ती' दिसता तितली सोंपी न्हय.

तरी आसतना हांव निर्शेवपी मनीस न्हय. हांव स्त्रीमुक्तीखातीर वावुरतल्या बायलांक अितलेंच विचारतां –

जायत व्हय काळीज तुमच्यांतले खंयचेय अेकले वायल - मनशेक ह्या धर्मा आड बंडाचें निशाण घेवन अुबी रावपाचें ? सरत व्हय कोणूय मुखार 'गुरुचरित्रू' च सभेमाझार हुलपावन अुडोवपाक ? कोंकणींत येवपाचें आसा म्हणटात तें न्हय, जाचीं कितल्याश्या घरानी आयज पांरायणां चल्ल्यांत तें, मुदलांतलें मराठींतलेंच.

असली अेक तेजस्वी आनी बंडखोर वायलमनीस जाय आमच्या गोंयांक. येत व्हय ? तुमची चळवळ ती दीत व्हय ?

वाट पळेत वसला.

* अेक चीट

**

'चित्रंगी' क अुपाट येश आंवडेतां

जी. आर. प्रभुगांवकार

सिवील कॉन्ट्रेक्टर

३ प्रदीप विल्डींग
तांबडी माती
ताळीगांव - गोंय ४०३ ००२

निमित्त

शीला कोळंबकार



– अे ऽ बाजारांत वचूंया ?

– हग.

– चल तर बेगीन दुसरी साडी न्हेस आनी यो.

मिसेस नायरीन म्हाका सांगलें. नायजाल्यार म्हाकाय घरांत बसून वाज आयिल्लो. हांव पांच मिनटांनी तयार जालें. पिशवी खांदाक माल्ली. पर्स घेतली आनी भायर सल्लें. भुरगीं खेळूंक गेल्लीं. तांकां आफोवन तांचेकडेन चावी दिली आनीं बाजारांत वतां म्हण सांगून हांव मिसेस नायरीगेर वचपाक गेलें. हांव तिगेर वचूंक आनी ती भायर सरपाक एकूच गांठ पडली. तें पळोवन आमकां दोगांकूय हांसो आयलो.

– चल, आतां खंय वचूंया ?

हावें तिका विचाल्लें.

– खंय म्हळ्यार ? बाजारांत.

मिसेस नायर.

– तुका कितें घेवचें आसा ? साडी बिडी ?

– साडी घेवची आसा म्हळ्यार जाता. बिडी मात ना.

– ए, सांग न्ही. कितें घेवचें आसा तुका ?

– म्हाका कांयच घेवपाचें ना.

– मागीर बाजारांत वचूंया काय म्हण तुवें म्हाका कित्याक विचाल्लें ?

हावें तिका विचाल्लें.

– सकाळच्यान पळेतां. तूं मुडांत ना. म्हळें तुका भायर काडूंया. कितें जालें तें विचारुंया.

– पुण तुज्यान हें म्हाका घराय विवारुं येतालें न्ही ?

– तशें न्ही गो. तूं आमगेर पळेता; आमगेर कोण ना कोण येत आसता. तांच्या म्हज्यांत तुका कितें विचारूं आसलें हांव ? नायजाल्यार आमगेर सगळीं येतात. वरांचींवरां बसतात. तांच्यो त्योच त्योच गजाली आयकून वाज, आयलो. कितलेशेच दीस जाले, आमी दोगांच अशीं भायर सरून वचुंकच नात. म्हण म्हळें, चल आयज वचूंया. आतां सांग – तुगेलें जालें कितें ? घोवाकडेन झगडलें ?

मिसेस नायरीन म्हाका विचालें.

– झगडीं अशीं न्ही गो. तें तर सदांचेंच. तुका खबर ना ?

हावें तिका विचाल्लें.

– तें जालेंच गो. तरी पुण ऽऽ...

– आगो कांय ना. सकाळीं तो न्हावंक वतना ताका तुवालो जाग्यार मेळ्ळो ना.

– मागीर ?

– मागीर कितें ? ह्या घरांत एक वस्त जाग्यार मेळना. सगळें अस्ताव्यस्त. जाग्याजाग्यार वस्तू दवरूंक जाता कितें तुका ? घराच आसता म्हण बरें . . . हांगा बाकिच्यो बायलो घरचीं कामां करचीं करून सर्विसेक वतात. नोकरी करची करून वेल्यान घर काय बरें सांबाळटा ! आनी तुका एक वस्त जाग्यार दवरूंक जायना ? आख्खो दीस घरांत आसता. आमी भायर सरून गेल्या उपरांत तुका घरा काम कितें आसता ? घरा बसून कितें करता तूं ? आं ?

– अशें म्हळें ताणें ?

– हय.

– मागीर ?

– मागीर म्हाकाय राग आयलो. आगो, उठ्क पयलींच वगत जाल्लो. भुरग्यांची शाळेचो तयारी करपाची. तीं एक भुरगीं. तांकां सगळचो वस्तू हातांत दिवंक जाय. तांच्या च्याचें पळोवपाचें. नाश्तो तयार करूंक जाय. तांचीं टिफिनां ... हांगेलो डबो ... हांव एकलें खंय खंय म्हणून नाचूं ? भुरग्यांनी हागेलो तुवाला दिसता काडून दुसरेकडेन दवल्लो. हाका जाय त्या जाग्यार तो मेळळो ना. तेन्ना तो रागान तशें उलोव नाका, हावें म्हळें, म्हज्यान जर काम सारकें जायना अशें दिसता जाल्यार दवर मागीर एक वावराडी – हरशीं हाचीं सगळीं कामां हावेंच करूंक जाय. मेय, लेंस हातांत दिवंक जाय, डबो हागेल्या बॅगांत घालूंक जाय आनी वेल्यान म्हणटा कसो, खंयचीच वस्त जाग्यार मेळना. आख्खो दीस घरांत बसून कितें करता काय खंय ?

– आमगेरय आज अशेंच जालें. पुण हांव दुसरी गजाल विसल्लें. तो न्हातकच देवाम्हज्यांत वात लायता. काल ताणे सांगिल्लें म्हाका, देवाकडलें तेल सोंपलां, हाडून दवर म्हण. म्हाका यादूच ना. आयज ता वात लावंक गेलो जाल्यार तेल ना. जाली हागेली कव्वाली सुरू ! तूं असलें, तूं तसलें. तुका देवाधर्माचें कांयच ना. आतां हो देवाधर्माचें करता तितलें पुरो न्ही ?

– मागीर तुवें कितें केलें ?

– कितें करतलें ? ओग्गी रावलें.

– कित्याक ?

– हांव जर उलयलें जाल्यार तो परथून कितेंय उलोवपाचो. शद्वाक शद्व वाडपाचो. आनी म्हाका राग आयलो काय हांव कितें उलयतां ताचें मानूच उरना मागीर खंयचीय एक गजाल तो लक्षांत दवरता आनी झरय, झरय झरयता.

– हें मात खरें तुगेलें ! आनी आमी मात तांच्या उलोवपांतली खंयचीय गजाल तांकां परथून सांगीत जाल्यार म्हणटात, आरे देवा, तूं आजून ती गजाल मतींत धरून आसा ? विसल्लें ना ?

– खरें म्हळयार ताका राग आयिल्लो दुसऱ्याच कारणाक लागून ?

– तो आनीक कित्याक गो बाये ?

– आगो पळे, आमी घरा आसतात. सादारण दोनांक सुमार सगळें काम सोंपता. मागीर एक वर, अर्दवर आड पडटां हांव. साप्प पुरो जाता गो. दनपारां न्हीदलें काय रातची मागीर म्हाका न्हीद येना. आनी हो घरा येतना इतलो पुरो जावन येता कीं, रातचो जेवलो आनी हातुणाक फाट लायली काय हाका न्हीद येता. हो सुशेगाद न्हीदता. हागेली न्हीद फांतोडेर पांचाक काबार जाता आनी तेन्नाच म्हाका बरी सुस्त न्हीद लागिल्ली आसता. अशा वेळार हाका बायल येवजता. बरें हाज्या म्हज्यांत वचूंक हरकत ना गो. पुण आसा तशें उठून सगळीं कामां करूं नाका गो. हो सुशेगाद न्हिदून रावता. म्हाका कितें न्हीदन दिसना ? पुण न्हीदतलें कशें ? उठून सगळीं कामां करूंक जाय. हाची

सोबितकायेक भांगरान नटोवचा

कावेरी ज्युवेलर्स

प्रो. रामानंद बी. रायकार

रोज अपार्टमेंटस, दुकान नं. ५
फ्रांसिस लुइश गोमिश मार्ग
वास्को-द-गामा ४०३ ८०२

सगळी तयारी करूंक जाय. मागीर बाजीराव उटटा ताटावेल्यान पाटार आनी पाटावेल्यान ताटार !

– आगो, पूण तूं ताका हें सगळें समजावन कित्याक सांगीना ?

– आगो, हावें ताका हें कितल्या खेपो समजावन सांगलें. पळे, हें अशें सकाळीं सकाळीं म्हाका आवडना. दुसरे वटेन भुरगीं जागीं जावपाचो संभव आसता. पुण हागेले तकलेंत उजवाडूच पडना.

– हें मात खरे गो तुगेलें. नाय जाल्यार ह्या दादल्यांक बायल जेन्ना जाय आसता, तेन्ना तांकां ती मेळूंकच जाय. थंय फाटलो कांयच विचार ना.

– आनी कितें ? आमी बायलो म्हळचार कितें कोंदिच्यो बावल्यो ? हांकां जाय तेन्ना आमी हांसप ? हांकां जाय तेन्ना जाय तें दिवप ? आनी हाणी कशेंय वागल्यार जाता ? आमकांय मन आसता हें हांकां कळचना. आयज म्हाका रागूच आयलो. हावें आयज सरळ हाका ना म्हळें आनी भुरग्यां म्हज्यांत वचून न्हीदलें. तो ताका राग आशिल्लो. तो राग म्हजेर काडूंक तो निमित्त सोदतालो. तें ताका जुस्तूच मेळळे. तेलाचें निमित्त –

– हय बाये ! आमचीं असलीं हीं भितल्लीं दुःखां कोणाक म्हण सांगपाचीं ? बाकिच्या बायलांक हें सांगूनय कळना. त्यो म्हणटात, हातूंत कसलें दुख ? दादले कितें सांगता तें बायलांनी आयकूकच जाय. बायलांचें कर्तव्य तें ! दादल्यांच्या मनाप्रमाण बायलांनी आयकलें ना जाल्या व्हड ऽऽ लें पाप तें ?

– तेन्नाच तर हांव हें तुजेकडेन उलयतां. तुका हें कळटा तें बाकिच्या बायलांक कळना. तेन्नाच तर तुजेकडेन हें उलोवपाक तुका हावें भायर काडलें. – हेंच नाजाल्यार असले तरेचें दुख्ख दादल्याक जाल्लें वो आयज सकाळीं तुवें ताका ना म्हळें, ताचेवयल्यान बायल बरी वागना म्हण आपणाल्या आमिगांक सांगून तो बीयर पिवपाक मेकळो ! आमी कितें करतलीं ? आमी कितें पितलीं ?

– बीयर सोड. पुण हॉटेलांत वचून लस्सी पिवपाक कसलीच हरकत ना न्ही ?

– अजीबात ना !

– चल तर !

आमी दोगांय वचूंक लागलीं. मुखावेल्यान एक बस फांस येताली.

– ए ऽऽ बस येवचे पयलीं धांवट रस्तो क्रोस करुंया ?

– हां ! चल ! एक, दोन, तीन ...

आमी धांवट रस्तो हुपलो. आनी आमी दोगांय खो ऽऽ करून हांसलीं. मळब आतां नीतळ जाल्लें.

– ए ऽऽ मज्जा आयली न्ही ?

– म्हजो घोव आसतना हांव जर अशें धांवून गेल्लें जाल्यार म्हाका रस्ते कशे क्रोस करचे हाचेर लेक्चर आयकूचें पडपाचें.

– त्या समोरच्या हॉटेलांत वचूया मगो ?

– नाका बाये.

– कित्याक गो ?

– आगो, त्या हॉटेलालागीं तें पानविड्याचें दुकान आसा न्ही, तें आमच्या एका गांववाल्यालें.

– मागीर ?

– तेवटेनच्या खंयच्याय दुकानांत हांव वचत जाल्यार म्हज्या घोवाक रोकडेंच कळटा.

– तें आनी कशें गो ?

– आगो, म्हजो घोव सद्दां घरा येतना तागेर वचून सिगार घेता. तेन्ना तो मेलो ताका सांगता, तुगेली घरकान्न अमूक तमूक दुकानांत गेल्ली.

'चित्रंगी' क यश आंवडेतां

पायोनियर

डिस्ट्रीब्युटर्स

ड्रग्स आनी सर्जिकल्स

रमाकांत अपार्टमेंटस

सांतिनेज, पणजी

– हांव समजलें बायलींच चाडचाळयो आसतात म्हण. पुण हे दादले म्हण कितें उणे न्ही.

– हय गो ! हाका दिसता हागेले गांववाल्याचे बायलेक सांबाळपाची नैतीक जबाबदारी हाचेरूच आसा.

– आगो, पुण होच तुगेल्या घोवाक तुजेविशीं सांगता अशें तूं कित्याक म्हणटा ?

– त्या दिसा आमी हॉटेलांत वचूं नाशिल्लीं ?

– हय ! मागीर ?

– त्या दिसा रातीकडेन म्हज्या घोवान म्हाका विचाल्लें, तूं आज कोणा बरोबर हॉटेलांत गेल्लें ? हांव रोकडेंच शीट कावलें. हांवें म्हळें, हांव तुजेबरोबर हॉटेलांत गेल्लें. तेन्ना ताणे म्हळें, तुवें म्हाका काल सांगलें ना. हावें म्हळें, हांव विसल्लें जातलें तुका सांगूंक. वेल्यान ताका हावें सांगलें, तुवे म्हाका फालुदा दिलो म्हण.

– आंवय ! हावें म्हज्या घोवाक सांगलें, तुवें म्हाका फालुदा दिलो म्हण.

आमकां दोगांकूय खूब हांसूंक आयलें.

– हावें म्हज्या घोवाक हें सांगनकच ताणे कितें म्हळें खबर आसा ?

– कितें म्हळें ?

– ताणे म्हळें, दुसरे खेप तूं ताका हॉटेलांत व्हर आनी फालुदा दी. बादाक बाद कर. हावें बरें म्हळें.

– आगो, पुण केन्नाकेन्नाय म्हजो घोव आनी तुजो घोव वांगडाच ऑफिसांत वतात. तेन्ना जर ताणी आमचो विशय काडलो आनी तांकां कळळें जाल्यार ?

– ओगी राव गो. ह्या दादल्यांच्यो गजाली बायलांविशीं तशो आसनात. आपले बायलेविशीं तर नाच ना. दुसऱ्यांल्या बायलांविशीं ते करीत गजाली ! पुण हांच्यो गजाली चड करून डी. ए. वाडलो, अमको असलो, अमको तसलो, हाणे पयशे खाले, युनियनचें धोरण होपलेस, सरकाराचें धोरण पाडें, आपूण इतलें मरसर काम करतां पुण कोणाक ताची पर्वा ना हाचेरूच आसता. सगळ्या जगाचें राजकारण तांकां कळटा. तांचेर तांचेकडेन उपाय आसता. फक्कन तांकां घरचें राजकारण कळना. तांचें आपल्या बायलांचेर चुकून लेगीत उलोवप जाल्लें जाल्यार आमची ही दशा जावपाची ?

– हें मात खरें तुगेलें. आनी आमी कितेंय उलयलें नाजाल्यार सांगलें जाल्यार हांसतात आनी ओगी रावतात. आनी तो हांसो कितें उलयता खबर आसा ?

– हयतर ! तो हांसो सांगता, तुमी बायलो. तुमचां हांतलें कितें कळटा ? तुमची अक्कल चुलीमेरेन.

– तांकां खबर ना, बायलांची अक्कल रान्नीकडल्यान गॅसीकडेन पावल्या म्हण. आनी हांची अक्कल पयशे जोडपापुरती ! बाकिचें हांकां कितें कळटा ?

– हें मात खरें तुगेलें.

दोनेक मिनटां आमी ओगी रावलीं. कित्याक हॉटेलालागीं आमी पाविल्लीं. हॉटेलांत गेलीं. वेटरान उदक हाडून दवल्लें. तांचीं बोटां ग्लासांतल्या उदकांत बुडिल्लीं आशिल्लीं.

– म्हजो घोव जर आशिल्लो जाल्यार वेटराक तापोवपाचो.

– म्हजो घोव आशिल्लो जाल्यार म्हणपाचो, ए, दुसरें उदक घेवन यो.

– कितें खातलें तूं ?

– हयतर ! उलोवन उलोवन भूक लागली.

– कितें मागोवया ?

– रवाडोसा.

– वेटर, दोन रवाडोसा.

– हालीं घोवाबरोबर हॉटेलांत वचना तूं ?

– ना गो.

– कित्याक ?

– कित्याक वचप ? अशेंच बसलें, व्हडान उलयलें, व्हडान हांसलें, अशेंच वागलें, तशेंच वागलें अशें ताचें चालूच आसता. तातूत आनी तागेलो कोणूय दोस्त बी मेळलो जाल्यार जालें ! सगलें सोपलें. जनगणमन सुरू मागीर हागेलें. जर हागेल्या दोस्ताकडेन हांसत उलयलें जाल्यार, तूं इतलें कित्याक हांसलें, तो तुजेविशीं कितें चिततलो ? ओग्गी रावलें जाल्यार, तूं ओग्गी कित्याक रावलें, तो कितें चिततलो ? ताका वायट दिसचें ना ? हाका हागेल्या दोस्ताची पर्वा ! आनी अशें उलोवन म्हाका कितें दिसतलें हाचें मात मातूय ताका कांयच ना.

– कशें आसतलें ? बायल ती ! तिणे घोवाल्या मनांत रिगून ताका जाय तशेंच वागूंक जाय. आपल्याक जाय तशें वागपाचें स्वातंत्र्य तिका ना.

इतल्यान रवाडोसा आयलो.

– ए ऽ आमी म्हण कितलीं हरामी न्हय ?

– आतां आनी कितें जालें ?

– आमी घोवान जोडिल्ल्या पयशांनी कितें कितें घेवन

खातां आनी वेल्यान तांकांच कितें कितें म्हणटात !

– ओ गी राव गो ! तातूंत हरामीपणां कसलीं ? आनी आमी इतलीं कामां करतात तीं ? आमकां कितें मेळटा ? दोन खेपेचें जेवण, रावपाक घर आनी न्हेसपाक कपडे ! इतलेंच मेळटा आमकां. अशा वेळार वायट दिसून घेवपाची कसलीच गरज ना. त्या मानान आमी कांयच खर्च करिनात.

– तेंवूय बी खरें !

– हय मगो ? मागीर खा तो डोसा.

आमी डोसा खालो. लस्सी पिलीं. बडीशेप चघळायत भायर सल्लीं. उलयत उलयत घरा केन्ना पावलीं कळूंच ना. बिल्डींगेचे गेटीकडेन पावतकच म्हजी चली धांवट आयली. ताणे म्हळें.

– आई, बाबा आयलो.

– आगो, हो आनी आज बेगीनसो आयलो ?

– पळेलें, तूं ओगीच तुगेल्या घोवाक कितें कितें म्हणटालें. ताचो पळय तुजेर कितलो जीव ! तेन्नात तर तो सकाळीं जें कितें जालें तें विसरून तुका घरा मेळूंक बेगीं बेगीं आयलो. नाजाल्यार म्हजो घोव ?

– आगो, तो म्हजेर जीव आसा म्हण आयलोना. सकाळीं जें कितें जालें ताका लागून ताचें मन ताका खावंक लागलें म्हण आयला जातलो.

– कसोय जांव, आयलो काय ना ?

– आंटी, आंटी अंकलबी आयला. चलयेन म्हळें.

– खंय गो तर तो ?

– आमगेर बसला.

– आतां ? आतां गो ? म्हज्या घोवाचो म्हजेर जीव आसा आनी तुगेल्या घोवाचो तुजेर जीव ना न्हीं ?

– अशें कशें जातलें ? सगळ्या घोवांचो आपल्या बायलांचेर जीव आसताच गे. पुण ... मदीं तांचें मात्सें चाळवता. मागीर ते बायलां कडेन झगडटात. झगडूंक म्हण आपलोच मनीस जाय आसता न्ही ? मागीर ते बायलेची आपल्याक पर्वाच ना अशें दाखयत भायर सरून वतात. आनी तकली थंड जाली काय आपलें चुकलें तें तांकां कळटा. मागीर अशें आपल्याक बायलेची पर्वा ना, फक्कत भुरग्यांक लागून परथून आयलों अशी स्वताची समजूत घालून भुरग्यांचें निमित्त सांगून घरा येतात.

– तें आपणे समजुपाचें. इतलेंय करून आपली चूक मात केन्नाच मानचे नात ते आं ?

– आगो, सगळें मुसळ कोयरांत.

– आतां आनी कितें जालें ?

– ज्याचे खातीर आमचीं झगडीं जाल्लीं, तें तेल निमाणे हाडलेंच ना मगो !

– गजालिनी घोव सांडलो खंय, तसल्यो गजाली आमच्यो जाल्यो. तूं आतां अशें कर. बेगींबेगीं वच आनी तेल घेवन यो. येतना चलयेकूय शाळेंतल्यान हाड

– आगो, पुणें ताका घरा येतकच पयल्यान पयलीं काफी लागता. आनी हांव येतासर तो म्हजी वाट पळयत बसतलो ?

– बसूनी गो मात्सो ताका. सद्दां आमी घोवाची वाट पळेत बसता ? आयज ताका आमची वाट पळोवं दीं आनी कॉफी म्हणशीत जाल्यार हांव ताका करून दितां काफी.

– मागीर वचूं तर हांव ?

– वच !

हांव मिसेस नायरींली पोती घेतां आनी घरा वतां. आयिल्लो हांसो दाबीत, जाता तितलो गंभीर चेरो करून दारावयली बेल मारतां.

**

'चित्रंगी' अशीच परमळूं !

वर्षा बुक स्टॉल

आझाद मैदानालागीं पणजी

सगळे तरेचीं पुस्तकां आनी वेगवेगळ्या मासांतलीं वर्तमानपत्रां आनी मासिकां मेळपाची सुवात

पारजतां... पारजतां...

मीना सुरेश काकोडकार



शशीक कितें जालां हें शशी जाणा ताका तें आवयच्या स्पर्शांत जाणवता. भावाचे बापायचे नदरेंत दिसता. तरिकूय ताका कितें जालां हें सगळींजाणां ताजेपसून लिपयतात, आनी तीं लिपयतात देखून आपुण तें जाणां, हें शशीक तांचेपसून लिपोवचें पडटा. आपालिपाचो खेळ . . !

सगळीं म्हण्टात,

'तूं रोकडोच बरो जातलो.'

शशीय म्हणटा,

'बरो जातकीर हांव परत कॉलेजांत वतलों, क्रिकेट खेळटलों. नाटकांत काम करतलों. तेन्नां कोण्णें कोण्णें म्हाका आडावंक जायना फुडाराचीं फट सपनां ... !

जंय फुडारच ना. थंय सपना कसलीं ? पुण शशीक तीं फुलोवची पडटात. घरच्यांक घाळ दवरुंक . . .

□

अदीं मदीं ताचे खबरेक लोक येतात. विचारतात – 'बरो आसा मरे' ?

उलयतना ओंठार हाडिल्लो हांसो तांच्या दोळ्यांमेरेन पावचना.

ओंठारच गोठेवन घट्ट जाता. हालीं शशीक हो गोठेल्लो हांसो पळोवचेली संवय जाल्या. हो हांसो केन्नांतरी वितळचो. ताजो मेकळो हुंवार जावचो, आनी दोळ्यांवटचां व्हांवचो अशें शशीक दिसता. पुण हो हुंवार ताचे कुडींत कोण्ण येवंक दिनात. ताजेहुजीर दोळ्यांत दुकां कोणच काडिनात. ताजी आवयलेगीत. देखून शशीय तांचे हुजीर रडना. रातीच्या काळखांत उशांत तोंड चिड्डून एकटुकोच रडटा. तसो रातीचो लेगीत तो अेकलो नासता. ताजी मम्मी नाजाल्यार डॅडी वा भैय्या कोणूय ना कोणतरी ताज्या म्हज्यांत आसता. पुण शिणून भागून मदींच केन्नातरी तांकां न्हीद लागता तेन्नां शशी रडून घेता. भागीर ताजीं दुकां पियेवन रातीचो काळोख आनीकूय बीण्ण जाता...

□

ताका जायते फावटीं दिसता, मम्मीचे वेंगेंत मुंगरून रडचें, तिजीं दुकां आपल्या दुकांत भरसूचीं, फटीचो

हांसो मोखून मायर मारचो, खरें खरें रडून घेवचें. पुण मागीर आपुण सगळें जाणां हें मम्मीक कळटलें, ती पिशांतक जातली. पयलींच ती कश्टी आसा ... वेल्यान आनीक कश्टी कशी करप ? अशें चिंतून शशी मोन्यानी सगळें अेकटुको सोंसता, काळजांतलें दूख लिपोवन. ओंठार हांसो फुलतो दवरून.

मम्मीय तशीच हांसत्या मुखामळान शशी भोंवतणी वावुरता. तरीकूय तिज्या पातकडच्यांआड दडिल्लें दूक शशीक दिसता. त्या दुकाचें व्हड वजें जावन ताज्या काळजार पडटा. त्या पेजापोंदा घुस्मट्टना आपल्या दुकांचें वजें मम्मीच्या काळजार पडचें न्हंय हाजी शशी जतनाय घेता. आपल्यो वेदना लिपोवन हांसता. तोच गोठेल्लो हांसो. तो ताज्याय दोळ्यांमेरेन पावचना. पुण ताजे तळमळे मम्मीक सांगनासतना समजतात. ती ताका वेंगेंत घेवन पोशेता. धिराचीं उतरां वळयां ओंठार हाडटा. पोको धीर. जंय तिज्याच पांयापोंदची जमीन सुटल्या थंय ? आलतड पलतड नाशिल्ल्या चिंतनांच्या भोंवऱ्यांत अेकटुकोंच घुंवतना शशी आकुळ-पिकूळ जाता. किट्ट काळ्या काळखांत सांगाताक कोणूय आसल्यार तो काळोख लेगीत उणो काळो दिसतलो अशें शशीक दिसता. असो सांगात की... ज्याचेकडेन उलयतना बेठोच ओंठार हांसो हाडचेली गरज पडचीं ना. फट रुपडीं घालून नाटकां करचीं पडचीं नात. दोळ्यांतलीं दुकांय आडावचीं पडचीं नात. असो सांगात कीं ... ज्याचेपासून कांयअेक लिपोवचेली गरज पडची ना, आनी मागीर अशांत चिंतनांतल्यान निशा येता ...

निशा कोण ?

अशेंच अेकलें ...

काळोख पेटोवन ताजो उजवाड करपी. नखेत्रां किल्लूंक घालपी ... तांचीं झाडां रुजोवन काडपी, आनी तांचेर काजुल्यांचे दिवे पेटूकीर नखेत्रां फुलल्यात म्हुण आपुणच फुलपी.. निशाक शशी म्हज्यांत यें वक काळवेळ लागना. शशीक जेन्नां तें येवचेशें दिसता. तेन्नां तें येता.

शशीक सुमाराभायर त्रास जातात तेन्नां. न्हिदेविणे तो राती राती तळमळटा तेन्नां. पालवत आयिल्ल्या जिणेच्या भंयान तो आकांतता तेन्नां, आनी कांय थोडे खोशेचे खोण शशीच्या वांटचाक येतात तेन्नांय ...

तेन्ना तें येता. काळोकीट्ट काळोख इल्लो उणो काळो करुंक येता. हेरांवरी फट रुपडें घालचेली ताका गरज पडना ... कारण आपल्याक कितें जालां हें शशी जाणां हें निशाक खबर आसा. पुण मम्मी, डॅडी आनी भैय्या हांचें तशें न्हंय .. शशीची अवतिकाय पळोवन तीं दिसप्ट्री हजार मरणां मरतात ... पुण शशी हुजीर रुपडीं घालतात. आपल्यावेलो मोग तांकां हीं रुपडीं घालूंक लायता हेंय शशी जाणा ...

[]

ऑफिसांतल्यान घरा येतकीर डॅडी पयलीं शशीचे कुडींत येता. शशीक आवडटा म्हुण ताजे कडेन आपल्या वेळच्यो क्रिकेटिच्यो गजाली करता. कोणें कशी विकेट घेतली, कोणें कशी कॅच धल्ली. सगळें रंगोवन सांगता. पुण मदींच शशीकडेन पळयतां पळयतां डॅडी खंयचे खंय पावता. एकनाथ सोलकराचो – एकनाथ वाडेकार जाता, आनी अजीत वाडेकराचो – अजीत सोलकर जाता. पुण शशी ती चूक डॅडीच्या लक्षांत हाडून दिना. डॅडीचें अशें कित्याक जाता तें तो जाणा. खंयच्याय खिगाक आपली विकेट पडूं येता, हें डॅडीक खबर

' चित्रंगीक आमचीं परबीं !

एजन्सी सातोस्कार

माशेल – गोंय

आमचेकडेन मेळटात –

टि. वी. संच, शिवणेची मशीनां, स्टीलच्यो आरमारी, मिक्सर, कुकर आदि.

आसा. देखून ताजें चित्त थाऱ्यार ना.. पुण डॅडीचें दूख ल्हव करुंक शशी कांयच करुंक शकना. आनी मम्मी ? कसो सांबाळटा ती आपलो तोल ? कसो दवरता ओंठार हांसो ? कशी लिपयता आपलीं दुकां . . . ?
निशा म्हणटा –
'मम्मीचीं दुकां पियेवन कुपां जड जाल्यांत. देखून तर पावसाच्यो दडकेर दडको पडटात.'

शशीचो भैय्या दोतोर. ताजेकडेन तरी मन उकतें करचें अशें शशीक दिसता.
भय्या येता तेन्ना ल्हवूच ताज्या केंसांतल्यान हात भोंवडायता. ताका तपासता, म्हणटा –
'कालचे परस आयज इंम्प्रुव्हमेंट आसा.'
बेठोच !

दिसान दीस जिणेची वात बारीक जायत चल्ल्या हें शशीक खबर आसा. पुण भैय्या ताका आशेर दवरुंक सोदता. हीं फट उतरां ओंठार हाडटना भैय्याक कितले कश्ट जातात आसतले तें शशी जाणा. आपल्या दोळ्यांसामकार आपलो ल्हान भाव खिणाखिणान मरत आसा, आनी दोतोर जावन लेगीत आपूण कांय अेक करुंक शकना . . . ही खंत काळजांत लिपोवन तोंडार हांसो हाडप सोपी गजाल न्हंय.
देखून शशी भैय्याकडेनय मन मेकळें करना . . .

□

शशीचे कुडीभायर पोरसांत अेक पारजताचें झाड आसा. ताका राशीनीं पारजतां फुलतात. कुडीचें जनेल बंदच आसता ; उकतें आशिल्लें जाल्यार वाऱ्याभरशीं शशीच्या हातुणाचेर लेगीत पारजतां शिवरपाची. पोसो भरून पारजतां मम्मी शशीचे कुडींत हाडून दवरता.
'मम्मी ही पारजतां कितलीं सोबीत ... सामकी तुजेच वरी . . .'
मम्मी हांसता . . .
'सोबीत सुंदर, परमळीत'
मम्मी ताका वेंगेंत घेवन कपलार ओंठ तेंकयता. तिज्या काळजार तकली दवरून दोळे धांपून घेतना

Grams : AUTOSERVIS
Telex : 0191 290 JOSI IN
Phone : 2421 & 2422

With best wishes
for
A Happy Diwali
From

AUTO SERVICE

Joshi Building
P. O Box No. 39
VASCO DA GAMA
GOA

Authorised Dealers For :
Ambassador and Contessa Cars, Massey Ferguson Tractors & Equipments, Bajaj Scooters, Motorcycles & 3 Wheelers. Priya Scooters
Petroleum Products of Bharat Petroleum corporation Ltd.,

Branches At :
MARGAO PANAJI SANVORDEM
Service workshop at : VASCO DA GAMA, GOA

शशी मनांत म्हणटा, ...
– सोबीत, सुंदर, परमळीत. आनी देंठांकडेन दुखांविल्ली. रक्तबंबाळ जाल्ली .. तांबडींलाल ...
मम्मीच्या काळजावरी !
पुण हो देंठ कोणाक दिसता ?
कारण सगळेजाण देंठाक धरून फूल पळयतात.
मागीर देंठ कसो दिसत . . ?
– मम्मी पारजतावरी ...
– डॅडी पारजतावरी ...
– आनी भैय्या लेगीत पारजतावरीच ...

सगळीं जाणां हो तांबडो देंठ शशीपसून लिपयत भोंवतात. पुण शशी देंठाक धरुन पारजतां पळोवपी न्हय.. तो पारजतां तळटार उरफाटीं दवरुन पळोवपी.. तळटां तांबडी गुंज दिसतात... ती तळटां पळयतनां मम्मी हांसता.
'पिशा, फुलां उरफाटीं पळयनात'
'कित्याक ? '
'देठांत कितें आसा ? '
शशीच्या प्रस्नांक जाप म्हुण मम्मीचो परतो प्रस्न.
हालीं अशेंच जाता.
शशीच्या प्रस्नांक सारकी जापच मेळना ...

□

उपरान्त शशी पारजतां तळटार घेवन निशाक तोच प्रस्न करता,
'देंठांत कितें आसा ? '
'तूं सांग'
'रक्ता थेंबो'
'पिसो ! म्होंवा थेंबो'
शशी चिंतता, फुलांत म्होंवा थेंबो आनी काळजांत मोगा थेंबो ! घडये हो मोगच मनशांक सगळें सोंसपाची तांक दिता आसूंये ...
मागीर तो निशाक म्हणटा,
'जाणां निशा, म्हजी मम्मी, डॅडी, भैय्या सगळीं पारजतांवरी'
'तूं लेगीत पारजतांवरीच'
'गळून पडचों जालों'

ॐ

Made out of the Finest Materials

MANGALORE GANESH BEEDIES

Smokers cannot afford to miss them

DAILY SALES EXCEED 8 CRORE BEEDIES

Head Office :
MANGALORE GANESH BEEDI WORKS
VINOBA ROAD • MYSORE-570 005

Telephone : 20241, 27172

Telegrams : 'AROMA'

'गळून पडलां तरीकय परमळ फाटल्यान उरतलोच'

यादींचो परमळ ... ! जमो ल्हानपणच्या गोबीत यादींचो परमळ शशीच्या काळजांत आसा तसो. ल्हानपणच्यो यादी, शाळेंतल्यो यादी, कॉलेजांतल्यो यादी, चान्त्यान भरिल्ले जिणेच्यो यादी, आतां सगळो रखरख. पुण ह्या रखरखांतलेगीत त्यो चान्त्यांच्यो यादी शशीचे जिणेंत इत्लीशी मावळी हाडटात. आपल्यो यादी आपल्या फाटल्यान वरच्यान्नें दूख ते तरी उणें करुंक शकत काय ?
शशीक प्रस्न पडटा ...

□

शशीचो भैय्या भोव सुंदर चित्रां काडटा तो दोतोर आनी चित्रकारय .. ताज्या बोटांतच जादू आसा. ताणें कपलावेल्यान हात मोंवडायल्यारच शशीक ल्हवपीक दिसता. भैय्याच्या चित्रांक सगळे लोक तोखेतात. शशीकय ताजी भोव व्हडवीक दिसता. पुण मागीर खंयच्या तरी अेका खिणाक ताका भैयाची नशाय दिसता.
अशाच अेका खिणाक निशान म्हळें,
'अे तूं कित्याक चित्रां काडिना...'
'म्हाका फास्केंत बसपा येदी चित्रां काडूंक येनात'
'फास्केंत बसचीं नात येदी काडप'
'म्हजो कॅनव्हास मळब'
'मळब चितार'
'इतले रंग खंय मेळत ?'
'हांव हाडीन'
'मळब चितारपा इतले – ?'
'केन्नांच सोंपचेनात इतलें'
मागीर आळवा पानार पावसाचो थेंबो घेवन निशा आयलें,
'घे'
'हें कितें'
'रंग ! चितार मळब जाय तितलें'
'हे रंग ?'
'हय. मळबांतलें इंद्रधोणु हातूंन बंद करुन हाडलां. आतां सगळे रंगच रंग'

शशी तो थेंबो सांबाळून दवरता. अजून मळब चितारपाचो वेळ येवंक ना. वेळ येतकीर ताका तो थेंबो यादीन वांगडा व्हरचो आसा. नमायेचो मूड खंयचे खंय नांच्च जाता. तसल्या पाडघा मुडांतल्यान भायर काडचे खातीर तर निशा भोव गरजेचें ...

□

शशीच्यान आतां त्रास सोसूंक जायनात. कुडिच्यो वेदना दिसान दीस वाडत आसात. त्यो लिपोवपय आतां ताका कठीण जाता. ओठांर हांसो हाडप तर त्याहून कठीण जालां ..
हेरांचीं रूपडीं तश्शीं आसात. शशीचें रुपडें मात गळचे कडेन पावलां. आतां ताका नाटकां करचेलें त्राण ना. बरो जावचेली आस्त सोंपल्याच. आतां जियेवचेली इत्सालेगीत सोंपत आयल्या... रुपडें पुराय गळून पडचे पयलीं ताका नाटक सोंपिल्लें जाय. त्याच खिणाक सगळें सोंपचें आनी आपले आनी आपल्यावांगडा आपल्या घरच्यांचे हाल सोंपचे अशें शशीक दिसता. पुण जीण ताका जाय तेन्नां सोपूंक आयल्यां .. ? आनी सोंपसर जियेवप म्हळ्यार काळयाकीट्ट काळखांत बुडून उरप ... त्या काळखांत आधार दिता तें निशा. तें ताका मोनो रांवकच दिना.

रावपाची आनी जेवपाची बरी व्यवस्था

हॉटेल माधवाश्रम

पणजी - गोंय

मुजरत मेट दियात

'शशी उलय पापया'
'कितें उलोंव ?'
'कितेंयतरी उलय.. मन मेकळें जावचे खातीर उलय'
'काणी सांगता'
'सांग'
'अेक आसलो अेकलो'
'कोण तो ?
'आसलो अेकलो'
'नांव कितें'
'दवर जाय तें'
'शशी ?'
'तो भोव हुशार आसलो. सगळ्यांक आवडटालो. ताकाय सगळीं आवडटालीं. लखलखीत फुडाराची सपनां पळयत तो जिणेचे वाटेर चलतालो. पुण ...'
'पुण ?'
'अकस्मात तो बरो ना जालो. ताका ब्लड कॅन्सर जालो. आनीं .. आनी .. ताजीं पावलां न परतुमाचे वाटे दिकेन पडूंक लागलीं'
'मागीर ?'
'मागीर तो काळखांत घुसपलो. आतां ताका फुडार ना. आतां ताजी जीण दिसा दिसांची. खिणा खिणांची. आयचो दीस गेलो ... फाल्यांचो दिसत काय .. अशें चिंतत सारचेली.'
'हो तर तुजोच काणी'
'हय'
'मागीर ते काणयेंत हांव ना कशें ?'
'पिशेंच तूं ! तूं म्हळयार हांवच न्हंय ? म्हज्योच कल्पना. म्हजींच चिंतना म्हळ्यार तूं. म्हज्यांतल्या 'पॅस्सीमिस्टाक धीर दिवक 'ऑप्टीमीस्ट' जावन येवपी तूं. काळखे जीणेंतलेगीत इल्लोसो चान्न्याचो कुडको हाडपी तूं. निशा !'

□

पुण आतां शशीचो optimism पुराय सोंपला. आतां चिंतनांतलें निशा घडये येवचेंय ना. ताका हाडचेली शशीची शक्तच सोंपल्या. कोणें कितलें सोंसचे हाकाय कितें तरी शीममेर आसूंक जाय.

हाली दोतोर ताजी नदर चुकयता. भैंय्या चडसो घराकडेनच आसता. घडये केन्नां शशीचें चड जायत कळना देखून आसत... मम्मी डँडीच्या ओंठांवेलो हांसो शेणला नदरो मेल्यात. फकत स्पर्श जिवो आसा. जो शशीक वेंगेंत घेवन पोशेतना चारय आंगानीं जिवो जाता. शशीक सगळें समजलां. ताचो सगळो जीव दोळ्यांत अेकठावला. ताचे दोळे आवयक सांगतात – म्हज्यान आतां आनीक सोसूं नजो. तरीकय तुजे खातीर म्हाका जियेवचें दिसता. पुण मम्मो आतां म्हाका वचूं दो गे... वचूं दी... पुण वचचे पयलीं ताका सगळ्यानीं रुपडीं काडून उडयिल्लीं पळोवचीं आसलीं. आपलें रुपडेंय काडून उडोवचेंलें आसले निमण्या वेळार तरी आपालिपा नाका. व्हावूं दी व्हांवना तितलो हुंवार, आनी अशा खिणाक ल्हवपीक पावलानी आयिल्ल्या मरणाच्या पोशात फुलावरी आपणें गळून पडचें. पोरसांतल्या पारजतान आपल्याचेर पारजताची चादर घालची, आनी तांचो परमळ घेत निशान दिल्लो पावसा थेंबो घेवन आपणें मळब चितारुंक वचचें..

शशीचे दोळे जड जांवक लागल्यात. जायत्या तेंपान ताका गाढ न्हीद येंवक लागल्या ...

□

आयज शशीचे कुडीचीं सगळीं जनेलां उकतीं आसात. भायलें मळब कोणेतरी तांबडे निळें चितारलां. सगळ्यांचीं रुपडीं गळून पडल्यांत. तांबडे देंठ घायांवरी व्हांवक लागल्यात. दुकांक हुंवार आयला. आयज कोण्ण कांय लिपोवचेलो यत्न करीनात. ज्याचेपसून लिपयतालीं तो पारजतावरी अळंग गळून पडला.. आपले घाय सगल्यांपसून लिपयत पैस गेला.. वान्याभरशीं पारजतां शशीचे कुडीर शिवरत आसात.. पुण शशीक तें कांय अेक खबर ना..
तो तर पावसा थेंबो घेवन मळब चितारुंक गेला..
काळखांतल्यान ... लख्ख उजवाडाकडेन ...

※※

Vocational Training Programe Of Rural Development Agency - Goa

Rural Youth in the age group of 18 to 35 years are imparted training in vocational courses with the main aim of giving them self employment.

The courses in which the training is given are :

1. Automobile mechanic including driving and repairs and maintenance of farm machinery.
2. Welder, turner, fitter and machinist courses.
3. Wireman, carpentry, masonry and plumbing courses.
4. Nursery, typewriting etc.
5. Crafts like doll making, fibre work, batik printing, wall hanging, carpets, tailcing embroidery etc.

These courses are conducted round the year. The trainees are paid stipend at the rate of Rs. 200/- per month and tool kit worth Rs. 500/- is supplied free of charge to each trainee on completion of training. Further, to start self trade/business an amount upto Rs. 20,000/- is given out of which Rs. 3000/- is subsidy and the balance as bank loan.

For further details, contact the nearest Block Development officer or the office of Rural Development Agency-Goa.

Issued By

Rural Development Agency-Goa

सहजीवना खातीर मोगाचो कायदो

चंद्रकांत केणी

पुराणांत अशी एक कथा आसा कि देवांनी दैत्याच्या आदारान दर्याचें मंथन केलें आनी चौदा रत्नां भायर काडलीं. मनीस जातीक देव आनी दैत्यांनी दिल्ली ही देणगी. पुण ह्या मंथनाच्या वेळार दोन प्रस्न उप्रासले. मंथन करतना देवांक लेगीत दैत्यांचो आदार घेवंचो पडलो. देवांच्यान आपल्या बळाचेर मंथन करूं येतालें. पुण दैत्यांक कुशीक दवरून केल्लें मंथन उपकारपासारके नासलें. दुसरो प्रस्न आसलो मंथनातल्यान भायर सरत। त्या हलाहलाचो. हलाहल म्हळ्यार वीख. हें वीख संवसारार पातळ्ळें जाल्यार संवसार करपून वतलो. देखून तें कोणेयतरी पचोवपाची गरज आसली. तें काम म्हादेवान केलें. आयच्या युगांत विचारमंथन करतना आमी हे पुराणकथेपसून बोध घेवंक जाय. आमच्या विरोधकांकय आमच्या सांगातान घेवन मंथन करपाचो बोध पयलो. आनी अशा विचारांच्या संघर्षातल्यान जें वीख भायर सरतलें ताजी विल्हेवाट लावपाचो. तशें जर केलें ना जाल्यार आमचें विचारमंथन हें एकांगी जातलें आनी समाज तें आपणावचो ना. उरफाटें विचारांच्या संघर्षातल्यान भायर सरतलें ते वीख समाजांत धोंशी वाडयतलें.

हांव एक लेखक. कथा लेखक ह्या नात्यान म्हजो समाजाकडेन, समाजांतल्या दादल्यांकडेन आनी बायलांकडेन, उदात्त आनी विकृत

तत्वांकडेन संबंद येता. हांव एक पत्रकार. त्या नात्यान समाजाकडेन दीसपट्टो संबंद येता. पत्रकाराची भूमिका करता आसतना कथाकाराची भूमिका करप म्हळचार नाटकांतलो डबल रोल करपासारकें काम. पत्रकार हो तटस्थ नदरेन समाजाचो फोटो घेता आनी तो जशाचो तसो उजवाडायता. धोंगांपोंगां आसत जाल्यार कॅमेराक तीं लिपोवंक येनात. कथाकाराची गजाल वेगळी. तो समाजांतलीं धोंगांपोगां आनी वरीं वायट तत्वां हांचेर आदारून एक कथाविश्व उबें करता. वर्तमानपत्र चलोवप हो म्हजो व्यवसाय आनी कथा वरोवप ही म्हजी आवड. म्हजेपुरतें हांव हे दोनय धर्म निश्ठेन पाळपाचो यत्न करतां. पुण म्हजो अणभव असो आसा कीं, ह्या दोनय प्रवृत्तींक लागून, तातूंतय पत्रकाराची जापसालदारकी सांवाळटना, हांवें इश्टांपरस दुस्मान चड जोडले. कांय इश्ट वगडायले.

समाज सुदारचो वा वायलेचें उदात्त आंग साहित्यांत चित्रावचें हें कथाकाराचें काम न्हय. तो समाजांतली विसंगत सोदता आनी आपले नदरेन ती पारखिता. समाजांत व्यभिचार चलता. वायल ही सोबेची आनी भोगाची वस्त मानपी लोक आसात आनी तांचे हे मान्यतायेक तेंको दिवपासारकी वागणूक कांय वायलो करतात. कुटुंवसंस्था ही आमची संस्कृती. पुण आमची प्रकृती ते संस्थेची लिपचोरयां निर्भत्सना करता. हे म्हजे कथेचे विशय जाले जाल्यार तो दोश म्हजो न्हय तर समाजांतले विकृतेचो. ही विकृती हांव म्हज्या कथांतल्यान मांडटां

समजा एक सुंदर चली आसा आनी तिगेले दांत मोतयांसारके चकचकीत आसात. पुण जेन्ना तिगेले दात दुखतात तेन्ना एकाद्रो रेडिओलोजिस्ट एक्स – रे घेवन तिका पायोरिया जाला अशे सांगता. ते सरशीं ती चली खुवळटा. म्हणटा ह्या डॉक्टराक भितर लिपिल्लो पायोरिया तितलो दिसलो, मोतयांसारके सुंदर दांत दिसले नात. ते वायलेन रेडियोलॉजिस्टाक दिल्लें दूशण जर समा दिसता आसत जाल्यार. साहित्यांत वायलांचें विकृतेचें चित्रण करतल्या लेखकाक तें दिवं येतलें.

साहित्य हें लोकजागृतीचें प्रभावी माध्यम. लोकजागृती वरवीं

प्रस्न सोडोवप हो लोकशायेचो धर्म आनी जे जागे जाल्यात तांणीच हेरांक जागोवपाचें आसता. ते नदरेन लोकजागृतीचें कार्य साहित्यिक वा साहित्य मोगी बायलांनी हातांत घेवंचे आदीं तांणीच जागें जावचें पडटलें. कसलोय रोग जालो जाल्यार लक्षणां आनी हेर चिकित्सेवरवीं आमीं आदीं निदान करतात आनी उपरांत वखद घेतात. सामाजिक दुखण्याकय होच न्याय लागू जाता.

आयची बायल दोन गजाली सोदता : एक मुक्ती आनी दुसरी समानता. समानता मेळोवचेखातीर कायदे बदलचे अशें कांय बायलो मागतात. पुण कायद्याची एक मर्यादा आसता. तो आपल्या पायांचेर उबो रावना. ताका लोकमताचो आदार जाय आसता. समजा, घोव आनी बायल झगडलीं जाल्यार कायदो कोणा एकल्याक गुन्यावकार धरून ख्यास्त दिता. पुण ताका लागून एक संवसार सांसणाचो उध्वस्त जाता. खरी गरज आसली ती झगडें सोंपोवन घोव आनी बायल मायेन एकठांय रावपाची. हें काम कायदो कशें करीत ?

तशी भारतीय घटना भेदभाव मानीना. प्रांत, वंश, धर्म वा लिंगाचो भेद करचो न्हय अशें घटना सांगता. अशें आसतनाय ती घटन बायलांक आनी भुरग्यांक सांबाळून घेता. कित्याक तर आयज समाजांत समानता ना. समानतेबगर समान कायदो उपकारचो ना. समाजिक नदरेन जे फाटीं आसात तांकां आनी फुडारिल्ल्या वर्गाक एकाच मापान जोखप समा जावचें ना. दुबळ्या भुरग्याक आवय जशी चड सोंपेपणा दिता आनी तें भुरगें हेरांभशेन घटमूट जावचें म्हणून जतनाय घेता तसली जतनाय आमची घटना दुर्बळ वर्गाची घेता.

पुण हातूंत एक धोको आसा. जातीभेद सोंपोवपाखातीर मागास वर्गाक सरकार सवलती दिता. हरिजनांक सवर्ण हिंदू समान अधिकार दिनात हे खातीर कांय हरिजन बौद्ध जाले तरी हरिजनांच्यो सवलती आपणाक मेळच्यो असो आग्रो धरूंक लागले. सवलती ह्यो कुबड्यांसारक्यो आसतात. थोंटयांक कुबड्यांबगर चलूंक येना. पुण बरो मनीस कुबड्यो वापरूंक लागलो जाल्यार ताका सारकें चलूंक येवचें ना. कुबड्यो ह्यो केन्नाय तरी भायर उडोवपाच्यो आसतात. धर्मांतर केल्ल्या हरिजनांनी बौद्ध धर्मांत अस्पृश्यता व्हेली. तीच गजाल कायद्याची राखण घेतल्या

वायलांची घडची न्हय म्हणपाची जतनाय घेवंक जाय.

स्त्री मुक्ती आंदोलनाचो मुख्य हेतू आनी पयलें पावल म्हळ्यार वायलांक मनीसपणाचो अधिकार दिवन तो भोगपाक तयार करप. तो अधिकार वायलांक मेळ्ळा. तरीय वायलांची परिस्थिती सुदारूंक ना. धन आनी सत्ता मनशाक भ्रश्ट करतात अशें म्हणटात. पुण नितीशास्त्रांत धन आनी सत्ते सांगातान वायल लेगीत मनशाक भ्रश्ट करता अशें म्हळां. सुवर्णाभशेन सुंदरी दादल्यांक भाळयता आनी तिचो देह हेंच तांचे नदरेन लुटपासारकें धन आसता. हो संस्कार काडून उडयले वगर कायद्यान खंयचोच प्रस्न सुटचोना. कायदो गाढवाक न्हंयचेर व्हरत पुण उदक पिवपाची शक्त गाढवांत आसची पडटली. समाजिक परिस्थितीत-ल्यान ती शक्त निर्माण जावंक जाय. आज बायल देशाची प्रधानमंत्री जावं येता. डॉक्टर, इंजिनियर आनी हेर वेवसायांत नांव जोडूंक शकता. पुण अशें आसलेंय जाल्यार खंयच्याय घरांत चली जाली जाल्यार घरचे लोक खंती जातात. जिच्या जल्माकच येवकार मेळना त्या समाजांत कायदो कितें करतलो ?

मुंबय शारांत हालींच एक सर्वे घेतली. जे आठ हजार गर्भपात थंय जाले तांतले ७९९९ गर्भपात गर्भाशयांतल्या भुरग्याची लिंगपरीक्षा करून ती चली आसली हे खातीर केल्ले. १९८२ ते ८४ ह्या तीन वर्सांभितर ह्या भारत देशांत १०२२ वायलांचे वरदक्षणा हाडली ना म्हणून खून जाले, असो सरकारान आंकडो प्रसिद्ध केला. हे आंकडे आमकां कितें सांगतात ? एके वटच्यान आमी समानतेची भास उलयतात आनी दुसरे वटच्यान चली जल्मूची न्हय म्हणपाची तजवीज करतात.

निसर्गान बायलांची रचणूक अशी केल्या कि तिजे इच्छेआड तिजेर वलात्कार जावं येता आनी तें उदेशी ती आवय जाली जाल्यार तिका पातकी मानतात. अन्याय करपी नामानिराळो उरता. कोणाचेरय वळजवरी जाली वा वलात्कार जालो जाल्यार तिजी कूड भश्टना आनी ती पातकी जायना अशें समाजान सगळ्यांआदीं मानचें पडटलें. कायदो असले वायलेक निरपराध आनी निर्दोश मानता आनी वलात्कार करतल्याक दूशण दिता. पुण समाज कितें मानता ? कायद्यान

वलात्कार जाल्ली बायल निर्दोश आसूनय समाज तिका पतीत म्हणटा. देखून कायदो आनी समाजिक मान्यताय हांचेंमदीं एक समजिकाय आसची पडटा. पुण आयज ती ना. अन्यायाचो प्रतिकार करप हो आमचो धर्म. आनी अन्यायाचे भोग बायल भोगता आसूनय तो धर्म विसरतात.

मृदुला साराभाई ही एकलीच भोंवताली. कोणेंतरी तिका विचाल्लें, "तूं अशी वेळार, अवेळार सगळेकडेन एकलीच भोंवता, तुका भंय दिसना ?"

"कसलो भंय ?" तिणे विचाल्लें.

"एकाद्रे दोन पायाचें जनावर तुका एकोडी गांठून वलात्कार करीत म्हणपाचें तुका भंय दिसना ?"

"भंय दिसून कितें जातलें ? म्हज्या शरीराचेर बलात्कार जावं येता. देखून हांव म्हजे स्वातंत्र्य गुठलावन दवरून एका कोनशाक बसूं ? खंयय बशिल्लेकडेन लेगीत वलात्कार जावं येता. अशे तरेन हांव म्हजें स्वातंत्र्य लेगीत वगडावन बसतली."

बायल ही खिणाची बायल आनी अनंतकाळची आवय अशें आमी मानतात. आवय म्हणून जिचें शरीर पवित्र तेंच शरीर बायल म्हणून भ्रष्टाचाराचें साधन जाता. बायलांकय शरीर हें आपलें धन दिसता आनी देखून तें सुंदर दवरपाखातीर ती वावुरता आनी दादल्याची राखण मागून आपुण सुरक्षित रावंक सोदता.

मातृत्व आमी पवित्र मानतात. पुण वलात्काराक लागून जें भुरगें जाता तें आमी इलेजिटीमेट (अनौरस) म्हणटात. दादलो आनी बायल हांचे संबंद सैमिक आसतात. समाजीक नेमांत ते बसतात. लग्न जाल्या उपरांत घोवापासून जी संतती जाता ती औरस. आतां संततीच्या जल्माची प्रक्रिया एकच. भुरगें ही देवाची सगळ्यांत व्हडली सर्जकता अशें धर्म आमकां सांगता. आपणे कोणागेर, खंय जल्माक येवचें हें भुरगें थारायना. तें औरस आसूं वा अनौरस. ताका आवय ही आवयच आसता. ती पतिता वा सवती आवय नासता. भुरग्याखातीर आवय पवित्र. समाज तागेलो पितृत्व अमंगळ मानता. पुण दोश दिता आवयक. आनी भुरग्याक भुरग्याच्या बापायचें नांव ना हो ताजो गुन्याव.

म्हळ्यार प्रतिश्ठा पितृत्वाक दिवपाखातीरच वायलेचे पोट आसा. देखूनच असल्या भुरग्यांक गर्भातच मारतात. खंयचीय आवय आपल्या भुरग्याक मारूंक तयार जायत ? पुण समाजांत त्या भुरग्याक सुवात नासता. मातृत्वाक कलंक लागता देखूनच गर्भपात जाता. हांगा कायदो गर्भपात करतले वायलेक खुनी मानता. पुण ते परिस्थितीक जापसालदार आशिल्या दादल्यामेरेन कायद्याचे हात पावनात. समाजाचे नितीनेम बदलूंक जाय. भुरगें हे औरस वा अनौरस नासता आनी खंयचेंय मातृत्व हें अपवित्र नासता अशें समाजान मानून घेवंक जाय.

चलयांचो जल्म समाजाक कित्याक नाका आसता ? घडये तिका व्हड करून तिजें लग्न जुळोवपाक त्रास पडटात म्हणून आसत. घडये वरदक्षणेखातीर आसत. वरदक्षणेक लागून ह्या देशांत सुनांचे खून जातात. कायदो कागदार उल्ला. लग्न हें गिरेस्तकायेचें प्रदर्शन जालां. ताका लागून विवाहसंस्थेतलें पावित्र्य भंगलां. जांवय विकतो घेवपाची रीत ज्या समाजांत सभ्य मानतात त्या समाजांत वरदक्षणा विरोधी कायदो आसून फायदो कितें ?

जायरातींतल्यान वायलांच्या देहाचें प्रदर्शन करपाचेर बंदी घालपी एक कायदो आसा. माल विकपाखातीर वायलांच्या देहाचें प्रदर्शन करप म्हळ्यार अनर्थ वेवस्थाच आपणायिल्ले भशेन जात. पुण ह्या प्रदर्शनांत वांटो घेवंक वायलांमदींच सर्त लागता. आपल्या देहाचें जी वायल चड प्रदर्शन करता ती फुडारिल्ली मानतात. मॉडलींग आनी भारतसुंदरी, विश्वसुंदरी सर्ती वायलो फुडें सरतात देखूनच चलतात. आयच्या युगांत खंयच्याय कुटुंबाचो हिशेब तपासून पळयात वा वाजारांत खपता त्या वस्तूंचो अदमास घेयात. सौंदर्यप्रसाधनांचेर आमीं खूब चड पयसो खर्चितात. वायल आसूं वा दादलो. सुंदर आसची हें खरें. पुण तिचें रूप वा शरीर दादल्यांक भाळोवपाखातीर सजोवपाची वृत्ती वायलांमदींच वळावल्या. पावित्र्य आनी सौंदर्य हांच्या सुमेळातल्यान वायलेचें रूप उजळ जाता म्हणपाचें आमकां भान ना.

स्त्री मुक्ती आंदोलनाचें अशें म्हणणे आसा कि अर्थिक नदरेन वायल स्वतंत्र जातली तेन्नाच तिगेलें गुलामपण सोंपतलें. पुण आमची कुटुंबसंस्था ही वायलांच्या गुलामपणाचेरच उबी आसा. ह्या आदीं

आनी आजलेगीत वायलो जोडटात. पुण तिगेल्या जोडीचेर तिगेलो हक उरना. कांयकडेन तिगेल्या पैशांचो सोरो पिवन घोव तिकाच मारता. आजय व्हड व्हड हुद्यांचेर वायलो आसात. त्यो शिकल्यात आनी जोडटात. पुण कुटुंब सांबाळपाच्या नांवान त्यो गुलामपण मागून घेतात. जोडप वेगळें आनी आर्थिक नदरेन स्वतंत्र जावप वेगळें. अशें एक वचन आसा कि वायलांची मुक्ती ही मनीसजातीचे मुक्तीखातीर गरजेची. हें वचन देखदिणें. आमीं विसरूंक फावना कि स्त्रीमुक्ती आंदोलन हें निमाणें दादलो आनी बायल हांचें सहजीवन सादपाखातीर आमी चलयतात. हे चळवळींत वायलेवरी दादल्याचीय मुक्ती आसपाविल्ली आसता हें आमी वळखलें जाल्यार समाजिक परिस्थिती बदलतली. नाजाल्यार कायदे जावनय सहजीवन उरचें ना. महात्मा गांधींचे एक वाक्य आसा. **'family disputes and differences are to be settled generally according to the Law of Love.'**

कुटुंबांतलीं झगडीं आनी मतभेद सरकाराचीं न्हय जाल्यार मोगाच्या कायद्यान सोडोवंक जाय.

**

हिंदु धर्म आनी आयची हिंदु बायलमनसि

प्रा. सुमंत केळेकार

खंयचेय संस्कृतायेचो आत्मो पळोवचो अशी अित्सा जाली, ते संस्कृतायेचें व्हडपण आनी तिच्यो शिमो जाणा जावन घेवंच्यो जाल्यो जाल्यार ते संस्कृतायेंत वायलांचो पांवडो खंय आसलो, दादल्यांच्या धर्मअर्थ धरून सगल्या वेव्हारांत त्यो खंच्यो वांटेकारी आशिल्ल्यो काय ना हाचो अभ्यास करुन मागिरच ते संस्कृतायेविशीं अनुमान करचें पडटलें. जे संस्कृतायेंत वायलमनशेक मानाची सुवात ना जावं तिका थंय मेकळीक ना, ते संस्कृतायेक मागाशिल्ली आनी असंस्कृत मानची पडटली. वायलांची स्वतंत्रताय ही त्या समाजाचे सुजाण आनी न्यायी बुद्दिची कसोटी आसता. संस्कृताय मनशाक आचाराविशीं नेम शिकयता. आनी रुढींकडेन पळोवन त्या समाजांत वायलांचें मोल गोठ्यांतले गायेइतले काय झुजांतले हीण देणगेइतलें तें कळटा.

हिन्दू धर्म

हिन्दू लोक म्हळ्यार संवसारांतल्या कांय भौच पुर्विल्ल्या समाजांभितल्लो एक एकवटिल्लो समाज. २५०० वयर वरसां जालीं हिन्दुचें अस्तित्व मान्य जाल्लें आसा. पूण हिन्दू धर्म म्हळ्यार हेर

धर्मावरी न्हय. कायद्यांत लेगीत हिन्दू मनीस म्हळ्यार कोण हाची व्याख्या करताना जो कोण मुसलमान, ख्रिस्तांव, पारशी जावं ज्यू न्हय तो हिन्दू अशी केल्या. हिन्दू मनशाक हेर धर्मांच्या मनशा वरी हिन्दू म्हूण कसलीच वांदिलकी ना. देखून त्या धर्माक जिणेतरा म्हळ्यार way of life अशें म्हणटात.

धर्माचो विचार करताना त्या उतराचे विंगडविंगड अर्थ ध्यानांत दवरूंक जाय. महाभारतात यक्षान धर्मराज्याक विचारिल्ल्या प्रस्नांक जाप दितना ताणें सांगलें. "धर्मस्व तत्वं निहितं गुहायां महाजनो येन गतःस पंथा:" धर्माचें खरे सरूप गूढ आसा देखून व्हड मनीस वागतात तशें वागचें, असो ताचो आशय आसून तैतिरीयोपनिषदांतय तशेंच सांगिल्लें आसा. धर्म म्हळ्यार कितें हें समजून घेवपाखातीर श्रुति पळेल्यो जाल्यार त्यो विंगडविंगड, स्मृति पळेल्यो जाल्यार तीच तरा. एका रुशिचें एक मत जाल्यार दुस-याचें दुसरेंच. देखून म्हळां महाजनो येन गतःसपंथाः. हातूंत धर्म म्हळ्यार आचार असो अर्थ काडला.

"श्रुतिस्तु वेदो विज्ञेयो धर्मशास्त्र तुवै स्मृतिः" श्रुति हे वेद आनी स्मृति म्हळ्यार धर्मशास्त्र अशें मनून सांगलां. वेदांवरी स्मृति खूब पुर्विल्ले ग्रंथ न्हय. इ. स. आदीं ५००-६०० वर्सां उपरान्तचे ते आसात. वेद अनंत तश्यो स्मृतीय अनंत आसात. स्मृतीकार १०० वयर आसात. महाभारत आनी रामायण हांकांय धर्मशास्त्राचे नदरेन स्मृति मानतात. पुराणांय स्मृतींतच मोडटात. तीं आसात अठरा. अग्निपुराणांत राजधर्म आनी वेव्हारधर्म हे विशय याज्ञवल्क्य स्मृतींतले घेतिल्ले आसात. तशेंच कांय वांटे नारदस्मृतींतलेय आसात. सदाचार हें धर्माचें तिसरें मूळ.

हिंदु समाजजीवन

हिंदुचे समाज रचणुकेचो विचार केलो जाल्यार ही रचणूक दोन गजाली भोंवतणी घुंविल्ली दिसता. पयली जोड-कुटुंब आनी दुसरी जात. जात म्हळ्यार वर्ण. वर्णाची मूळ कल्पना वेद काळा उपरांत केन्नाच समाजांत दिसली ना. कामांची वांटणी करून वर्ण थारायल्यात म्हणटात

ती वस्तुस्थिती केन्नाच नाशिल्ली. ऋग्वेदांतल्या पुरुषसुक्तांत म्हळां तशें तकलेपासून ब्राह्मण, भुजांपासून क्षत्रिय, कमरे पासून वैश्य आनी पांयापासून शूद्र हो भेद कल्पनेंतच आशिल्लो. चातुर्वर्णांत वांटिल्लो हिंदू समाज आशिल्लो जाल्यार ब्राह्मणांभितरच १८०० वयर पोट-जाती आसात त्यो कशो ? ह्यो आनीक वाडूंक येता. ते भायर ह्या सगल्या पोटजातींभितर एकवटय ना. जी गजाल ब्राह्मणांची तीच हेर वर्णांची म्हणूं येता. कामाचे वाटणेवेल्यान वर्ण थारताले म्हणटात तेंय खरें न्हय. ४ थ्या शेंकड्या आदीं महापद्म नंदा राज्य करताले ते क्षत्रीय नाशिल्ले. मौर्य सम्राट शूद्र आशिल्ले जाल्यार सम्राट गुप्त हे वैश्य आशिल्ले. उदयपुरचे सिसिडिया घराणें मुळचें ब्राह्मण कुळयेंतलें.

चातुर्वर्ण्याचो मुखेल उद्देश्य उल्लो जल्माचें म्हत्व वाडोवपाचो, व्यवसायाचों, न्हय. देखून जातीभायर लग्न करपाची बंदी जाली. वेदांत वर्णसंकराचो विचार खंयच ना. तेन्ना लग्नांक जातिंचो आडमेळ नाशिल्लो. ब्राह्मण रुशीन दस्यू वायल हाडिल्ली ऐतरेय ब्राह्मणांत दिसता. जात म्हळ्यार एक समाजीक वस्तुस्थिती, धर्मीक संस्था न्हय.

पुराय सगळ्या पुराणांनी जातिचें अस्तित्व मान्य केलां आनी जातींकडेंन पळेतना ती समाजाची एक कायम सरुवाची वळेरी अशें लेखपाची वज जाल्या. पूण जात ही देवान दिल्ली अशें म्हणटात तें फट. जातिचो देवालागीं संबंद गीतेंत जोडला तें निखालस खरें न्हय. श्रीकृष्णान जातिचें समर्थन करूंक ना जाल्यार टिका केल्ली आसा. " वर्णवेवस्ता हांवें केल्या केल्या ती काम आनी कृती हांचो धर्म पळोवन ' अशें ताणें म्हळां.

धर्म दिना जाल्यार हे वेवस्तेक धर्मीक सरूप दिता हिंदू कायदो. हिंदू कायदो हो जातिचेर आधारिल्लो आसा. मनू वेगळ्या वेगळ्या जातितल्या संकरांक दंड घालता. दोन जातींभितर रगता संबंद म्हळ्यार ताचे नदरेन एक भौच मोटें पातक थारता.

हिंदुची समाज वेवस्ता ही पयलींसावन चार वर्णांचेर आधारून आशिल्ली अशें मानचेपरस कितल्या तरी पोट-जातिंनी ती वांटिल्ली अशें मानूंक फाव. जण एक पोट-जात आपणाल्याच खासा विस्वांत जियेताली हिंदुचे समाजीक जिणेंत जाल्या अन्यांयांक लागुनच अशे

तरेन ही वाड जावंक पाविल्ली.

हिंदू समाजांतलो ल्हानांत ल्हान घटक हो व्यक्ती न्हय जाल्यार जोड-कुटुंब; आनी मोटयांतलो मोटो घटक म्हळचार पोट-जात. जातूंत कांय जोड कुटुंबाचो आस्पाव जाता. हाचेभायर समाज म्हूण जावं जमात म्हूण हिंदू वेंव्हारांत कांयच वळखना. जण एक हिंदू मानता आनी जाचे मुखार नमता ते हे दोन घटक. जोड-कुटुंबांत व्यक्तिच्या सुवार्थाची कल्पना ना. जण एकलो जियेता ते तागेल्या कुटुंबा खातिरच. जाण्टयांची तशी भुरग्यांची वरे भशेन राखण जाता. जण एक पुर्विल्ली संस्था ही जमातिच्या बऱ्याखातीरच निर्माण जाताली. जोड-कुटुंब म्हळचार पर्यलिच्या काळार जेन्ना समाज नांवाची संकल्पना लेगीत अस्तित्वांत नाशिल्ली तेन्ना अस्तित्वांत आशिल्ली एक कुटुंबीक जमात. अर्थिक कारणाक लागून एकठांय आयिल्लो रगताच्या नात्याभितल्या लोकांचो हो जोमो. जण एकलो कुटुंबाखातीर जियेतालो. कुटुंबाचें खाशेलें एक नीतीशास्त्र आशिल्लें. तांतूंत हक, कर्तव्यांबी येतात. जण एकलो प्रामाणिकपणान आनी मनापसून आज्ञा मानपाच्या तत्वाक धरून आसतालो.

हिंदुस्थानांत जोड-कुटुम्ब निखटें उल्लेंना जाल्यार ताची शक्त काळा अंतरान वाडत गेली. समाजांत खंयचीच अशी मध्यवर्ती सत्या नाशिल्ली-राजाची जाव चर्चा सारक्या दैवी संस्थांची जाका लागून काळाप्रमाण हिंदू कायद्यांत बदल घडोवंक हाडूंक शकताली. पुर्विल्ल्या काळाक सावन ज्यो प्रथा-रुढी आशिल्ल्यो तातूंत बदल करपाची गरज आसुनय हिंदू राया तें काम करूंक पावलेनात. तांणी पोन्न्या कायद्यांत बदल केलो ना आनी नवेय कायदे तयार केले नात. स्मृतींत सांगिल्ल्या गजालींत बदल करपाखातीर जिची गरज आसा अशी एकाद्रो धर्मीक सत्याय केन्ना हिंदूभितर निर्माण जावंक पावलिना.

हाचो परिणाम असो जालो कि हिंदूची समाजीक कूड फुटून तिचे कुडक्यान कुडके जाले. जोड-कुटुम्ब आनी पोट-जाती हांचो विचार केल्यार अशें दिसून येतलें कि हिंदू म्हणटात तो सान सान घटकांचो एकामेकालागीं कसलोच संबंद नाशिल्लो आनी केन्ना एकामेकांक जोडूंक पावचोना असो एक जथो जावन उल्लो. तांचेभितर जों मेरेन बेटी आनी

रोटी चे वेव्हार जावपाक आडमेळ उरतलो तों मेरेन तांचें समाजीक मिलन कशेंच जावंक पावचेंना.

ही अशी समाजीक रचणूक जाल्ल्यान हिंदूभितर एकवट ना आनी जण एक पोट-जात दुसऱ्या पोट जातींपरस आपणाक व्हड मानीत आयल्या. जातीय वाद ही हिंदू जीवनाची एक जिती तट्टीत वस्तुस्थिती आसा.

हिंदु समाज-जीवनाचे अशेतरेन कुडके जाल्ल्यान जण एकालें समाजीक कर्तव्य फकत जोड-कुटुंवापुरतें मर्यादीत जालें. हाका लागून समाजीक घटसाण केन्नाच येवंक पावलिना. समाज - सत्या निर्माण ना जाल्ल्यान खंयचीय प्रथा कितलीय विखाळ आनी घातकी आसूं तिका आपशींच मान्यताय मेळूंक पावता आनी धर्माच्या नांवान ती समाजांत वीख ओकूंक लागता. तशेंच हांगा जालें. मनशाच्या मासाचो देवाक प्रसाद, सती वचप, सान भुरग्यांचीं लग्ना, देवाक वायलो ओपप, सारक्यो गजाली वचत थंच जावंक लागल्यो. बंगालांत राजाराम मोहन रॉय हाणी सती प्रथे आड आवाज उठयलो. दक्षिणे वाठाराक तेन्ना सतिचो तितलो प्रभाव पडूंक नासलो. पूण समाजान सतीक विरोध केलो ना. हिन्दुच्यो नीतीभायच्यो प्रथा आशिल्ल्यो ताचे आड त्या वेळच्या ईश्ट इंडिया कंपनी सरकारान पावल घालें तेन्ना मात वोवाळ जालो. हिन्दुधर्मांत सरकाराची लुडबूड आसची ना म्हूण १८८५ सालच्या ब्रिटीश सरकाराच्या जाहीरनाम्यांत उतर दिल्लें. तीच गजाल १८९१ वरसा वायल मनशेचे (संमती) पिराये संबंदान घडलो ब्रिटीश सरकारान १२ वर्सांची पिराय जाय मेरेन वायलमनशेचो तिच्या घोवान लेगीत संभोग घेतलो जाल्यार त्या कर्तुपाक आगळीक थारावन ताका ख्यास्त जातली असो कायदो करपाचें थारायलें जाल्यार त्या विलाआड बंगाल, मुम्वै आनी मद्रास इलाख्यांतल्यान उठाव जालो. खासा स्वराज्याचो मंत्र दिवपी म्हाराष्ट्रांतलो जहाल राजकी पुढारी लोकमान्य टिळक हाणी हया विलाआड आवाज काडलो. हिन्दु समाजांत लाखांनी वायलांचेर जाताले ते अत्याचार ह्या येद्या व्हडा नेत्याक तेन्ना दिस नासले. तो फकत व्यग्र आशिल्लो परके सत्तेआड झुजपांत. आनी देखून ताका ह्या असंख्य अबलांची कानठळचो वसपी वरड आयकूं ये नासली. तो भेडुो

जाल्लो. लोकमान्य टिळकां सारक्या नेत्याची ही करणी पळेनकच तो खऱ्यांनीच जहाल आशिल्लो काय ना हाचो दुबाव येता. उरफाटे, गोपाळराव आगरकर हया इतिहासान मोवाळ थारायल्या समाज-सुधारकान तेन्ना जें आपणाले लिखणे वारयां ब्रह्मास्त्र सोडलें तें पळेनाफुडें मात् दोळे दिपकतात आनी आगरकरच खरो जहाल नेतो आशिल्लो अशें दिसूंक लागता. टिळकांची बायलमनशेविशींची मत्तां कर्मठ आनी सनातनी आशिल्लीं हाजी गवाय जायतेकडेन मेळिल्ली आसा.

ईस्टइंडिया कंपनी सरकारान जी ही हिन्दुच्या संस्थांतली अनैतीक रुढींचीं घाण निवळ करपाची मोहीम काडली तिचो परिणाम अंती १८५७ च्या बंडाच्या सरुपान दिसूंक लागिल्ले. उपरान्त कंपनी सरकारान तांतले आंग काडलें. पूण जेन्ना मोंटाग्यू-केनफोल्ड सुधारणा जाहीर जाल्यो तेन्ना कायदे घडोवपांत लोकांचे प्रतिनिधींचोय आस्पाव जालो आनी असल्या कायद्याआड करंदाय करपाची वृत्ती आपशींच आळाबंदा आयली.

६०० वर्सां मेरेन, इस्लामी राजसत्या हिन्दुस्थानांत उल्ली त्या काळांत जाल्यार धर्म राखणेच्या नांवान हिन्दू समाजीक रुढी अदीक घट जावंक पावल्यो. अधर्माच्यो प्रथा लेगीत धर्माच्या नांवाचेर निर्धास्तपणान चलूंक लागल्यो. हिन्दू राजांची सत्या आयली तेन्नाय तांची भुमिका न्हयकारीच उल्ली. रूढींभितर सुदारणा करपाच्या धोरणापरस तांणी आसा त्योच तशातश्यो दवरुपाचें थारायलें. वायट बरें जें कितें वारसान मेळ्ळां तें सांवाळपाचें अशें धोरण रजपूत राजांनी, विजयनगरच्या सम्राटांनी, तशेंच गोब्राह्मण प्रतिपालक मराठे राजांनीय आपणायलें. मोगल सम्राट अकबर हाणें सती आड कायदो केल्लो पूण तो लागू करपाच्या कामांत ताणें तितली घटसाण दाखयली ना. कोणाकूच प्रजेक दुखोवपाचें नासलें आनी प्रजा तर आपणाली राखण बरे भशेन करपाखातीर ह्या रूढीप्रथांक घट वेंग मारून वशिल्ली. मुसलमानी सत्येआड झुजपाचें आशिल्ल्यान हिन्दूराजांक सामाजीक जीवनांत मन घालप अगत्याचें दिसलें ना. १३ व्या शेंकड्यांत निबंद साहित्याक लागून प्रायश्चितांचो आंकडो स्मृती मिमांसाकारांनी इतलो वाडयलो कि ताकालागून समाजीक कर्मठपणांक सामको ओतो

येतंक पावलो. धर्माच्या नांवान हिन्दू मदीं जी सहिष्णुताय दिसता तीय अजापांचीच म्हणूक फाव. खंयच्याय सुसंस्कृत समाजांत मनीस वस्त्रा काडून नागडो भोंविल्लो कोणाकूच सहन जावंचोना पूण भारतांतल्या खंयच्याय रस्त्यानी तो तसो पांयांनी भोवंक शकता – हत्तीचेर वसून भोंवता आनी ताचो लोकांकडल्यान दबाजो जाता – धर्माच्या नांवान.

हिन्दू संस्था ह्यो मनशांनी घडयल्यो आनी त्यो चलतात हिन्दुनी घडयल्या कायद्याच्या आधारान त्यो कांय इतिहासीक कारणांक लागून निर्माण जाल्यो. धर्माचो आनी तांचो कायच सबंद ना. तांकां धर्माची मान्यताय आसूंक जायशें ना. निधर्मी कायद्याच्या आधारान त्यो चल्ल्यो. जातीसंस्था, जोड-कुटुंबसंस्था, वारशी हक ह्यो सगल्यो गजाली समाजीक संवदातल्यान निर्माण जाल्यो – धर्मीक संबंदांतल्यान न्हय.

हिंदू समाजजीवनाचे दोश म्हणून आमच्यांनी हिन्दु धर्मशास्त्राच्या कायद्यांकडेन बोट दाखोवप समा जावंचेना. हिन्दू समाजजीवन दुशीत करपाचें काम ह्या कायद्यांची आपणाले सोईप्रमाण जांणी जे तरेन फोडणिशी करून अर्थाचो अनर्थ करून उडयलो त्या उपरान्तच्या मिमांसाकारांचें आसा. तांकांच लागून हिन्दू समाज नीतिभ्रश्ट जावंक पावलो म्हळचार चुकचेना. मयूखा, दायाभाग ह्या विगडविगड विचारवन्तांच्या पगडांची मत्तां भारताच्या वेगळ्या वेगळ्या वाठारांनी लागू जातात. लग्न, दत्तक सारक्या गजालींत वेगळे अन्वय काडून तीं समाजाक लागू पडटात. सपिंडा लग्नां जावंक जायना म्हूण सगल्यो स्मृती सांगतात. पूण दक्षिणेच्या वाठारांत भाचयेलागी मामान लग्न करपाची चाल विघ्नां नासतना ब्राह्मणाभितर चलता.

कायद्याची खरी परीक्षा करतलो जाल्यार त्या कामाक तपासचे पडटलें मनशाचे मन-समाजाचें मन. समाजाक नाका जायत जाल्यार कायदो कितेंच करूंक शकना. कायद्याची ती मर्यादा आसा. कायद्याक लोकांनी तेंको दिवचो अशें दिसता जाल्यार त्या कामाक समाजाच्या मनाची तयारी करपाचे यत्न करूंक जाय.

थोडेभितर सांगतलो जाल्यार हिंदुच्या समाजीक संस्थांचो आनी हिन्दू धर्माचो तसो कांयच संबंद ना. धर्माचीं तत्वां, सिद्धांत, कर्म, ज्ञान, भक्ती हांचो तसो संबंद प्रथा, रूढी हांचे कडेन खंयच दिसना. फाल्यां

जोड-कुटूंब जावं जाती ना जाल्यो तरीय हिन्दू धर्म ना जावपाची कसलीच भिरांत ना.

हिन्दुच्या उदरगतो आड हिन्दू धर्म केन्नाच आयलोना. खरें म्हळचार आड आयल्यो त्यो हिन्दुच्यो समाजीक संस्था. सुधारकांनी हिन्दू प्रथारुढींकच हिन्दू धर्म मानपाची चूक केली आनी हिन्दू धर्मांतच वदल करपाचे यत्न केले. ताका लागून ब्राह्मो समाज, आर्य समाजासारके पंथ निर्माण जाले. हिंदू धर्मा आड जी सुधारणेची चळवळ जाली ताचो परिणाम असो जालो कि पुर्विल्ल्या शास्त्रांचे सगळे आधार काडून हिन्दू संस्थाची कड घेवन हिन्दू धर्म घट जालो. धर्माचो जांव परंपरेचो आधार नासुनय सगळयो अनिश्ठ प्रथा निजी जावंक पावल्यो. सती सारक्या भयांकुत आनी राक्षसी प्रथेचें शास्त्राचे आधार दिवन समर्थन जावंक लागलें.

खरे पळोवंक गेल्यार (१) हिन्दू धर्माची न्हय तर हिन्दू समाजाची पुनर्रचणूक जावंक जाय आशिल्ली. (२) इतिहासीक कारणाकलागून हिन्दुच्या समाजीक संस्थांचेर कोणाचोच वचक उल्लोना (३) जोड-कुटूंब आनी जाती हांका लागून समाजीक भावनेच्यो वादच्यो जावंक पावल्यो. (४) कायदो आनी रूढी हांचेर आधारिल्ल्या नेमांची परती तपासणी जावंक जाय आशिल्ली आनी काळाक योग्य अशे तातूंत वदल जावंक जाय आशिल्ले ते जालेना. (५) हिन्दू राजसत्या नाशिल्ल्यान योग्य तशे कायदे घडूंक पावले नात आनी (६) सामाजीक मूल्यांचो फेरविचार, संस्थांची पुनर्रचणूक आनी कायदो आनी प्रथा हांकां धर्मापासून वेगळावपाचें तेंय काम जावंक पावले ना.

पुर्विल्ली हिन्दू बायलमनीस

पुर्विल्ल्या काळांत पितृसत्ताक कुटूंब पद्धतींत चली जल्माक येवप म्हळचार कुटुंबाक तें एक संकश्ट कशें दिसतालें. चलो जालो जाल्यार कवतूक चली जाली जाल्यार एक म्हान संकश्ट. चली जाली कि कुटुंव अडचणींत येतालें देखून कांय समाजांत जल्मली कि ना तिका मारून उडोवपाची चाल जावन पडिल्ली. जोड-कुटुंबांत जल्म घेतिल्ले

चलये मनजेक त्या कुटुंबाची केन्नाच माननाशिल्ले. जल्म घेतिल्या कुटुंबातली ती न्हयच जाल्यार ती एक वस्त दुस-या घरा वचपाची. आयज बायलमनीस इतली सुदाल्ल्या, काद्याचें चिलखत दिवन तिका संरक्षण दिल्लें आसुनय मनान ती अजुनय परंपरेचे गुलामींत वावुरलेली दिसता. चली जल्माक येनाफुडे आवयपासून सगळ्यांक वायट दिसप, ती दुसऱ्या घरा वचपाची म्हूण केन्ना केन्ना तिची आबाळ करप, चलो आनी चलो हांकां घरांत विगड वागणूक दिवप, तशे वेगळे संस्कार करप, ज्या कामाक वता तें काम जालें ना जाल्यार अलंकारीक भाशेंत "चली जाली" म्हूण वाक् प्रचार उलोवपांत येवप ह्यो वृत्ती पळोवन आयच्या शिक्षणाचो हांचेर कांयच परिणाम जावंक पावलोना काय दिसता आनी परंपरेच्या बंदपासांत घुस्पतात तें पळोवन खंत भोगता.

विद्वान चली जल्माक येवंची म्हूण उपनिषदांत कांय विधी सांगल्यात. वेदकाळांत इ. स. च्या तिसऱ्या शेंकड्यामेरेन १६ वर्सां जायसर चलयो लग्ना वगर रावन शिकताल्यो. तांकां स्वतंत्र बौद्धीक आनी आत्मीक जीवन आशिल्लें. चलयांचें ७-८ वर्सां पिरायेर उपनयन जातालें उपनयन म्हळ्यार म्हऱ्यांत वचप. पयलीं गुरु म्हऱ्यांत वचून त्यो शिक्षण घेताल्यो. उपनयन जाले उपरांत ८वर्सां मेरेन त्यो शिक्षण पुरतें करताल्यो. आनी मागीर आपणाले आवडिच्या चल्यालागीं ताचें लग्न लागतालें. त्यो वेदांचें अध्ययन करताल्यो. वेदांतलीं सुक्तां तांणी रचिल्लीं आसात. विश्ववारेन सुक्त केलां, घोषेन केलां. सूर्या, जुहू, वाक्, इंद्राणी, श्रद्धा, शची, रोमशा, शश्वती, लोपामुद्रा हांचीं सुक्तां ऋग्वेदांत आसात. उपनिषदांनी गार्गी, सुलभा, मैत्रेयी, सुवर्चसा, अरुंधती ह्यो विद्वान वायलो मेळटात. सुलभा ही क्षत्रीय कन्या. ब्रह्मज्ञानाखातीर आंकवार राविल्ली. याज्ञवल्क्याची वायल मैत्रेयी ही वेदान्ती आशिल्ली. ऋग्वेदांत वायल घोवावांगडा यज्ञांत वांटो घेताली. दंपती हें उतर ताकाच लागून आयलां. वायलेक आनी दादल्याक ह्या कार्यांत समान अधिकार आशिल्लो. अपाला आनी विश्ववारा-अत्रिकुळांतल्यो दोन वायलो-तांणी सुक्तां रचलीं. विश्ववारेचे भोंवतणी तिका जी बायलांची जीण दिसताली तातूंत दादल्यांची शीमसर्त नाशिल्ली भोगतृष्णा आनी ताका आडावण घालपाची बायलांची असमर्थताय तिका दिसली आनी

तिचें काळीज आक्रसून उठलें आनी सांगूंक लागलें, "हे अग्नीदेवा, दादल्या बायलेच्या संबंदाचें बरे भशेन तूं नियमन कर" आवय जावचे वेळार बायलेक ज्यो वेदना जातात ताका लागून तिचें काळीज हाललें कळवळ्लें आनी तातुंतल्यानच ही नियमनाची भास भायर सल्ली.

वेदकाळांत जाती जातीभितर लग्नां जातालीं. एका गोत्रांतलीय जातालीं. अनुलोम म्हळ्यार जातूंत घोव वयल्या वर्णाचो जाल्यार वायल सकयल्या वर्णाची असलीं लग्नां जावपाक कांयच आडमेळ नाशिल्लो. प्रतिलोम म्हळ्यार उरफाटे तरेक तितली मान्यताय नाशिल्ली.

इ. स. आदीं पांच शेंकडे चलयांची जाण्टेपणांत लग्नां जातालीं. उपरान्त सामान्य लोकांभितर चलयांची लग्नाची पिराय सकयल आयली तरी राजकुळयेंत तरणं पणातच लग्नां जातालीं. अशे तरेन तरणेपणांत लग्न जाल्ले बायलेक मानाची सुवात आसताली.

ह्या काळांत घोव मेले उपरान्त दुसरें लग्न जावपाची प्रथा नासली तरी नियोगाची आशिल्ली. पुताचे प्राप्तेखातीर हेरां लागीं विधवा बायल संबंद दवरूंक शकताली. तशेंच एकापरस अदीक जिते घोव आशिल्ल्योय देखी मेळटात. जटीला गौतमीक सात घोव आशिल्ले. महाभारतांत वार्क्षी ही बायल प्रचेत्स नांवाच्या धा भावांलागीं रत, जाल्ली. द्रौपदी सारके सतीक जाल्यार पांच घोव आशिल्ले. पुर्विल्या इतिहासांत बायलांक कामवासनेसंबंदान मेकळीक आशिल्ली. घोवाक विचारिनासतना हेर कडेन त्यो संभोग घेताल्यो. आनी तो अधर्म जायनाशिल्लो. महाभारतांतलो हो एक प्रसंग :–

उद्दालक रुशिची बायल तांच्या घरा आयिल्ल्या अतिथीक लैंगीक संभोग दिवंक वता तेन्ना तिका तो आडायना. उद्दालकाचो पूत श्वेतकेतू तें पळेता आनी रागान तांबडो गुंज जाता. रुशी ताका सांगता कि सगळ्या वर्णांतल्या बायलांक आपापणाल्या वर्णांत भोग घेवपाची मेकळीक आसप हो सनातन धर्म म्हुण. पूण श्वेतकेतूक तें सहन जायना आनी तो नेम करता कि आजपासून खंयचेय लग्न जाल्ले घोवाचे बायलेन घोवाचें अतिक्रमण केल्यार तें पातक थरतलें. अशे तरेन पातिव्रत्याचो नेम घालून दिवपी श्वेतकेतू हो पयलो आनी अशेतरेन

समागम धर्माचेर ताणे सासणाची बंदी हाडली. देखून घोवान मान्यताय दिल्यारूच ताची वायल दुसऱ्यापसून पुत्रसंतत निर्माण करूंक लागली जावं ताचे लागीं संबंद दवरूंक लागली. अशे तरेन त्याकाळार लग्न जाल्ले वायलेकय आपणाल्या समाजीक वर्णांत संभोग घेवपाक मेकळीक आसली. तशेंच घोवान सांगल्यार लग्न जाल्ले बायलेक हेर दादल्यापसून पुत्रप्राप्तिचो हक आसलो आनी घोव मेल्लो आसत जाल्यार देरापासून संतत निर्माण करपाचो तिका अधिकार आसलो. इ. स. ३०० मेरेन नियोगाची चाल आशिल्ली. पूण मनून नियोगाक मान्यताय दिवंक ना. तिका पशुधर्मतुल्य मानल्या.

पुनर्विवाह म्हळ्यार घोव मेल्ले बायलेन केल्लें दुसरें लग्न. विवाह मंत्रांत पुनर्विवाहाचो विधी खंयच सांगूंक ना. ऋग्वेदांत पुनर्विवाहाची चाल नाशिल्ली. पूण घोव मेलो जाल्यार देर तिका लागीं करतालो. आनी ताचेपसून तिका संतत जाताली. देर म्हळ्यार द्वि+वर. दुसरो घोव. पयस गेल्लो घोव पांच वरसांमेरेन परतो आयलो ना जाल्यार कौटिल्य पुनर्विवाहाक मान्यताय दिता. विष्णुस्मृतीन पुनर्विवाहाक विरोध केला. विधवेक कडक ब्रह्मचर्य सांगलां. ब्राह्मण जातींत पुर्विल्ल्या काळांत पुनर्विवाह जातालो हें ममताचे देखीवयल्यान दिसून येता. ममता ही उचथ्य रुशिची बायल. रुशी मेलो. दीर्घतमा नांवाचो तिका दोळेफुटको भुरगो आशिल्लो. ती सती वचूंक भायर सल्ली. बृहस्पती नांवाच्या तिच्या देरान तिका चितेवयली सकयल देंवयली. आनी तिचेकडेन तो लग्न जालो. ब्राह्मण जातींतलो हो पयलो पुनर्विवाह. ममता विदुषी आशिल्ली.

फुडें विधवेच्या लग्नाक बंदी आयली सव्या शेंकडयापासून पुनर्विवाह निशिद्ध जालो. ११ व्या शेंकडयापासून बालविधवेचें लग्न जायना जालें. विधवा असहाय्य जाली. ती कुडिच्या सुखाखातीर हेर मार्ग सोदूंक लागली. फुडें ८-९ वर्सांची ही विधवा केंस ताशिल्ली बोडकी जावन जीण सारूंक लागली. इ. स. १०० पासून ल्हान चलयांची लग्ना लावंक सुरवात जाली . चवथ्या पांचव्या शेंकडयापासून लग्नांची पिराय १०-१२ वर्सांचेर आयली. कांय जाण ७-८ वर्सांचेर चलयांचीं लग्ना जावंचीं ह्या मत्ताचे आसले. चलयांचे लग्ना पिरायेविशीं मनूची

मत्तां हीं; "रुतू प्राप्त जाल्लो आसुनय धूव वापायच्या घरांत रावपाक हरकत ना. पूण गुणाभायच्या न्हवऱ्याक ती केन्नाच दिवची न्हय" "रुतू प्राप्त जाले उपरान्त चलयेन तीन वरसां मेरेन वाट पळोवची. ते उपरान्त आपले आपूण योग्य घोव पळोवन तिणें लग्न जावचें", "तीस वर्सांच्या मनशान ताका पसंत अशा १२ वरसांचे चलयेलागीं लग्न करचें. यम ह्या स्मृतीकारान फाव तसो घोव मेळ्ळो ना तरी रजस्वला धुवेक लग्नावगर दवरचो न्हय हें मत दिवन मनूचेर ताणी केल्ली आसा. ताका लागून वायलांचे दुर्दशेक पारावार उल्लोना. वारा वरसां परस ल्हान पिराय आसतनाच तांचीं लग्नां लावंक लागले. फुडें वारांचीं आयलीं आठांचेर.

बायलजातिचो छळ.

बालविवाहा उपरान्त तिचें स्थान उणावलें. तिचो छळ सुरू जालो. ल्हान पिरायेर आवय जाल्ल्यान तिचें सुखासपन ना जावंक पावलें. वांज बायलेक जाल्यार मानूच उल्लोना. बालविवाहाक लागून वायलांचो जल्म काकुळटवाणो जावन पडलो. भश्टी जाली कि तिका भुरगीं जल्माक घालपाच्या वावराक लावपाची. भुरगेपणांत आयिल्ल्या बळजबरेच्या आवयपणाक लागून तिचो शक्त, तिचें तरणेपण आनी ताकद ना जातालो. कांय जाणी भुरगेपणांतच मरताल्यो. पूण दादल्यांक ताचें व्हडलेशें नासतालें. दादल्यांक बायलांविशीं आंकडचा बंधन नाशिल्लें. मनू ह्या स्मृतीकाराक धा वायलो आशिल्ल्यो. राजा हरिश्चंद्राक १०० जाल्यार याज्ञवल्क्य ह्या दुसऱ्या स्मृतीकाराक आशिल्ल्यो दोन. वायलांक मात एकाच घोवाची सक्ती.

ब्राह्मणकालामेरेन पुरोहित वर्ग प्रबळ जावन ताचो तोल सुटिल्लो ताका लागून बायलांचो समाजीक पांवडो खुबूच सकल देंविल्लो. ब्राह्मणांत बायलो आनी शूद्र हांकां कुत्रीं आनी कावळे अशें लेखिल्लें मेळटा. रामायणांतल्या अरण्यकांडांत तशेंच महाभारतांतल्या अनुशासन पर्वात बायलजातिची निर्भत्सना केल्ली दिसता. भगवद्गीतेंतय वायलो, वैश्य आनी शूद्र हांकां पापयोनी अशें म्हणिल्लें आसा. भारतांत

बालविवाह सुरू जायत सावन भुरग्यांक जल्म दिवपी आवय आनी देवाब्राह्मणांनी नियुक्त केल्ली लग्नां बायल हीं दोनूच स्थानां वायलमनशेक मेकळीं उल्लीं. माता म्हूण पुरोहित वर्गान तिका वयर काडली आनी घोवा वायल म्हूण सकयल उडयली. बृहत्पराशर स्मृतींत वायलांची कामप्रेरणा दांदल्यांपरस आठ वांटयांनी अदीक आसता अशें म्हणून तिची निर्भत्सना केल्या. आनी मनूस्मृतींत तर तिचे निंदेन कळस गांठला.

जायतीं शतकांमेरेन चलिल्ले हे निंदेन गुप्त साम्राज्या उपरान्त विखाळीं फळां येवंक लागलीं. हूण आनी हेंर क्रूर जमातिंच्या धाडींक लागून परिस्थिती बदल्ली. बालविवाह, पुनर्विवाहाक, बंदी, केशवपन आनी सती अशे तरेन हिंदू समाज सामको अधोगतीक पावलो. निमाणें सपण गांठमेरेन इ. स. ५०० ते ९०० इतलो काळ गेलो.

जातींभायर लग्न करपाची मेकळीक नाशिल्ल्यान आनी जण एके जातींतले वायलेक परतें लग्न करपाक मनाय केल्ल्यान घरकामाक फुकट मनशां मेळपाची सोय जाली. विधवापणाची सक्ती जितली कडक आनी खुनशी तितलो विधवांचो उपकार चाकर कामाक जावंक लागलो. ही अशे तरेन चाकरांची गरज भागोवंक भुरगेपणांतली लग्नां भौच फायद्याचीं जालीं. सक्तिचें विधवेपण म्हळचार कुटुंबधारणेचीच संस्था म्हळां तें लटीक न्हय. १९०१ चे शिरगणतेवयल्यान अशें दिसून आयलां कि पश्चिम महाराष्ट्रांत आशिल्ले ब्राह्मण जातींत ५ वरसां सकयल पिरायेच्यो १५५००, १५ वर्सां सकयल्यो सवायतीन लाख जाल्यार ३० वर्सां भितल्ल्यो साडेपंचवीस लाख विधवा आशिल्ल्यो. हाचेवरसून कल्पना करूंक येता.

सती – एक भयांकृत आनी खुनशी चाल.

नीतीधर्म आनी परलोक हांच्या नांवान हिंदु दादलेवर्गान आपल्याच वायल वर्गाक कितले शेंकडे मेरेन विधवास्थितिचो अखेर, आपणाक धगधगत्या उज्यांत लोटून करूंक लायलो ताका सुमार ना. अश्यो ह्यो तरा खंयच्याच सुधारिल्ल्या राष्ट्राच्या इतिहासांत मेळपाच्यो

नात.

सतिची चाल मूळ हांगची न्हय अशें म्हणटात. मेल्ल्या दादल्या-बरोबर ताचे मालकेच्यो वस्तू म्हळ्यार घोडे, बायलो, दास बी हांची रवानगी अशे भशेन करताले. ग्रीक, सिथीयन लोकांभितर विधवेंक जिती हुलपावपाची चाल आशिल्ली. सतिचो उल्लेख वेदवाङ्मयांत ना. मनू, याज्ञवल्वय हांणी तिचो खयच उल्लेख करूंक ना. इ. स. ७ ते ११ व्या शेंकड्यामेरेन उत्तर भारतांत चडकरून काश्मिरांत तिचो प्रभाव खुबूच आशिल्लो. तेच भशेन रजपुतान्यांतय म्हळ्यार आयच्या राजस्थानांत. हूण आनी गुर्जर ह्या जमातींनो तिका राजस्थानांत हाडली म्हणटात. सैनिकां भितर ही चाल आशिल्ली खंय तशीच ती ऋग्वेद काळापयलीं आशिल्ली अशेंय म्हणणें आसा. ऋग्वेद आनी अथर्ववेदांच्या काळांत ती बंद जाल्ली ती कांय काळा उपरान्त परती सुरू जाली. बंगालात तेन्ना तिचो चड प्रभाव आशिल्लो.

महावीर गौतम काळांत तिचो उल्लेख ना. रामायण महाभारत काळांतय सतिचो प्रथा नाशिल्ली जावंये. इंद्रजिताची बायल सती गेली असो उल्लेख महाभारतांत मेळटा. पंडू राजाची माद्रीय सती गेल्ली. ह्यो लोकशाय आसूंक येतात.

महाराष्ट्राच्या इतिहासांत दौलताबादच्या यादव घराण्यांतली एक सती नांव जोडूंक पावली. रामदेवरायाच्या मरणा उपरांन्त आपणाले गादयेचेर कसलेंच संकंश्ट येवचें न्हय म्हूण शंकरदेवान मेल्ल्या राजाच्या महानुभावपंथी कामाई राणयेक सती वचूंक बळजबरी केली. राणयेन शंकरदेवाक शाप दिलो :

"तुझे चामुंडे कवणाचेनि हाते सौलवेल, आज निसंतान होवौ नि यादव वंशीय राजछत्राचाही अल्पावकाशावि नि; पातु होईल गा"

आनी ती चितेर चडली. तेच भशेन दुसरी एक गाजिल्ली सती म्हळ्यार पेशव्यांली धर्मपत्नी रमाबाई. आपणाले कडक शिस्तीक लागून मरणाउपरान्त गादयेचे वारस आपणाले बायलेचेर सूड घेत म्हूण थोरल्या माधवराव पेशव्यान मरण लागीं आयलां तेन्ना रमाबाईक सती वचपाचो खूब बोध केलो. घोव मेले उपरान्त बायलेचे केंस तासून तिका बोडकी करपाची चाल ही १०-११ व्या शेकड्यापासून सुरू जाल्ली

दिसता. वेद, गृह्यसूत्र, धर्मसूत्र, मनू, याज्ञवल्वय हांचे स्मृतींत हे चालिचो खंयच उल्लेख ना.

१३ व्या १४ व्या शेंकड्यापासून हुंड्याची चाल सुरू जाल्ली मेळटा. पयलीं कन्यादाना वांगडा दिवपाच्या वस्तुंचें मोल नांवाचें आसतलें, उपरांत भांगर आनी किमती वस्तु दिवपाची चाल सुरू जाली.

आयची हिन्दू बायलमनीस

धर्मशास्त्रां आनी गृह्यसूत्रां हीं कांय वेंचीक म्हत्वाच्या वर्णा भितर आशिल्ल्या लोकाचे जिणेक लागू जातात. जाल्यार तांचे सकयल आशिल्ल्या वर्णाचे लोक प्रथा आनी रुढी हांकांच पाळो दीत आयल्यात. इतली ही सदळ आनी ढिली वीण आसुनय हिन्दु समाजान संवसारांत टिकाव धल्लो हेंच एक अजाप मानूंक फाव.

१९ व्या शेंकड्यांत जायती सुदारणा जाल्ली आसली तरी समाजीक संस्था म्हूण हिंदू समाजाकडेन पळेल्यार तो एक मरूंक पाविल्लो समाज अशें मानचें पडटलें. राजकी आनी हेर कारणाक लागून हिन्दू समाजाक काळाचे गरजेप्रमाण आपल्या संस्थांमदीं बदल करूंक आयलोना खरो पूण १९४७ उपरान्त ह्या संस्थांक एक नवी दिशा मेळूंक पावली.

भारताचे घटनेन भारतवासियांचे नदरेन जर खंयचीय मुळावी म्हत्वाची गजाल केल्ली आसत जाल्यार ती म्हळ्यार घटनेन मानवी समतेचो पुरस्कार केलो ही. भारतीय समाजाक ही गजाल जितली नवी तितलीच भूशण दिवपी आसा. ही समानताय प्रस्तापीत करता आसताना घटनेन बायल आनी दादलो हो भेद जिणेंतले विंगड न्याय, नीति, संद बी हांचे नदरेन तत्वत: काडून उडयल्लो आसा. भारतीय घटनेन हो जो समान अधिकार तिका दिला तातूंत तिचो गौरव जाल्लो आसा.

भारताचे घटनेन लोकशाय जिणेपद्धत दिल्ल्यान अस्पृश्यतायेचें निराकरण जाल्लें आसा. ताका लागून हिन्दुच्यो धर्मीक सुवाती सगळ्या लोकाक कसलोच भेद धरिनासतना मेकळ्यो जाल्ल्यो आसात.

हिंदू कायद्यांत कांय क्रांतीकारी वदल घडोवन हाडिल्ल्यान, लग्न आनी वारशी हक धर्मशास्त्राच्या नेमान आयजमेरेन चलताली तीं कार्यां ह्या नव्या कायद्याप्रमाण हाचे मुखार चलूंक लागतलीं लग्न म्हळ्यार आतां संस्कार उरूंक ना जाल्यार तो करार जाल्लो आसा. पुनर्विवाहाक मान्यताय आसा तशेंच लग्नाक जातिचो आडमेळ ना. कायद्यांत घटस्फोटाचीय वेवस्ता केल्ली आसा. धूव जाल्ल्यान बायलमनशेक हिंदू कुटुंबांत कसलोच अधिकार नाशिल्लो तो तिका आतां मेळ्ळा. पुताभशेन धुवय इस्टेटिची समान वाटेकार जाल्ली आसा. चलयांची लग्नाची पिराय वाडिल्ल्यान, तशेंच लग्नावगर रावंक सोदतले धुवेक लागून जोड कुटुंबाचे बसकेकच धसको बसूंक पावला. दादल्यावरी बायलमनशेकय घटनेन राजकी आनी अर्थिक हक दिल्ले आसात. विधवेच्या दुसऱ्या लग्नाक लागून पयलिचें कुटुंब अखंड उरतलें म्हणपाची खात्री ना. कुटुंबाचे मालमत्तेचेर आतां धुवेक, तसो बायलेक अधिकार दिल्ल्यान एक भौच मोटी क्रांती बायलमनशेचे जिणेंत जाल्ली आसा.

भारतीय बायलवर्गाचें हें खूब मोटें जैत आसा. बायलांमदीं जाग्रुताय हाडपाच्या कार्याक ब्रिटीश राजवटी उपरान्तूच सुरवात जाली. आमच्या समाज सुधारकांनी आयची बायल घडोवपाच्या कामांत खूब मोलाचें कार्य केल्लें आसा.

आयज मेरेनचो संवसाराचो वा खंयच्याय देशाचो संस्कृतीक इतिहास पळेल्यार ताची धाटणी "पुरुशी" आसा अशें दिसून येतलें. हाचें कारण आयची आमची समाजरचणुकच तशी आसा. कायद्यांत तशें शास्त्रांत "Man" हें उतर मनशाक तशें दादल्याकय लागू जाता. बायलमनशेक वेगळें उतर भाशेंतच ना. हें अशें कित्याक ? जाल्यार दादल्यांतच बायलेचो आस्पाव जाता अशें गृहीत धरतात. आमची जिणे मूल्यांय पौरुशांचेर आधारिल्लीं आसात. दृष्टीकोनय तसोच आसा **Man's problem is his relationship to the Universe, women's, They suggest, her relationship to man'** ही स्थिती बदलूंक जाय. बायलांक हे फुडें मानाचें आनी तांच्या कर्तुत्वाक सोबता तशें स्थान मेळूंक जाय-न्हय तांणी तें आपल्या गुणांनी आनी अधिकारान प्राप्त करूंक जाय. हे मुखार मानवी

संस्कृताय निखटी दादलेपणाची उरचिना. ती एकांगी, अपूर्ण उरनासतना वास्तव अर्थान अदीक मानवी म्हळचार human कशी जातली ताची वेवस्ता जावंक जाय. हे फुडें संस्कृतायेची जी कांय उदरगत जावपाची तांतूंत दादल्या बायलेंचो दोगांयचो वाटो सन्मान्य आसल्यारच संस्कृतायेचो एकमेकांक अभिमान दिसूंक पावतलो.

हे फुडें वायलमनशेन आपणाक समाजांत मानाची सुवात मेळोवपाखातीर कितें करपाची गरज आसा-म्हळचार तिणें खंयचीं पथ्या पाळूंक जाय तें थोडेभितर सांगपाचो हो उपद्व्याप :-

१. संतत निर्माण करपाचें कार्य सैमान बायलजातीचेर सोंपयलां. पूण हया मातृत्वाचे मुद्याचेर व्यक्ती म्हूण जावं नागरीक म्हूण हाचे मुखार तिका हक न्हयकारूं येवचोना. मातृत्वाक लागून वायलांक तो एक शाप अशें मानपाची वृत्ती समाजांत दिसता. ती तिची दुबळीकाय थरता. पूण आतां हें विज्ञानीक युग सुरू आसा. आनी ताका लागून परिस्थिती वदल्ल्या. एका काळार भारतवर्षांत संतत वाडपाखातीर वायलांक कितलिशीच मेकळीक दिल्ली अशें आमी पळेलें. आनी तीय धर्माच्या नांवार. पूण आयज लोकां आंकडो वाडिल्ल्यान संवसाराचेर भंयाचें सांवट निर्माण जालां. अशा वेळार ती लोकसंख्या आळाबंदा हाडपाची गरज निर्माण जाल्या. हेखातीर संतत-संयोजनाची चळवळ कायद्यान तशी शिक्षणा वाटयां करपाचें कार्य नेटान चलत आसा. ही चळवळ म्हळचार वायलजातिचे जिणेंत पुरायेन बदल करपी एक म्हत्वाची चळवळ अशे तिणें मानूंक फाव. वायलजातिचें बंदेपण ना करपाचें आसत जाल्यार संतत-नियोजनाची जी संद मेळ्ळ्या तिचो पुराय फायदो घेंवपाच्या कामांत तिणें फाटीं रावंक उपकरना.

२. आयज बायल वर्गाक शिक्षण दिवपाच्या कामांत कोणेंच फाटी उरूंक नाका आशिल्लें. शासनान सगले तरेच्यो सवलती दिवन एके तरेचे शिक्षण क्षेत्रांत आव्हानच दिल्ले आसा. अशें आसुनय आमच्या देशांत साक्षरतेचे प्रमाण समाधान दिवपी ना. भौच उणें आसा. आयचो जण एक नागरीक शिक्षणान परिपूर्ण आसूंक फाव. मागीर तो दादलो आसूं जावं वायल. आनी हें शिक्षण निखटें वयल्याचाराचें म्हळचार वायलांक अलंकारीत करपी नासून तांचे जिणेक वळण

दिवपी आसूंक जाय. १९ व्या शेंकड्याच्या उत्तरकाळांत समाजसुधारक गोपाळराव आगरकर हांणी फुडली नदर दवरून जशें सांगिल्ले तश्शे तरेचें शिक्षण आयज बायलांक दिवंक जाय. तें बायलांक चरितार्थाक उपकरा पडपी आसूंक जाय. त्या शिक्षणाक लागून तिका अर्थीक घटसाण येवंक जाय. तिच्यांत आपणालें जिवीत सारपाची तांक निर्माण करपी अशे तरेचें तें शिक्षण जावंक जाय. घोव तरणेपणांतच सोंपलो जाल्यार वाऱ्यार पडपाची तिचेर परिस्थिती येवंक जायना. त्या शिक्षणात तिची अर्थीक बुन्याद घट जावंक जाय.

तेच भशेन दादल्यांक आनी बायलांक शिक्षण दिता आसताना कसलोच पंगती भेद करूंक फावना. बायल आनी दादलो असो भेद करपाची वृत्तीच मुळांत ना जावंक जाय. कुटुंबांत तशी समाजांत. देखून सहशिक्षणाची वेवस्ता सगळे कडेन करची पडटली. बायलांक म्हूण वेगळचो शिक्षणसंस्था आसूंक जायना आनी तांचेर कायद्यान बंदी हाडूंक जाय. सहशिक्षणाक लागून आनिकय कांय फायदे समाजाक मेळूंक पावतात हें विसरूंक जायना. सामाजीक जिणेंत बायलो दादल्यां वांगडा मेकळे पणान वागूंक लागल्यो जाल्यार तिचे कडेन पळोवपाची दादल्यांची नदरूच आपसूक बदलतली. थंय विशय वासनेचो विचार लेगीत उणो जायत वतलो. आयज समाजांत उक्त्यार बायल दिसली रे दिसली असभ्यपणान तिचे कडेन पळेत रावपाची कांय दादल्यांची वृत्ती दिसता ती तशी फुडें उरची ना. जितलें म्हूण बायलांचें अस्तित्व सदच्या वेव्हारांत समाजांत वाडटलें तितलें दादल्यांच्या उलोवपांत, वागपांत सभ्यतायेचें प्रमाण वाडत वतलें.

३. आयज कुटुंबसंस्थेचो आकार बदल्ला तसो तिचो उद्देशय बदल्ला. हाची जाणवीक आयच्या बायलवर्गाक आसा शी दिसना. पयलीं जण एकली बायल ही कुटुंबांतल्या सगळ्यांची आशिल्ली. तांचो तिचेर हक आशिल्लो आनी ताका लागून तिचेंच शोषण जातालें. आयज कुटुंब ल्हान जालां. आनी त्या कुटुंबांत तिचेर शेक चलता तो फकत घोवाचो. पूण हे स्थितींत समाधान मानपाचीं पिशेपणां कोणेंच करूंक जायना. अर्थिक नदरेन स्वयंभू जाल्ले आयचे घोवाचे बायलेन कुटुंबांत दुसऱ्या स्थानाचेर रावपांत धन्यताय माननासताना सारकी वांटेकरी

जावपाचो ह्यावेस धरूंक जाय. तिणे कुटुंबांतलें आपणालें स्थान प्रस्तापित करूंक जाय जाल्यारच तिचो उद्धार जावंक पावतलो.

४. एका काळार समाजांत वायलांक जें स्थान आशिल्लें ताचेवयल्यान भाशेंत कांय उतरां जावं वाक्प्रचार आयच्या काळाक अनुकूल नाशिल्ले दिसून येतात. तांचो शिकिल्ल्या समाजांत वापर ताळूंक जाय. देखीक विवाह हें उतर घेवंया. विवाह हें संस्कृत उतर "उद्वाह" हाचे वयल्यान घडलां. विवाहाचो अर्थ आसा, वापायच्या घरांतल्यान ताचे धुवेक वायल म्हूण आपणाल्या घरा व्हरप. आतां हें काम करता कोण ? फकत दादलो. तो न्हवरो जावन बायलेक आपणाल्या घरा व्हरता म्हळ्यार विवाह जाता तो दादल्यामनशाचो. वायलांचो न्हय हें ध्यानांत दवरूंक जाय आनी अर्थ नीट समजून घेनासतानां असलीं उतरां वापरुपाचो मोह शिकिल्ल्या बायलांनी तरी ताळूंक जाय. विवाह हें उतरच काळाक अनुरूप न्हय. तातूंत बायलांचें बंदेपण उकतें जाता. देखून समाजाक हाची जाणवीक करून दिवपाचें काम खासा वायलवर्गानच मुखार सरून करूंक जाय.

५. स्वतंत्र भारतांत बायलाची सुवात मानाचीच उरची हे खातीर महात्मा गांधीजी तशेच पंडीत नेहरूंसारक्या नेत्यांनी जायते यत्न केले. विधिमंडळांत वायलांच्या आंकडयाच्या प्रमाणांत तांकां प्रतिनिधित्व आसूंक जाय अशी नेहरूंची अित्सा आशिल्ली आज तो दीस आयिल्लो आसा. राजकी मळाचेर तांणी आपणाली सुवात घटमूट केली जाल्यार तांचे प्रस्न सुटपाक घटकेचो कळाव लागपाचो ना. अशा वेळार फाटीं रावनासतना मुखार सरून तांणी आपणाल्या निजी अधिकाराची मागणी करपाचो वेळ आयिल्लो आसा हें जाणा जावन ते दिकेन पावलां फुडें उडोंवक जाय.

**

दादले-बायलो संबंध : संघर्श कांय समन्वय

डॉ. तानाजी हळर्णकार

दादले-बायलो संबंध हो सनातनी संबंध. आदीम काळासावन हीं दोगांय एकठांय रावत आयल्यांत. दादलो घरकार आनी बायल घरकान्न जावन दोगांनीय घरदार वसयलां.

आदीमकाळासावन एकठांय रावून आयल्या उपरांत लेगीत, आनी दोगांकूय एकामेकाची नैसर्गिक ओड आसून लेगीत, आनी दोगांचेंय एकामेका वगर भागना जावन लेगीत, दोगांय एकामेकांक सारखीं वळखूंक - समजूंक ना काय कितें असो केन्ना केन्ना प्रस्न पडटा. दोगांचेंय नातें पळयल्यार, दोगांनीय आतांमेरेन एकामेकाक समजून घेवन, एकामेकाक सांवाळून घेवंक शिकूंक जाय आसलें. पुण कशें कोण जाणा, दोगांकूय हें जमूंक ना. त्याखातीर संद मेळटा तेन्ना दोगांय एकामेकाकडेन दुबावान पळयत आसतात. संवसारांत बायलेची सुवात दुय्यम दर्जाची ही भौतेक दादल्यांची भुमिका तर दादले बायलांचेर अन्याय करतात हें भौतेक बायलांचें मत.

दोगांचेंय चुकूंक ना. दोगांच्याय म्हणण्यांत बरेंच तथ्य आसा. चलयेच्या जल्मासावन तें तिच्या मर्णामेरेन तिका संवसारांत दुय्यम सुवात दिवप जाता. दावी सुवात दिवप जाता. भौतेक बायलांचे ह्या भेदभावाचे भुमिकेकडेन म्हजें दुमत ना. म्हजें दुमत आसा तें हे दावे

सुवातेक लागून भौतेक बायलो दादल्यांक जापसालदार धरता ताचे कडेन. दादल्यां इतलीच बायलेक सुवात दिवंची अशी दादल्यांचीय भुमिका आसा. पुण ती तशी दिवपाक तांकां मेकळीक ना. आनी देखून बायलां इतलोच दादल्यांचोय घुस्मटमार जाता. हें बायलांनी मतींत घेवपाची गरज आसा.

आतां प्रस्न येता तो ज्या कोणा दादल्यांची इत्सा बायलांक समान हक्क दिवपाची आसा तांचे हात कोणे आडायल्यात ? आनी ह्या प्रस्नाचें मूळ हें दादले-बायलो संबंध तशें संघर्शाचें मूळ जावन आसा अशें म्हाका दिसता. तर हें मूळ खंयचें ? आमच्या धर्मान, शास्त्रान आनी समाजान बायलेक दावी सुवात नेमून दिल्या, थंयच ह्या सगळ्या प्रस्नाचें मूळ आसा अशें म्हाका दिसता. समाजान कसो भेदभाव दवरला हें थोडक्यांत पळोवया –

१) चली आनी चलो दोगांय आपणाल्या नांवामुखार एक तर बापायचें वो घोवाचें म्हणजेच दादल्याचें नांव लायता. आवयचें वो बायलेचें नांव लायना.

२) मेल्ल्या मनशाच्या सर्णाक अग्नी दिवपाचें पींडदान करपाचो, श्राद्धविधी करपाचो मान दादल्याक मेळटा. समाज ह्या कामांक बायलमनशेक उपकारून घेना.

३) जंय धर्माच्या वो शास्त्राच्या कामांत दादलो-बायल दोगांय लागता थंय दादल्याची सुवात उजवी आसता. भौतेक मंत्र दादलो म्हणटा. बायलेन फकत हाताक हात लावप आसता.

४) लग्न जातकच चलयेन घोवाच्या घरा वचप. चल्यान आपल्याच घरांत रावप.

५) घरांत घरचो मुखेली (Head of the family) म्हणून दर एके सुवातिचेर दादल्याचें नांव लावपाची पद्धत.

६) गावांत वो देवळांत म्हाजन म्हणा, गांवकार म्हणा, जण म्हणा, दादल्याचोच विचार करप जाता.

ह्यो आनी अशोच खुबशो गजाली आसा जंय समाजानूच दादले आनी बायल हांचेमजगतीं भेदभाव करून दवरला. हो भेदभाव नश्ट करपाखातीर दादल्यांनी स्वताची भुमिका बदलून भागपाचें ना तर

समाजाची फास्की वागोवपाची गरज आसा. भेदभाव दादल्याच्या मनांत ना तर तो समाजाच्या आंगांत आसा. धरूया, कोणा एका दादल्यान आपली भुमिका वदल्ली आनी आपले चलयेक वो चल्याक तांच्या नांवामुखार आवयचें नांव लावपाक सांगलें वो कोणाच्याय सर्णाक अग्नी दिवपाक चल्याजाग्यार चलयेक व्हेली तर आसा ते सामाजीक फास्केंत त्या दादल्याचें कर्तुप कोण मानून घेत व्हय ? खासा वायल तरी मानून घेत काय कितें हातूंत दुवाव आसा. त्याखातीर मनांत आसूं वा नासूं, समाजाच्या ह्या बंधनाक पाळो दितना मनशाकडल्यान (हातूंत दादलो आनी वायलोय आयलीं) चलो-चली असो भेदभाव घडटा.

समाज-समाज म्हणून जी कितें वस्त आसा तिचो पगडो एदो व्हड, कीं चल्याची तान फकत दादल्यांकूच लागता अशें न्हय तर ती दादल्यांइतलीच वायलांकूय लागता. धरुंया, शंवर वायलांक सांगलें कीं, तुमच्या कुशेंसाक हात घालून सांगात, तुमगेर जर एकूच भुरगें जातलें अशें निश्चीत जालें तर तुमी कितें मागतलीं, चलो काय चली ? शंभरांतल्यो शंवरूय चलो मागतलीं, हातूंत म्हाका तरीदुवाव ना. आनी तशें ताणी मागलें तर तांकां हांव इल्लेंय दूशण दिवंचो ना. कारण तशें पळोवंक गेल्यार ती तांची मागणी न्हयच. ती समाजाची मागणी – तांच्या तोंडांतल्यान भायर सरल्या. कारण चलो ह्या घटकाक समाजान इतलें म्हत्व दिवन दवरलां कीं, चल्यावगर कांयच घडूंक शकना. लग्नाउप्रांत चलो घरांत उरता. तो घर आनी घरपण सांवाळटलो, म्हातारपणात आदार दितलो, सर्णाक अग्नी दितलो, पींडदान करतलो, श्राद्ध वाडटलो, वंश वाडयतलो, घराण्याचें नांव फुडें व्हरतलो. हें सगळें चलो करतलो. म्हणटकच चल्याकडेन चड लक्ष दिवप अपरीहार्य जावन बसलें. अशे सामाजीक फास्केंत मनांत नासून लेगीत चलो-चली असो भेद मनशाकडल्यान घडून वता.

ह्या समाजाच्या बंधनांक लागून खासा वायलोच वायलांक कमी कशो लेखता हें पळयल्यार समाज हें हया प्रस्नाचें मुळ आसा हें म्हजें म्हणणे तुमकां पटूंक शकता.

१) हळदीकुकूम हो खासा वायलांनीं सांवाळिल्लो वायलांचो सुवाळो.

हांगां आयाव वायलांचो भोवमान करून रांडाव आनी आयाव असो वायलांकडसून वायलांमदीं भेदभाव घडटा.

२) नात्यांतली वायलमनीस पयलेच फावट घरांत येता तेन्ना तिची होंट भरपाची रीत आसा. हांगाय आयाव आनी रांडाव असो भेदभाव घडटा.

३) निपुत्रीक वायलेच्या वावतींत असोच अन्याय खासा वायलांकडसून घडटा. हें अशें कित्याक घडटा ? कारण तेंच व्हदळ सांगलां तें. हें जरी वायलांकडसून घडलें अशें दिसलें तरी ताच्या फाटल्यान समाजाचो म्हणजे समाजाच्या चाली रितींचो हात आसा. हो हात तें घडोवन हाडटा.

अन्याय म्हणटा तो अन्याय. मागीर तो खंयच्याय थरार आसूं. कोणाच्याय बावतींत आसूं. जातिभेदाचो अन्याय लींगभेदाइतलोच खर. दादलो आनी बायल हीं जशीं समान तशें दोन जातींमदलीं दोन मनशांय समान. पुण समाजांत व्हड प्रमाणांत जातीभेद चलील्लो दिसता. रोटी-बेटीच्या बावतींत तर खरसाणीन दिसता. तो जितलो दादल्यांक दिसता, तितलो तो बायलांकूय दिसता. भेदभावाची कोडसाण वायलांनी चड चाखिल्ली आसा. म्हणटगीर ताची खरसाण तांकां वरी कळपाक जाय. समदुःखी म्हणून वायलांनी जातीभेदाकडेन लक्ष दिवप समा जातलें. पुण तशें घडिल्लें दिसना. सर्वसादारण मनीस ज्या तिरायतपणान जातीभेदाकडेन पळयता त्याच तिरायतपणान वायलोय ताचेकडेन पळयतात. हाचेंय कारण तेंच. ताकां जातीभेदाचें दुःख जाणवता पुण समाज तांचे हात आडायता. मनांत आसून लेगीत तीं व्हडलेशें कांय करूंक पावनात.

आतांमेरेनच्या म्हज्या विवेचनाचें सूत्र एकूच. समाजाचे रचणुकेक लागून समाजांत दादल्याक वायलेपरस चड म्हत्व प्राप्त जाल्लें आसा. ह्याचखातीर वायलांच्या दुय्यम स्थानाच्या प्रस्नाचेर दादल्यांक उजरावन काडपांत कांय सादचेलें ना. कारण वायलो जी कितें सुवात मागतात ती दिवपाक दादले मेकळे नात. ती सुवात आडावन बसला समाज. ह्या समाजाक हालोवपाची गरज आसा. ताका हालयतलो जाल्यार दादलो आनी वायल ह्या दोगांनीय एकामेकांकडेन बोट दाखयनासताना, एकामेकाचेर आरोप करिनासताना, एकामेकाच्या खांदाक खांदो लावन

दोगांच्याय एकठायल्या वळग्यान समाजाची अन्यायी फास्की वागोवपाच्या कामाक लागचें पडटलें. सदचाक हें घडिल्लें दिसना. सदचाक दिसता तें वायल दादल्याक आनो दादलो बायलेक दूशण दिता. एकामेकांकडेन हक्कां खातीर झगडटा. आनी जाका लागून हें सगळें जावंक पावलां तो समाज कुशीक रावून हचा दोगांकूय दांत काडून हांसता.

तात्पर्य, दादलो-बायल हे संबंध सघर्शान न्हय तर समन्वयान सांवाळचो पडटलो. ज्या समाजाच्या आंगांत हो भेदभाव मुरला त्या समाजाचें आंग खरपून काडचेलो वावर करचो लागतलो. हो वावर तसो म्हाकठीण. समाजशास्त्र, धर्मशास्त्र, मानसशास्त्र अशीं मनशाचीं सगळीं शास्त्रां हचा वावराक आडमेळीं हाडटलीं. हचा सगळचा आडमेळचांचेर जैत जोडल्या उप्रांतूच समाजाच्या आंगाक हात लागतलो. त्या खातीर व्हड वळग्याची गरज आसा. दादलो आनी बायल दोगांय एकठांय आयलीं तर तें व्हड वळगें निर्माण जांव येता. आनी खरी तर हीच पंचायत आसा. हचा प्रस्नाचेर दोगांय एकठांय येवपाचीं चिन्नां दिसना. उरफाटें दादलो तशी वायल हांची हचा प्रस्नाकडेन वचपाची मोखूच चुकिल्ल्यान, दादलो बायलेच्या आनी बायल दादल्याच्या आंगार झुडून वता. हचा प्रस्नाचो सुटाव करतलो तर प्रस्नाआड झुजपी शक्तिचो एक फळी जावंक जाय आसली. पुण हांगा ही शक्त एकतर दोशीं जाल्या आनी वेल्यान एकमेकां आड झुजपांत दंग जाल्या.

खऱ्यांनीच हो प्रस्न सुटचो अशी ज्या दादल्या बायलांची मनापासूनची इत्सा आसा ताणी आतांमेरेन गैरसमज पयस करून हचा प्रस्नाच्या मुळाक हात घालचो लागतलो. दादल्यांच्यो केश्टो धरून हालयल्यो तर थोडो वेळ ताळयो हालतल्यो. पर्थून हचा प्रस्नाचें झाड उबें तें उबें. हचा प्रस्नाच्या मुळाक हात घालतलो तर कांय पथ्यां पाळपाची गरज आसा.

पयलें पथ्य : भेदभाव ही खासा दादल्यांच्या मनांतली विकृती कांय ती सामाजीक प्रकृती हाचो सोद घेवंचो लागतलो.

दुसरें पथ्य : जर ती सामाजीक प्रकृती तर हचा समाजाचो एक घटक म्हणून दादल्याचो नाईलाज आसा हें मान्य जावचें लागतलें.

तिसरें पथ्य : जर दादल्याचो नाईलाज जावन पडटा तर भेदभावाच्या प्रस्नाचेर दोश दिवप सोडचें पडटलें आनी दादले हे आपले दुस्मान न्हय तर हो प्रस्न सोडोवपाचे कामगिरींतले भागिदार आसात हें समजून घेवचें पडटलें.

हीं पथ्यां पाळून जर दादलो-बायल एकठांय येवंक पावलीं तर फुडलें पावल मारच्यापयलीं आनीक एक खर पथ्य पाळचें लागतलें. सदचाक आमी दोन वाणीचेर पांय दवरून उबे आसात. परंपरा आनी विज्ञान. विज्ञानाची आमकां ओड पुण परंपरेंतल्या सुखाक आमी सोडूंक मागना. अंतराळांत अवकाशयान सोडटाना आमकां म्हूर्त पळोवचो लागता. नाल्ल फोडचो लागता. आमच्या घरांक भुमिपूजन, वास्तुशांती लागता. लग्नांक म्हूर्त लागता. चाटी पावलाक देव-देवस्पण लागता. आमचें सुदारप हें अशें अर्दवट आनी म्हणून घातक. दादलो-बायल समान सुवात प्रस्थापीत करताना वाटेर आडखळ हाडपी पारंपारीक मूल्यांक पिसूडचीं लागतलीं. ज्या गजालींक लागून दादल्याचें वर्चस्व समाजांत तिगून उरलां त्यो गजाली आफोर्सांद मोडच्यो लागतल्यो. त्यो मोडटानां आमचें मन नीवर दवरचें लागतलें. सुक्या वांगडा इल्ले ओलेंय जळटा तें मन घट्ट करून पळोवचें लागतलें. एक देख दिवूनच हाची विस्कटावणी केल्यार हांव कितें सांगूंक सोदतां हाचेर वरो उजवाड पडूं येता. दादल्याक बायले परस उंचेली वो उजवी सुवात दिवपी सामाजीक परंपरा मोडपाखातीर म्हणून मर्ण क्रिया धरून फुडल्यो सगळ्यो विधी करपाक दादल्याच्या जाग्यार वो दादल्यावांगडाच बायलेच्याय हातांतल्यान ह्यो विधी करपाक घेतल्यो तर जावन जावन कितें जातलें. भट धरून कांय घरचे तशे भायले लोक बहिष्कार घालतले. असहकार करतले. विधी करपाखातीर आडखळी निर्माण करतले. अशा वेळार 'मार गोली' त्या विधींक म्हणपाची कापाजदाद आपणाठायीं आसची लागतली. त्यायउप्रांत कांय संकश्टांच्या वेळार ह्या कापाजदादीचो संबंध संकश्टांकडेन लावप जातलें. त्यायवेळार मन नीवर दवरून वागचें पडटलें. मात खंय हाय खाली तर ती मानसीक दुयेंसाची कुरू थरतली. तोंडान कितेंय पर्थूं येता. हातांत कितलें उखलतलें हाचो अदमास घेवूनच पावल घालचें लागता. नातर एक

पांय 'इधर' (परंपरा) आनी एक पांय 'उधर' (विज्ञान) जावन आपूण 'किधर' म्हणपाचो प्रसंग येतलो. फाटलें फाट सोडिना आनी फुडल्याची हांव सुटना जावन मदल्यामदीं जीण पेंचची नामूं हाची जतनाय घेवंचीच लागतली. आरंभशूर जावप सोपें. 'सर तू फुडें' सांगपीय खूब. सातत्यान फुडें सरपाची जापसालकी जाच्या माथ्यार आसा ताणे इल्लो तरी विचार करुंकच जाय. परीक्षेक वसतल्यांक आशिर्वाद खुबजाणांचे मेळटात. पुण ताची भीस्त उरता ती फकत ताणे केल्ले तयारीचेर. भरवंसो तो हे वसकेचो. गरज पडटा तेन्ना आनी थंय, केदेय आनी कसलेय परंपरेक फांफडून उडोवपाची मनाची वसका तयार जाल्या कांयनां हाची एकदांतरी परीक्षा घेतल्या उप्रांतूच फुडलें पावल घालप शाणेपणाचें जातलें. नातर जीव सरयेर हुमकळावन पडपाक कळाव लागचोना.

कोणाक भेश्टावपाखातीर हें सांगना. अपशकून करपाखातीरूया सांगीना. फुडें सरतल्याचें मीशन जैतिवंत जावचें ही म्हजी इत्सा आस म्हणून हें सांगतां. म्हजें म्हणणें इतकेंच कीं, ज्याची शिकार करपाक तुमी भायर सरतात ताचे तांकिचो तुमकां अदमास आसचो. त्याप्रमाण तुमी तुमच्या खांदावयल्या तुबकांत दारूगोळो भरचो.

कितेंय तरी करूंक जाय म्हणून करतलीं तर अवश्य करात. जालेंच तर थोडे हातपांय धोडावन घेयात. थोडें मिरोवनूय घेयात. आपणे आपलें 'कर्तव्य' केलें म्हणून स्वताचीच समजूत घालात. हाका-ताका धारेर धरात. इतलें सगळें जाल्या उप्रांत थंड वसात आनी त्या आमच्या समाजाचो मुमुरखो हांसो पळयात.

**

बायलमनीस स्वतंत्र जाल्या ?

कमलाकर द. म्हाळशी

भुरगें जावंक दिवपाचें वा ना हें थारावपाचो हक्क साधनांचे रूपान बायलमनशेक मेळ्ळो त्या दिसा बायलमनीस खऱ्या अर्थान स्वतंत्र जाली अशें मत चडशे 'सुदारिल्ले' लोक मांडटात ! शिकपाखातीर म्हुण चली वा वायल शाळेंत वचपाक लागली, तेन्नाच ती स्वतंत्र जाली, अशेंय म्हणूं येता. तेचपरी शिकिल्ली बायलमनीस नोकरी करपाक लागली, तेन्नाच ती स्वतंत्र जाली, मुक्त जाली, मेकळी जाली अशेंय म्हणूं येता !! मात्त आयज शेंकडयानी बायलो शिकून नोकरेक लागल्या उपरांतय 'बायलमनीस स्वतंत्र जाल्या ?' हया प्रस्नाची जाप समादानकारक मेळना ! हेंवय तितलेंच खरें.

ना म्हळचार बायलमनीस सुदारल्या वा मेकळेपणान ती वावुरता. दादल्याइतलीच ती कर्तुपी जाल्या हें सांगपी लोक राजकी मळार आदल्यो प्रधानमंत्री भौ. इंदिरा गांधी, संगिताच्या मळार सूरसम्राज्ञी लतादीदी मंगेशकार, खेळांच्या मळार पी. टी. उषा, प्रशासकीय मळार किरण बेदी वी कर्तुपी बायलांचीं नांवां देखीखातीर दितात. पुण हाजेपयलींय ऋषीमुनींच्या तेंपार वेदकाळांत गार्गी, मैत्रियी सारक्यो विदुषी शिकून पंडिता जाल्यो, रमाबाई पंडिता सारक्यांनी देश विदेश बुद्धिमत्तेन गाजयिल्लो, झाशीच्यो राणी लक्ष्मीबायन ब्रिटीशांक

नाकाशेवट केल्लें, सरोजिनीदेवी नायडू, विजयालक्ष्मी पंडित वी बायलांनी! राजकी मळार आपलें तेज फांकारिल्लें, इतलेंच न्हय तर संत मीराबाई, मुक्ताई, जनाबाई सारक्या संतांनी अभंगवाणीन भारतीय वाणी अभंग केल्ली हें आमी मुजरत त्रिसरतात. पुण ह्यो चार–दोन कर्तुपी बायलो म्हळचार भारतीय बायलमनशेचें प्रतिनिधीक रूप न्हयच न्हय !

वेदिक काळांत बायलमनशेचो पांवडो हो दादल्याचे तुळेंत इल्लोय उणो नासलो, तर तो समान आसलो अशें सांगतात. धर्मशास्त्राच्या काळांत मात्त बायलमनशेचें स्वातंत्र्य उणे जालें आनी झेनोफेन हांच्या मताप्रमाण 'चूल आनी मूल' हेंच आदर्श बायलमनशेचें कर्तव्य थरपाक लागलें. ज्येष्ठ विचारवंत ॲरिस्टॉटल हाच्या मताप्रमाण बायलमनशेमदीं विचारशक्ती आसली तरी अधिकारांत मात्त ती उणी आसता म्हणटकच तिचो पांवडो दादल्यांपरस उणो थरता. विचारवंत प्लेटोन मात्त वेगळो विचार मांडला. बायलांच्या कर्तुपाचेर ताजो खर विश्वास आसलो. हातूंतल्यान अविल्ल्या तेंपार भारतांतच न्हय तर पाश्चात्य संस्कृतायेची स्थापणूक करपी ग्रीक समाजांत आनी रोमन कुटुंबांत बायलांचो पांवडो कसो कितें आसलो हाजेर उजवाड पडूं येता ! तेमानान भारतांत परिस्थिती खूब वरी आसली.

आतां बायलमनशेक इतलें स्वातंत्र्य आसचें काय कितें ? असो जतनायेचो प्रस्न विचारपाइतलें 'भयांकृत स्वातंत्र्य' आर्विल्ल्या तेंपाक आमच्या देशांत आशिल्लें म्हुण सांगल्यार गाळयांचो शिवोर पडूं येता ! पुण हें वास्तव चित्र ! ! दादलो आनी वायलमनीस हांच्या स्वैराचाराक आळाबंदा हाडपाखातीर निर्मिल्ली कृत्रीम वेवस्था म्हळचार विवाहसंस्था पुण म्हाभारतांतल्या पांडु आनी कुंती हांच्या संभाषणावेल्यान त्या तेंपाक 'विवाहसंस्था' म्हणटात ती वखदाक लेगीत नासली अशें दिसता. मनाक येता ते प्रमाण 'आचार' केल्यान आनी मनाक मारता ते प्रमाण 'विहार' केल्यान लग्नापयलींच आंकवारपणातच भुरगीं जाल्ल्याचीं उदाहरणां सांपडटात ! पुण अजापाची गजाल म्हळचार कोणूच ताका स्वैराचार म्हणनासलो, अधर्म मानीनासलो. कारण, त्या काळाचो तो 'धर्म' आसलो !

धर्म खरें म्हळ्यार नीत शिकयता. मागीर कोणय म्हणटलो कि स्वैराचारान वागपाची ही कसली नीत ? पुण नीतीच्या कल्पनांची निर्मणीच रुढी वा अणभवांतल्यान जाता. समाजान मान्यताय दिली कीं तो वागपाचो प्रकार 'नीत' थरता ! आनी 'कुमारी आवय' ही समाजाक हळशिकावणी तर दिसचना, उरफाटी ती तुस्ततोखणायेक पात्र जाता. मातृसत्ताक कुटुंबवेवस्था ही आमकां कितलीय रानटी दिसूं, रुढी वा परंपरेचेंच तें एक दुसरें उदाहरण ! सतीची चाल हें तर जिवें उदाहरण ! !

पयल्या दोन उदाहरणात वायलमनशेच्या भोगाचेर बंधनां नासतात (मात्त त्यो जापसालदारकीं टळूंक शकतात, अशें म्हणू नज !) जाल्यार तिसऱ्या उदाहरणात तिच्या मेकळेपणाचेर आनी मरपाच्या हक्काचेर कोणाच्यान बंधन हाडूंक नज म्हणपाचें सूचित जाता ! अर्थात्, मरपाचो म्हळ्यार आपुण जावन जीव दिवपाचो हक्क कोणाकय आसप हें मनाक पटना आनी सती वचपी दर एक बायल मनापसून सती वता हें निखालस फट आशिल्ल्यान कायद्यान ताजेर बंधन येवचेंच पडलें ! मात्त समाजसुदारक राजा राममोहन रॉय सारकिल्ल्यांच्या जवर येत्लान लॉर्ड बेंटिकान कायद्यान सतीची चाल बंद केली तरी राजस्तानातली विसाव्या शेंकड्यांतली रुपकुंवर सती वचून कितें सुचयता ? श्रीमंत माधवराव पेशव्याफाटल्यान सती गेल्ले रमाबाईकडेन तिची तुळा करप कितलेंशें समा जातलें ?

आयची वायलमनीस शिकली, सुदाल्ली, नोकरेक वचूंक लागली, दादल्यावांगडा दरेक मळार कर्तुप गाजोवपाक लागली. पुण शिकनाशिल्ल्यांचें कुशीक दवरुंया, शिकिल्ल्यांमदीं लेगीत लग्नाउपरांत मदींच मरपाचे (खरें म्हळ्यार मारपाचे), मदींच जळपाचे – भाजपाचे (जाळपाचे !) प्रकार दिसानदीस वाडपाक लागले ! खंय गेलें तांचें शिकप ? खंय गेलें तांचें कर्तुप ? कोणे न्हयकारले तांचे अधिकार ? कोणें आडायलें, मोडलें तांचें बंड ? 'दादल्यांनी' अशी ह्या प्रस्नांची जाप आसत जाल्यार तांच्या झुजाक सीममेर आसपाची शक्यताय उणी ! पुण जाप 'वायलांनी' अशी आसत जाल्यार मात्त वायलो स्वतंत्र जावपाचें फकत नाटक करतात आनी तांकां दादल्याची

गुलामगिरीच मनापसून आवडटा अशेंच म्हणचें पडटलें.

वयांत आयिल्ले दर एके बायलमनशेक दादल्याप्रमाणच लेंगिक सुखाची गरज आसता हें तत्व जर एक फावट मान्य केलें, जाल्यार स्त्री–स्वातंत्र्याचो प्रस्नच उपरासना ! म्हळचारुच लग्नाच्या बंधनांत ती घुसपली कीं पडली कादयेंत ! जाली गुलाम !! मागीर लग्नाबगर लैंगिक सुख मेळोवपाचो हिंमत कितले जाणात आसा ? आनी आसलीय जाल्यार समाज (चड करून लग्न जाल्ल्यो बायलो !) तांकां कितले दीस सुखान जगूं दियत ! वरें लग्नाबगर आनी लैंगिक सुखाबगर आख्खी जीण सारपाची तयारी कितल्या बायलमनशांची आसता ?

हांगा एक गैरसमज जावं येता ! लग्न म्हळचार फकत कितें लेंगिक संबंदच ? ना ! पुण ती एक जिवीक गरज ! लग्नसंस्थेचो तो एक मुखेल हेत. नेमान, संस्कारान वा कायदयान संबंद स्थापन करून कामवासना तृप्त करप म्हळचार लग्न. गिलिनाच्या मतान बायल आनी दादलो हांचेमदीं लैंगिक संबंद स्थापपाचो समाजमान्य मार्ग म्हळचार लग्न. जाल्यार हॉबेल म्हणटा कि लग्न म्हळचार सामाजिक नेमांचें अशें एक जाळें कि ज्याका लागून एकामेकांच्या संबंदांचेर एक वरें नियंत्रण उरूं पावता.

थोडयांभितर, लग्न म्हळें कि एक बंधन आयलेंच ! कांय नेमांचो आसपाव आयलो. ना म्हळचारय वरसांसंकींसावन चलत आयिल्ले संस्कार, रुढी, परंपरा आयल्यो ! लग्न जाल्ले बायलमनशेन दुसऱ्या दादल्याकडेन संबंद दवरचे न्हय (होच नेम लग्न जाल्ल्या दादल्यांखातीरय), भावाभयणीन वयांत आयले उपरांत एके खोलयेंत न्हिदचें न्हय, लग्न जाल्ले बायलमनशेन आपल्या घोवाकडेन एकनिष्ठ रावचें आदि. अर्थात्, हे भोगनिषेध म्हळचारय बंधनात रावन भोगिल्लें स्वातंत्र्यच !

कारण, खंयच्याय स्वैराचारी मनशाकडल्यान कर्तुपाची अपेक्षा धरप चुकीचें, जो आपल्याक बंधनानी बांधून घेता, तोच दुसऱ्याक बंधनांत दवरूंक शकता, बंधमुक्तय करूंक शकता स्वातंत्र्यझुजाऱ्यांचीं हजारांनी उदाहरणां ह्या खातीर दिवं येतात. बायलमनीस तरी हाका आडवाद कशी आसतली ?

आनी बायलमनशेक तरी स्वातंत्र्य जाय कित्याखातीर ? व्यक्तीमत्त्वाच्या विकासाखातीरच मूं ? व्यक्तिमत्त्वाचो विकास म्हळ्यार कितें ? फकत कुडीची उदरगत ? ना ! मनाची उदरगत, बुद्धीची उदरगत अर्थिक उदरगत. आनी ती एकलेखातीरय न्हय, तर भौसाखातीर ! कारण एकलो एकल्याखातीर आसूंकच शकना. दर एकल्याक भौसाची, समाजाची गरज आसताच.

आनी समाज म्हळो किं कुटूंब आयलेंच. आतां आदलेतेंपार कुटुंबात बायलेमनशेखातीर सुवात आसताली ती चुलीकडली आनी दादल्याखातीर वसरेवेली. कालमान बदल्लां (हो बदल अपरिहार्य !) आनी बायलमनीस वसरेर आयल्या ! क्रांती म्हणटत ती हीच ! ! अर्थात् दादलो वसरेवेलें पळयता पळयतां चूल फुकतलो, तेन्नाच खऱ्या अर्थान क्रांती जातली ! बायलमनीस त्या दिसा मुक्त जातली ! मात्त, भुरगें जावपाचें बायलमनशेचें निसर्गीक काम थांबतलें, त्यादिसा बायलमनीस मुक्त जातली, पुरायेन मुक्त जातली अशें जे म्हणटात तांकां बेगोबेग मेंटलांत धाडपाक जाय, अशेंच हांव म्हणीन ! ! कारण, म्हज्या मत्तान ज्या दिसा भायलेभायर खंय तरी भुरगें जल्माक येवपाची वेवस्ता जातली, त्या दिसा आवय – भुरग्यामदली माया पुरायेन आटिल्ली आसतली आनी ही माया घडये 'मायाजाल' जावन आवयकच तातूंत घुसपावंक तिजे जीवार उठिल्ली आसतली !

ह्या व्यक्ती स्वातंत्र्याक मागीर तुमी कितें नांव दितले ? प्रगती, उत्क्रांति, क्रांती, सम्मीलन वा वेवस्थापन ? म्हज्या हिशबान तरी पुरायेन मुक्त जाल्ले बायलमनशेची कल्पनाच करूं नज ! आपले आवयक 'हातीक धरून' कोणतरी एक ब्राह्मण घेवन वता, म्हुण तिडकीन 'एक एक पतिर्नार्या;' असो शाप दिवपी उद्दालकपुत्र श्वेतकेतु त्या तेंपार जालो आनी बायलमनशेच्या स्वैराचाराक मर्यादा घालूंक शकलो, आयज श्वेतकेतुचें सपनय पडपाकच कुस्तार !

बाकी कोणेतरी पिशान म्हणून दवल्लां तेंच खरें किं दादलो आनी बायल म्हळ्यार रथाचीं दोन चक्रां ! आनी लग्न जालें म्हुण कितें स्वातंत्र्याक बादा हाडपाकच जाय ? 'भार्या' म्हळ्यार तर 'वैदिक लग्न संस्कारांनी संस्कृत जाल्ली बायलमनीस ! ' मागीर ही

'संस्कारित' बायलमनीस स्वैराचार करतलीच कशी वा स्वातंत्र्य ना म्हणटलीच कशी ? तिचें स्वातंत्र्य तिजेलागींच आसा, देवाफुडल्या कासवासारकें !

मात्त जर बायलमनशेन ऐहिक वा विगड विगड भोग भोगपाचें सुख म्हळचारच जिणेचें ध्येय अशें पिशेपणाचें तत्वगिन्यान आपणायलें जाल्यार तिका मेळिल्ली मुक्तताय ही स्वैराचार थरपाक वेळ लागचो ना ! ते नदरेन तरणे पिरायेचेर लैंगिक जिज्ञासेची पूर्ती करपाखातीर दर एकल्याक लैंगिक शिक्षण घेवपाचो हक मेळपाकच जाय. म्हळचारच तशे तरेची सोय जावंक जाय. हांगा दादले-बायलो असो भेद जावंक फावना. तेचपरी दर एके चलयंक तिचो जोडीदार निवडपाचो हक आसपाक जाय.

उदचोगिक क्रांतीउपरांत सामाजिक रचणुकींत बदल जालो. कुटुंबाची व्याख्याय बदल्ली. अर्थात, ती बदलप गरजेचेंच आशिल्लें. मायेमोगाखातीर तेचपरी एकचार वाडोवपाचे नदरेन आनी एकमेकांक उपकारा पडपाचे नदरेन एकठांय-कुटुंबपद्धत कितलीय वरी दिसली तरीय एकल्यान जोडून धा जाणांनी खावपाचे हे पद्धतींत उदचोगी लोकांकय आळशी करपच नकळटना चड घडटालें ! दर एकल्याक जापसालदारकी ताळपाचेंच शिकप हातूंत मेळटालें. 'गृहलक्ष्मी' तर हातूंत रांदपा-वाडपांत-उश्टीं काडपांत भड्डून वताली ! मात्त नवे कुटुंबपद्धतींतय म्हणपासारको बदल जाला अशें दिसना. घोव बायलांमदीं फकत मानाची न्हय तर कामाचीय समा वांटणी जावपाची तांतडेची गरज आसा !

बायलमनीस आपुण जावन घोवाक आमीग मानपाक लागतली, घोवाच्या कामात लक्ष घालतली आनी घोव चडच दादागिरी करता जाल्यार 'तुजेबगर म्हजे कांय अडना !' हें तोंडान न्हय तर कृतीन करून दाखोवपाइतली 'तयार' जातली तेन्ना दादल्यासमान हक्क तिका मागचेच पडचे नात, ते तिका आपसूक मेळटले. आनी हातूंत तिच्या घोवाचो कितें अवमान, अपमान जाता अशें म्हाका तरी दिसना. कारण, घोव जर परमेश्वर तर मुळांत ताणे बायलेक उणाक लेखूंक जायना आनी तत्वगिन्यानी प्लेटोच्या मताप्रमाण 'जें इश्ट वा हिताक कारण थरपासारकें

आसा, तें तें सगळेंच परमेश्वराचें रूप.' म्हणटकच घोव देव आसत तर ताणे बायलेक इश्ट तेंच करूंक जाय. मुक्ततायेचे हक मागनासतना तिका दिवंक जाय.

कारण, आयची सामाजिक परिस्थितीच हो बदल मागता. एकविसाव्या शेंकडचात पावल घालतना हाचें भान आमकां दवरचेंच पडटलें कि अस्मितायेच्यो आनी संस्कृतायेच्यो कितल्योय सुरयफटाशी आमी माल्यो तरी भुगोलिक परिस्थितीय सामाजिक परिस्थितीचेर नियंत्रण दवरता ! ध्रूव प्रदेशांत वा वाळवंटी प्रदेशांत वेल्या पांवडचा-वेल्यो सुदारणा जायनात हें खरें पुण समशीतोष्ण कटिबंधांत रावपी लोकांचे जिणेंत वेगान जातात. शास्त्रीय शोध द्रुतगतीन लागतात, ताकालागून आचारविचारांत, सामाजिक संकल्पनात बदल जायत रावता. संस्कृतीय हाका आडवाद थरना. आनी असो बदल जेन्ना घडना तेन्ना 'सांस्कृतिक पश्चायन' (ऑगवर्न या समाजशास्त्रज्ञाचें मत) अटळ थरता. मॅक आयव्हर हांका तंत्रविषयक पश्चायन' म्हणटा.

तेन्ना, समाजपरिवर्तनाचे प्रक्रियेंत बायलांक दादल्यांप्रमाण अर्थिक हक प्राप्त जावप आनी कायद्याचे सीमेंत तांका दादल्यांसमान पांवडो फाव जावप हें अटळ आसा. रचनात्मक नदरेंतल्यान समाजाकडेन पळोवपाचे 'सामाजिक समतोल' हे कल्पनेंतय तें अपरिहार्य थरता. मात्त, आदिशक्ती स्वरूप आशिल्ले बायलमनशेन 'रूढ नीतीमत्ता' खोंट मारून कुशीक उडयली, तरी 'वैयक्तिक नितीमत्ता' विचारशील स्वरूपाची म्हुण तरी जतनायेनच तिणे वापरची पडटली तातूंतच कल्याण आसपावता !

**

घटस्फोट

जयमाला दणायत

कथा

सकाळसान रजनीच्या जिवाक साप्प बरें नाशिल्लें. कसल्याच कामांत ताचें मन लागनासलें. कूड मात माक्नाभशेन सदचे वेवहार करताली. सदचे संवयीन कामां एकाफाटल्यान एक आपसूक जावन पडटालीं. रातभर एक मिनूट लेगीत ताच्या दोळ्याक दोळो लागलो ना. थेटरांतलो शो तीन वरांनी सोंपता पुण आपले जिणेचो जाल्लो हो सिनेमा पळयताना वेळाकाळाचें कसलें बंधन ? दर्यांत ल्हारां फाटल्यान ल्हारां उफेवन येवंचीं तश्यो ह्यो यादी मनशाची फाट घेतात. त्या यादीच्या आंचीन दोळयांतल्यान खारें उदक व्हांवता आनी मनाची रूचच इबाडटा. ह्यो यादीय सोंपनाशिल्ल्यो ! एखाद्रचा विशियस सर्कलाभशेन ! ताका आदी ना अंत ! आपणाले हे ओपारीचो ताचो ताकाच हांसो आयलो. रागान हुप्प जावन बशिल्ल्या कुकुल्याक खातखुतल्यो करून फोर्सान हांसोवचें तसो खीणभर तो ओडून ताणून हाडिल्लो हांसो ताच्या तोंडार मिणमिणलो आनी दुसऱ्याच खिणाक पुसून गेलो.

आयज ताच्या मनाक खूब त्रास जातालो. येवजणेन ताची तकली फुटटा काय जाल्ली. आयज कोर्टात घटस्फोटाचे केसीचो निकाल लागपाचो आसलो. देवाधर्माक स्मरून ज्याच्या हातांत हात दिल्लो तोच आज सदांपासत ताचो हात सोडपाक पळयतालो. सात जल्म बरोबर चलपाचो संकल्प केल्लो तो ह्याच जल्मांत ताची बराबरी तोडूंक पळयतालो. शेंकडचांनी लोकांमुखार गळयांत बांदिल्लो मणी तोच आयज तुटपाचो आसलो.

न्हावन पोवकुकूम लावंक म्हण रजनी हारशामुखार उबें रावलें. आपलें खुमणें ताचें ताकाच वळखूंक येना जालें. गळयांतलो दोन पोडी मणी गोळाची दोरी जावन ताची मान आवळूंक लागलो. खीणभर ताणे दोळे घट्ट धांपले. सोंसूं नज जावन तें म्हज्यांतल्या कदेलार बसलें. पुण वेळ खंय कोणाखातीर थांबता ? घडयाळान ठणठणत आठांचे ठोके दिले आनी तें सावुदीर आयलें. कशेयबशेन णवांची गाडी धरूंकच जाय आसली. मनांतलीं चिंतना पयस सारीत तें वेगीबेगीन कामां हातामेकळीं करूंक लागलें.

सदचेबशेन हातांत धवी साडी आनी ब्लावज घेवन ताणें आलमार बंद केली. पुण तातूंतल्यो रंगयाळचो साडयो फुलपाखरांचीं पाखां लावन ताच्या

मनांत नाचूंक लागल्यो. हे दीस सरतले, मनांतल्यान विटील्लो हो धवो मेस सोडून पयलींमशेन हीं रंगयाळीं सपनां आपणाक भोगूंक मेळटलीं अशी ताका आस्त आसली. जायत्या जाणांनी ताका ही आस दाखोवन, बरें बरें भविश्य सांगून ताचेकडल्यान बरेच पैशे हुपटिल्ले. पुण आयज ते आशेचे निमणे धागे तुटचेली वेळ आयिल्ली. कोर्टांतल्या चार लोकांचे साक्षीन तांच्यांतले हे निमणे बंध तुटटले हे येवजणेनच ताच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं. बेगीबेगीन तीं पुसत ताणें कशीतरी साडी गुठलायली, पर्स उबाल्ली आनी पयांत जोतें चडयत दार बंद करून तें भायर सल्लें. मनांतल्या चिंतनानी गुरफटत तें स्टेशनार आयलें.

गाडयांक सदचेभशेन ही ऽऽ गर्दी आसली. सोमार आशिल्ल्यान चडूच ! दादल्यांभशेन बायलोय दारांत हुमकळटाल्यो दोणांत आमल्यो भरून ताचेर चेपणाक फातर दवरतकच बुयांवाचें धाकणे अर्दकुटें लागचें तशें दिसतालें. त्यो गच्च भरिल्ल्यो गाडयो पळोवन आयचे मनस्थितींत दारांत हुमकळत प्रवास करप ताका जमचें नाशिल्लें. हे सगळे गर्देचो ताका बेजार आयलो. कितें हीं मनशां तरी ! सरळ गर्देंत उडी घेवन जीवार उदार जावन प्रवास करतात ! असलीं कसलीं कामां आसतात काय हांकां ? आपले येवजणेचो ताच्या ताकाच हांसो आयलो. हरशीं सदां तेंवय तांच्यांतलेंच एक जावन, गाडी स्टेशनार येवच्या आदींच उडकी मारून ते गर्देंतल्यान वाट काडीत बसूंक जागो सोदतालें. पुण आयज ते गर्देंत भीतर सरपाची शक्तूच ताच्यांत नासली. जिणेंतलो सगळो रस सोंपिल्ल्यावरी तें थतरवितर जाल्लें. तीन - चार गाडयो सोडून अखेर दुसऱ्या प्लेटफोर्मार वचून स्लो ट्रेनीन वचपाचें ताणे थारायलें. नायतरी आज ताका हाफडे घेवचोच पडटलो आसलो. ताका अकरांक कोर्टांत वचपाचें आसलें.

स्लो गाडयेक लेगीत आज गर्दी आसली. कशेयभशेन दुसरे गाडयेंत चडून धुकळत धुकळत भीतर घुसून ताणे एकदांचो जनेलाकडलो जागो धल्लो. बसतकच ताका सू ऽऽ जालें. मांडयेर पर्स दवरून ताणे तकली फाटल्यान तेंकयली आनी दोळे धांपले. यादीचे मोंवर ताचें मन कोरांतूंक लागले. सोसूं नज जावन ताणे आपल्या मनाचें तारूं यादींच्या हुंवारांत सोडून दिलें –

.... गाडयांचे हे गर्देंतल्यान तांची दोगांयची पयली वळख जाल्ली. मुंबयंत नवीनूच आयिल्लो रमेश भांबाविल्ल्याभशेन व्ही. टी. स्टेशनार घडयाळापोंदा उबो रावन हांगा थंय पळयतालो. रडकुरोसो जावन परत परत घडयाळाक पळोवन येवपी - वचपी गाडयांचेर नदर मारतालो. पळयतां खिणाच तो मुंबयंत नवो आसा हें जाणवतालें. मुंबयंत सकाळचे भर गर्देंत कोण कोणाचेर लक्ष दिता ? आपणाले इश्टिणी खातीर केन्नासावन स्टेशनार उबें राविल्ले रजनीचें लक्ष रमेशाकडेन गेलें आनी ताचो परोपकारी सभाव उसळून आयलो. खरें म्हळयार ताच्या ह्या सभावाक लागून घरादारा सगळे ताका टोंचताले. इश्टिणी तर फकाणां मारताल्यो. पुण तेचबराबर ताच्या ह्या सभावाचो फायदोय घेताल्यो. तरीलेगीत ताणें आपणालो सभाव बदल्लो ना. आनी देखूनच मुंबयसारकेल्या शारांत आपूण जावन तें त्याच चल्याकडेन उलोवंक गेलें.

– एक्सक्यूज मी, तुमी हांगां नवेच आयल्यात दिसता. कोणाची वाट पळयतात ?

रजानीन फुडें सरून ताका विचाल्लें.

M/s. Superfast Xerox

Stationary, Xerox Copies on Canon & Blue Prints.

Prop. : Subhash V. Naik

M/s. Superfast Xerox
Rajhauns Vitaran
1, Minaxi Building
Near Samrat Ashok Theatre
PANAJI - Goa
Phone : 3002

– आंऽऽहें ऽऽना, हय, म्हणजे ताचें अशें आसा कीं, म्हाका आयज मंत्रालयांत कामाक आपयला. म्हजो इश्ट म्हाका थंय घेवन वचपी आसलो. पुण हे गर्दींत आमची ताटातूट जाली. तो स्टेशनारच उल्लो काय चडलो तें लेगीत म्हाका खबर ना. आतां तर साडेणव जावन गेलीं. म्हाका धामेरेन थंय पावूंक जाय आसलें.

ताणे आडखळत जाप केली.

– इतलेंच मू, चलात तर. हांव तेवटेनच वतां. थंय एल. आय. सी. च्या ऑफिसांत हांव पंचऑपरेटर म्हणून आसां. हांव पायतां तुमकां.

ताणे काकळूट दिसून म्हळें.

– थँक्स, मॅनी मॅनी थँक्स. नाजाल्यार आज पयल्याच दिसा म्हजी सामकीच फेफे जातली आसली.

ताणे उपकारी भावनेन म्हळें. ताणेच मागीर ताका बसरुट दाखोवन ताच्या डिपार्टमेंटांत व्हरून सोडलो.

ही तांचो पयली वळख! तांतल्यानच फुडें वाडटचो भेटी जावन मोगाचें बीं केन्ना रोपलें आनी ताका केन्ना आंकरी फुटली तें ताका कळळें लेगीत ना. पळोवंक गेल्यार रजनी सामकें सादें चली. अशे भानगडींत पडत हें कोणाकूच दिसलें ना. अशें उलयल्यार लेगीत उलोवप्याकूच कोणूय पिशांत काडटलो आसलो. पुण तशें घडिल्लें आनी दोगांच्याय ऑफिसांतल्या लोकांचे वाटाघाटीक येस येवन घरच्या लोकांनी ह्या आंतरजातीय लग्नाक मन मारून परवानगी दिल्ली. पुण दोनूय घरचीं मनशां मनांतल्यान दुखाविल्लीं.

रमेश - रजनीचें लग्न मोठ्या मोठ्या लोकांचे उपस्थितींत वाजत गाजत जाल्लें. रजनीक तर सगळें सपनच कशें दिसतालें. तशें पळोवंक गेल्यार रजनी कितें सुंदर अशें नाशिल्लें. आशिल्लें आपलें चार - चौगांसारकें. सादेंच रावतालें आनी ताका लागून एकदम उठूनय दिसनासलें. ताचें वैशिश्ट्य म्हळचार ताचे भावूक दोळे आनी ताणीच रमेशाक ओड लायिल्ली. उरफाटे रमेश दिसपाक स्मार्ट आनी सोबीत! धा जाणांत उठून दिसपी - बरो एवन् ग्रेडचो इंजिनीयर. एक जात सोडली जाल्यार सगळ्याबाटांनी रजनीपरस उजवो आनी देखूनच रजनीच्या घरच्यांनी आपणालो जातिचो अभिमान गुठलावन दवरिल्लो. तरी भावजेन वतांवतां आणे मारिल्लेच. 'आंवय आंवय, इतलोय धीर धल्लो ना? आमी कितें हाका अशेंच आंकवार दवरतली आसलीं? आनी मोगच करपाचो जाल्यार जातींतले सगळे तरनाटे मेल्ले काय कितें? भंगलें व्हरून. आमच्यो रिती – जेवणखाण कसलें – तांचें कसलें? फाटफुडो चिंतून पांय उबारपाचो. असल्यांनी फुडें पस्तावतलें? ह्या वाग्बाणांक रजनीन जापूच केली ना. ताची आवय पोरण्या वळणाची. रजनी समजना म्हण खूब रडली आनी शेवटाक चलयेच्या सुखांत आपले सुख मानून तिणे ताका मनापासून आशिर्वाद दिल्लो.

रमेशाचे आवयन मात रजनीकडेन सामको जल्माचो दावो मांडलो.

– ही भटाची चेड हाडून म्हज्या हड्डचार बसयल्या. पाड पडलें व्हरोन हिजें. ही भटौण कितें तुका निस्त्या हुमण करून घालतली काय मटण? खा आतां जल्मभर आळवा फतफतें.

दोगांनीय नमस्कार केलो तेन्नाच तिणे ही पायापडणी घाली. तिची तरी कसली चूक? जल्मभर कश्ट करून, हाडाचीं काडां करून तिणे एकटेन पोराक वयर काडलो. शिक्षणांत ताचो गती पळोवन ताका जाय तितलें शिकूंक दिलें. ताच्या सुखापासत दोदोन दीस

With Best Wishes From :

Modern Bakery & Store

Makers of Bakery
&
Confectionary Goods

Shop No. 8, Keni's Hotel
18 th June Road. Panaji-Goa

उपास काडचे पडले आनी वर्साक एक सुडकें वापरचें पडलें तरी एका उतरान कुरकूर केली ना. उरफाटें बाब खूब शिकून येतलो आनी नांव वयर काडटलो हे उमेदीन तिणे दीस काडले. जातींतली बरी खानदानी घरांतली चली तिणे रमेशाखातीर पळोवन दवरिल्ली. फकत रमेशाकडेन उलोवपाचें उरिल्लें. पुण त्या आदींच रमेशान रजनीक तिच्याफुडचांत उबें केल्लें. तिचो अपेक्षाभंग जाल्लो. जातींतली बरी चली पळोवन लग्न केल्लें जाल्यार तांची प्रतिश्टा वाडटली आसली. चार लोकांत झेतान मिरोवंक मेळटलें आसलें. पुण गणीत मुळांतच चुकलें. ताका लागून ती रजनीचो सामको रागराग करताली.

पयलीं पयलीं रजनीन सगळें उमथे मानेन सोसलें. पुण अखेर तेंवूय मनीसूच ! सद्दां गाळीफस्ती कशें सोसतलें ? हळूहळू उतराक उतर लागूंक लागलें. रमेश मात मदीं सांपडटालो. एकेवटेन आवय, जिणे णव म्हयने पोटांतूच न्हय तर तो शिकून सवरून वयर सरसर हाडाचीं काडां करून ताका वाडयलो, हे पदवेर पावयलो. तर दुसरेवटेन आपणालीं मायेचीं मनशां पयस सारून ताचो हात धरून ताच्याबरोबर आयिल्ली ताची अपुरबायेची बायल ! तांचें दोगांयचें झूज पेटलें कीं, ताका वग्गी रावचें पडटालें. आपलेच दांत आनी आपलेच ओंठ. कोणाची री ओडटलो ? बायलेवटेन उलयल्यार आवय ताचो बायजण वी म्हणून उद्धार करतालीं. गाळीफस्ती घालून शिगमो करून आखो वाडो एकठांयतालीं. आवयचें उलोवणे उखलून धरून बायलेक कितेंय उलयलो जाल्यार मागीर ताचो राग निस्तारीसर ताका नाकापुरो जावचें. मागीर आवयक कितेंय उलोवचेबदला तो बायलेक विनयतालो,

– म्हजे पासत मात्शें सोंस, आयजमेरेन जायतें सोंसलें तशें आतांय सोंस.

पयलीं पयली रजनी मांयच्या तोंडाचो नगारो सुरू जालो कीं ओंठ धापून ओग्गी रावतालें. पुण मनशाचे सोंशिकतायेकय शीम - मेर आसताच ! ऑफिसांतल्यान पुरो जावन येनाफुडें कामाची लामड सुरू आनी मात्शी कितेंय चूक जाली रे जाली कीं ताच्या आवय बापायचो उद्धार करून ताची जातपात वयर सरताली. मागीर ताचीय तकली तापार जावंची. जेवणाखाणावयल्यान तर सदांचीच पीरपीर ! तरी रजनीन तांच्या जेवणाखाणाची संवय लावून घेतिल्ली. हळूहळू तें नुस्तें मटण खावंक शिकिल्लें. आपणाक कितेंय म्हळ्यार तें ओगीच राव. पुण आवयबापायक नांवां दवरिल्लें कोण सोंसत ? तें कितें स्थित प्रज्ञ थोडेंच आसलें ! मांयच्या रासवट उतरांक तें मोल उतरांनी जाप करतालें. पुण तोंड वयर करून परती जाप दिता म्हणून मांयचो राग मस्तकाक मारतालो. आनी मागीर तोंडाचो नगारो चालू जावंचो. हो बोवाळ सुरु जालो कीं, रमेश वितरागून घराभायर सरतालो. तकली शांत जाय मेरेन भायर भोंवत रावतालो आनी बऱ्या वेळान हळूच घरा येतालो. रजनीच्या मतान एकवेळा ताणें ओगी रावन आयकल्यार चलतालें पुण आपणाक मांयच्या तोंडांत मिजूड कसो पळ काडप सोबनासलें. मागीर ताणेय रमेशाचेर फोग काडचो. आपणाखातीर सोंस म्हळें कीं ताचें तोंड सुटचें,

– सोंसतांच न्ही ? पुण मनशान म्हणून कितलें सोंसप ? तुजेपासत कितें केलें ना हावें ? घरदार सोडलें, मायेचीं मनशां तोडलीं, जातपात सोडली, तोंड भश्टीलें तरी आनी कितें करूं ?

रजनीच्या ह्या उतरांनी रमेशाच्या घायार मीठ मारिल्ल्यावरी जावचें आनी मागीर मनांत नासतनांच

With Best Wishes From :

Gavandalkar Bros.

Cloth Merchants

Shop No. 3, Municipal Market
Mapuca - Goa

ताच्या तोंडांतल्यान कडू उतरां भायर सरचीं. राती शृंगारान भिजपाच्या वांटचाच्यो रागांत आनी दुकांनी भिजून सारच्यो.

घोव आनी पूत ह्या दोगांभोंवतणी बायलेच्या मनाचे धागे घुस्पल्ले आसतात. आवयचो पूत जेन्ना एके बायलेचो घोव जाता त्या वेळार त्या दोन बायलांच्या मनाची जी ओडणूक जाता, भावनांची जटाघुस्ट जाता त्या यातनांनी एकलेचें तत्रेपण आनी दुसरेचें म्हातारपण पिचत उरता. आनी त्या दोगांचोय जीव असा तो दादलो घुस्मट्टा, ताचीं कुचमणां जातात. तीच अवस्था रमेशाच्या वांटचाक आयिल्ली.

आनी हातूंतल्यानूच रमेशाची मेरीकडेन इश्टागत वाडली. मेरी ताच्याच डिपार्टमेंटांतलें टायपीस्ट ! रमेशाच्या रुपाचेर जायत्यो चलयो भुलताल्यो तांतलेंच तें एक ! आशिल्ली सोबीत मेणाची बावली आनी तातूंतय नव्यो नव्यो फॅशनी करून आशिल्ली नाशिल्ली कला वाडोवचेली कला ताचेलागीं आसली. रमेशाच्या दुबळेपणाचो फायदो उठोवन ताच्या घायार फूंक मारताना मेरीन आपणालो सुवार्थ साधलो. दुःख विसरायेर घालूंक रमेश मेरी बराबर क्लबांनी वचून ड्रींक घेवंक लागलो. अशाच एका नाजूक खिणार रमेशाच्या तोंडांतल्यान घोवबायले मदली फूट मेरीक समजली आनी ताचो फायदो घेवन ताणे रजनीविशीं रमेशाचे कान फुंकूंक सुरवात केली. पोकळ कानाच्या रमेशाक मागीर वचत थंय रजनीचोच गुन्यांव दिसूंक लागलो.

नव्याचे नवे दीस सरले आनी पयलीं गूण दिसताले ताचोच अणकार दोषांत जालो. रजनी ताका सामकेंच सामान्य दिसूंक लागलें. ताका लागून आपणाल्या स्वातंत्र्याचेर बंधना पडिल्ल्याबशेन रमेशाक जाणवलें. तातूंत भर म्हण रजनीक चली जाली. ताका तर चल्याचो घोस्त ! चली जाल्ल्यान तो निर्शेलो. मांयन तर रजनीक नाका जीव करून सोडलो. बाळंटेराक कुळरा वचत सावन तांचेमदीं फूट पडिल्ली ती चडच वाडली.

ह्या शॉकानूच रजनी बरें ना जालें. पुण रजनी दोळयां देखीक नाका आशिल्लें तीच मांय नातीक मस्तकार घेवन नाचूंक लागली. रजनीक तितलेंच

Acceptance, love and nurture
nourishment for his body
stimulation for his mind.
Every mother wants to provide all these.
Yet she can always do so.
Poverty and privation.
Sharing the burden of earning for the family
lacking the health or energy on being in a remote area.
These and other related factors hinder her mothering.
In such cases, Government intervention with suitable aid is required.
Integrated child Development Service is the pledge made
by the Nation and is being fulfilled through the
Integrated Child Development Services Projects set up in the State.

Issued by : **Directorate of Social Welfare,**
18 th June Road, Panaji - Goa.

मू ऽऽ जालें. दुदापरस खंय साय दाट ! पुण नशीब ताचें ! स म्हयन्याचें जातनाच ताका गॅस्ट्रोचें दुयेंस जालें आनी फावो ते उपाय वेळार घेनासताना रजनीचें रस्मी मपन मदींच तुटलें. मांयन ताजेंय खापर रजनीचेरुच फोडलें,

– आवय न्हय हालवांतीण, आंगार दूद आसतना भुरग्याचें अन्न तोडलें. हाका जाय नाचूंक हेकडेन तेकडेन. परत भुरगें जावंकच पावं नाका चेडयेक.

मांयन घर माथ्यार घेतलें. रमेश तर रजनीच्या थाऱ्याक रावना जालो.

रजनीच्या सभावधर्मान घरादारांत ताचो परोपकार चालू आसलो. शेजारी पाजारी, सोयरे धायरे सगळे ताच्या सभावाक तोखेताले. पुण घरच्यांक मात ताची चलता ती उथळपट्टी दिसताली. ह्या विशयाचेर रमेश – रजनीचो वाद वाडूंक लागलो. सादया सादया गजालींवयल्यान आदळआपट जावंक लागली. फोड्णां घालूंक माय आशिल्लीच. जायते यत्न करूनय रजनी आपणालो सभाव बदलूंक शकलें ना. सभावाक वखद नासता तेंच खरें ह्याच ताच्या सभावाक रमेश रजनीचें नातें जुळिल्लें आनी होच ताचो परोपकारी सभाव तें नातें तोडूंकय निमित्त थरलो. तशे ताका पयलींच तडे गेल्ले म्हणा ! ताचें घडलें अशें – ताच्या ऑफिसांतल्या गोळयाच्या भुरग्याक कॉलेज ॲडमिशनापासत पांच हजार रुपये उणे पडटाले. रजनीच्या फिक्स डिपोझीट रसिटीचेर ही रक्कम कांय दिसांखातीर मेळत अशी आस्त बाळगून गोळे तागेर गेल्लो. दोळ्यांत उदक हाडून केल्ले आपले कलिगाचे मागणेक ताच्यान स्पश्ट ना म्हणूंक जालें ना. तरी ताणे घोवाक विचारूनच सांगपाचें थारायलें. पुण रमेश घरा येनाफुडें ताणें तोंडांतल्यान उतर काडच्याआदींच मायन फस्क माल्लें –

– पयर हावें मागल्यार हेंचेकडेन पैशे नासले आनी आतां आपणाल्या मिणाक दिवंक हजारांनी दुडू आसात.

अशें फणफणत घडिल्ली गजाल तिणे मीठ मिरसांग लावन वाडोवन चडोवन सांगली. ताच्या आदीं मेरीन कित्याकितेंय सांगून रमेशाचे कान फुकिल्ले – तें ऑफिसांत दादल्यांमदींच कशें पोपुलर आसा, बायलांक नाका, दादल्यांमदीच उठबस करता अशो एक ना हजार चाडयो केल्ल्यो. आनी तातूंत आवयन हें तेल ओतलें. जालें, रमेशाच्या काळजाक उजो पेटलो आनी तातूंत रजनी हुलपूंक लागलें.

ताका धड कांयच सांगूंक करूंक दिनासतना रमेशान ताचेकडेन झगडूंक सुरु केलें. एकामेकाचीं उणीदुणी काडटना रजनीनय आपणाल्या मनाचो सल उकतावंक रमेश आनी मेरीचे वाडटे इश्टागतिचो उल्लेख केलो. त्या बरोबर रमेश चवताळ्लो. ताका वायट उतरां उलयत ताच्या केश्टयांक धरून ओडीत ताणे ताका भायर आंगणांत शेंवटिलें,

– म्हाका जाय तें हांव करतलों. तूं विचारपी कोण ? आयच्यान म्हाका तुजें तोंडलेगीत पळोवचेली गरज ना. चल खंय वता तें.

तो तोंडांक येता तें बडबडटालो. रडून काकळूटेक येवपी रजनीक खोंटावन तो भीतर गेलो. मांयक तितलेंच जाय आसलें. भीतर सरुंक पळयतल्या रजनीक तिणें धुकळ्लें आनी,

– घरांत भीतर सरुन पळय दोंकोच मोडून उडयतां.

अशें म्हणून तिणे घडायंच करून दार घालें. त्यावेळार आपूण आपल्या पुताच्या संवसाराच्यो तिस्त्यो वादयो करतां म्हणपाचें भान तिका नाशिल्लें.

With Best Compliment From :

Western India Steel

Manufacturers of Pharmaceutical Epuipments & Structural Fabricafors

Tisk - Ponda - Goa

Prop : **Nagesh K. Shirwant**

आंगार आशिल्ल्या न्हेसणानूच तें कुळरा आयलें. आवयक वेंगावन रड रड रडलें. भावाच्या संवसारांत आवयचीच आडखळ जाताली, थंय तौ बावडो ताका कसलो आदार दितली ? लग्नाक फुडाकार घेतिल्ल्यांनी आनी गोळेन लेगीत जायत्या फावटीं दोगांमदीं एकचार घडोवन हाडपाचे यत्न केले. पुण दोगांचींय मनां एकामेकाचेर साप्प विटिल्लीं तीं परत कशीं जुळत ?

फुटक्या कंवचेच्या आयदनावरी ताची जीण जाल्ली. रमेश मेरीगेरच पडिल्लो आसतालो. आवयक आनी वायलेक अळंग पयस सारून मेरीन ताका जुस्त उखलिल्लो. आपले करणेचेर आवय दुकां गळयताली. तरी रजनीन धीर सोडलो ना. भाडयाची एक कूड घेवन आवयच्या आदारान आनी आवय वतकच एकटयान हीं पांच स वर्सां व्हडा इभ्रतीन काडलीं.

इतले मजगतीं रमेशाची बदली जावन तो दुसरे कडेन गेल्लो. तो व्यसनी आलमपेडडचार जाला अशी फाम रजनीच्या कानांर पाविल्ली. परतून एकठांय जावचेली रजनी आस्त बाळगून आसलें. ताचो रमेशाचेर मनापासून मोग आसलो. ताच्या जायत्या बरें मागप्यांनी ताका दुसरें लग्न करपाचो सल्लो दिल्लो. पुण घटस्फोट घेवन परतून दुसरो संवसार उबारपाची कल्पनाच ताका सोंसनासली. घोव आसूनय घोव नाशिल्ल्याची व्यथा तें भोगतालें. रंगागंधाचो हावेस आशिल्लो सगळो सोडून ह्या वर्सांनी ताणे एका धव्या वस्त्राबगर कसलेंच कापड आंगाक लावूं नासलें. पुण ह्या घटस्फोटाच्या दाव्यान ते ताचे आशेकूच सुरुंग पेटयिल्लो.

येवजणेच्या हुंवारांत सांपडिल्लें रजनीक चर्चगेट केन्ना आयलें तें लेगीत समजलें ना. ताका झेम लागल्याशी दिसून म्हज्यांतले बायलेन ताका हालोवन उठयलें. उठनाफुडें रजनीच्या हाताक गळ्यांतल्या मणयाचो स्पर्श जालो. तो मणी काळजाक तोपून तांतल्यान व्हांवपी रगताचीं दुकां जावन तीं ताच्या दोळ्यांतल्यान घळघळीत व्हावंक लागलीं – आपूण खंय आसा तें विसरून, अवघ्या संसाराची सुदबूद वचून रजनीच्या दोळ्यांच्यो तळयो भरभरुन व्हांवत उल्ल्यो – रोकडोच घडून येवपी प्रसंगाचे येवजणेन ... !

**

द् बोम्बे मेटल मार्ट

प्रो. बी. सी. जैन

धातुचे व्यापारी आनी कमिशन एजंट

आनी

मेसर्स अशोक ट्रेडर्स

पो. बोक्स नं. २८५

सिने लता सामकार

मडगांव – गोंय

फोन नं. दुकान : २२५९

घर : २०२०८

'चित्रंगी' क अुपाट येश आंवडेतां

बाबय वैरेंकार

मडगांव - गोंय

सवाय आनी सोबीत लुगटाचे व्यापारी

वाय. वी. दलाल ॲण्ड ब्रदर्स

मडगांव आनी केपें

'चित्रंगी' क उपाट येश आंवडेतां

अेक बरें मागपी

With Best compliments From :

GOA ENTERPRISES

Dealer in Genuine Parts for Automobils
Earthmoving Pneumatic, Machinery,
Cummins, Jeep & Leyland Engine Spares

E/21, Shenoi Goebob Marg
Bicholim-Goa

'चित्रंगी' क उपाट येश आंवडेतां

विवेक ट्रेडींग कॉर्पोरेशन

वर्दे वालावलीकार रस्तो
मडगांव - गोंय

फोन : २०९५३

कोंकणी कवितेंतलें बायलांचें स्थान

नीला तेलंग

'आमच्या देशांत बायलांक आमी बरोबरीच्यो मानीनात.' स्वामी विवेकानंद अमेरिकेंत एके सभेंत उलयताले. ती अमेरिका आशिल्ल्यान थंय दादले–बायलो खांद्याक खांदो लावन वावुरपी. म्हण्टगच तांकां तें विचित्र दिसलें.

'Shame, shame,' सगल्या बायलांनी कलकल करीत निशेध परगटायलो.

बोवाळ मात्सो ल्हव जातगच स्वामी फुडें उलयले 'तांकां आमी देवता समजतात.'

त्याच बायलांनी आनी दादल्यांनीय उर्बेन ताळयांचो कडकड केलो.

आमची समाजव्यवस्था आमी कांय सोयींखातीर वांटली तेन्ना बुदवंतांनी अभ्यासूनच दादले–बायलांमदीं अशी कामाची वाटणी दवरली आनी नातेंय अशें स्वामींनी म्हळां तशें राखलें. पुण ह्यो जाल्यो समजुपाच्यो गजाली. जेन्ना मनीस समजुपाची वा समजून घेवपाची तांक वगडावन बसलो, तेन्नाच बायलेची गत कुंडेकुस्कुरापाष्ट जाली. दादल्यांचें काम चड म्हत्वाचें आनी बायलांचें मोल नाशिल्लें अशें दादले आनी बायलोय जेन्ना समजूंक लागल्यो तेन्नाच समाजव्यवस्थेचें

बरेपण शेणलें. बायलांक उणाक लेखपाची नदर इतली सकल देंवली कीं, मनीस केन्ना केन्ना मनीसपण लेगीत घाण दवरूंक लागलो. थंयच तिचेर अन्याय जावंक सुरवात जाली.

आज आमी म्हण्टात आमी जागीं जाल्यात. हो अन्याय शेंवटून मारूंक म्हणून आमी मुखार सल्ल्यांत. चेपिल्ली तकली वयर काडूंक सोदतात. हें जरी बऱ्याचें लक्षण आसलें तरी प्रश्न असो पडटा कीं, आमी आमचेवयलो अन्याय खंयचो हें जुस्त जाणात कांय ना ? खूवदां अशें दिसता कीं, आमीं संकष्टांक जीं मनशाचेर येवकंच जाय – अन्याय मानतात. साहित्य हें माध्यम घेवन जेन्ना आमी ह्या अन्यायाक भायर फोडूंक पळयतात तेन्ना दिसता कीं, आमच्या मदलो होच घुस्पागोंदळ अजून सोंपूंक ना. एक तर आमचें वरेंचशे साहित्य हो अन्याय दाखयीच ना वा दाखवंक म्हणून बरयिल्लें साहित्य अडेचेशें दिशिल्यान काळजाक रोमना. त्या भायर खूवदां हो अन्याय काय किदें होय प्रश्न पडटा.

खरें म्हळ्यार पुराणकाळांतल्यो व्यक्तिरेखा घेवन आयच्या काळाप्रमाण तांचेवयलो अन्याय जोखप हें समा न्हय. पुण अन्याय कित्याक म्हणचें हें सोडून काडूंक म्हणून हांव त्याकाळच्या बायलांचो आदार घेतां.

दुर्योधनान द्रोपदीची केल्ली विटंबना हो तिजेवयलो अन्याय म्हणूं येत काय ? पुण ती फकत आपल्या हातांत सांपडिल्ली बायलमनीस म्हणून तो तसो खंय वागला ? ताका तेदेवेळार येवजतालो तो फकत सूड. मयसभेंत जाल्ले ताचे फजेतेक 'खी खी' करून हांसून तिणे ताचो केल्लो अपमान नाजाल्यार दुसरे खंयचेच बायलेक दुर्योधनान अशी खंय वागयल्या ? आतां ताणें अपमानाचो सूड असो घेवंचो काय कितें हो मुद्दो वादाचो आसत पुण द्रौपदेचेर ताणे अन्याय केलो अशें कशे म्हणूंक जायत ? बरें धर्मराजान तिका विचारी पाचारी नासतना पणाक लायली हेंय कांय तिचे बायल जातीचें उणाकपण अशें समजूंक मार्ग ना. कारण आपल्या भावांकय ताणें तशेच पणाक लायिल्लें म्हळ्यार तेन्नाचे नेमच दुसरे भशेन आशिल्ले. थंय बायल – दादले हाचो भेद व्हडलोसो मनार घेवपाइतलो नाशिल्लो.

कुंतीवेलो आकवारपणांतलो गुरवचार हो तिजेवयलें संकष्ट

म्हणूं येत, पुण अन्याय म्हणूं येत व्हय ?

सीतेचें अग्निदिव्य आनी त्याग हेय तिजेवयलीं संकष्टां, ज्यानी तिका येदें व्हडपण दिलें. पुण जेन्ना राम तिचेकडल्यान दुसऱ्यांदा अग्निदिव्याची अपेक्षा करता तेन्ना तो अन्यायाकडेन बागवता आनी म्हणूनच सीता आत्मबलिदान करता.

पुराणांतल्यो देखी इतल्याच खातीर घेवपाच्यो कीं अन्याय केन्ना म्हणूं येता हें समजून घेवन आज आमचेर जें किदें आयलां तांतले अन्याय खंयचे आनी संकष्टा खंयचीं हें आमकां वेगवेगळें काडूंक मेळचें.

साहित्य समाजाचें पडविंब जाल्यान साहित्य जोखतनाय हाजी जाणवीकाय दवरची पडटली. साहित्यांत बायलेचीं जीं रुपां आयल्यांत तीं अभ्यासून आमी हें थारावंक शकतात. पुण साहित्यातय सगल्या तरेचीं रुपां बेसबरीं परगटायल्यांत काय ना होय एक विचार करपासारखो प्रश्न उरताच.

कोंकणी साहित्यातले कवितेचेर नदर मारल्यार हाजो अणभव येता. तातूंत बायलेचीं सगलीं आंगां वा बायल ही समाजाचो एक घटक ह्या नात्यान ती कवितेंत चडशी खंयच दिसना एक तर ती मोगी वा फटवल्ली मोगी ह्या दोनच तरानी कवितेच्या विभागाचेर पातळिल्ली दिसता. दर कवीन कवियत्रीन तिका हेच नदरेन चडशी जोखल्या, पारखिल्या.

मोग हो मनशाचो सभावगूण जाल्यान दर एकल्याचे कवितेंत ताजो जागो आसप हें व्हडलेंशें अजाप न्हय. आतां दर एकाचे तांकिप्रमाणे कवितेचो कस चड-उणो जाता जायत. पुण असल्या कवितेची येता तितलोच जागो बायलमनशेक मेळप म्हळचार कविता खंय तरी कमी पडटा हातूंत दुवाव ना.

मोगाच्या रुपांत येवपी बायलमनशेचें चित्र समजून घेवपाचो यत्न वेगवेगळ्या कविनी कसो केला ताजेर नदर मारल्यार पसून एक गजाल दिसून येता ती म्हळचार असल्या कवितांनी लेगीत बायलमनशेपरस मोगाच्या उमाळ्याचो ओघ चड नदरेंत भरता.

नामनेचे नाटककार म्हणून गाजपी पुंडलीक बाब कवी आसतात तेन्ना तांच्या उतरांक 'तूं आयलें ना' जाल्यार खतखतो येता

खदखदत्या आदनावयल्या
धापणाची अवस्था
तुवें अणभवल्या ?

अशी जाप विचारतना तांची जाल्ली आकूळ - पिकूळ अवस्था

'सबन रात बियरीच्या रंगाक
दींव येताली'

म्हणत फसफसता तेन्ना मोगी बायल दिसना. दिसता ती भावना. पुण खंयतरी तांची कविता परंपरेच्या पावलांपोदा चिडुता आनी पट् करून ती म्हणून वता –

'तुगेर वचपाची वाट नकयळी म्हणून गेलो ना
तुगेर वचपाची वाट मळ्ळी म्हणून गेलो ना.'

आनीक वायलमनशेक समाजान जो अन्यायाचो वांटो पदराक बांदूक लायला ताका ती आफुडटा. थंय वायलमनीस दुखता.

कवी माधव बोरकार हांचे कवितेचो आयटच थरथरपी, झिळझिळीत. म्हण्टगच तांच्या मोगाची विसकटावणीय तशीच झिरझिरीत.

'तुवें लायिल्ल्या वातीमुखार
आमोरेचें पयलें पेणें
कर्पल्ल्या काळखार
अळंग पातळटा
दीस भरिल्लें चांदनें'

वायलमनशेंत अशी एक शक्त आसता कीं, ती कितेंतरी घडवन हाडूंक शकता, हो ताचो आविष्कार. म्हणूनच ती केन्ना ताच्या 'बोटातली जोगला' झेलपी 'सतारीची तापिल्ली तार' जाता तर केन्ना तांचे प्राण परमळीत करपी वाऱ्याक वास दिवपी जाता. म्हळ्यार तांचीं अमुरपिकीं उतरा मोगाच्यो हांबेवपी यादी पितारतात आनी वायलमनशेचें चित्र हें वास्तवाकडल्यान सुटून कल्पनेतल्या आदर्शाम्हज्यांत वचून हय - न्हंय शें झळपेता.

काशिनाथ शांवा लोलयेंकर हांची सगली कविताच जिणेची उवगण घेवन आयिल्ली कशी. म्हणूनच वायलमनशेक एक वेगळो जागो

तांच्या कवितांनी उस्तुपाची गरजच ना तरी तांचीं गूढ गूढ उतरां जेन्ना मोगांत पडटात तेन्ना तांची खाशेली शैली सदांभशेनच तर्काक घुसपायत ह्या धाग्यावयल्यान त्या धाग्यार उडी मारता.

'न्हंय दर्याक मेळटा
दर्या म्हाका मेळटा
हांव तिका मेळटा
आनी ती म्हाका मेळटा
तिच्या म्हज्या मदीं
एक न्हंय व्हावता'

असल्या उपार उदकांत म्हासागराची खोलाय मेयळी तरी वायलमनीस मेळना.

मराठींत जे तांकीन रिगल्यात तेच घटपाणेन कोंकणीत आसरमांडी घालून बशिल्ल्या वाकीबाबाची 'चान्याची तळी' पायजणा वाजयत येता आनी सगल्याक मोनेळ पातळायता.

'मौन पडलें सगल्या रानां
शिरशिरून थांवलीं पाना
कंवळी जाग आयली तणा झेमता झेमतना.'

अशी भूल घालपी ताची काणयांतली रुपसुंदरी, वेंचीक थिकांसारक्या उतरांनी अवतरता. पुण तांचे अस्तुरेचो सोद तिच्या सोवित रुपाकच सांसपीत रावता. ताजेपेल्यान वचपाचो तिजो कांयच यत्न दिसना. तांच्या वायलांवयल्या कविताचो पिण्ड तिच्या देहाकूच आफुडटा, तोखेता आनी शृंगाराकडेन घुटमळटा.

मनोहरबाब सरदेसायाली कविता मात्शी ताज्याफुडें वता तीय जरी मोगीच आसली तरी रुपाचे सोबितकायेपरस गुणाचे सोवितकायेकडेन ओडटा.

'कोगळाच्या रूपाक भुल्लों
तेन्नाच ताजो ताळो कळ्ळो'

अशें म्हणून रंगरुपाक हिसबाभायर म्हत्व दिवन उबें केल्लें साहित्यातलें वायलमनशेचें चित्र ते हालयतात. देखणेपणाचे पलतडीन वचून ते तिच्या गुणाक तोखेतात. 'रातीक म्होंवा ओंठ लावन, सगले दीस म्होंवे'

करपी अप्रुय शृंगार तांच्या काव्यांत आसा तसो सादे सुदे बायलेची प्रतिमाय मेळटा.

'तुज्या भांगरा केसांत
निकतीच फांतोड फुल्ल्या
तुज्या काळचा दोळ्यांत
अजून रात उल्ल्या.'

म्हणपाची जमिनीवयली जिती-जागती बायल तांचे कवितेत मेळटा.

तरीय मनोहरबाबांनी बायलेक नाजुकसाणेनच हात घाला ती एक जात म्हणून. तांच्या कवितानी येवंक नाशिल्यान तिच्या सभावाचे वा मनाचे तरेतरेचे त्रास तांच्या उतरांत आसपावनात. कांय उतरांचीं फुलां तिजेर ताणी वतां वतां फाफुडल्यांत इतलेंच. ताकालागून नायिकेपरस उतरांच चड दोळ्यांत वतात, भुलयतात.

त्यामानान कवि र. वि. पंडित तिका एका वेगळेच तरेन आमच्या मुखार हाडटात.

'आयज तूं येतलो देखून
खोप्या आबोलीं
मुरगट्टात.'

म्हणतांच गोंयच्या पांचव्याचार सैमाचे मांडयेर मोगाचे धुंदीत धोलपी जिती आनी तटतट्टीत बायलमनीस धुमशणां घालता ती स्पष्ट दिसता. अस्सल गोंयकान्न कामेरी मातय अडेचीशी दिसनाशिल्यान तांचें कवीत गोंयच्या गाभ्याक हात घालता कशें दिसता. म्हणचेच तांची बायल मोगाच्या उमाळ्यांतय बायल म्हणून दिसता.

त्याभायर तांची कविता त्याच रुपार थांबना. ती फुडें फुडें सरत बायलेच्या सांसारिक सुखदुखांकडेन पावता. तिच्या अवस्थांक उतरांनी पितारूंक सोदता.

'हांव हिणा
घुसमटत
काळखा कुसार
तुज्या पासत
तूंय म्हज्या सायबिणी

कित्या जागोता
वाये कित्या नागवता ?'

तांची आकांतून आड्डूपी ही वायल म्हळचार हालींच्या काळांत कवितेन साहित्यांतलो आपलो गुळगुळीत, नाजूक जागो शेंवटून मारूंक उवारिल्ल्या बंडाक सुवात दिता आनी त्याच वराबर वायलेच्या मनीसपणाचे दुखीक ती सांसपिता.

वायल आनी कुळार हांच्यामदलें रसमी नातें पयलीं तांचीच 'कुळाराची वाट' दाखयता इतलेंच न्हय तर प्रतिकात्मक काव्यानय तांचे कवितेंत घाल्ल्या भरीन वायलेक पारखिल्या.

'कडुाच्या आलाशिऱ्यान
घात मारता उजो
आनी करड ?
ताका शक्त दिता
आपूण जळून लेगीत.'

युगांयुगानी वायलमनीस जशी आसची म्हणून मागल्या त्या रुपाक पसून तांचे कवितेन अशें प्रतिक दिलां. थोडयाभितर म्हळचार तांची वायल अस्मानांत भोवनासतना जमनीर वावुरपी शी मेयटा.

विजयावाय सरमळकरांची मोगी परती कल्पनेंतली परी जावन तृप्त भरून व्हांवपी आनी सर्वस्व वगडावन संवगडचाचेर माया करपी भरतेच्या ल्हारांवरी उफेता –

'दिसता म्हाका
भरतेचें ल्हार कशें
येवचें तुका मेळुंक.'

म्हळचारच हांव बायल म्हणून मुखार सरच्या परस फसफसून आयिल्लो उमाळचाचो फेणच उलयता.

रमेश वेळुस्कारांची सगली कविताच दोळचांत भरता ती ताच्या उतरांच्या वापरालागून. तांची बायलेक सोदपाची मोगी नदर वेगळी न्हय तर तांच्या कवितेच्या पसाऱ्याची घाटणीच उतरांतल्या नादाफाटल्यान लागपाच्या नादाक लागून, तल्लीन करता.

'गेलो
गेलो पाणयाचो तोल
ताचो जालो मगा बोल
खोल
खोल खरायेची ओल
तुज्या वठांनी गो सोल'

हो उतरांचो नादमय खेळ वायलेपरस आनी उमाळ्यापरस वेगळ्या अविष्काराखातीर ओडून घेता. हांतलो गर्भितार्थ तोच सदांचो पुण उतरांचे नवलिकेन नवेंपण निर्मून रिझयता. पुण तरी तळागाळाचे वायलमनशेमेरेन ती पावता.

'पिंगळ्या वांगडा
नाचता रंभा
रंभा रंगाच्यो
आनी रंद्रानी
पेटूंक लागता
चवन राती गा
घुंगराच्यो.'

एका समाजाच्या विशिष्ट थरापर्यंत ती पासय मारता पुण ते जाळ विस्कटावपाचे भानगडींत पडना.

म्हळ्यार कोंकणी साहित्यात मुंगरून पडिल्या कविनी वायलेक वेगळो जागो जरी व्हडल्याशा उमळशिकीन दिलोना तरी हांलींच्या कवितानी नवे कवी तिची जाण दवरतात म्हणपाचें बारीकसाणेन पळयल्यार दिसता.

हालीं हालीं काव्याचो आटाप वाडत चल्ला. कवीची नदरय अगडबंब विस्ताराचो आंवाठ वेंगेंत मारपाचो यत्न करता. कविता आज कल्पनापरस वास्तवाकडेन चड वागवन चलल्या म्हणून ती चड जळजळीत आनी झळझळीत दिसता.

जल्म घेतिल्या घरा ल्हान–व्हड जावप आनी अकस्मात एक दीस त्या घराचो हुंबरो हुपप तो दुसऱ्या घरांत वचून नांदपाखातीर. उरिल्लें सगलें आयुष्य त्या घरांत त्या घराखातीर तांतल्या मनशांमदी समरसून काडपाचें. केदो व्हडलो बदल हो तिचे जिणेचो? आनी केदें

व्हड आव्हान तिच्यामुखार ? अशावेळार तिज्या मनाची अवस्था कितें जातली हाजी जाण कवीवगर दुसऱ्या खंयच्या मनशाक आसत ? तिच्या काळजांत उखलाशिल्लीं मोडां आनी वादळां काळजांतच जिरतात. मनाचे भोगस्ताळे तिणे मोन्यानी भोगले तरी तांचे जाळ मनाच्या दोळ्यांनी संसार नियाळपी कवीच्या सवेदनांपर्यंत ल्हवू ल्हवू पावलेच.

'सैरभैर मन ओडटा दोनय वाटानी
कुळाराची याद वाये पावला कणकणीं'

म्हणून कवी गजानन जोग तिच्या मनाचो थाव घेतात. तर कुळाराची व्हडवीक गावपी, कुळार आनी घर हांच्या मदीं मन धोलतना कुळाराच्या यादींनीं मन खुसलावपी बायल कुन्दा पै पितारता –

'म्हज्या कुळारा कुळारा
आईच्या मायेची गोजडी
थंडीवाऱ्यान कुडकुडटा हांगा
जरी खांद्यार शालजोडी.'

कुळारची माया फाटल्यान दवरून अनवळखी, परकी मनशाक माया लावन आपलें करीत घरांतले घश्टें काडप हें केदें दिव्य ? पुण तिजें स्थान काय वावराडे परस व्हड न्हय. हें सत्य जयंती नायक उक्तायता.

'तिणें सून म्हण
त्या घराचो हुमरो हुपलो
पुण वावराडी म्हण
ती हो संसार सोडटली'

आज जो आमी दादले-बायलांच्या संवधाचो बाजार करून उडयला ताजीं पडबिंबा साहित्यांत आनी कवितेंत उठप हें तितलेंच सहज. वावराडेचें जिणें नशिवात येवपी बायलेक मंगळसूत्र गळफांस कसो दिसल्यार तातूंत अजाप कसलें ? म्हणून प्रतिभा पै फोडेंकाराची प्रतिभा 'मंगळसुत्रान माल्लो गळचाक फास' म्हणीत वितरागता तेन्ना कवितेच्या संसाराक खऱ्याची घटपाण मेळटा.

करता करता आयच्या समाजात बायलेक मोल किदें उल्लां ? आनी हे निवत्याच फुलपी कवींक जाणवूंक लागिल्याचें कळटा. वरदक्षणेचे

पद्धतीफाटलो नितळ हेत फाटी पडून तो जेन्ना अत्याचार जाता तेन्ना मनीसपणाचेर खतां पडूंक लागतात. ती उक्तावप हो आयच्या कवितेचो धर्म जाता. म्हणूनच समाजाच्या ल्हान व्हड घटकाक भितल्या भितर पिसडून काडपी वरदक्षणेक लिपवन कल्पनेंतलीं सुंदर-गोमटीं चित्रां कवितेंत हाडीनासतना त्या खऱ्या चित्रांवयलेच पडदे पिनून दाखवप. हो कविता झळझळीत लागता आनी भितर काळजाक तोंपता.

'तुज्या आवशीकडल्यान
तुका विकत घेवंक
माझ्याहार पैसो नाय आसा.'

म्हणीत प्रशांती तळपणकर कळवळटा तेन्ना कविता निर्जीव सुंदर पुतळो कशी उरना. तिका प्रत्येक काळजात सुवात मेळटा. हो हुंड्याचो 'दुरीग' कुन्दा पै हाकांय अडखिळिल्लो दिसता.

'तेच फोटे
सुंदर हुड्याचे
नवे नमुने
आयल्या फास्केचे.'

अशें सहज समाजांतल्या ढोंगांचें चित्र काडपाची तांक आयच्या कविनी सांबाळ्ळचा. पैशांफुडें मनशाक कोण लेखीना ही आयची समाजाची अधोगती कवींच्याच लेखणींक पयलीं वळखूंक लायता. म्हणून नयन सुर्लकार 'आंकवार सपनां' रेखूंक शकता.

'दिशिल्लें –
लग्नाच्या ह्या बाजारांत
एकटो तरी सभागो म्हजे गुण पारखितलो.
पुणुन जण एकल्याच्यो नदरो
फकत रुप सासपिताल्यो
तांच्या जोतीच्या तागडेंत
म्हज्या गुणांक मोल उरूंक ना.'

हुंड्यान भड्डून उडयिल्ली जीण कवितेंत ल्हवू ल्हवू भितर सरता आसतनाच बायलांच्या बाकीच्या खूबशा काकुळटेच्या अवस्थाकडेनय कवि तन्नाटे पळवंक लागल्यात. बायलांचें देह विकपाचें

काम समाज नाक मुड्डून पळयता आनी पयस वता. तें वायलेन आपखोशयेन आपणायलां, काय तिजेर तें वळयां लादलां हाजें सोयर-सुतक समाजाक ना. आनी असलीं कामां चडशीं वळयांच लादिल्लीं आसतात हें समजून घेवंक मनशाक वेळ ना. भोगता ते वायलेन वावडेन सोंसत सोंपपाचें. पुण तिजे जाळ कवितेंत धगधगले ते सुदेश लोटलीकार आनी शैलेंद्र मेहता ह्या जळपी कवींच्या कवितांनी.

'एक सगली वायल जांवचे पयलींच
गर्भधारणेच्या कर्तुपांतल्यान फुडें सरतना
तिका समजल्लो मोग
हो गच्च घरांचो सोद आसा.'

शैलेंद्र मेहतालीं बोंवलेच्या देठाकडल्यान आयिल्लीं उतरां चिड्डूपी, अन्याय मोन्यानीं सोंसपी वायलेचो आकांत मांडटात जाल्यार सुदेश लोटलीकाराली 'माई' पिढयांच्यो पिढयो पदरापोंदा धांपिल्ले तांचे भोग उस्तीता आनी 'पडवेर पिकिल्लीं' माईल्या दोळ्यांतली 'ओली तिळसांज' तांकां उजवाडात हाडटा.

'नेसणाच्या पदरापोंदा कापराची दिवली घेवन
कुळकुळीत सोंपणाचेर माई तुजी दिवली गेली.'

ताचे कवितेंत फटवल्या, नागवल्या चलयांचे उथळताप आसात.

'न्हिदला कोण घेवन कुशीक मीरेचें मळव काळें'

मीरेभशेन कोणाचेर तरी जीव ओंवाळून उडवन देह पिसडून घेत आयुष्य जियेवप नाजाल्यार वळयां कोणाकडल्यान तरी घात करून घेवन जल्मभर तें भोगीत रावप असलीं काळीज कातरपी चित्रां ताणीं उकतीं केल्यांत.

शिमणें सोंपोन सानमारत्या चेडवाचो घात जाला. असल्यो समाजात घडपी घडणुको मनीस लिपवन दवरूंक सोदता, ताजो ताणीं परामर्श घेतला.

नयन सुर्लकारानय आपल्यापरी तातूंत वांटो घाला.

'थंय कोनशाक जाण्टीं
वाज्जेर नेण्टीं
पैशे मेजल्यार
ना कसल्योच वण्टी.'

तर हें समाजान पेल्यान दवरिल्या समाजाचें रुप कवितेंत येवंक लागप म्हळचार कवितेन घेतिल्लें तें एक व्हडलें मोडण म्हणचें पडटलें.

बायलेच्या आवय धर्माचें रुपय कांय कवितांनी दाखयलां बाकीवावाच्या एदचाय व्हडल्या कवितेच्या वाठारांत तें लिक् जालां.

'वापूय म्हण्टा, "सगली रात
पोरान न्हिदूंक दिलें ना."
आवय म्हण्टा "सगली रात
वाय म्हजें न्हिदलें ना."

तशेंच पुंडलीक नायक आवयचें स्वाभिमानी रुप दाखवन गेल्यात 'शेतांभाटांत कश्ट करीत जगली तरी शिट् म्हणून घेंवचीना आवय.'

आर. रामनाथान भुरग्यांखातीर कळवळपी आवयक समजाचेर घालपाची उतरा गुंथल्यात.

'वाजतलीं गे वाजतलीं पावलां गे पुताचीं
हुस्क्या मुखार, चान्ने मागीर फांकय, हुसक्यान गे सादय.'

प्रकाश पाडगांवकाराची 'आंकवार जड्डी' अशीच खंय तरी काळजाक घाय करता.

'सपन ओलीं शेवण्या भिरीं
म्हाकाच फटयत पयस गेलीं.'

अशी खंत आंकवार चलयेची ताणीं मोठे तांकीन उवारल्या खरी पुण तिज्याखातीर येवजिल्या 'जड्डी' शब्दान मात तिका हिणसायिल्या भशेन दिसून तिचो अपमान केला काय दिसता.

निमाणे कविता जशी जशी संख्येन वाडत आसा तसो तसो तिजो आंवाट आनी आटापय व्हड जायत आसा. आयच्या क्रान्तीकारी विचारांक कोंकणी कविताय जाप दिवंक लागल्या. आयचे काळाचे अपेक्षेचो ती सोद घेत आसा. काळजाचें काळजाकडलें नातें म्हळचार जर कविता तर तो खऱ्यांनीच काळजांतल्यान भायर सरून दुसऱ्या काळजांत रिगूंक पळयता. आनी म्हंणूनच बायलांचें चित्र आज अडेचें उरनास्तना कवींच्या काळजाक सरळ सरळ भिडिल्या घायांतल्यान व्हांविल्या उतरांनी देंवता.

सांगपाचे म्हळ्यार सुर्वेक जरी कवितांतली बायल कल्पनांतलीच रुप-गुण सुंदरी आशिल्ली तरी आज ती जमनीर भोवपी-फिरपी दिसूंक लागल्या हें कवितेचे प्रगतीचें एक लक्षण समजल्यार अतिताय जावंची ना.

**

बायलांनी रचिल्लें कोंकणी साहित्य

संध्या शेटये

गोयचे सुटकेउपरांत कोंकणी साहित्याक चंवर येवपाक खऱ्याअर्थान सुरवात जाली. कवितेचें तर सुमाराभायर पीक हांगासर येवपाक लागलें. तेन्ना 'गद्य जाय गद्य जाय' अशी मागणी जावपाक लागली आनी मागीर कोंकणीत कवितेबरोबरूच कथाय फुडे सरूंक लागली. ह्या कामांत बायलोय फाटीं रावल्योनात. कोंकणी कथेची गिरेस्तकाय वाडोवपाक ताणी मोलादीक हातभार लायलो. डिसेंबर १९७८ वर्सा जयमाला दणायत हांच्या 'कवाशा' चो घमघम कोंकणी कथेच्या मळार पातळ्ळो. ताजेपयलीं ऑगस्ट १९७३ वर्सा शीला नायक हांगेल्लो 'ओली सांज' हो कथासंग्रह उजवाडाक आयलो. तर १९७६ वर्साच्या भर पावसांत म्हणजेच ऑगस्टांत मीना बायचो 'दोंगोर चंवरलो.' भरपावसांत जणूकाय साहित्याचो वसंतऋतू अवतरलो. फेब्रुवारी १९८२ वर्सा हेमा नायकाचो 'पसय' हो कथासंग्रह उजवाडाक आयलो. मे १९८४ वर्सा हेमाचोच 'भायली गोडी' हो एकांकिका संग्रह उजवाडाक आयलो. ह्या एकांकिका संग्रहाआदीं बायलमनशेन कोंकणीन वरयिल्ली पयली वयली नवलिका १९८३ वर्सा उजवाडाक आयली, ती म्हणजेच शांता खांडेपारकर हांची 'अंतरपाट' ही नवलिका.

कोंकणीत कथेच्या मळार बायलांनी दादल्यांइतल्याच

तोलामोलाचो वावर केल्लो आसा. पुणून कवितेच्या मळार वायलो फाटीं उल्ल्यात. नामनेच्या कोंकणी कवींच्या व्हळेरींत बायलमनशेचें एकूच नांव आमकां दिश्टी पडटा तें म्हणजे भौ. विजयावाय सरमळकार. तांचेउपरांत कोंकणी कवितेच्या मळार भरीव अशें काम खंयचेच बायल मनशेन केल्लें दिश्टी पडना. पुणून ह्या दशकांत कोंकणी कवयित्रींचें भिरेंच आमकां दिश्टी पडटा. ह्या कवयित्रींचो प्रातिनिधिक कवितासंग्रह १९८५ वर्सा अपुरवाय प्रकाशनान उजवाडाक हाडलो.

हांवे आतांच उल्लेख केल्ल्या पुस्तकांची एकंदर संख्या आठ जाता. आंविल्ल्या कोंकणी साहित्याचो काळ हो फाटल्या पंचवीस वर्सांचो काळ धल्लो आनी ह्या पंचवीस वर्सांत कोंकणीत उजवाडाक आयिल्लीं एकंदर पुस्तकां धल्लीं जाल्यार वायलांच्या पुस्तकांची संख्या थोडी दिसता. लागीं लागीं तीन वर्सांक एक अशें हे प्रमाण पडटा.

पुस्तकरूपान प्रकाशित जाल्ल्या पुस्तकांचेर जर आमी नदर माल्ली तर एकंदर पुस्तकांत चार कथासंग्रह, एक एकांकिका संग्रह, एक स्वतंत्र काव्यसंग्रह, एक प्रातिनिधिक काव्यसंग्रह आनी एक नवलिका अशी परिस्थिती आसा. म्हणजेच पुस्तकरूपान प्रकाशित जाल्ल्या साहित्यांत पन्नास टक्के कथासंग्रह आसात. म्हणजेच बायलांक कथा हो साहित्यप्रकार चड मानवला.

प्रकाशित पुस्तकांभायर जयंती नायक, सुरेखा तोटेकार, विनंती कांसार, शांतालक्ष्मी कोळंबकार, आणि त्या भायर आनी बऱ्योच वायलो वेगवेगळ्या नेमाळ्यानी कथा बरयतना दिश्टी पडटात.

बायलांच्या साहित्याचें अंतरंग

बायलमनीस ही समाजाचो एक जवाबदार घटक. समाजाचीं सुखदुःखां ताचे हावेस, ताचे उमाळे, ताचे गुणदोष, हाचेपासून ती पयस रावूंक शकना. समाजाचो घटक हे नदरेन ती ह्या सगळ्यांकडेन समरस जाता. जेन्ना ती पेन उखलता तेन्ना ह्या सगळ्यांचें चित्रण तिच्या साहित्यांत जावप स्वाभाविक आसा. ह्या चित्रणाचेर थोडीशी नदर आतां आमी मारूया.

अंतरंग : १ सैम

गोंयांक सैमाचें वरदान लाविल्लें आसा. पांचवोचार सैम, खळखळून व्हांवपी न्हंयो, रूपेरी दर्यादेगो, धोलपी माड आनी माडयो, पांचवीचार शेतां आमची जीण गिरेस्त करता. हो सैम आमकां काव्याची स्फूर्त दिता. आमचे कथेक वातावरण दिता.

'ओली सांज' ही शीला नायकाची कथा घेवंया. हे कथेंत पावसांत न्हावन वोत येता. तें भांगराभशेन लखलखता. माडांचे कळस हालतात धोलतात. फुलां पावसाचे थेंव एकठांय करून दवरतात. त्या थेंब्याची मोतयां जातात. वाटेवयल्या तळ्यार वारो सुंदर रांगोळी घालता.

'सतार' कथेंत झाडापेडां न्हिदतात. तांचेर चान्ने लिकलिकता. वारो हुस्वास घेता. माडांची न्हीद चाळवता, दर्या मात न्हिदना तो ल्हारांच्या हातानी चान्ने धरूंक धांवता.

'दोंगर चंवल्ला' हे मीनावायचे कथेन 'पिसोळें' गांवाक अजरामर करून दवरलां. हांगासर गांवाचेर काळखाची साय मांडटा. गोठ्यांत परतुपी गोरवांच्यो घांटी कानात किणकिणटात. शेणाची घाण नाकांत वता. आमटगोड रूच आशिल्ल्या काण्यानी दोंगर भल्ला. रेंदराचे सुरूय कथेंत दिश्टी पडटात.

चड रात जावूना. काळोख मात उपाट भल्ला. मळबांत एकूय नक्षत्र दिसना. चुकूनमाकून लेगीत काजुलो लिकलिकना. पावसांत ओली जाल्लीं झाडां वारो येतकच आंग शिरशिरायत उदका थेंव फाफुडटात. रात सुकण्यावरी कुडकुडटा. ('मास्तर म्हणटा')

पावस निखतोच आसरला. आंगणात वरो दाट रेबो जाला. (बापुय न्ही तो आमचो ?)

वत सामकें रखरखता. आम्यारूखार चंवर आयला ताच्या पानात लिपून कोगूळ गायता. बांयचेकुशीक केळी आसात त्यो व्हियेल्यात हातभर लांब घड तांबडीं बोणां हालयत लामतात. (वायस)

किण्ण रात, भीण्ण काळोख, पावसाचो ओलो स्पर्श, रातकिड्यांचे

बेजारील्ले सूर, त्या तालार पिरगुपी वातावरण (अपुरवायेचें).

गोठ्याच्या पांख्याखाचीतल्यान भीतर सरूंक लागपी फातोडेचो हयन्ह्यसो उजवाड. पांखा फडफडायत चिवचिवपी सुकणीं (गोरवां).

बायलांनी आपल्या साहित्यान वातावरण निर्मितीखातीर सैमाचो कसो उपयोग करून घेतला तें आतांच दिल्ल्या उदाहरणावरसून स्पष्ट जाता.

अंतरंग : २ 'बायलांच्या साहित्यांत बायलांचे सामाजिक परिस्थितीचें चित्रण'

आमची संस्कृती ही पुरूषप्रधान संस्कृती. हेर पुरूषप्रधान संस्कृतीन बायलांचेर अन्याय जावपाचींच उदाहरणा चड. ह्या अन्यायाचे पडसाद बायलांच्या साहित्यांत दिसल्याबगर कशे रावत, ?

शीला नायकांच्या 'खेळ,' 'श्राप,' 'अशीच एक दनपार' ह्या कथांकडे पळयात. चलयेमनशेन अशेंच वागूंक जाय, तशेंच वागूंक जायना असो आमच्या समाजाचो जो पारंपारिक समज आसा तो ह्या कथांनी दिश्टी पडटा. 'खेळ' ह्या कथेतल्या अंजूचे हरशीं खेळपाचें, वाचपाचें वय, ताका ताची आवय 'घोडी' म्हणटा ताणे धांवचेल्यानी खेळप तिका मान्य ना. चलीमनीस तूं म्हणून तूं चली, तूं चली, तुवें अशेंच वागूंक जाय हें ती आपल्या चलयेच्या मनार बिंबयतना दिश्टी पडटा. 'श्राप' हचा कथेनून असोच एक पारंपारीक समज दिश्टी पडटा. हेमाची आवय हेमाक सांगता बायलमनशेक दादल्याचो आदार घेवचोच पडटा, दादल्याबगर बायलमनशेची जीण ही जीणूच न्ही.

'अशीच एक दनपार' ह्या कथेंतल्या छायाक पाडापडिल्ल्या, अरवळा, मेल्ल्या असल्यो गाळी पडटात. ताची आवय म्हणटा चलयेमनशाचे जातीक चड शिकून कितें करपाचे आसा ? घरांतली कामा शिका पयलीं.

दादल्यांचे सोऱ्याचें व्यसन हें बऱ्याच बायलांचो संसार उध्वस्त करपी कारण. 'कुकमांक आधार,' 'बेनुल्ल' 'रंक्तसांवार' ह्यो हेमा नायकाच्यो आनी 'रक्तबंवाळ पावलां', 'अशीय एक जीण,' 'निमणे बंड'

ह्यो जयंती नायकाच्यो कथा सोऱ्याक लागून बायलांच्यो जाल्ल्यो हालअपेष्टा दाखयतात.

'कुकमांक आधार' हे कथेंतल्या बायलेचो घोव सोरो पियेता, संसाराक मदत करीना. ती फणयो लातां विकून संसार चलयता. वयरसून तो तिका मारता. 'बेनुल्ल' कथेंतल्या अंजलीचो घोव दिसाक पांच रुपये जोडटालो आनी अर्धो दुडू सोऱ्याक मोडटालो. रातचो सोरो पिवून तिका मारतालो. घोव मेल्या उपरांत तिका भीक मागून आपल्या लग्न जाल्ल्या धुवांक आनी जांवयांक लेगीत पोसचो पडटा.

'रक्तसांवार' हे कथेंतलो बेबदो बापुयूच आपले चलयेचेर वळजवरी करता.

'रक्तबंबाळ पावलां' हे कथेंतल्या गंगाचो घोवूय सोरो पिता. संसाराक मदत तर करीचना वयरसून बायलेकडसून पयशे व्हरता. परिस्थितीचे भकीक पडून पुताच्या वखदांखातीर ताका आपली कूड भष्टावन घेवची पडटा.

'अशीय एक जीण' कथेंतल्या यमुनाक पांच भुरगीं. ताचो घोवूय संसाराक मदत करीना. जोडील्ली जोड ताका पावना. फक्त बायलेचो भोग घेवन भुरगीं जन्मांक घालप ताका खवर आसता.

'निमणे बंड' हे कथेंतलो रूपो लग्नाचे पयलेच राती घर मोडून वता. दर रात घराभायर सारता. सगुणे वाबडें लग्न जावनूय आंकवांरूच उरता. जाण्टेपणात सोऱ्याचें व्यसन घेवन तो सगुण्याच्या माथ्यावयलें एक वजें जाता.

दादल्यान बायलेक फटोवप ही तर आमच्या समाजाची नित्याचीच गजाल. 'सुटकावाट,' 'दीस गेले,' 'सुखाचो सुगुर्वो' ह्या हेमा नायकाच्या कथांनी ही फटवण स्पष्ट दिश्टी पडटा.

'सुटकावाट' हे कथेंतलो घोव पळयात. तो आपलो हेत स्पष्ट पणान सांगता 'ना वासना हांवे ह्या आदींच भागोवन घेतिल्ली आसा तुजेंकडेन लग्न जालां तो समाजाक फटोवपाखातीर. आमच्या ब्लॉका-फाटल्यान एक बायल आसा. तिचेकडेन म्हजो संबंध आयला आनीक तिका एक भुरगेंय आसा. तूं फक्त म्हज्या हक्काची बायल, हे परीस्थितीक लागून मंगलाक पिशें लागता.

'दीस गेले' हे कथेंतलो अवधूत रेखाकडसून ताका लग्नाची आस दाखोवन जाय तें सगळे वसूल करता. ताका जाय तशें भोगल्या उपरांत आपली जात, आपली इज्जत ताका येवजता आनी ताचेर गुरवारपण लादून दुसऱ्याकडेन लग्न जाता.

'सुखाचो सुगुर्वो' हे कथेंतलो रमाकांतूय जेनियाक फटयता. ताका दीस गेल्याउपरांत ताचेकडेन लग्न जावपाक न्हयकार दिता. जेनियाचो भाव फोर्सान दोतोराकडल्यान ताचें ऑपरेशन करतात. बायलांच्या भावनांक किंमत न दिता तांकां भोगवस्तू हे नदरेन पळोवपाचीं उदाहरणाय आमकां बरींच दिश्टी पडटात.

'आवयपण' (हेमा नायक) हे कथेंतल्या सविताची पर्रिस्थिती पळयात. लग्न जायत सावन सविता परकी दादल्याकडेन उलोंवक ना. घरांत घोवाचो इष्ट आयल्यार ताका भायर येवपाक बंदी आसा. तें आवयपणाक आशेता. पुण बायटेराउपरांत ताचें रूप इवाडत म्हणून ताजो घोव ताका भुरगीं जांवक दिना.

विधवा बायलेंक तर आमचो समाज वेगळेच नजरेन पळयता. 'पोरसू परतून फुलता' (हेमा नायक) हे कथेंल्यात कांचनाच्या फाटसून लोक कितें उलयतात ते पळयात. "लांवसट गे बाये, फातराच्या काळजाची. घोव मेल्ल्याचें इलेंल्य दुःख ना. कांचन राजनिशाक हांसल्यार एक बायल दुसरे बायलेक कोपर मारता. तें जेन्ना दिनेशाकडेन लग्न जाल्लें तेन्ना लोकांनी म्हणलेलें "धा वारा जाणाचो मोग चाखून अखेर दिनेशाची निवड केली."

चलो आनी चली हांचेमदल्या साध्या इश्टागतीच्या नात्याकडेन सुद्धां समाज संशयान पळेता. चलो आनी चली हांच्यामदीं भेद न करता तांचेकडेन इष्टागत करपी 'घाय पेकलो' (हेमा नायक) हे कथेंतल्या दीपाक ताच्यो इष्टीणी कडेक दवरतात. तीं म्हणटात "चलयेन खरें एकाच चल्यांवरोबर नाचल्यार सोबता. इतल्या चल्यांवरोबर वांगडाच नाचप बरें दिसना. वास घेवन पळयता काय कितें गो हो वरो काय तो बरो तें. चलयेन सदांच चितून वागपाक जाय हुमरो हुपचे पयलीं खूप विचार करूंक जाय. चल्यावरोबर ओगीच अशें फ्री वागूंक उपकारना."

असहाय वायलमनशेचो फायदो घेवन नामानिराळे रावपी दादलेय आमकां समाजांत दिश्टी पडटात. 'बोकें' (जयंती नायक) हे कथेंतल्या केसराचो भोग घेता वयरसून ताकाच मारून वयनी ताका घरांतल्यान धांवडून दिता.

वय वाडलेल्या व्हंकलांकडेन समाज तिरसट नदरेन पळयता. 'स्वीट ड्रीम्स' (मीना काकोडकार) हे कथेंतलें गुलू वय वाडलेल्या व्हकलांचे प्रतिनिधी. ताच्यो व्यथा, ताचे दु:स्वास आमचें लक्ष वय वाडिल्ल्या व्हकलांच्या प्रश्नाकडेन ओडटात. तांचेभीतर निर्माण जावपी कॉम्प्लेक्सा संबंधान आमकां चिंतूंक लायतात.

'तशोय गाळी' (मीना काकोडकार) ही कथा पळयात. हांगासर आमकां चलयासंबंधान समाजाक आशिल्ली नावड दिश्टी पडटा. जेन्ना जेन्ना शेवतुल्याक चली जाता तेन्ना तेन्ना सोयरूक गाळी पडटात. चल्याखातीर ताका चार बायटेर येतात.

'मास्तर म्हण्टा' (मीना काकोडकार) हे कथेंतलें अमृते हें अशिक्षित आनी गरीव बायलमनशेचे प्रतिनिधित्व करता. तांचे व्यवहारवादी तत्वज्ञान आमकां अमृत्यांच्या तोंडानसून आयकूंक मेळटा.

आपल्या व्हडल्या चल्याचे मतींत मास्तर नाका आसलेलें घालता अशें ताका दिसता . कथेंत निमाणेकडेन तें म्हणटा "मास्तर तुवे म्हाज्या चेडचाक इबाडलो, सामको इबाडलो."

रूपापरस गुण चड म्हत्वाचे. पुण आमचो समाज रूपाचेरूच चड भाळटा. 'अंतरपाट' (शांता खांडेपारकार) नवलिकेतलें कला रूपान वरें दिसना म्हणून ताच्या आवयचो आनी बापायचोय मोग ताज्या वांटचाक येना. कसलोय कपडो वा रिबीन हाडटकीच ताची भयण मंगल जी बरी दिसता ताका पयलीं जाय तें दिवून उरीलें रेस्त कलाक मेळटा. कला, उलयल्यार ताजी आवय ताका 'पुरो गो भजरा' म्हणून ओगी करता. एकंदरीन सबंद नवलिकेंत ताच्या रूपाक लागून ताका मेळपी सापत्नभावाची वागणूक दिश्टी पडटा.

आयची वायलमनीस नोकरी करून संसाराक हातभार लायता म्हणून तिच्या माथ्यावयल्यो थोडचोतरी जवाबदाऱ्यो कोणूच ल्हव करूंक पळयना. "प्रॉब्लेम" (जयमाला दणायत) हे कथेंतले नीरा

समीराक लागून घोवाक एक दीस घरा राव म्हणून सांगता पुण तो म्हणटा "नीरा तुका हजारदा सांगलां हांवे ही घरची काचकिसांवा म्हज्याम्हज्यांत हाडू नाका म्हणून."

'आंकवार मोरी' (जयमाला दणायत) हे कथेंतले सुमित्राबायक तिच्या जीवनांतल्या अपघाताक लागून अखेर सुनेच्या संसारातसून सुद्धा काडून वचचें पडटा.

एकंदरीत बायलांच्या साहित्यांत वायलांचे दयनीय अवस्थेंचें चित्रण दिश्टी पडटा.

अंतरंग : ३ आवयचो मोग

वायलमनीस ही सगळ्यांत पयली आवय. 'चीट येउना' (मीना काकोडकार) 'तळमळे' (मीना काकोडकार) 'अपुरबायेचे' (मीना काकोडकार) ह्या कथानी आवयचो मोग दिश्टी पडटा.

वायलांच्या साहित्यांत वायलांचें सामाजिक परिस्थितीचें जें चित्रण जालां त्या चित्रणातल्यान वायलांचे बरेचशे प्रश्न स्पष्ट जातात. दादल्याची वर्चस्व गाजोवपाची वृती, ताचीं व्यसनां, वायल ही एक भोगवस्तू हो समाजाचो समज. हुंड्यासारख्यो रूढी हचा सगळ्या कारणांक लागून बायलाची जावपी कुतरओढ, तांचे एक्स्पलोयटेशन वऱ्याचशा प्रमाणान चितारपाक आमच्यो लेखिका जैतिवंत जाल्यात अशें आमच्यानी म्हणू येता. पुण तरीय वऱ्याचशा प्रश्नांक वायलमनशानी हात लायिल्लो दिश्टी पडना. वदलत्या समाजाचे प्रश्नूय नवे नवे आसतात ते नदरेन हे नवे प्रश्न हाताळपाचो यत्न जावपाक जाय. ड्रग हो समाजामुखावयलो एक नवो प्रश्न. ज्या वायलांचें साहित्य हांवे वाचलें, तांतून म्हाका एकूय ड्रग ॲडिक्ट चलो दिसलें ना. हचा विषयाक कोणे हातूच लावू ना. आमच्या समाजांत ड्रग ॲडिक्ट चलयो नात अशें न्हय. प्रमाण घडये खूप थोडें आसत. आमच्या कॉलेजीनी ड्रग पावल्यात हे आमी विसरूंक फावना.

टुरिझम ही इंडस्ट्री म्हणून आमी स्विकारल्या. हे इंडस्ट्रीक लागून नवे नवे प्रश्न उपरासल्यात. आर्थिक परिस्थितींत घुस्पल्ल्या

चलयांचो बाजार हे इंडस्ट्रींत जाता, हें आमी न्हयकारूं शकनात. त्याय विषयाकडेन आमी नदर मारूंक जाय.

किरिस्तांव समाज हो गोंयचो एक म्हत्वाचो समाज. ह्याय समाजांतल्या वायलांचे साबार प्रश्न आसात. घोव भायल्या देशांत आसप आनी वर्सांची वर्सां पयस उरप ही परिस्थिती आनी साका लागून निर्माण जावपी प्रश्न त्या वायलांची मानसिक आंदोलना ह्या विषयाकडे कोणे गंभीरतायेन पळयिल्लें दिश्टी पडना.

कोसळती कुटुंवव्यवस्था, घटस्फोट, ह्या कारणांक लागून ल्हान भुरग्यांक जे त्रास सोसचे पडटा, तांचे जे विकळाप जातात ते खंय दिश्टी पडनात.

विसाव्या शतमानाच्या निमाण्या दसकाच्या सामकें लागी आमी पाविल्ली आसात. २१ वें शतमान आमच्या मुखार साभार प्रश्न घेऊन उबें रावपाचें आसा. ह्या प्रश्नांची सुलूस, तांची विसकटावणी, ताजेवयले उपाय हांचे वेध आमच्या साहित्याक एन्नादरूच लागूंक जाय.

एक गजाल आमी मतींत दवरूंक जाय. 'वायल' म्हणून आमी वायलांचे प्रश्न वरे हाताळूं शकतात हें खरें, पुणून जेन्ना एक वायलमनीस हातांत पेन घेता तेन्ना ती वायल, वायल उरना. ती जाता एक साहित्यिक तिणे आपल्या लेखनाखातीर वायलांच्याच प्रश्नांची शीम घालून घेवप म्हाका बरोबर दिसना. अशें घडल्यार वायलमनशेचे साहित्यिक प्रतिभेचेर बंधना पडटलीं. वायलानी आपल्या साहित्यांत वायलांच्या प्रश्नांक योग्य तें स्थान दिवचेंच पुणून खंयच्याय विषयाचें बंधन मात घालून घेवचें न्ही.

वायलांच्या साहित्याचो फुडार

वायलांच्या साहित्याच्या फुडारासंबंधान जेन्ना हांव येवजीतां. तेन्ना कांय प्रश्न म्हज्यामुखार येतात. ते म्हळ्यार ज्या लेखिकांचे कथासंग्रह, कवितासंग्रह, नवलिका उजवाडाक आयल्यात तांचे दुसरे तिसरे संग्रह कित्याक उजवाडाक येवूं नात ? तांच्या वरोवपाक

वाचप्यांकडसून बरो येवकार मेळूना ? कांय तांच्या बरोवपाच्या कामांत आळस रिगला ? कांय संसाराच्या जंजाळात त्यो घुस्पल्यात आनी तांकां वेळ मेळना ? हे प्रश्न हांव तुमचेखातीर दवरतां आनी फुडें वतां. वायलांच्या साहित्याच्या फुडाराचे नदरेन ह्या प्रश्नांचेर खोलायेन विचार जावप गरजेचें आसा.

"अप्रुप" काव्य संग्रहाच्या 'फुडाराची सुलूस' ह्या संपादकियांत संपादक म्हणटा "कोंकणी काव्य शारदेच्या आंगणातली ही रांगोळी. तिगून उरतलीच म्हणपाची कोणाच्यान खात्री दिवं नजो त्या कलाकारांच्या हातानी मुखावयल्या काळांत बऱ्यो साहित्यकृती घडूंक पावत." ही रांगोळी टिकून उरतलीच म्हणून संपादक आत्मविश्वासान किद्याक सांगू शकनात ? मुखावयल्या काळांत तांच्या हातातसून बऱ्यो कलाकृती घडूंक पावतल्यो, हो आत्मविश्वास किद्याक दिश्टी पडना ? आमची साहित्यिक प्रतिभा उखलापी बी ना मू ?

वायलांची कथा ही दादल्यांच्याच तोलामोलाची आसा पुण कवितेच्या बाबतींत आमी फाटीं आसात. आमच्या कवयित्रीनी चिंतन, वाचन आनी मनन करप हें गरजेचें आसा, अशें म्हजें स्पष्ट मत आसा

संसारांत पडल्याउपरांत वायलमनशेचे प्रतिभेक सुकती लागलेली खूप फावटीं आमकां दिश्टी पडटा. आयच्या साहित्याचे फुडाराचे नदरेन ह्या संबधानूय चिंतप खूप गरजेचें आसा.

कोंकणी लेखिका कोंकणी साहित्य सरस्पतीच्या आंगणात आपली खाशेली अशी सुवात निर्माण करतलीं जाल्यार ताणी तपश्चर्या आनी साधना करचीच पडटली. साधनेवगर बयले पावणेचें साहित्य निर्माण जावप कुस्तार हें आमी विसरूंक फावना. आमी कथा, कविता, एकांकिका, नवलिका बरयल्यात पुण आमचे भीतर एक नाटककार ना, आमी प्रवासवर्णना बरोंवक नात, आमी चिंतनशील साहित्याकडेन दुर्लक्ष केलां. हाची जाण आमी सदांच दवरूंक जाय आनी ते नदरेन यत्न करूंक जाय. रविंद्रबाबांचे महाभारत, दामोदर मावज्याचें कार्मेलीन पुंडलीक नायकाची नाटकां, मनोहर सरदेसाय, र. वि. पंडित हांचे काव्यसंग्रह हांचो आदर्श आमच्या दोळ्यामुखार घेवंक जाय. आमी आमचेभीतर अल्पसंतुष्टपणा येवपाक दिवंक जायना. आनी आजून कोंकणी लेखिकेक साहित्य अकादमीचें इनाम मेळूंक ना ही घट वरी याद दवरून आमी आमच्या फुडाराचीं पावलां मारूंक जाय. ※※

With Best Wishes From :

LAXMI STORES

Metal Merchants
Kapadi Building
Curchorem - Goa
403 706

With Best Compliments From :

**Shri Janardan
R. S. Kudchadkar**

Curchorem - Goa

With Best Compliments :

G. V. Wavikar

Shambhavi Industrial Packing
Manufacturers of
Corrugated Boxes & Sheets
Factory : D2/3 Kakoda Industrial Estate
Curchorem - Goa
403 706

With Best Compliments From :

**Damodar Machines
&
Tools Co.**

251 Mahatma Gandhi Market
Margao - Goa
Dealers For : **Carborundum
Abrasives & Fenner V — Belts**

With best Wishes From :

**Sanguem Quepem
Correspondant's
Association**

मेसर्स ममता स्टील सेंटर

पितूळ, तांबें, आलीमेन आनी
स्टीलच्या आयदनांचे वितरक
अहिल्या विष्णू बिल्डींग,
मोडेल अंग्लीश हायस्कुलाकडेन
मडगांव – गोंय

With Best Wishes From :

**THE PROGRESS
COMMERCIAL INSTITUTE**

Curchorem - Goa

'चिलंगी' अशीच परमळूं !

बी. जी. जैन

(सगळे तरेचें शिवणिचें सामान)
न्यू मार्केट
(नित्यानंद ट्रान्स्पोर्टा मुखार)
फोन नं. : २२६६८
मडगांव - गोंय

पलायन

सुशीला टी. भट्ट

कथा

"अनीक एकु दीसु सरी ह्या घरकडे रावचें सम न्हय. ह्या कारागृहान्तु थाकुन निकळूक वाट चोवंका." खटळचार पडून रम्मय्य मामान लेकलें. "धा जणाली आवसु कट्चार" ही एकी म्हणी कोंकणीन्तु फूडे धोरनु आसिल्ली. आज मिगेली गतीय तशीच जाल्या. तेगजाण पूत. विद्यावन्न, व्होड उद्योगस्थ जावनु भारताचे प्रमुख तीन शहरांत जीवन कडताय. एकलीच धूव व्होड एक डाक्टराली बायल जावनु अनियेक शहरांतु रवता.

सर्व चेरडूवंय कुल-कुटुंब जावनु सुखान असाय. भारी कष्ट-नष्ट भोगून तां तांका वाडोवनु ऊंच काडिल्लीं. जल्यार आज ह्या बपसूली स्थिति एकलो पुणीय मनांतु करना. हें कांय अनुमसूक राबनात्तिल्लें मोरनु गेलेली चंपी भाग्यवंती. कित्या म्हळचार पुत्तानीं, सुन्नानीं, नतरानी कोरची चूकी सहन करूक तिका शक्ति जावन्ना असिल्ली. हांव जन्म-जन्मांतु व्होड पाप कलोलो प्राणी. त्या खतीर ह्या जन्मांतु असलें दुःख भोगीतां. ह्या म्हंतरयालो उडगासु यमकाळाकय येना. कितूले तरणे-तरणे प्राण तो तुण्टोवनु व्हरता.

चिन्तेन्तु थाकुन मुक्त जावनु रम्मय्य मामु उटायलो. वरां कोरंड्यार चोयलो. पांच वरां जालीं. ओ ··· आज अत्तंय मका एक कप चाय हाणु दिवचाक कोणाक जालेना. नत्तुरां दोगयं कोळेजान्तु थाकुन पोरतून पाविल्लीं अस्तलीं. स-साढे स वरार पूतूय पवंतोलो. आज सुन्नेक मिजेर कोपु आयिल्लो आसा. बद्ध. हावें तिजे तोण्डारी चोवनु इचारलेलें तिका सहन जालेलें आसुन्ना. मनांतुले खत-खते मका तिजे लागी विकरांवका जालें. सहन शक्तीकय एक परिधि असा न्हवें ?

पोसुच्चे सूण्याक दिवंचो मानु सरी ती मका दीना. चेरडूवांकरयान कोपटाळां करयता. पूत मगीर कांय नेणतां "देवु" जावनु तो ह्या घरकडे दीस कडता ताका केदणाय चोयल्ल्यारीय अफीसान्तुलें कामच.

जेलातुले बंदी मणकें असिल्लें जीवित. कामाचे चेरक्याक मिजरी असुचें ममत्व सरी सून दाखयना. हंगा येवनु आठ मास जाताय मात्र. बाकी दोग जाण पुत्तांली करणी जाल्यार हंचाकय पाष्ट. पुत्तांगेले, सुन्नांगेले स्टाटसाक हांव म्हंतारो-गंवार योग्य न्हय. माका बपूसु म्हणूक तंकां लज्जा दिसता. आज देनपारां

जेवण वेळार सुन्नेन मिजलांगीं उल्लेयलेलीं उत्तरां मिजे मनांतु एत्ताय मू देवा ! "शहरान्तुलो रीति-रिवाजु खुशी न्हय जल्यार हंगा, अमकां लगेन बांध दिवंचाक कित्याक अयलो जरडचा ? पुत्तान उळदीलो जल्यारीय अयलो कित्याक ? थंगा गावान्तूच पडून मोरूक नज्ज असिल्लें वे ? कोणे तुका पालकी व्हेल्लेली ? चौढोवनु हंगा हाडूक ? हांव मिगेली खुशी तकीत जीवन कडतलीं. चेरडूवांकय वाडेयतलीं. परिष्कारू तुका नक्का जल्यार तू दोळे धांप. अमी मांसय-मर्कडय खातलीं. अमगेलो आहारू तुका लागना जल्यार उपासी पडून मर. अमी अळ्ट्रा मोडण जात्तलीं ना जाल्यार ताजे पेल्यान जात्तलीं. तुका नष्ट कसले ?"

"हो ... तूं ... तूं ... तूं ... करनू तिगेलें उलवप ! संख्या – मर्याद नात्तिल्ली. अत्तं नवें तिगेलें विश्वरूप मनांतु जाता. हे ... भगवन्ता ... मिगेली चंपी. पाप. मिगेले म्हलगड्यां लागी कितूले मोगान, मानान, खलपणान ती उलयताली ? हा ! देवा ! तेदूस माका ही पिशपणाची बुद्धि आयली दिकून न्हवें हांवें आज ह्या होमान्तु पोडका जालें. पुत्तान कितूलो निर्बन्धु केल्यारीय हांवें मिगेलें घर सोडून हंगा पुत्ताथंय एवचाक नज्ज आसिल्लें. हांवें मिगेलेच घरांतु, मिगेलेची गावान्तु पोडूनु जीवन काडका असिल्लें. अनीक अस्तां तें सग्गा उलोवनु कोरनु कसलो लाभु ?"

"अवसूले मरण क्रियेन्तु भागु घेवंचाक सरी बाकी दोग जाण पुत्तांकय फुरसत मेळनय खंय. तांका भारी उत्तरदायित्व आसिल्लें काम दिकून लीव मेळनय खंय. मोरची म्नीषी मोरनु गेली न्हवें ? अन्त्य कर्मान्तु, मरणानन्तर क्रियेन्तु अनीक कसलो अर्थु म्हुण ते बरपारी निमगीताय, क्षमापण निमगून दोगानीय बपसूक बरयलें. एक कार्य लागेन तानी बरेयलें कि रवि अण्णाकय लीव मेळनय जाल्यार अमगेले अनुमतीचे बलारी अम्माली मरण – क्रिया सग्गी बप्पानच चमकयल्यार पूरो खंय. तें वाचून मिजे मनांतु अनुभव जालेलें दुःख ! पाप. तेग जाण रणशूर सी पूत अस्तना बमणान बयलेली मरण – क्रिया कोरका खंय. तंगेलें मन पत्थरान सी दिसता देवान सृष्टि केल्यां. कशीय जावो म्हलगडे पुत्तान पुणीय समयार पावनु कर्म सर्वय केलीं. अवसूक पोट व्हाविल्ली कूली दिल्ली."

तेदूस म्हालगडे पुत्ताले निर्बन्धाक आधारू जावनु ग्रामातुलें घर भाड्याक दीवनु ताजे ओट्टु मेळनु हंगा

With Best compliments From :

P. KUMARAN

P. W. D. CONTRACTOR
House - THRIPTI
Ponda - Goa
Phone : 326

With Best Wishes —

Shree Polymer Products

Manufacturers of Rubber Oil Seals, 'O' Rings, Diaphragms, Cords, Linings and Rubber Products for all Industrial, Automobile and Mining Applications.

G. K. NAVELKAR
Managing Partner
Plot No. 27, IDC Industrial Estate,
Bethora, Ponda, Goa 403 401

शहरांतु येवनु राबुका जालें. कोणालागीं कांय पुणीय आलोचना करूक जावो, स्वताक एक निश्चयु काडूक जावो योग्य न्हय आसिल्ली तावळची मिजी मनोगति. चंपेले मरणान आयिल्ले नष्ट बोधान मिगेली बुद्धीच विकल्प जावनु गेली. कांय चिन्तन करूक, निश्चयु काडूक जावनात्तिल्ली एक तराची अवस्था.

आलोचना हीन जावनु तेदूस केल्लेले प्रवृत्तीचें फल अतां भोगीतां. मिगेले पिशपणान मकाची दोषु जालो. हांवें मिगेलें जन्म-स्थल सोडून एवचाक नज्ज आसिल्लें. बन्धु बांधवाले, सेजारचे जनांगेले सहायान थंगाच एकलोच जीवन काडयात आसिल्लें. धा मास पोट व्हावित्ले अवसूक वोळकुनत्तिल्ले पूत बपसूक कशी वोळकतले ? एकु ना एकोलो जीवन्त अस्तना तिका अन्तिम दृष्टि घालूक पावलेनाय. बरपां, फोण, टेलग्राम सगटय समयार समयार दिल्लेंलें. उत्तर राबुमित्तर पुत्तांकच उळदून आसिल्लीं तेदूस तें दिखून मनांतु उत्तूलें दुःख जालेलें. धूवय मेल्लेले उपरान्तेच पावल्या. तिकाय बमणाक, चेरडूवांक सोडून एवचाय जाल्लेना खयं. धूवे व्हरडीकेक अम्मान जायें दिल्लेना म्हुण एदे काळ धोर्नु तीवय कोप्पान आसिल्ली. पांच पवनाचो सोरु अय्येन नत्तीक दिल्लो. धूवे मनांतु तें नुप्पूरो, वीस पवनाचें पुणीय दीवका आसिल्लों खयं."

टिन-टिन-टिन ... कांळिग बेल वाजल्यां. "पूतु आयिल्लो अस्तलो. चोवयां. साधारण एवचे गदीच तो मिगेले कूडान्तु एत्तवे म्हूण चोवयां. ताजे लागीय मका आज स्वल्प उलोंवका." रामय्य मामान कीशान्तुली पुडियेची डब्बी कांडली. एदी पुडी हुंगीली. दोन-चार शींक आयल्यो. चाय पीवनातिल्ल्यान जंमई एवच्याक लागल्यो. हूँ पोळवयां. खंय पर्यंत पावन्ता म्हुण.

राती णव्व घंटचो वाजल्यो. कुरवंतालो रम्मय्य मामु जागो जालो. वासरयांन्तु थाकुन पुत्तूय, बायलय चेरडूवंय मेळनु जेवण कोरचो गोन्दाळु आयकूक पडता. ओ ... मका कोणे जेवंचाकउळळो दिलोना मू ? कि हांवे निद्देलो म्हुण लेकून तीं परतून गेली मी ? कशीय जावो. एद्दे घडियांक लागेन राकुयां.

घर सगळेंच निशब्दु. सगटंय निद्देली. हो इत्तूली अवगणना ? हाय मका ह्या घूडान्तु थाकुन उब्बून स्वतंत्र जावंका.

रम्मय्य मामु उठायलो. वरां साढे इखरा. बळब जोळनूच असा. मेजाचें गावेत वोडीलें. चाळीस वर्षां पर्णो वरांकोरण्डो हाथाक बन्धीलो. चोगो घालो. धोती न्हेस्सीलो. कवड विसकळावनु भायर अंगणान्त देवलो. मनान्तु लेकीलें "आठ मासांचो कारागृह वासु अत्तंचान अन्त जालो. ओ ... दुडवांक इत्तें करतलों ? झट जावनू हाथाची पवित्राची मुद्दी दृष्टिनु पडली. पंचत्ताळीस वर्षां फूडे चंपेले बापान विवाह-मण्डपान्त दोवोरनु बोटाक धल्लेली. मागीर तोडोवु केलो ना. रेलवे-स्टेषनाक लक्ष्य कोरनु रम्मय मामू मुकारी चमकीलो.

**

With Best Wishes From :

CASA COLLASO

Book Stall

Dealers in — Exercise Books, School Text Books. Indoor games Pra. Gift Articles, Novels, Greeting Cards for all occasions, Magazines give you a good start in General Knowledge.

Prop - D. P. Collaso

With Best Wishes From :

Ceajay Rubber Works

D3 – 3 Bethora Industrial Estate,
Ponda-Goa 403 401

दुस्मान

शांता कंटक

कथा

म्हजें नांव सुगंध. म्हाका वळखनात तुमी ? अजापाची खबर. चली वाडून उरतगर सगळ्यांच्यो नदरो तिचेर वतातच न्हय ? म्हाका आवय, एक भाव, दोगी भयणी आसात. ना तो बापूय. तो भायर पडल्यार एक वर्स एक म्हयनो जालो. आवयची आनी म्हजीं सदांच झगडीं जातात, लग्नावेल्यान.

– पस्तीस वर्सां जावन गेलीं. पुण आजून लग्नाचें नांव घेना.

आवय तिडकता.

– ही तुजी चड अपुरबाय, म्हण तें चड शाणेपणां सांगता.

भावाचें उज्यांत तेल ओतप जाता.

– आनी अशोच खंडी काडत रावलें जाल्यार फाल्यां आनीक न्हवरे भोव मेळटात ?

भावजय उलयता. सगळें आयकून हांव ओगीच राव. शाण्यान खंय पिश्यांकडेन गांठ पडटकच सदांच तोंड धापचें, अशें सांगतात.

हांव म्हजें काम करीत आसतालें. विणपाचें, भरपाचें, शिवपाचें. आमचें घर पळयलां तुमी ? ना ? घरभर रंगीत तरेकवार कपडे, मरिल्ल्यो चादरी, उशा पोतयो दिश्टी पडटल्यो. सगळें सगळें हावें केलां. भावाचें मोगांत पडून लग्न जाल्लें, थंय मागीर भरप विणप खंयचें ? घरांत जेन्ना शेजारीं भावजेची शिवण म्हण पळोवंक आयलीं तेन्ना आवयन अचळय काडून हावें केल्ली शिवण दाखयली. म्हज्या तोंडांत आयिल्लें, हिचें फटींगपणाचें कर्तुप सांगचें म्हण. पुण लजेक म्हारग जायत म्हण वोगीच रावलें हांव. भावज बरी 'खू' करून हांसली. आवयन म्हळें,

– सुगंधाभशेन तिणेय शिवण तोखणायेचीच केल्या.

म्हाका एकेवटेन राग येतालो. दुसरेवटेन पुतांच्या बायलांक आवयो कशो सांबाळटात तें पळोवन हांसूंक येतालें.

घरांतलें वातावरण तापतालें ते फकत म्हाका लागून. सिर्वीस करता थंयच लग्न जावपाची म्हाका उमेद आसली तेन्ना जुस्तच आवय मदीं पडली. तिणे म्हळें,

– जातीभायल्याकडेन लग्न जावपाची गरज ना. लग्न जायनासतना उल्ल्यार जाता.

– अशें लग्न जावच्यापरस जीव दिल्यार चड बरो. फाल्यां आमकां नाक कतरून वडोवचें पडटलें. चार

चौगांत भोंवंपार्क - घुंवपाक आमकां जागो उरचो ना. बापायन म्हळें, व्हडल्या दोगूय भयणिनी 'हय तर' अशें म्हणून गणसाबैलासारक्यो मानो हालयल्यो. तांचीं हीं सगळीं विद्वानपणां आयकून म्हजें काळीज शेळेलें. मोग फुलच्या आदीं बावलो. आनी मागीर हावें, भावान वो भयणिनी कोणेय म्हाका :हवरो म्हण हाडटकच ताचे गूण पळोवंक सुरवात केली. हाकाच लागून आमगेर झगडीं जावपाक लागलीं.

मावजेक तर केन्ना एकपावटी म्हजें लग्न जावन 'ही पीडा गेल्यार पुरो' अशें जावपाक लागलें. तिगेर आजून मुरगें जावंक नासलें. कित्याक म्हण हांव नकळो. आवय सदांच सगळ्या देवांक 'वंशाक एक दिवो लाय' म्हण आळयतालीं. मुरगें जाल्लें जाल्यार ताका खेळोवंक आयती नणंद मेळटली आसलो न्हय. तातूंत म्हजी सिर्वीस म्हणटा ती अर्द दिसाचो. हांव शाळेंत शिकयतां 'मास्तरीण जाल्या म्हण आमकां शिकोवं नाका. तूं आनी त्या मुरग्यांक कितें शिकयतलें म्हण देव जाणा बाबडो त्या मास्तराकडेन लग्न जादपाक तयार जाल्लें तें तूं न्हय.' ह्या उतरांनी म्हजे कान किटून गेले. खंयूय फातर माल्यार सुणे खंय शेवटीं दाव्या पांयान कुट्टा तशें दर पावटी हीं घरांतलीं मनशां उलयतालीं – फकत म्हज्या न फुलिल्ल्या मोगाचेर ! हांव वगीच रावतालें.

घरांत सगळींजाणा करतात तो विरोध पळोवन म्हाका जगप कठीण जावंक लागलें. मदीं मदीं केन्नाय म्हज्या मनांत आत्मघाताचे पसून विचार आयले. स्वताचे आवयबापूय; पुण चलयेक एकेबशेन वागयतात आनी चल्याक दुसरेबशेन. म्हाका याद आसा, व्हडली भयण ताई, ते कामतीकडेन लग्न जावंक कशीच तयार नासली. कित्याक तर तो बेबदो म्हण.

– पैशेकार आसलो म्हण कितें जालें ? मनाक मात तरी शांती नाका ?

ताणे म्हाका ल्हवूच सांगिल्लें. तें घरांतच आसतालें. हावें मात कोणाचेंच आयकनासताना शिकोवपाची सिर्वीस धरिल्ली. हावें आवयक सांगलें,

– आई, ताई म्हणटा तो बेबदो कामत नाका म्हण.

WITH BEST WISHES FROM :

AJANTA Cashew Industry's

AJanta Cashew Oil

&

Allied Products

Ponda - Goa

आवय म्हजेर तिडकली.

– तुवेंच माणशिन्यान ताका फितायलां आसतलें. तें पयलीं धड शिकूंक ना, सिर्वीस ना आनी घोव मेळटलो खंयचो इतलो गिरेस्त? आं ऽऽ आजकाल कोण पिनात ? सगळे पितात. खळयांनी पडना जातगर जालें. फुडल्याची सोयरीक उल्ली म्हणटकच फाटल्यांचीय उरता.

आवयन केल्लो फोग पळोवन ताईक तोंड धांपून बेबदयाकडेन लग्न जावचें पडलें. माईचो घोव तसोच. घरांतूच आसतालो. घरांत खावंक-जेवंक आसलें. तो खंय मात्सो तकलेन विरार जातालो. लग्नाच्या पयल्या दिसा माई खूब रड रड रडलें,

– सुगंध तूं शिकून सिविसेक लागलें तें बरें जालें. भावाचें, आवय बापायचें आयकुचें पडटकर अशेंच जावपाचें. आमकां घरांत आशिल्ल्यान उलोवंक तोंड ना जायन पडलां. नाजाल्यार त्या माल्लुकाकडेन कोण लग्न जातलो आसलो ? अशें लग्न जावच्यापरस लग्न जायनाशिल्लें बरें.

हावें म्हळें,

– माई, तूं मन मारून लग्न जावं नाका. चलयेन लग्न जावंकच जाय अशें हया तेपार ना. तूं आपूण लग्न जायना म्हण सांग.

– ना बाये ऽऽ फाल्यां म्हातारपणांत आदार कोण दितलो ? आवय बापूय आसासर पळयत आमकां. भाव लग्न जातकर भोव पळयता ! आनी चलयेन लग्न जायनासताना रावप बरें न्हय खंय. घराण्याचें नांव पेडुयार जाता.

माईन आपलें गिन्यान परजळायलें.

हावें विचाल्लें,

– चले लग्न जायनासतना रावल्यार घरण्याचें नांव पेड्डचार जायना ? चल्यांनी कितेंय करून नांव पेड्डचार केल्यार पसून चड परजळटा दिसता घराण्याचें नांव. न्हंय गो ? हो माऊ, ते रोझीकडेन काजार जातलो म्हणी न्हय गो ?तेन्ना घराची लज वचनासली दिसता. हांव पाटलाकडेन लग्न जातां म्हणटकर तुमची लज उफेली उदकार न्हय ?

– चल्यांचें वेगळें, चलयांची खबर वेगळी. तुका आतां समजुपाचें ना तें.

माईन सांगलें आनी तें लग्नपासून जालें त्या माल्लूक घारशा वांगडा. आतां तो वर्साचे आठ म्हयने मानीकोमांत आसता. चलयांनी शिकनासतना, सिर्वीस करिनासतना रावून मागीर आवयबापायकडल्यान जाता ती विटंबना पळोवन म्हाका बायलांचोच चड राग येतालो. बायलांचेर जातल्या अन्यायांक बायलोच चड जबाबदार आसात. नाजाल्यार हेंच पळयात न्हय, हांव लग्न जावंक ना, हाचेर तुमकां कित्याक उलोवंक जाय ? म्हज्या मनाक पटना कीं, चलयेमनशेन लग्न जावपाकूच जाय म्हण. देखून हांव जावंक ना. माईची गत जाणात तुमी ? तागेर भुरगीं नात. दोन देर आसात, पुण ते मुंबय. ताची खबरलेगीत घेनात. नणंदो, भाव बरो आसतना येतालो. तांकांय हालीं खंय लज दिसता, भाव पिसो म्हण. म्हजीं माव भावजूय ताका व्हडलीशी कींमत दिनात. सदां मरतल्याक कोण रडटलो ? आवय केन्नाय मदीं मदीं 'वगीच पोराक लग्न केलें' म्हण हुस्कारता. हावें आवयक विचाल्लें पसून,

– लग्नावेळार तुमकां चलो माल्लूक म्हण खबर आसतना तुमी ताका लग्न केलें मगे एके जबाबदारीं– तल्यान मेकळें जावंक, आनी ताका मात आतां जल्मभर रडचें पडलें. जाणटेपणांत आदाराक लागून लग्न जालें

With Best Compliment From —

Tripti Bar

&

Restaurant

Specialist in — **Chicken & Mutton & all Hot Drinks**

Madkai Road, MARDOL – GOA

Prop. **Mr. M. D. Naik**

खंय माई, आतां कोणाचो आदार ताका ? XXX ? आनी आतां म्हाकाय माल्लूक चले सोदून लग्न जा म्हण सांगात.

भावजेचो व्हडलो भाव मोटो भानगडीस्त. ताच्यो नाना तरेच्यो भानगडी म्हण ताचें लग्न जाय नासलें. ताका उजोवपाक लागून भावजेन एकदीस म्हजे आवयचे कान फुंकले,

– भाई आमचो लग्न जातां म्हणटालो. सुगंधाची सोयरीक व्हरुया ताका.

आवयन म्हाका सांगलें,

– भाई बरो ऽऽ भुरगो. ताका नोकरेची गरज ना. घर भरून दार वोतता. तुकाय नोकरी करपाची गरज ना.

हावें सांगलें,

– तुवें एक बेबदो, एक माल्लूक जांवय हाडल्यार तितले पुरो. म्हाका आनी उज्यांतल्यान काडून उदकांत उडोवं नाकात. तुमी लग्न जा म्हळ्यार हांव एक जात जावपी ना. तुमी कसले भुरगे हाडटलीं तेंवूय जाणा हांव. भाभीलो तवनास बेबदो भाई नाजाल्यार माईल्या घोवासारको माल्लूक भावोजी. हय मगे ? म्हाका कांय तुमी पोशींनात. हांव जोडटां हांव मोडटां.

– हय, देखून हीं शाणेपणां सांगपाक पावलें न्हय तूं ? आं ? ताई, माई सारकें जाल्यार येन्ना लग्न जातलें आशिल्लें तुजें. तूं फकत हाचीं तांचीं कुतां काडीत आसा कुतां. तुजें पयलीं खुमणे पळय हारशांत. आनी दोन वरसांनी उरिल्लेय केंस पिकतले तुजे. मागीर म्हातारे कडेन पळय कोणूय म्हातारो लग्न जावंक मेळटा जाल्यार चड सुबेज तूं.

आवय तिडकताली. हावें सांगलें,

– हें पळय भाई, हांव लग्न जायना तें म्हाका नाका म्हणून. तातूंन तूं कित्याक वगीच खर्शेता ?

– खर्शेता ? तूं XX, XXX तोंड वयर काडून उलयता ? त्या मायल्या वांगडा लग्न जावंक म्हायर सरिल्लें तूं आमचें नाक कातरूंक ? आतां लग्न जायनासताना, आमकां फाल्यां नाका तें करूंन त्रासांत वडोवंक आयलां. त्या पोराक माऊक पीडपाक तूं तयार जालां. दोन गोटे आमकां केन्नाच सुशेगादत सावंक दिना तूं. दीसरात झगडीं करपाक फुडें सरता असली धूव जल्मूचेपरस मेल्यार बरी आशिल्ली.

आवय म्हजेर आड्डली.

म्हज्या काळजांत 'हायस' जालें. एक आवय आनी एक धूव. एक आवय आनी एक पूत. आवयचीच तरा पळयात, धूव मेल्यार बरी आसली म्हणटा तर पुताचें बरें जांव म्हणटा. फाल्यां तिका सर्णार चडोवंक जाय न्हय पुतान ? स्वताची धूव कितें करीत, कितें ना हाचीं पसून तिका गॅरेंटी ना. 'असल्या मनशांमदीं राबचे परस, मेल्यार खरेंच बरें' म्हजें एक मन आड्डलें. 'मरता ? कितें उडकी मारता बायत ? शेण खा शेण. तुज्यापरस लाख लाख त्रासीक मनशां आसतात. पुण तीं खंय जीव दितांत गो ? जीव दिता खंय तें.' ह्या दुसऱ्या विचारान म्हजो म्हाकाच हांसो आयलो. हावें येवजिलें, हांव मेल्यार कोणाक दुःख जावपाचें ना. उरफाटें सगळी जाणा खोशयेचो हुस्कार सोडटलीं. हांव मरपाक सोदतां तेंवूय एक बायलमनीस म्हाका उलयता म्हण. मानसीक त्रास करता म्हण. ती म्हजी दुस्मान जाल्या म्हण. ते परस हे दुस्मान बायलेक सोडून हांव स्वतंत्रतायेन जगल्यार ? लग्न जायनासताना जीण सारून म्हजेसारक्या त्राशीक बायलांक पालव दिल्यार ? लोक म्हजें फाटी फुडें नांव घेत ? त्रासांक भियेवन जीव सांडल्यार सगळे जाण थुंकतले म्हजेर.

हावें म्हजे कपडे बांधले, बॅगो भल्यो आनी आवयक-भावजेक सांगनासताना घर सोडलें. सुनंदा, म्हजी इश्टीण बीराड करून राव. हांव तडक तागेर आयलें. ह्या जगांत बायलूच बायलेची दुस्मान जाता ह्या विचारान म्हजें मन भरून येतालें. दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं. सुनंदा 'आं ऽ' तोंड करून म्हाका पळयत उल्लें. केन्नाच न रडपी हांव, म्हज्या दोळ्यांत दुकां पळोवन ताज्याय दोळ्यांनी दुकां आयलीं.

– सुगंध,

ताणे म्हाका वेंगायलें. हे वेंगेंत उपाट मोग आसलो. दोन बायलांच्यो दोन तरा, एक इश्टीण रगताचें नातें नासून पसून म्हाका आपणायताली. दुसरी दुस्मान, रगताचें नातें आसून पसून म्हाका धांवडायताली, विखाळ उतरांनी.

**

शारदाम्मा

जयंती नायक

कथा

भायल्या कवळ्या किरणांत हुनसाण मळंक लागली तशी येदोवेळ हाथुणार लोळटाली मॅडम शारदाम्मा सडसडीत अुठून बसली.

– शे ! असो वेळ वगडावप म्हजे शिस्तीन चलतले जिणेक सोबपार ना !

– अेक अेक मिनूट लेगीत म्हत्वाचें आसता. हाथुणार लोळपाक वेळ वगडायतल्या वेळांत म्हजें कितकेशेंच वाचून जातलें !

ती बेगिबेगीन खाटिवेली सकल देंवली. आंगावेलो नायट गावन तिणें सारको केलो. स्वेटर काडून खाटीर दवल्लो आनी आपल्या कमरासकल पावतल्या दाट काळ्या केंसाचो आंबाडो घालीत ती फुडल्या दारांत गेली.

आज पोंगल. कर्नाटकांतलो अेक म्हत्वाचो अुत्सव जाल्ल्यान सरकारी सुटी आशिल्ली. शारदाम्मान रातीं हिदतना बेत केल्लो, फाल्यां सुटी म्हण्टगेर मुशेगाद धा वरांचेर अुटप. फाल्यां कांयच वाचप ना, बरोवप ना, खंयच भायर सरप ना. दिसभर हाथुणार लोळप, व्हिडिओ लावन अेक बरोसो सिनेमा पळोवप. घडयाळेच्या कांट्याबशेन चलतलो आपलो नित्यक्रम फाल्यां मोडप. खूब वर्सांनी आपणे अेक दीम आपल्याच खातीर जगप. कितलिशींच वर्सां जातली आपूण अशी जीण जगल्यार ! कितकीं जातलीं काय ? पंदरा ? वीस ? हय ! विसूच वर्सां जातली.

मनातलें धेय साध्य करपाखातीर सारकीं वीस वर्सां शारदाम्मान रातीचे दीस आनी दिसाच्यो राती केल्ल्यो. जिणेक अेक शीस्त लावन घेतिल्ली. सकाळीं साडेपांचांक ती अुठटाली ती रातची अेकाक न्हिदताली. अेक अेक मिनटाचो लेगीत हिशेब दवरताली. ती केन्ना पांच मिनटां कॉलेजींत अुसरां गेली ना, तर केन्ना पाच मिनटां बेगीन आयली ना. वाचन, चिंतन आनी लेखन हाचेबगर तिणें कित्याकच सुख मानलेंना, कित्याकूच चैन समजली ना, तर तिका कसली अित्सा जाली ना. गेल्ल्या स म्हयन्या साकून तर तिजी जीण चडूच माकनांबशेन जाल्ली. 'महाजना' कॉलेजीच्या प्रिन्सिपल पदाचीं सुत्रां तिच्या हातांत येतसाकून तिका अुदक पिवपाक लेगीत वेळ नाशिल्लो. प्रिन्सिपल पदाचीं कामां सांबाळून तिका क्लासीय घेवंच्यो पडटाल्यो. व्याख्यानां, चर्चासत्रां, मिटिंगो हें तर आशिल्लेंच. शिवाय ती स्वता अेक साहित्यकार हें कशें

विसरूंक शकताली ? तिचें लिखाण हें कितें मनोरंजनाचें सादन नाशिल्लें तर, तिणें समाजातल्या अन्यायाविरुद्ध अुबारिल्ली तरसादच आशिल्ली ! बंदनांचें जू शेंवटून आपल्या पायांर अुबें रावपाखातीर बायलांक दिल्लें अेक आव्हानच आशिल्लें !

फुडल्या दाराची खिळी काडून शारदाम्मा भायर गरादींत गेली, गरादीचेर दवरिल्ली दुदाची पिशवी आनी पेपर तिणें अुबाल्ले आनी भितर वचपाक वळली. आजूय सदच्या बशेन तिणें चूकून लेगीत फुडल्या घराचेर नदर घालिना. फाटल्या कांय वर्सां सावन तिणे जसो हो पणूच केल्लो. त्या घरांत कोण आयलो, कोण गेलो, कोण जालो, कोण मेलो, हाची चूकून लेगीत तिणें केन्ना जायणी केली ना.

पुण तिजी खात्री आशिल्ली, फुडल्या घराच्या गरादींत व्हलतेरांत बसून रामण्णा आपले प्रत्येक हालचालीचेर नदर दवरता. फाटल्या कांय वर्सां सावन म्हळ्यार रामण्णान तिज्या घराच्यामुकार घर काडीतसावन ताजो हो नित्याचोच क्रम जाल्लो. शारदाम्माक आपल्या जाळ्यांत घुस्पावपाचो आपलो बेत निर्फळ जालो हें पळोवन हालीं तांणें अेक नवो उद्येग सुरू केल्लो. शारदाम्मागेर कोण येतात, तिचे खंयच्या दादल्याकडेन बरे संबंद आसात हें सोदून काडून तो तिच्या आनी त्या दादल्याच्या नावान हळशीक अफवा पिकयतालो. पुण शारदाम्मान ताका कशीच भीक घाली ना. आपलो दुबाव खातल्यांकय चड म्हत्व दिलेंना. तिचे जिणेक अेक हावेस आशिल्लो, त्या हावेसामेरेन पावपाखातीर ती दीसरात वावुरताली, सगळ्या सुखांचेर अुदक सोडून कश्टताली.

तिणें चितिल्लें, जर आपूण असल्या आलतू फालतू गजालींक म्हत्व दीत रावली जाल्यार आपूण आपल्या हावेसांमेरेन केन्नाच पावचीना. आपली बुद्ध हेर बायलांबशेन चार वण्टींभितरूच कुसतली.

वयर चडटल्यांचे दोंके मोडप ही तर ह्या जगाची रितूच ! आपूण तर अेक बायलमनीस. अेके बायलमनशेन वयान आनी सिनियोरिटीन जाण्टे आशिल्ल्या दादल्यांक फाटी अुडोवन आपल्या कर्तुत्वाच्या वळग्यार वयल्या हुद्दचार पावप हें ह्या समाजाक कशें मानवतलें ? सुधारील्ल्याच्यो कितक्यो बढायो माल्ल्यो तरी विसाव्या शतमानाचे अखेरेक लेगीत आपलो समाज आजूनय बुरशेल्ल्याच विचारांचो आसा. दादल्या बायलांच्या संबंदाकडेन पळोवपाची हांगां अेकूच नदर, तांचेमदी दुसरें नातें आसूंक शकता हें आजूनय ह्या समाजाक पटना. बायलांची सुवात दादल्यांच्या पायांकडेन अशें मानपी हांगा जिते आसात, तांकां अेकटे बायलमनशेन दादल्याच्या आदाराशिवाय जगप कशें पट्टलें ?

रामण्णा तर ह्या समाजाचो प्रतिनिधी. तातूंत अेक नंबरचो बायजण. बायलांक पळयलें कीं तो अेकदम चळटालो. बायल ती मागीर थोंटी आसूं, पांगळी आसूं, कुड्डी आसूं, भेड्डी आसूं तिका पळोवन ताजी रोकडीच लाळ गळटाली. तो मागीर कसलीय तरी तकली लडोवन तिजेर जाळें शेंवटिनालो.

शारदाम्माक पळोवन ताणे तेंच केलें. वीस वर्सां फाटीं कातरिल्ली बावली कशी दिसतली शारदाम्मा लेक्चरर म्हण महाजना कॉलेजीत नोकरेक लागली, तेन्ना तिज्याच विभागांत लेक्चरर म्हण आशिल्ल्या रामण्णाचे दोळे तिका पळोवन पिसावले. ताणे चितलें, शारदाम्मा विधवा बायल, त्याभायर अेकटी रावतली, तेन्ना तिका आपल्या जाळ्यांत वोडप कठीण जावचेंना.

With Best Wishes From —

Citizen Stores

Saraf Mansion,
Tisk, Ponda - Goa
403 401

पुण ताणें चितिल्ले तशें कांयच घडलेंना. ती ताका मातूय बदलिना. ताजी नदर ती पयल्याच दिसा सावन वळखल्ली. ती खूब शादूर रावली. तिका ताज्याच न्हय तर कोणाच्याच जाळ्यांत घुस्पवपाचें नाशिल्लें. तिका फकत आपल्या धेयामेरेन पावपाचें आशिल्लें, ज्याखातीर ती सगळीं मायेचीं नातीं तोडून आयिल्ली. तिका जगाक दाखोवन दिवपाचें आसलें बायलांच्या आंगातले बळगें. तिका बायलांक घालून दिवपाचो आसलो अेक नवो आदर्श.

हो आदर्श घडयतना तिका सगळ्यांत चड त्रास जाले ते रामण्णाकडल्यान. पुण जगांत बायलांक पीडपी आनी तांका भोगवस्त समजुपी रामण्णा सगळ्याक आसात आनी तांकां आपल्याक तोंड दिवचें पडटलें हाजी तिणें पयलीं सानच तयारी दवरिल्ली. जगाक आपणे ब्रह्मचार्याचें व्रत घेतलां असो दिखावो दाखोवन रामण्णान तिच्या शिळाकडेन खेळपाचो जायतेदां यत्न केलो. स्वताक विद्वान आनी सुसंकृत समजुपी मनीसूय कितले नीच मनोवृत्तीचे आसतात हाजेंच हें अेक उदाहरण आशिल्लें. लेक्चरर म्हण ती नवीच जेन्ना ताच्या विभागांत कामाक लागली तेन्ना तो तिजी फाटच सोडना जालो. अितली कीं लोकांतीय तिज्या चरित्र्याचो दुबाव घेतलो. पुण शारदाम्मा मात गिमांत थंड गतीन व्हांवतले कावेरीभशेन थंडूच रावली. आपल्या मनावेलो ताबो तिणे मात लेगीत हालूंक दिलोना.

धा वर्सांकाटी जेन्ना तिणे म्हैसूरांत म्हळ्यार कॉलेजीकडेनच लागीं वोंट्टीकोंपलात जागो घेवन स्वताचें घर अुबें केलें तेन्ना रामण्णान अेक कावो मनात बाळगून तिज्याच घरामुकार घर घेतलें. शारदाम्मान मात अितकी वर्सां यत्न करूनय ताजी दाळ शिजूंक दिलोना. आता दोगांयच्याय केंसाक धवसाण मारूंक लागिल्ली.

आपलो कावो सादूंक पावलोना हाजो रामण्णाच्या मनात डंख तसोच आशिल्लो. रागान ताणे हालीं तिजें नाव घाणावपाक सुरू केलें. नागराजाचें आनी तिचे नाजूक संबंद आसात अश्यो

READ

PURABHILEKH – PURATATVA (Archives - Archaeology)

A six - monthly research journal which deals with the history of Goa its relations with British and the neighbouring kingdoms and covering descriptive account of ancient temples, forts, churches. etc. and which is acclaimed by the scholars of the world for its newer and newer reference dat.

Available at Government Printing Press, and also at our office, Panaji Goa.

A Publication from :-

The Directorate of Archives, Archaeology and Museum,

Govt. of Goa
Rua de Ourem,
Panaji – Goa
Phone No. 3232.

उशेल लायात - फायदो मेळयात

उशेल लायल्यार दर हँक्टराफाटल्यान तुमकां ११ हजार रुपये फायदो मेळटा.

शेतकी खातें मदत करता :

१. उशेल रोवपी नव्या शेतकारांक, अर्द हँक्टर सुवातेक पुरो जायत इतलें ५००/- रुपया मोलाचें फुकट बेणे दिता.

२. उशेलाच्या जाग्यांत २ हजार चौखणे मिटर सुवातेर सावळ-सारें दिवपी रोपां-लागवडीचीं प्रात्यक्षिकां घेतात. त्याखातीर धायंच्या हचा सावळ-सारच्याच्या रोपाचीं १५ किल वियां फुकट दितात. अशे तरेचीं ६०० प्रात्यक्षिकां घेतात.

३. भूंय सुदारणेचीं देड हजार प्रात्यक्षिकां घेतात. हचा प्रात्यक्षिकां मार्फत उशेल रोवपी शेतकामत्यांक अेक अेकर सुवातेक पावता इतलें २०० किल मसुरी रॉक फास्फेट फुकट दितात. हातूंत स्फूरद आनी कॅलशियम मेळटा.

४. उशेलांत आंतरपिकां घेवपाची १ हजार ६०० प्रात्यक्षिकां घेतात. हाचेखातीर २ हजार चौ. मि. सुवातेक पुरो जायत अशीं कड्डणाचीं बियाणां फुकट दितात. राष्ट्रीयकृत आनी सहकारी बँको, तशेंच सोसायटी, उशीकाणे रोवपाक दर हेक्टराफाटल्यान ७ हजार रुपया रीण दितात. तेचवरी खोडवो घेवपाक हेक्टराक ५ हजार २५० रुपया रिण दिता.

तंत्रीक म्हायतीखातीर लागींच्या विभागीय शेतकी अधिकाऱ्यांक मेळात.

शेतकी संचालनालय

गोंय सरकार

पणजी - गोंय

हांचे वतीन

ताणे अफवा अुठयल्यो. ह्या फावट शारदाम्मा पयलीं खरें म्हळचार संतापली, नागणेबशेन चवताळळी. पुण तिणे रोकडोच आपल्या संतापाक आवर घालो. कॉलेजची प्रिन्सिपल ह्या अधिकारान ती ताजेर ॲक्शन घेवंक शकताली पुण तिणं चितलें, असल्यांक चड म्हत्व दिवप म्हळचार आपलीच कींमत कमी करप. नागराज आपलो विद्यार्थी. आपल्याक पुतासारको. ताचे आनी आपले संबंद आवयपुतासारके आसात हाका आपल्या मनाची गवाय आसा अितलेंच पुरो. मनशान भियेवचें आपल्या मनाक; जनाक न्हय ! शिवाय आपुण मानता ती नागराजाक न्हय तर ताचे भितल्ले बुद्धो - मतीक आनी शिकपाचे तळमळीक. अितली असामान्य बुद्ध आर्थीक अडचणींक लाग्न मातये मरवण जावंची न्हय म्हण आपणे ताका मदत केल्या आनी ताकाय आपली माया लागल्या.

आंगाक शाबू लायतां लायतां, शारदाम्माच्या आंगाक रामण्याविशीचे कडू अणभव परते परते येवन चिकटूंक लागले. तिणे तांका धुवन अुडोवपाचो जायतो यत्न केलो पुण ते कशेच धुवन वचना जाले.

न्हावन जाले तशे सुके कपडे न्हेसून शारदाम्मा मंजुनाथस्वामिच्या फोटवामुकार अुबी रावली. तिणे देवाक तुपाचो दिवो पेटयलो. चंदनाची अुजवात लायली, फुल कुकूम घालें आनी अेके वाटयेंत तीळ आनी गोड घालून ती वाटी देवाच्या फोटवामुकार दवल्ली. मागीर 'पोंगल' रांदून ताजो तिणे देवाक नैवेद्य दाखयलो.

शारदाम्मा अितली शिकिल्ली तरीय देवाक मानताली. देवाविशीचें तिजें तत्वगिन्यान हेरांपरस खूब वेगळें आशिल्लें. तिज्या मतीन 'देव' ही अेक भावना, जी मनशाक रोग-पिडा, खेद - चिंता, हुस्को - संकश्ट ह्या वेळार धीर दिता.

देवाची पुजा जाली तशी अिल्लीशी च्या करून घेवन शारदाम्मा भायर येवन सालांत बसली. रांदचेकुडीत वावराडेचो गडगड चलिल्लो, तिका बसल्या थंयच्यानच कांय सुचवण्यो दितच तिणे त्या दिसाचीं वर्तमानपत्रां चाळपाक सुरवात केली.

पौश म्हयनो आशिल्ल्यान भायर लखलखीत वोत पडिल्लें तरी लेगीत वातावरणात गुलाबी थंडसाण

BEST WISHES FROM :

Shree Shantadurga Cashew Industry

Savoi - Verem, Ponda - Goa

Adhimaya Cashew Industry

Betqui – Ponda – Goa

पातळिल्लो. सकाळचीं फकत धा वरां जाल्ली पुण पळोवपाक बारा जाल्यांत काय दिसतालीं.

'डेक्कन हेराल्ड' आनी 'इंडियन एक्सप्रेस' दोनीचेरुय नदर भोंवडायल्या अुपरांत तिणें 'कन्नडप्रभा' अुबाल्लो. हांगा थंय नदर घाल्ल्या अुपरांत पयल्या पानाचेरुच सकल कोनशाक आशिल्ले अेके बातमेचेर नदर पडटनाच तिजे दोळे मोठ्ठे जाले. कांय खीण तिची तकलीच मेरेल्ल्याबशेन जाली. विस्वास बसनाशिल्ल्यान तिणे 'प्रजावाणी' अुबाल्लो, ताजेरुय तीच बातमी ठळक अक्षरांनी आयिल्ली. कितलो तरी वेळ शारदाम्मा अेकूच बातमी परती परती वाचत आशिल्ली. बातमी आशिल्ली –

––– हासन जिल्हचांतल्या, चंद्रराय पट्टण ह्या तालुक्यांत तुगेंहळ्ळी हांगा श्रीमती जुळा नांवाचे अेके अेकवीस वर्सांचे तरणाटे विधवेन आपलेच बांयत अुडी मारून आत्महत्तेचो प्रयत्न केलो. पंदरा दिसां पयली आपलो घोव बस अपघातान मेल्ल्यान आनी भुरगें नाशिल्ल्यान आपल्याक घरांत आनी समाजांत कांयच मान अुरचो ना, दुसऱ्यांचेर अवलंबून आपल्याक जीण जगची पडटली हें चिंतून आपण आपलो जीव सोपोवपाचो यत्न केलो अशें तिणें पोलीसांक आत्महत्तेचें कारण सांगले. ही बायल त्याच गांवचे सरपंच भौ. कृष्णेगौडा हांची धूव आसून ती स्वातंत्र्य सैनिक श्री. रमेगौडा हांची सून आसा.

बातमी वाचतां वाचतां शारदाम्मा न्हिस्नळ्ळी. "ह्याचखातीर ––– ह्याचखातीर बायलांक शिक्षण जाय ! ह्याचखातीर बायलांनी आपल्या पांयार अुबें रावंक जाय ! "

"अण्णा कितें केले रे तुवें ? स्वताच्या हट्टाक लागून धुवेच्या जिविताची वाट लायली म्हरे ? तिजे मांगरासारखे जिवीत मातयेंत घालें म्हरे ? "

शारदाम्माच्या दोळ्यांत दुवां भल्लीं. तिचे नदरेमुकार घर सोडून येतना निमणें पळयिल्ल्या मजुंळाची धाकटुली म्हुर्त अुबी रावली. तेन्ना ते फक्त

The Largest and Oldest Urban Co-operative Bank of Goa

The Goa Urban Co-operative Bank Ltd.

(Reg. Off : Dr. Atmaram Borkar Road, Panaji : Goa)

WISHES

Its Share-ho'ders, Depositors & Constituents

A Very Happy & Prosperous Divali

Financial Position as on 30-9-1988

(Rs. in thousands)

Share Capital	17446	Investment	288526
Reserve Fund & other Reserves	50523	Deposits	433434
Advances	263858	Working capital	596579

No. of members. 55,355

Our Branches at :

PANAJI	ST. ESTEVAM	PORVORIM
MARGAO	CAVELOSSIM	NAGORCEM
PONDA	ASSOLNA	BAINA
CURCHOREM	MARKET	HO BRANCH
VASCO	MALA	MAPUSA

"We take pride in being partners in your progress & Prosperity"

र्साचें आशिल्लें, पुण कितकें अपुरबायेचें आनी वुगचुणीत !

"तुवें म्हाका दोशी थारायिल्लें न्हय ? आज तुका 'म्हज्या शिकपाच्या हटाचें मोल कळटलें -- म्हज्या अुतरांतलें सत्य पट्टलें ! "

"आज जर मंजू शिकिल्लें जाल्यार आत्मविस्वासान आपल्या पायांर अुबें रावतलें आशिल्लें. ताजेर असो जीव दिवपाचो प्रसंग येवचोच नाशिल्लो ! "

नकळतां शारदाम्माक तिज्या फाटल्या जिविताचो अुगडास जालो. घोव मेल्या उपरांत तिणें एम. अे. करपाक अँडमीशन केल्लें तेन्ना तिज्या भावान केल्लो आकात तिच्या दोळ्यांमुकार अुबो रावलो. --- शारदाम्माचो निश्चेव आयकून तिच्या अण्णान रागान सगळें घर माथ्यार घेतिल्लें.

"शारदा, तुका कितें फाल्त आसा म्हग त आमच्या घराण्याचें नाव पेडुचार करुंक मुकार सल्लां ? "

"जगांत कितें तुजोच अेकटचाचो घोव मेला ? '

"आजमेरेन आमच्या घराण्यातले खंयचेय विधवेन घराच्या हुम्याभायर पाय दिलोना थय तू युनीव्हर्सीटीत वचून शिकतलें ? नोकरी करतलें ?"

"पयलींच तुवें चलयल्यात ते थेर कमी म्हण आनीक आमचें नाक कापता ? कुकूम कितें लायता ... सभा संमेलनानी कितें भोंवता ... लोक कितें म्हण्टात तें जाणा तूं ?"

भावाल्या प्रश्नाक शारदाम्मान थंडपणान जाप दिली, "हें पळय अण्णा, म्हजो निश्चेव अटळ आसा. आनी त्याखातीर लोक कितें म्हण्टलो हांजी म्हाका पर्वा ना ! म्हजें दूख भोगूंक लोक येवचे नात, तें म्हजें म्हाकाच भोगचें पडटलें ! "

"म्हाका मुकार शिकून आपल्या पांयार अुबें रावपाचें आसा. मानान जीण जगपाची आसा. विधवा म्हण कोणेय काकुळटेन मुकार उडयिल्ले भिकेचेर जीण जगपाची ना ! "

शारदाम्माची जाप आयकून तिच्या भावाल्या मस्तकाक नेट माल्लो.

"हय. असोच जर तुजो हट आसा जाल्यार आयच्यान तूं आमकां मेलें. हांव समजतां म्हाका भयण जालीच नाशिल्ली ! "

"आत्तांच्या आत्तां म्हज्या घरांतल्यान चलपाक लाग. परतून केन्ना हें काळें तोंड दाखोवपाक हांगा येनाका ! "

त्याव दिसा शारदाम्मान भावालें घर सोडलें आनी म्हैसूरांत रावतले आपले अेके अिश्टिणीच्या घराचो आलाशिरो घेतलो. थोडया प्रयत्ना अुपरांत तिणे अेके शाळेंत शिक्षिकेची पार्टटायम नोकरी मेळयली आनी आपलें फुडलें शिकप सुरू केलें.

बी. ए. जाल्याअुपरांत रोकडेंच म्हळ्यार परिक्षेचो निकालूय लागचे पयलीं शारदाम्माचें लग्न थारिल्लें. इतल्या बेगीन लग्नाक खरें तो तयार नाशिल्ली, पुण भावाल्या कडक स्वभावामुकार तो जाप काडूंक शकलीना.

दुर्दैवान लग्नजावन अेकूच म्हयन्यामदीं शारदाम्माचो घोव मेलो आनी तिचेर विचार करपाचो प्रसंग आयलो. परत्या पायांची म्हण घोवाल्या बाराव्याच्या दिसा तिका देरांनी हाडून कुळारा पायली. आवयल्या घरा शारदाम्माक कोणूच अेका अुतरान अुलयनाशिल्लो पुण सगळ्यांचे नदरेची भासच तिका बोचायताली. कोणाची नदर तिजी काळकूट करताली तर कोणाची नदर तिका अवदिसा समजताली.

शारदाम्मा दीसभर खेदताली, भितल्याभितर रडटाली आनी जेन्ना सामकेंच सोंसूक जायना तेन्ना आपल्याच दुखाची कवनां रचताली.

अेक दीस ह्या सगळ्याचो अुद्रेक जालो. तिणे ह्या दुखांतल्यान भायर सरपाचो मार्ग सोदलो. जिणेत स्वाभिमानान जगपाखातीर अेक धेय केंद्रीत केलें. --- आज शारदाम्मा आपल्या धेयामेरेन पाविल्ली. स्वताच्या कश्टांनी तिणे मानाची जीण मेळयिल्ली. आज ती महाजना कॉलेजीची प्रिन्सिपल आशिल्ली. त्याचबरोबर 'कन्नड विभागाची प्रमुख.' तिणे कन्नड साहित्यांत डॉक्टरेट्य मेळयिल्ली. साहित्यीक म्हूणूनय तिचें नांव गाजताले.

पयलीं पयलीं शारदाम्माक आपले करणेचें खूब दूख भोगतालें. आपल्या हावेसामेरेन पावपाखातीर सगळीं मायेचीं मनशां तोडचीं पडलीं हाजें खूब वायट दिसतालें, पुण आपले करणेचें पिकसांव मात तिका केन्नाच जायनाशिल्लें. सुरवेच्या वर्सांनी तिणे भावाक मेळपाचो जायतेदां यत्न केल्लो, पुण भावान तिजे व्हटेन केल्ली फाट परती घुंवडायली ना. मागीर मात तिणे आपलें मन निबर करून घेतलें. चुकून लेगीत ती

Goeant Kel'li
Ruchic Bori
Top-Cola Piye
Top-Cola Piye
Top-Cola Piye
Artificially flavoured. Does not contain fruit juice or fruit pulp.

णाचीच याद काडना जाली. आनी हालीं तर तिका ामामुकार आपल्या आस्तित्वाचीय याद अुरनाशिल्ली.

मंजुळाचे गजालीक लागून आज मात फाटल्या दिचे सगळें टांके अुसविल्ले.

अपुरबायेचे अेकटे अेकसुरे धुवेच्या लग्नाक लेगीत वान तिका सांगूंक नासलें. शिकतगेर चलयो पारपोळ तात हें चिंतून ताणे धुवेचें मॅट्रिकेक आसतनाच लग्न ां ही गजाल तिणे लोकांकडल्यान आयकल्ली. नाक पांच वसां जाली तरी आजूनय भुरगेंबाळ यच ना हाका लागून घरचीं मंजुळाक त्रास करतात ूय तिज्या कानार आयिल्लें.

मंजुळाच्या विचारान शारदाम्मा आकूळपिकूळ ाल्ली. चिंतना तिज्या मनांत आरती परती धुमशेण ाडटालीं. तिचें अेक मन म्हणटालें,

"आत्तांच्या आत्तां वच आनी मंजुळाक हांगा वन यो. तिची कोसळील्ली जिविताची वणत परती ुबार, तिका जगपाचो नवो मार्ग दाखय !"

मरें मन म्हणटालें,

"कित्याक ? तुजें कोण लागता तें ? ज्या ावान तुजेकडेन नातें तोडलें ताचे धुवेविशीं तुका अेतको कित्याक कळवळो ?"

सन्यामनापरस पयलें मन खूब विचारी. तें म्हणटालें,

"कळवळो ? हय. म्हाका ताजो कळवळोच ासा, पुण हो कळवळो ती म्हजी धुवडी म्हण न्हय र ती अेक बायल म्हण ! अेके बायलमनशेन स्वताक अबला समजून आपली जीण आपल्याच हातान पिसुडची न्हय म्हण !"

कितलो तरी वेळ ती वच्चें काय वच्चें न्हय ह्याच भ्रमात घुस्पल्ली. तिका अेके व्हटेन दिसतालें, आपणे वच्चें, तर दुसरे व्हटेन ती चिंतताली, मावान आपलो अपमान केलो जाल्यार? रिती-रिवाजांचें भूत आजूनय गोमटेर बशिल्लें आसा जाल्यार ?

शारदाम्माक कांयच येवजना जालें. वेळाचेंय आनी जेवपाचेंय तिका भान ना जालें. ती तशीच सोफाचेर बसून रावली.

दीस माथ्यावेल्यान लकलो, धर्तरेचे सुस्कारे कमी जावंक लागले. शारदाम्मान मनाची तयारी केली. बशिल्ल्या जाग्यावेल्यान ती अुठली. भीतर वचून तिणे अेक नवें न्हेसण आंगार वोडलें आनी गरजेपुरते कपडे अेके बॅगेंत घालून ती हासनाक वचपाक मायर सल्ली. पांचाची बस मेळळी जाल्यार ती रातची धा मेरेन भावाल्या घरा पावतली आशिल्ली.

कुलपाक चावी वोळून शारदाम्मान जमनीवेलें बॅग अुबाल्लें आनी ती फाटीं वळ्ळी ..... खीणभर शारदाम्माक आपल्याच दोळ्यांचो दुबाव दिसूंक लागलो. अुबी आशिल्ल्या जाग्यारच ती थक्क जाल्ली.

दुरगाची गेट अुघडून दोन व्यक्ती भितर सरताल्यो. वीस वसांनो मेटिल्लें, तरी रगताक रगत दिस्त वळखल्लें.

शारदाम्माच्या लागी पावतांच मोडिल्ली केळ कशो दिसतल्या मंजुळान "आत्या ऽऽऽ" म्हणतच तिका वेंग माल्ली. बेनुल्लेन रुखाक वेटाळचें तशें तिका वेटाळतच ताणे आपल्या दुखाक वाट करून दिली.

आपल्या हाताचो आदार मंजुळाचे थरथरते कुडीक दितच शारदाम्मान तकली वयर करून भावाव्हटेन पळयलें. जमनीक नदर लावन तिजो अण्णा तिज्यामुकार अुबो आशिल्लो. थकिल्लो ! हारिल्लो ! धुवेच्या जिविताचें तारूं तडीक लाय म्हण आपल्या मानेपणातल्यानच तिका विनवणी करतालो !

**

With Best Wishes From :

Casa Menino

Bar & Restaurant

MARGAO - GOA

बेवारशी

माया शेळडेकार

कथा

तीन साडेतीनाचो सुमार. वोताचां रखरख मात्तय उणो जावंक नासलो. रस्ते पांय हुलपायताले. तशा हुलपांतय जळत भाजत नानी चलताली. तिका ताकतीक लागिल्ली, बेगीन घरा पावपाची. तिची म्हातारी पावली आनी वोनाचो रखरख, तिका चलपाक अडखळायतालो. तातूंत हातांत जेवणाची जड पिशवी. ती तर सामकी सांबाळूंक जाय ... दोन दिसांचें जेवण आसा तातूंत.

– पाडापडूं फांतूका, इत्ता टायम हुआ, बच्चोंको भुकाच रखेगी, चावलां भी नहीं खिलायेंगी.

मनातली तिडक रस्त्यार काडत नानी पावल रोमून चलपाक लागली. तिचे म्हातारे कायेक तिडकिचो भार पेल्लो ना. तिका खरस मारूंक लागली. – पाडाच पडूं मेरा, अब पयलीं जैसा चलनाभी नहीं होता हयी.

नानी रस्त्यारच उबी रावली. हळूच हातांतली पिशवी पायांक तेकोवन दवरली, आनी पदरान घाम पुसूं लागली. आतां एक्कय पावल मुखार घालचेली तांक तिका नाशिल्ली. मात्शी बसतली म्हूण तिणे हेवटेन तेवटेन पळेले. खंयच एक फातर नाशिल्लो. सकल फतकल मारून बसल्यार उठपाक जावचेंना हें तिका खबर आशिल्ली.

– झक मारने दो, बच्चे मेरी राह देखते होनारी ...

नातरांची याद जायनाफुडें सगळो फोर्स एकठावन तिणे पिशवी हातात धरली आनी एक एक पावल घालत, देह वोडीत ती चलपाक लागली. मुकेन आकूळ – पिकूळ जाल्ल्या नातरांची इल्लीं इल्लीं तोंडा दोळ्यां मुखार येतकच, ती सगळो शीण विसरून गेली. आतां तिका घरा पावपाची सामकी ताकतीक जाल्ली.

फांतू तिजी एकटी एकसुरी धूव. मोठे उमेदीन तिणे तिजें लग्न नंडेच्या चल्याकडेन जावेदाकडेन करून दिल्लें. आवय – बापूय नाशिल्ल्या जावेदाक नानीनच सांबाळिल्लो. तिणे ताका माचो म्हूण केन्नाच लेखलो ना. आपल्या पुतावरीच ती ताका समजताली.

ताका शिकोवचो म्हूण नानीन हरप्रयत्न केले. चार – चौगांगेर वावर करून ती ताका पैशे हाडून दिताली. जावेद शाळेंत वचपाचें निमित्त करून त्या पैशांनी गड्डयांनी खेळतालो. जुवानीच्या भारार ताणे इश्कबाजीचे खेळ सुरू केले, आनी नानीक कळ्ळें,

ताका शिकोपाचो यत्न फुस्ट. हातामायर वचचे पयलीच ताका बांदून घालूं जाय.

नानीन कळाव केलो ना. वायट - बऱ्याक पावपी रहिमाचे तिणे पांय धल्ले. तिचे काकुळटेन ताणं जावेदाक आपल्या कपडयां दुकानाचेर कामाक दवल्लो. तो कामांत रमला तें पळोवन नानीन रोखडेंच ताचें फांतुकडेन लग्न करून दिलें. आतां ताचें लक्ष खंय दुसरेकडेन वचपार ना म्हूण ती निश्चीत जाली.

फांतू गोरें – धवें रूपस चली. सभावान सादें. आवयची हिकमत ताजेकडेन नाशिल्ली. जावेदाचो छंदी सभाव आळाबंदा हाडचा सोडून तें ताका साथ दिलालें. पगाराचे पैशे हातांत येतनाच, जावेद फांतूक घेवन सिनेमाक वतालो, बरें – बरें खांवक घरांत हाडटालो, फुलांच्या राशीनी फांतूक सजयतालो. इतल्याबोवाळांत आठ – धा दिसांनी पगार काबार जातालो. म्हयन्याचे उरिल्ले दीस, नानीन वावर करून कश्ट करून हाडिल्ल्या पैशांचेर कशे – बशे धुकलताले.

– अब मेरा जावेद जोडटा हयी, मैं घर बैठके उनके बच्चे देखनारी ... इत्ते सालों बाद अब मुझे सुशेग मिलेंगा ...

नानीचें सपन सपनच उल्लें. तिणें ज्या हेतून जावेद – फांतूचें लग्न केल्लें, तो हेतू थंयच उल्लो. जावेदाक मात फायदो जाल्लो. फांतूची दोरी नानीच्या नाकाक घालून तो तिका जाय तशी खेळयतालो. पयलीं तो लिपचोरयां कितेंय करतालो. आता हक्कान करतालो, मागतालो.

ताच्यो आजनेरी दिशीं – दिशी नानीच्यान सोंसुक जायना जाल्यो. तिणे फांतूक समजावचें. फांतूक नानीचे जांच जातले. ताका घोवाचे वागणुकेंत चूक दिसनाशिल्ली, ताचो अन्याय दिसनाशिल्लो.

वर्सानि वर्स भुरग्यांचो रतीब सुरू जालो आनी फांतू बाणशिरें जालें. आतां फांतू ताचे वांगडा सिनेमाक वच नासलें, सोयरे - दायज्यांगेरय वच नासलें. फांतू वांगडा नासून जावेदाक रान मोकळें जाल्लें. तो केंपाचो कोमो काडून वासाचो चेर घालून ओंठार विडो रंगयत फिरतालो. फांतूक एकदां फुलां हाडून दिल्यार दोन वेळा खालाजानगेर, फुफ्फूगेर फुलां पावतालीं. नवो सिनेमा लागतकच तांच्या चलयांक निमित्त करून

WITH BEST WISHES FROM :

Seabuild Engineers
& Contractors

Nevson Site
Vaddem,
Vasco da Gama
Goa 403 802 India

Phone : 3235

With Best Wishes From :

M/s. KUDCHADKAR ORE & CHEMICAL PVT. LTD

Manganese Ore/Dioxide

Curchorem - Goa

सिनेमाक व्हरतालो.

पयलेच दिन तुमको तिकिटां कहाँसे मिलनारी, आओ मेरे साथ, मैं निकालके देना हूँ

– वो तुम्हारा भाय हयी, जावो उसके साथ.

जाण्टेल्यांची अशी मान्यताय मेळटाली. संसाराची जबाबदारी ताणे केन्ना मानलीच ना. भुरग्यांचे बंधनय ताका बांदूक शकलें ना. तो आपलेपुरतो सुशेगाद जियेतालो.

फांतू आतां साबुद्धेर आयिल्लें. नानीच्या उतरांचो अर्थ ताका आतां कळटालो. आपले जुवानिच्या बळग्यार जावेदाक मुठींत दवरतलें ही ताजी आस सोंपिल्ली. वर्सान - वर्स आयिल्ल्या बांळटेरान तें गळून गेल्लें. ताज्या तरणेपणाचो हावेस सोंपिल्लो. आपणे भुरग्यांखातीर तरी कितेंय करचें अशें मात ताका दिसनाशिल्लें.

– मैं क्या करनारी, अम्मी हयी, देखेंगी वो. अशें म्हणून फांतू वोगी बसतालें.

जावेदान एकेतरेन, फांतून एकेतरेन, संसाराची जबाबदारी सोडिल्ली, पूण नानीक सोडूंक जमनाशिल्ली. घोव गेल्लो तेन्ना तिणे फांतूखातीर जगपाचो निर्धार केल्लो. आतां ती फांतूच्या भुरग्यांखातीर घस्टताली. तेन्नाचें काय बळ आतां तिका नाशिल्लें. दिशीं-दिशी तिजीं गात्रां थकूं लागिल्लीं, नातरांचो भार वाडूं लागिल्लो.

व्हडलो रसोद शाळेंत वचपाचो जालो तरी आवय बापूय जाग-माग करनात तें पळोवन नानीच्यान रावनज जालें. तिणे जावेदाच्या असवडीं फांतूक सांगलें,

– देख फांतू, तेरे मरदका पाडाच पडा हयी, अब तूं किन्हाके घर काम कर, तेरे बच्चोंको तो शिकाना हयो.

– पर अम्मी, ये बच्चे और काम मैं कैसे करनारी ? वो भी गुस्सा करेंगे.

– झक मारने दो उसको, मैं तो उन्हाको इस्कूल सिखानारीच. तूं नाच तेरे मरदके पिछे.

– पर अम्मी इत्ती कायकू बडबडती तूं, पयलीं उन्हाको तो.

– उस हरामजादेका नाम मतले, तूं मी वैसीच हयी तुम्हारा तो खेळ हयी खेळ, निकाले बच्चे हर साल. उनके देखभालकी फिकर तुम्हें कायकू होगी. है नानी

Best Wishes to Chitrangi

Beautician

Beauty Clinic
Herbal Treatment

Church Road
Curchorem - Goa

दखेगी सबको.

नानी बडबडत रावली. फांतून कानार ओढणीं काडली.

नानीक आतां पयलीं भशेन वावर झेंप नासलो. वयलीं वयलीं कामा ती करतालो. शेजाऱ्या पाजाऱ्यांकडेन तोंड फाफडून उरिल्लें-सुरिल्लें हाडून ती नातरांक वाडयताली. इल्लेशे पैशे मेळ्यार जांबयाक लिपोवन दवरताली. तिजी जिद्द आशिल्ली, – मैं बच्चोंको भिकारी नहीं होने देनारी, उनको इस्कूल भेजनारीच.

जावेद तिजो निश्चेव तडीक व्हरूं दिनासलो. कशायभशेन तिका नागयतालो. हजार फाल्यां करतालो. कांयच ना जाल्यार झगडीं करतालो. फांतूक मारतालो. नानीची नाडी ताणे वळखिल्ली.

चलतां चलतां जांवयाचे तिडकेन तिका आनी खरस माल्ली. हातांतली पिशवी सांबाळत ती सवका सवका चलूं लागली.

आज हमीद मियाँगेर दावत आशिल्ली. नानी तांगेर पयलीं काम करताली. आतां तांगेर कितेंय आसल्यार तीं नानीक आपयतालीं. हरशीं कोणेय जेवणाक आपयल्यार नानी एक दोन नातरांक घेवन वता. हमीदमियाँचे घर पैस आशिल्ल्यान तिणे कोणाक हाडूं नाशिल्लीं. तिज्या मनाक चुटपुटे लागिल्ले.

कमसे कम आंयशा को बरोबर लाना मंगता था, यहाँ भी खाती थी, घर भी ले जानेको मिलती थी, मैं अकेली कित्ता ले लुंगी ?

दावत सोंपतासर दोन-अडेज वरां जालीं. नानीक सामकी भूक लागिल्ली. निमाणे उरिल्लीं सगळीं जेंवक बशिल्ली, नानीकय वाडिल्ली. भुकेन कळवळिल्लीं नातरांची तोंडा दोळ्यामुखार येतकच नानी आपली भूक विसल्ली.

– मैं घर जाके खाती हुंजी अभी बहुत देर हुवी हयी.

हसोना बेगमेक तिज्या उलोवपाचो अर्थ कळळो. तिणे तिका घरा व्हरपाक आनीकूय जेवण दिलें.

– ये भी लेवो जी, फांतुके बच्चे खायेंगे ...

नानीन तोंडभर तिका दुवा दीत जेवण पोतयेंत घालें. उश्टया बश्येंतलें काडून दवरिल्लें जेवणय तेच पिशवेंत घालें. उपाशीं पोटार जड पिशवी घेवन नानी

'चित्रंगी' क अुपाट यश आंवडेतां

Kenny's
MARÃO
WASHING SOAP

मेसर्स के. डब्लू. केणी

मालक : मारांव सोप फॅक्टरी

करंजाळें - गोंय

भायर सल्ली

पोटांत भुकेचो उजो पेटिल्लो, वोत आंग माजतालें, तातूंत धुवे – जांवयाचीं कोडगेपणा मन हुलपायतालीं. नातरांची शितळ याद येतकच तिची वाट व्हो त्र जाली. घर लागीं पाविल्लें. दारांत बशिल्ल्या नातरांनी नानीक पळेली.

– नानी आयी, नानी आयी, हमाली अच्छी नानी आयी.

– देख, बाय देख, नानीने कित्ता खाना लाया है.

– बडी आपा, मिठाई भी होनारी नहीं गे, मैं मिठाई ब खानारी.

– चूप बे भकारी, सबको मिलेंगा.

नानीक आकांताचें पुरो जाल्लें. नातरांचो कुलकुट आयकून तिचो शीण देंवलो. इतल्यांत रशीद धांवत आयलो, तिका, कांयच विचारनास्तना हातांतली पिशवी घेवन गेलो.

– सालीं, मेरी नहीं, ये तो पिशवीकी राह देखती हयीं, ये भी तो उसी हरामजादेकी औलाद हयी.

सगळो राग तिणे पच्च करून रस्त्यार थुकून उडयलो आनी ती घरांत गेली.

– नानी तुझे कित्ता घाम आया गे.

व्हिस्तीदाच्या घेन्यान तिजो घाम पुसत शहनान विचारलें, आनी नानीच्या मनातले विचार व्हांवून गेले. तिणें अपुरबायेन ताका वेंगेंत घेतलें. बाकीची नातरां पिशवी उस्तुपांत घुस्पून गेल्लीं.

जावेदय आज घरा राविल्लो. पिशवेंतल्या खाणा-जेवणाकडेन ताजें लक्ष नाशिल्लें. तो पळेतालो नानीचे किरवटेक. जावेदाक खबर आशिल्लें, हसीना बेगम नानीक निखटी धाडचीना. पैशेय दितलीच. नानीन ते लिपोवन दवरचे पयलींच सुतलांवक जाय. ताणे खिणभर विचार केलो. तोंडभर हांनी खेळयत तो नानी म्हन्यांत आयलो –

– देख अम्मी राशनको चावला पडी हयी. कुछ पैसे है तो फटाफट निकालो, मुझे दो दिनके बाद पैसा मिलनारा, तब तक चावलां खतम होंगी.

– अरे जा रे जा, तूं चावलां लायेगा, शराबी, तू तो रंडीके गादीपे जाके पडेगा.

– अम्मी कस्समसे, गादी पे नहीं जाऊंगा.

आनी नानी पैशांक हात घालसर तिका फुसलायत रावलो. बेजारून नानीन किरवटेची पिशवी काडली. तिणे पिशवी उगडचे पयलींच जावेदान तिच्या हातार झोंपय माल्ली आनी दोन धेंपानीच खोंवी भायर गेलो. नानी उठून ताज्या फाटल्यान वतासर जावेद पैस पाविल्लो.

– या अल्ला, अब तुंही देख उस हरामजादेको ..

नानी ताका खेपत रावली. भुरगीं आनंदान जेवण जेवतालीं. फांतूय बसून जेवतालें. कोणाचेंच लक्ष नानीचेर नाशिल्लें. नानी दारांतूच फनकल मारून बसली. तिका खूप भूक लागिल्ली. आतां तिजी जेवणावेली वान्साच गेली. कवडाचेर तकली तेकोवन ती शीणल्ले नदरेन चुडटांक पळेत बसली.

□

जल्मभर संसाराखातीर झरपी नानी आतां थंड व्हिदिल्ली. नातरांची करन्नाय, जावेदाची बोबाट मगळ्या – सगळ्या पासून ती पैस पाविल्ली. नानीच्या उशा म्हन्यांत बशिल्लें फांतू घुस्मटून – घुस्मटून रडटालें. नानीचे मायेचो बुरखो ताज्या दोळयावेल्यान गळून पडिल्लो. ताजे दोळे आतां झणझणीत उगडिल्ले आनी –

– अब आगे क्या होगा अल्ला.

हो एकच प्रश्न तें अल्लाक वोदोळच्यान विचारतालें. ताज्या मनात नानीचे शब्द घुमताले –

– फांतू, कित्ती बार कहा तुझे, बच्चोंके वास्त कुछ कर. इन्हाको इस्कूल भेजनाच हयी, वो तेरा हरामी मरद इन्हाको भिक मांगने बिठायेगा रास्तेपर, तभी तेरी आँखे उगडणारी.

– हां अम्मी, मैंच हरामी हूँ, मैंने कभी सुना नही तुम्हारा.

फांतू, तेरा मरद फालां करके मेरा पैसा लुटता हयी, और तू हरामी उसको साथ देती है, पैसे क्या मैं साथ लेके जाणारो उप्पर, तेरे बच्चोंकी तुझे नहीं मुझे फिकर हयी.

– सच्ची अम्मी. आज भी. आज भी मैंने.

ताज्या दोळ्यांतल्यान घसघसून दुकां व्हांवक लागलीं. इतल्या तेपाचो अणभव आसूनय आज आपणें तीच चूक केली हाजोच ताका पश्चत्ताप जातालो. मेळूंक आयिल्ल्यो बायलो ताका पोशेताल्यो, नानीचे गूण गावन दोळ्यांक पदर लायताल्यो. फांतू आपले

मलेरीया उणी कशी करप

हें काम दोन तरेन करूंक जाता – जळारां ना करप आनी मनशाच्या रक्तांतलो रोगजंतू ना करप.

जळारां मारप – मनशाचें रगत काडल्या उपरांत जळारां वण्टीचेर वा घराच्या पाख्याचेर वसतात. तांका काळोख आशिल्लो वाठार आवडटा.

जर ह्या जाग्यांचेर डी. डी. टी. मारीत वा दुसरें अशे तरेचें वखद मारीत जाल्यार जळारां धा दिसाभीतर मरतात.

मलेरीया उणी करपाक डी. डी. टी. मारप. रानची कुड, न्हिदता ती कुड, गायचे गोठे, आदी सगळकडेन एकाच वरोबर डी. डी. टी मारूंक जाय. हाका लागून मलेरीयाचो प्रसार जावंक पावचो ना.

मलेरीयाचें जळार शुद्ध उदकांत तांतयां घालता. हाका लागून उघडचार पडिल्लीं लातां, नाल्ल्यो, उदकाच्यो टांकयो, फुलांचे वाझ, अशे तरेन सांठून उरिल्लें उदक पैस करूंक जाय. घराभोंवतणी उदक सांठून उरूंक दिवंक जायना.

रोगजंतू मारून उडवपाक दुयेंत मनशाक वखदां दिवंक जाय.
जंय मलेरीया जाल्ली आसा थंय दोन तरेन उपाय करूंक जाय.

(१) डी. डी. टी. मारप. चड करून गोठ्यानी मारूंक विसरूंक फावना.

(२) घरांत कोणाकूय जोर आयला जाल्यार चौकशी करप. जर जोर आइल्लो आसत जाल्यार ताजें रगत तपासप आनी ताका "क्लोरोकीन" हचो गुळयो दिवप. उपरांत जर रक्तांत हे रोंगजंतू सांपडले जाल्यार ताका पांच दिसांचो मलेरीयाचेर उपचार करप. हचो गुळयो घेवप खूब गरजेचें आसता.

आरोग्य संचालनालय
पणजी - गोंय
हांचे वतीन

करणेक रडतालें.

नानी ताका कितल्याच वेळा शिटकायताली. तरी ताजो जावेदाचेर रोखडोच विश्वास बसतालो. जावेदय अशे तरेन फटाशी मारतालो, फांतू ताज्या फालांक भुलतालें. केन्ना केन्नाय आपूण नानीकडेन वाद घालून ताका पैशे दिवक लायतालें. फटींग धोवाक लागून फांतून झगडटकीर नानीक खूप वायट दिसतालें.

फांतूक याद जाली. अशेंच एक दीस जावेदाच्या फालांक भुलून ताणे नानीकडेन वाद घाल्लो. निमाणें रागान नानीन पैशे आपटिले –

ले, ले हरामजादी, पैसे मैं उप्पर नहीं ले जानारी, अब बच्चोंको भी बेचकर खावो, तभी तुम्हें सुशेग मिलेंगा.

नानीचो राग कानामनार घेनास्तना जावेदान जमनिवेले पैशे पुंजावन बोल्सांत घाले आनी नानीक उतर दिलें –

अल्लाकी कसम अम्मी, कल परसूं लाके देता हूँ पैसे परत.

– तेरा कल परसूं कभी नही आनारा.

– अम्मी, उन्होने अल्लाकी कसम खायी हयीं, देख तूं वो बेगीन देनारे तेरे पैसे.

ताजेर विश्वासून फांतून सांगलें. जावेदालो कल – परसूं केन्नाच उदेलो ना. नानी दोन – तीन दीस खेपत रावली. फांतू तोंड धांपून वोग्गी रावलें. – अबके बार तूं मागकेंच देख पैसे, एक कवडी भी नहीं मिलनारी.

निमाणे हताश जावन तिणें निश्चेव केलो. प्रत्येक वेळार ती असोच निश्चेव करताली, आनी आपलेंच समाधान करून घेताली. तिजो निश्चेव केन्नाच तडीक पावलोना. फांतूय बदल्लें ना. आजय बी नानीचे मडें घरांत आसतना ताणे जावेदाचेर विश्वास दवरलो.

ताका येवजली दोन दीस पयलींची गजाल. हालीं नानीचें प्रेसांव एकदम देंवतालें. दोतोरान तिका न्हिदून रांवक सांगिल्लें. एक दीस नानी न्हिदून रावली. घरांत आशिल्ल्या तांदळांची पेज करून फांतून मुरग्यांक दोनय वेळा वाडली. बरे नाशिल्ले नानीकय इल्लो इल्लो निवळ दिलो. आपूण मात उपाशीं रावलें.

With Best Wishes From

TOYO PHARMACEUTICALS

Farooque Mansion
Main Road
Ponda
Goa - 403 401

जावेदाकय ताणे पेज दवरं नासली. तो गोडबोलो. शेजाऱ्यांगेर वचून तांका फुलां माळून तो सुशेगाद जेवलो. रातचोय मित्रागेर वचून जेवन आयलो. भुरग्यांची फांतूची ताणे चौकशी सुद्धां केली ना.

फांतूक ताजो केन्नाच न्ही तो राग आयलो. ते रातीं तें ताजेकडेन खूब झगडलें. निमाणें दुसऱ्या दिसा खातीर तांदूळ हाडूंक पैशे ताणें मागले. पांच रुपये पूण दी म्हूण तें काकुटेक आयलें. जावेदान सडसडीत सांगलें

शराब पिनेको पैसा नहीं, तो तुझे कहाँसे देदूं.. फांतूक ताजी भिरभिरी माल्ली. लग्न जाल्ल्याक पयलेच खेप ताणे ताका जाप सांगली. ताजे जापेन जावेद आनी खुबळळो.

मुझे जापां सांगती हंयी, रंडी तुझे अभी जिन्दा नहीं छोडूंगा.

जावेद फांतुचो जीवच घेंवक भायर सरिल्लो. मेळत तशें ताका तो मारतालो. निमाणें नानी धडपडत भायर आयली, तेन्ना गाळी घालत जावेद उठून गेलो.

घरांतले हाल-दैना नानीच्यान पळोंवक जाले ना. आज नातरां सामकी उपाशीं उरतली हाजे तिका चुरचुरे पडले. फांतू कोणाकडेन मागून सुद्धां कांय हाडचें ना, वेल्यान भुरग्यांक मारतलें हें ती जाणां आसली.

– अम्मीगे चपातीका बाश आताय, मैं वैनीके घल जाऊं, मुझे भूक लगी.

शहनाचीं उतरां आयकून नानीच्यान कशेंच रांव नज जालें. तिणे नातरांक फुसलायलीं आनी लकत पडत ती भायर सल्ली. फांतून तिका आडायली ना. भूरग्यांबरोबर तेंय नानीची वाट पळेत बसलें.

नानी शेजाऱ्नीगेर गेली. तिजे तांदूळ सदां नानी सारके करपी. आजय नानीन मुडीभर तांदूळ चाळणीत घाले, फाफुडले. नानीक सामकें पुरो जाल्लें. शेजाऱ्नीन दिल्लो चा ती पिली. उडों पदराक बांदलो. कणयो आनी आठवोभर तांदूळ घेवन ती लकत पडत घरा आयली. धुवेच्या हातांत पोटली दिवन तिणें सांगलें – – फांतू मैं खाना नहीं खानारी चा पिया हयी मैं सोती हुँ जरा, बच्चोंको बोबां मारने नहीं देना.

फांतून बेगीन बेगीन पेज केली. भुरग्यांक

With Best compliments

Hindustan Rubber Works

Borim, Ponda, Goa

Phone : 236

वाडली. रातचो बोवाल विसरून जावेद घरा आयिल्लो. फांतू आनी तो हांसत हांसत खबरो करत पेज जेवलीं. जावेदान नानीची चौकशी केली ना. रातचें सगळ्यांक वाडल्या उप्रांत फांतू नानीक उठोंवक गेलें. नानी थंड न्हिदिल्ली, सासणां खातीरच. सगळ्यांक पोटभर जेवण दिवन आपूण उपाशीं पोटान गेल्ली परतून न येवपाच्या वाटेर.

सकाळीं फुडें शेजारी पाजारी, जमले. आतां फुडली तयारी करपाक जाय आसली.

'अब कैसा करेंगे' सगळ्यांक प्रस्न पडिल्लो पैशांचो. जमिल्ले शेजारी, सोयरे सगळेच पैशांक तशे पातीशेर. तातूंत जावेदाक ते वळखताले. पांच पैशे सुद्धां परत मेळपाची आशा नाशिल्ली. जावेदान हळूच पळेलें. कोण पैशे दिवक मुखार सरनात. तो हळूच भितर आयलो. फांतूक फाटल्यान घेवन गेलो आनी सांगलें –

– साले, कोई भी पैसे बाहर काडते नही. अब तुही यहाँ वहाँ सारखी देख, अम्मीने कहीं तो रखे होंगे.

फांतू मुकाट्यानी सोदूं लागलें झडाच्यो कामी हालोवन पळेल्यो. कोनशाची काम हालयतकच कपडयाची इल्लीशी पोटली सकल पडली. जावेद रोखडोच म्हण्यांत आयलो. आंगठेंत पन्नास रुपये आशिल्ले. जावेद रोखडोच वळटालो, फांतून ताका वेगीन वेगीन विचारलें –

– देखो जी ये बार तो फसायेंगे नही ना ?

– नहीं नहीं अल्लाकी फसम, मैं अभी काजीको लेके आया.

दोळ्यांत दुकां हाडून जावेदान सांगलें.

सकाळच्या धा वरांचेर गेल्लो जावेद आतां दोन वरां जालीं तरी येवं नाशिल्लो. फांतूक कळळें हे खेपेय जावेदान ताका फटयलें. जावेदाचीं फटिंगपणां जे म्हेडिच्या आदाराचेर पचतालीं ती नानी आज कोसळिल्ली.

– अब मैं क्या करुं.

फांतू कपलार हात धरून चिंतूं लागलें. मडें चड वेळ घरांत दवरपाची स्थिती नाशिल्ली. कोण नाशिल्ल्याचें मडें मशिदिचे वतीन पुरतालीं. जमिल्ले लोकानी मशीदींत खबर कळयली, आनी नानीच्या निमाणे यात्रेची तयारी करुंक लागले.

**

WIHT BEST WISHES FROM :

KHILJI & KHURESHI BUILDERS

BUILDERS PROMOTERS

B/6 Ist Floor, Dr. Kossambe Building.
Swatantra Path,
Vasco - Da - Gama 403 802.
Goa.

तुमच्या अन्नांतलीं प्रथिनां वाडोवपाखातीर
आनी घटमूट उमेदी तरनाटे घडपाखातीर
पशुसंवर्धन खात्याच्या जायत्या येवजण्यांचो
लाव घेयात.

तांतयांखातीर पॉल्ट्री
धुकराच्या मासाखातीर पिगरी
दुदाखातीर संकरीत गायो

जाका लागून जिणेतलीं खंयचींय
आव्हानां पेलपाक तरनाटे
शारीरीक नदरेन सबळ जातले.

पशुसंवर्धन आनी पशुचिकित्सा
संचालनालय
गोंय सरकार
पणजी - गोंयचे वतीन



जापसालकी

रजनी अ. भेंब्रे

आयज आठ दीस जाले. आपले धुवेक तरेक तरेन विचारलें पुण उमा तोंडच उघडूंक तयार ना. केन्नाच कोणाय कडेन हार न खावपी सरोज उमा म्हज्यांत हरीलें. आपले धुवे विशीं सरोजान म्होवाळ सपना रंगयिल्लीं. ताका दिसतालें आपली धूव उमा सर्गांतली परी. कोणूय राजकुंवर उखलून व्हरतीत. पुण आयज कपल फुटलें.

सरोज चित्तालें. आयज जर बनुआका आसत तर आपल्याक ताका तोंड दाखोवंक लेगीत लज दिसपाची. आयज तें जीवें ना म्हणून बरें. जी गजाल हावें केन्नाच चितूं नासली तीच म्हज्या घरांत रुप्रासप ! पिशांतरा वरी चीत चीत चिततालें. दोळ्यांतल्यान दुकां, हुंवार कशीं भरून येतालीं. काळजांत मोड जाल्लें.

सरोजाक याद जाता. त्यावेळार बनुआकाचीं उतरां हावें फकाणार व्हेलीं. अेक उतर लेगीत हावें आयकलें ना. मॉड भरील्ल्या काळजांत बनुआकाचो थंड ल्हारां कशीं उतरांची याद येता. कितलें समजिवायेचें बनुआका ! आयज म्हाका बनुआकाची खूबच याद येता. आसची शेजान्न तर बनुआका असली. आसची इश्टीण तर बनुआका असली. आयज म्हाका धिराचीं उतरां दिवपी कोणच ना. अनुभवी बनुआका सोपज्यार वर्सां गेलीं.

चिततां चिततां सरोज धा वर्सां फाटीं पावलें. अशीच अेक सानवेळ आसली. सरोजाक महिला मंडळांत वचपाची ताकीत आसली. केन्ना काय मंडळांत पावन आनी मंडळची अध्यक्षा नलुताईची कातर माजी करीन अशें ताका जाल्लें. तशें पळोवंक गेल्यार नलुताई बऱ्या सभावाची बायल. पुण सरोज सदांच ताजेर कसतालें. संद मेळत तेन्ना ताका पाट्टालें पुण नलुताई परती जाप दिना आसलें.

सदचे वरी बनुआकाक उलो घालून वच्चें म्हणून सरोजान उलो केलो आनी विचाल्लें,

"बनुआका - ए - बनुआका - येता मुगो तूं महिला मंडळाचे बसकेक ?"

"हय तर !"

बनुआकान घरांतल्यानच सडसडीत जाप दिली.

"हांव आनी बसका चुकयतां ? रानून लेगीत दवरलां हावें. सरोज, बसकेक अजून कळाव आसा. घरांत तरी यो. आयज अशी ताकीत कित्याक ? कोण फाटीक लागला ?"

"आयज म्हाका मातशें बेगीनच वचूं जाय. अध्यक्षाबायक सामखी फैलार घेंवक जाय. पुण फैलार घेवचे पलीं सगळ्यांक जर हांव ती गजाल सांगिना

जायन तर ... ...''

सरोज.

''सरोज सामखें तापार जाता मुगो. घडलां कितें ?''

बनुआकान थंडसायेन विचारलें.

''सगळो गांव भल्ला आनी तुका खबर ना ? तुजी इश्टीण जाली म्हणून कानार केंस काडचेली गरज ना. म्हातारेन कोंबो धांपलो म्हणून दीस जांवचेलो रावचो ना.''

सरोज सामखें उताविळ जालें.

बनुआका बुचकळयांत पडिल्लेवरी जालें.

''आगो, गेल्या आठ दिसांक मायरच सरप जालें ना. नातरां आयिल्ल्यान दीस कशे गेले कळूंच ना. न चुकता दामुदराचे भेटेक वचपी, नातरां आयिल्ल्यान देवळांत पावलेंच ना. आतां अेक खरें, देवळांत गेलें जाल्यार नलुताईगेर गेल्याबगर म्हाका सुखच लागना.''

''नलुताईले दिवटेन कसो उजवाड घाला तो नकळो तूं ? सगळो गांव देस भल्लो. कॉलेज करतात काय कपल हांव नकळो. अेका चल्याबरोबर नाच नाच नाचलें आनी आतां ताका सोडून दिलो. तो आतां पिसो जाला खंय. आयच्या गोरांचेर सांव्वार आयला पुण म्हाका अजाप दिस्ता तें नलुताईचें. आपले चलयेक असलीं पारपोळपणां करपाक कशीं दिलीं.''

सरोज सांगत आमलें.

बनुआकाक सरोज कितें सांगता तें समजचना जालें. ताणें म्हळें.

''सरोज, तुवें जी तोंडाची गाडी सुरू केल्या तिजो म्हजेर मात लेगीत परीणाम जायना. तूं कितें सांगता तेंच म्हाका समजना.''

''समजुचेंच ना. इश्टिणीची गजाल न्हय गो ?'' सरोज तिडकून उलयलें.

''आयक तर सारखें. राम शणैलो चलो अनुज आनी नलुताईचें चली जानकी हांगेलो कॉलेजींत वचतसून मोग जालता. आनी आतां तें सांगता खंय कीं अनुजाक आपणें आयज मेरेन भाव मानला. आपणे ताजेर मोग केला पुणून माव मानून.''

''म्हण्टकच जानकीन खरें तेंच सांगलां जातलें. ताणें जें सांगलां ताजेर हांवे, तुवें, सगळ्या समाजान

Rapid Industrialisation, Rise in Population and developmental Activities in the last few decades has disturned nature resulting in denudation of Forests, depletion of fauna and thereby rendering vast stretches of Forests in a state of Utter Degradation. Unless something drastic is done to revive lost environment the damage in the years to come cannot be replenished. Therefore a mass tree planting programme on all the available lands is the only solution to this treatened eco-system. A crash Programme of afforestation is therefore to be undertaken by involving community for the benefit of community for maintenance of ecological balance for posterity.

Join hands with the Forest Department in making the crash tree planting programme a success.

Forest Department

कित्याक विश्वासूं नये ? म्हाका समजना तूं अशें जानकीच्या विचारांच्यो मोदल्यो कित्याक करता ? म्हाका जाल्यार जानकीन जें सांगलां तातूंन दुष्टपण दिसनात. "

बनुआकान आयज मेरेन कोणाचेंच वायट चिंतूं नासलें.

"सरोज, अनुज आनी नलुताईल्या जानकीचो मोग कोणे आनी केन्ना सांगलो ?"

"म्हज्या अमोलान. तो सांगता कीं तीं सदांच बरोबरच कॉलेज्याक येतात वतात."

"बरोबर आयलीं गेलीं म्हण्टकच मोग जालो ? नाका आसरे उलयतात मुगो तुमी."

बनुआका, तूं समजना, कॉलेज्याक वतकव बरोबर आयलीं गेलीं कीं मोग म्हण्टात खंय. आनी आतां अचकीत जानकीची सोयरीक दुसऱ्याच चल्याकडेन चलता. सगळो गांव भल्ला. अनुज फिकार जावन नलताईगेर आयलो आनी ताणें जानकीक खंय सरळ प्रश्न केलो कीं तुजो म्हजेर मोग आसतना सोयरीक कशी व्हेली ? आनी ताणें आपले आवय मुखार सांगलें कीं अनुजाक आपणें आयज मेरेन आपलो इश्ट मानला आनी भावाबशेन ताजेर मोग केला. हें सगळें आयकतकच अनुज घुंवळ येवन पडलो खंय आनी त्या दिसा धरून तो फकत जानकी – जानकी करून पिसो जाला. ताका मानिकॉमांत दवरला."

सरोजान सगळी गजाल बरी तिखट मीठ लावन सांगली आनी बनुआका विचारांत पडलें.

सरोजालें अजुनय उलवप सोपूं नासलें,

"नुलुताईचे मांयक सगळया जगाचे कुचाळे लागतात. आनी आपले नातीन केलें तें बरें दिसलें ? म्हजो भाव गुजराथी चलये कडेन लग्न जाला म्हणून म्हाका चार चौगांत हिणसावपी नलुताईक हांव कशेंच सोडपी न्हय."

"सरोज, जानकीन मनांतले सगळें जर अनुजाक सांगलें तर तुका नलुताईक कितेंच विचारचेलो अधिकार ना."

बनुआका.

"हांव विचारपीच, अनुजाक पिसो करून तुमी कितें मेळयलें. सोडपीच न्हय."

With Best Wishes From :

M/s. Tato Agencies

Tonk Miramar, Panaji
P. o. Caranzalem
GOA

With Best Compliments From :

Shanbhag Hotel

Dattaprasad Bldg.
Mahatma Gandhi Road
Panaji-Goa, 403 001

Phone : 6436

खेळ

बरी भलायकी आनी करमणुकीखातीर....

खेळांचे अुदरगतीपासत सरकार कसो वावुरता
हाची तुमकां खबर आसा ?

* कर्तुत्वी खेळगडयांक आनी युवकांक राज्य पुरस्कार भेटयता.
* खेळां - प्रकल्प आनी विविध - अुपेगी सभाघरां अुबारता.
* पंचायत आनी तालुको वाठारांत खेळांमैदानांच्या विकासाखातीर अनुदान दिता.
* मुळाव्या, माध्यमिक आनी अुच्चमाध्यमिक विद्यालयांखातीर खेळां - अुत्सव घडोवन हाडटा.
* प्राविण्य मेळोवपी खेळगडयांक शिष्यवृत्त्यो भेटयता.
* खेळांवयले बरपावळीक अुत्तेजन दिता.
* व्यायाम शाळा स्थापन करता.

खेळ आनी वेव्हार संचालनालय

पणजी - गोंय

हांचेवतीन प्रसारीत

समावाक वखद ना तशी सरोजाली गजाल आसली.

"सरोज म्हाका सांग चलयेक एखाद्रो दादलो इश्ट कित्याक आसूंक शकना ? इश्ट म्हळो कीं तो मोगीच आसा अशें कित्याक थारता ? दोन इश्टांमदलें नातें जें आसता तें दादल्या – बायले मदीं आसूंकच शकना आनी आसल्यार समाज तें नातें कित्याक मानूंक तयार जायना ? बरें तें आसूं आमी मंडळाची बसका सोंपतकच नलुताईगेर या आनी जानकी कडल्यान सगळें सारखें विचारून घेवया. हांव जानकीच्या उतरांचेर विस्वास दवरतां पुणून तूं दवरूंकच तयार ना ग्ही म्हणून हांव सांगतां तें आयक."

"तुका जाय जाल्यार तूं चल. शिष्टाई करचेली म्हाका गरज ना. म्हाका नलुताईक मंडळाचे बसकेंतच लज करूंक जाय."

सरोज खूब उतावीळ आसलें.

"सरोज, भुरगीं चूक करतात ताजी ख्यास्त आमी जाण्टयांक कित्याक दिवची ? म्हाका दिसना तरी तूं जें म्हण्टा तशें नलुताईन आपले धुवेक अशें करतुप कर म्हळां ? आतां अशें चींत. आयज तुजीं म्हजीं भुरगीं ल्हान आसात.पुण तीं रोखडींच व्हड जातलीं. आनी समज तुजेय चलयेन अशेंच कितें तरी वायट केलें जाल्यार ताजो जापसालकी तूं घेतलें ?"

"कितें ... कितें म्हण्टा तूं ... ?"

सरोज.

"गडबडू नाका. सारखें चींत. घेतलें तूं तुजे चलयेची वायट करतुपाची जापसालकी ?"

"म्हजें चली असलीं वायट करतुपां केन्नाच करचें ना. चली म्हजें. नलुताईचें न्हय. म्हजो पुराय विस्वास आसा."

सरोजाक आपले माणकुले धुवेचो येन्नाधरच गर्व आसलो.

"ना चुकता तू आयज नलुताईच्या वांटचाक आयलां तेंच फाल्यां तुज्या – म्हज्या वांटचाक येवचेली शक्यताय तुज्यान – म्हज्यान न्हयकारूंक जायना. दुसऱ्याक बोटां दाखोवप साप सोपें. जगाची रीतच जावन गेल्या. जानकीन फकत इश्टागत केली तर ताका समाज हें पानवळ दिता ! आनी कांय विचार नाशिल्लीं भुरगीं आपणाक जाय – जाय तें करतात तेन्ना आवय बापायक ओगीच जापसालदार धरप. भुरग्यांक बरे वायटाचे परीणाम खबर नास्तात. नलुताईक तं कारणा शिवाय दोशी धरता. हांव सांगतां तें आयकुचेलो यत्न कर."

बनुआकान सरोजाक तरेतरेन समजावपाचो पुराय यत्न केलो. पुण ताजें कांयच आयकनास्तना सरोजान भर बसकेंत नलुताईक लजेन मान सकयल घालूंक लायलीच.

दीस सरले, म्हयने सरले आनी वर्सां धांवक लागलीं आनी आयज बनुआकाचीं उतरां खरीं थारल्यांत. सरोजालें उमा आयज अठरा वर्सांचें सोबित चली नाका आसलें तें करून बसलां. सात म्हयन्याची आंकवार आवय. आयज सरोज न्हिदलां. जीवें आसून मेलां. उमा आपल्या वांगडयाचें नांव सागूंक कशेंच तयार ना. नलुताईक भर बसकेंत लज करी बोटां दाखोवपी सरोजाक आयज सगळो वांठार आपल्या भोंवतणी घुंवता आनी म्हणटा – तूं गुन्यांवकार – तूं गुन्यांवकार – अशें दिसता. पिशांतराची आवतीकाय जाल्या. भितल्या भितर घुस्मटच्या शिवाय ताजे कडेन कांयच उरूंक ना. बनुआकाचीं उतरां ताका याद जातात – तुचे चलयेची वायट करतुपाची जापसालकी तूं घेतलें – तूं घेतलें – तूं घेतलें. खरेंच हांव घेंवक शकतां जापसालकी ??

सरोज चित्तालें.

※※

With Best Compliment From —

HOTEL SANYOG

Deluxe Vegetarian Cafetaria

Nizari Bhavan
Near National Talkies
PANAJI - GOA

मावशे, म्हाका तुगेर व्हर गे!



सुनीता धेंपे

सुमंतान दर्यांत उडी घेवन जीण सोंपयल्यार आयज बारा दीस जाले. बारा वसांचो, निकतोच तरनाटेपणात प्रवेश करपी सुमंत आमचेमदीं ना म्हळ्यार खरेंच दिसना. दिसता, उक्त्या दारांतल्यान तो रों-रों व्हांवपी वाऱ्याप्रमाण धांवत येतलो, सदचे वरी म्हाका वेंग मारून 'मीनूमावशे, आयज म्हाका आवडटा तीं कांद्याचीं भजीं कर गे' अशें म्हणटलो. आनी हांवें ताची मागणी पूर्ण करतकच पयलें भजें म्हाका खावोवन, 'म्हजी लाडकी मावशी ती,' अशें म्हणत खोशेन हांसतलो. पुण ना, आता तें जावपाचें ना. सुमंताची ल्हानपणातली मावशी वा मीनी आनी आतांची मीनूमावशी हीं उतरां परत केन्नाच आयकूंक येवचीं ना. फकत काळजांत रीगत रावतलीं. आपली जीण सोंपोवपाच्या आदल्या दिसा तांगेर हांव गेल्लें तेन्ना परत येतना ताणे काकुळटेन पर्थून पर्थून म्हणिल्लीं उतरां, 'मावशे, म्हाका तुगेर व्हर गे. तुजो हांव लाडको माचो मऽऽगे, मागीर म्हाका तुजोच पुत कित्याक मानना? प्लीज, मावशे, म्हाका तुगेर व्हर गे.'

खरेंच, बळयां सुमंताक जर हांवें त्या दिसा हाडिल्लो तर तो वांचतलो आसलो. पुण ना! निनाच्या, म्हजे व्हडले भयणिच्या रागामुखार म्हाका फाटीं सरचें पडलें. काळजार फातर दवरून सुमंताकडेन पळय नासतना हांव घरा आयलें. अख्खी रात म्हज्या दोळ्यांची पाती लागलीना आनी सकाळींफुडें म्हाका ती खबर कळळी. म्हजो सुमू, लाडको भाचो, माईणकाराचो पयलो नातू हो संवसार सोडून गेल्लो.

सुमंताच्या मरणाचें खरें कारण म्हाका खबर आसलें. पुण तें उक्तें करून फायदो कांयच जावचो नासलो. म्हजो सुमू म्हाका परत केन्नाच मेळपाचो नासलो. उरिल्ल्यो, उरतल्यो, फकत ताच्यो यादी. जांव त्यो तरी ताच्या आवय बापायक शुद्धीर हाडूं. आवय – बापूय म्हणटकच म्हाका नीना – नरेशाची याद जाली. सुमू गेल्या उपरांत तरी तांका आपणे केल्ल्या विनाकारण तंटयांचो पश्चाताप जाला आसतलो कांय? म्हज्या मनांत हो प्रस्न उपरासपाक कांपीण वाजली आनी सुमूच्या यादींची सांखळ तुटली. आंगमर पदर पांघुरत हांवें दार उक्तें केलें. दारांत उमेश म्हजो

व्हडलो भाव आनी घोव मोहन उबे आसले. सुमूच्या दिसांक आयिल्लो उमेश मोहनाकडल्यान कांय गजालींचो सुगावो लागिल्ल्यान म्हाका मुद्दम मेळूंक आयिल्लो.

उमेश आनी हांव फाटलीं – फुडलीं भावभयणा पुण आमचेमदीं हेरांवरो चड तंटे केन्नाच जावंक पावले ना. दोगांय एकाच समावाची म्हुण काय देव जाणा. आमचें बरें जुळटालें. म्हजें आनी नीनाचें लग्नय कुळारा लागसल्ल्या गांवांनीच जाल्ल्यान उमेशाचें आमगेर चड येवप आसलें. म्हजेवरी सुमू ताचोय लाडको भाचो आनी आयज आमी दोगांय ताका पयसाविल्लीं. सुमूच्या मरणाची खबर कळटकच उमेश आई बाबाक येवन घेवन गेल्लो पुण बोवाळांत हांव थंय ना हें ताचे नदरेंत आयलें ना आनी तो घरा परततकच म्हजी याद जाल्ली आसूंक जाय आनी म्हणूनच तो आयज म्हाका पळोवंक आयला असतलो हाजो म्हाका कल्पना आयली.

उमेश म्हजे नदरेक नदर दिना आसलो आनी म्हज्या तोंडातल्यान उतर फुट नासलें, ओंठ थरथरताले, आंग शिरशिरतालें, दोळ्यांतल्यान मोन्यांनी दुकां व्हावंतालीं. मोहनान म्हाका ल्हवूच उमेशा म्हज्यांत सेटीर बसयलें. एक्सक्युजमी, म्हणत तो भितल्ले कुडींत गेलो आनी हांवें सगली लज सोडून ; 'भाई खंय गेलो ऽऽऽरे आमचो सुमू' अशें म्हणत रडूंक आरंभ केलो. उमेशाचेय दोळे दुकांनी भरून व्हावंक लागले. केदो वेळ आमी रडटालीं, एकामेकांक समजायतालीं देव जाणा. इतल्यान मोहन सरबत घेवन आयलो. बळयां म्हाकाय चार घोंट मारचेच पडले. मागीर म्हाका दनपारच्या जेवणाचो वेळ जाला म्हुण याद जाली आनी हांव रांदचे कुडींत धावलें.

म्हजी रांदचीकूड आयज म्हाकाच चाळयताली. फाटले बारा दीस म्हजें घराकडेन लक्षच नासलें. सुमूच्या यादिनी हांव बुडून रावतालें. जियेवंक जाय आनी दादलो मनीस घरांत आसा म्हुण सकाळ, दनपार, रातीं अन्न चुलीर शिजतालें पुण तें खार जालां कांय तीख वा गोड जालां तें जाणून घेवपाची म्हाका पर्वाच नासली. मोहन म्हजी स्थिती जाणा जाल्ल्यान एक दीस ताणे कागाळ केली ना. ही सगळी आयज म्हाका

With Best Compliments From :

M/S RANGAVI REALTORS

BUILDERS & REAL ESTATE DEVELOPERS
NEW MARKET
P. O. BOX NO. 205
MARGAO-GOA 403 601

Gram : Care 'BABU'

Phone : 22171, 21335 (off)
22312, 20604 (Res)

KNOWLEDGE IS POWER

1. More than 1200 Primary schools and 300 secondary schools functioning in the state covering even the backward and remote areas.

2. Higher Secondary School, Colleges and Technical Institutions catering to the needs of Higher / Technical education.

3. Scholarships, freeships, book grants and other incentives awarded to a large number of economically backward students, girl students, SC/ST students, Children of teachers freedom fighters and Ex-Servicemen.

4. Library movement started-village libraries and taluka libraries opened to encourage reading habit among the students youth & adults

5. Cheap note-books sold at concessional rates to students through schools, co-operative Societies & sahakar Bhandars.

6. Mid-day meals supplied to 20, 000 children in primary schools.

7. Eradication of Illiteracy-education imparted to illiterate adults through Adult Education Centres functioning all over the state "Education for all leading to all round development" is our motto Help us to educate your child.

DIRECTORATE OF EDUCATION

GOVERNMENT OF GOA

PANAJI - GOA.

याद जाली आनी हांवें आळस झाडून जेवणाची तयारी केली. जाता तितले बेगीन चार जिन्नस केले आनी उमेश, मोहन जेवंक बसले. मोहनान म्हजेंय ताट वाडूंक लायलें. जेवणाचीं आयदनां मदीं मेजार दवरून हांवें कदेल फाटीं ओडलें आनी ताचेर बसलें. मुखार मरिल्लें ताट आसुनय जेवणाची इत्साच जाय नासली. इतल्यान मोहनाचें म्हजेकडेन लक्ष गेलें, ताणें उमेशाक म्हळें,

"उमेश हाका कितेंय सांग रे! सुमू वचतसान हाजें चित्तच ना कित्याचेर. एक दीस ऑफीसांत घुवंळ येवन पडपाचें, निमाणे हांवें सक्तीन सुटी घेवंक लायली. आतां अशेंच हें करत रावल्यार हांवें कितें करपाचें? म्हाकाय जीव दिवचो पडटला!"

मोहनाचीं हीं उतरां आयकना फुडें म्हज्या दोळ्यांत एकठांय जावपी दुकां आटलीं. उमेश आनी मोहनाव डेन हांवें एकदांच पळयलें. ताणी दोगांयनी मान सकयल घालून बेगीबेगीन जेवंक आरंभ केलो आनी हांवय अन्न पोटांत धुकलूंक लागलें. फुडें आमची उलोवणी जालींच ना. जेवन मोहन, उमेश बेडरूमांत आड पडिल्ले. फाटलें धापून फ्रिजांत आयदनां दवरून हांवंय बेडरूमांत आयलें आनी मोहनाच्या उशालागीं बसलें. ताणे लहवू आपलो हात मोगान म्हजे फाटीर दवल्लो आनी थापटिल्लेवरी केलें. उमेश आनी मोहन आमच्या लग्ना आदले इंजिनियरींग कॉलेजचे इश्ट आशिल्ल्यान उमेशामुखार मोहनाक केन्ना हांवें भिडेल्लो पळोवंक नासलो लहवू ताजो हात म्हज्या कमरा भोंवतणी आयलो, आपल्या म्हज्यांत ओडिल्लेवरी करून ताणे उमेशाक म्हळें,

"उमेश, ह्या मीनूची म्हाका मजा दिसता. जितलें ताई-भावोजीन सुमूचें दुख्ख मनांक लावन घेवंक ना, तितलें ह्या मीनून घेतलां. अजाप इतलेंच कि ताचेर निमणी नदर मात घालूंक येना जालें तें."

"कशें येतलें? मोहन तूं समजूचो ना मीनू आनी म्हजेंय दुख्ख. आरे, नीना फकत आवय सुमूची पुण ह्या मीनून आपलें कॉलेज सांबाळून ताकाय वाडयल्लो. म्हणटात न्हय, आवयपरस मावशी बरी म्हण, सुमूकय मीनूची खूब ओड. म्हज्यान सुद्धां पळोवंक जायना आसलें सुमुक निमणे व्हरतना.

PUBLIC WORKS DEPARTMENT
GOVERNMENT OF GOA

Contributes to the development of this state through major develoment activities like :

A) Public Buildings and Institutional comlexes.
B) Roads & Bridges - including Highways, major Roadlinks and rural roads.
C) Public Health Engineering project - with Urban and rura. water supply/sewerage schemes and sanitation works.
D) Ports and Navigation Projects - through Hydraulic works, construction of jetties and minor ports.
E) Rural development works.
And all other civil works involved in the developmental works of this state.

"Progress And Prosperity Through Development"

"खरेंच सुमू पुण आशिल्लोय तसोच आ. मायेस्त. म्हाकाय माया लागिल्ली ताची."

अचकीत मोहन सुमूच्या यादिनी घुस्पलो आनी ताचेय दोळे भरून आयले, हांवें ल्हवू म्हजे साडयेच्या पदरान ताची दुकां पुसलीं.

"पुण कितेंय सांग, सुमू रातचो इतल्या उसरां दर्यार गेलो कसो? नीना-मावोजी कितें इतलीं गाढ न्हिदिल्लीं ते दिसा कि तांकां दारगोय आवाज आयलो ना? तातूंत ताका खंय न्हिदेंत चलपाची संवय! मागीर तर आवय बापूय चड जागरूक आसूंक जाय."

उमेश.

"कितें म्हणटा? सुमू न्हिदेंत उठून चलत दर्यांत गेलो? ताका न्हिदेंत चलपाची सवंय आसली? इंपॉसीबल! फटकिरी खंयचीं! म्हज्या मुखार येयात म्हण सांगात तांकां. सोलून काडटां एक-एकट्याक!"

ल्हवू ल्हवू म्हजी तिडक उक्ती जावंक लागली. उमेश, मोहन म्हजेकडेन पळयतच राविल्ले. तातूंतले मोहनाक म्हज्या घुस्मटपी मनाचो वास लागलो आसूंक जाय. तो खाटीर उठून बसलो. ल्हवू पर्यंत म्हाका थापटिल्लेवरी केलें आनी म्हळें,

"मीनू, समथिंग इज रॉंग समवेअर! तुका कितें तरी खबर आसा. आतां लिपोवन दवरून फायदो कांयच ना. भितल्ले भितर घुस्मटून रावचे परस ओकून उडय कितें जाणा तें. सुमून तुका कितें सांगिल्लें बी? प्लीज शेअर युवर ग्रिफ वुइथ अज!"

– मोहन.

ज्मेशानय ताका तेंको दिलो आनी दुकांच्या पावसाबराबर घसघशांनी उतरो म्हज्या तोंडातल्यान भायर फुटूंक लागलीं.

❑

नीना – नरेशाक दोनच सोनुलीं भुरगीं. व्हडलो सुमंत तर धाकलो जयेश. जयेश सुमंताफाटल्यान पांच वर्सांनी ल्हान. तो जायत सावन नीनाय खूब. पिरपिरें जाल्लें. एक तर सुमंताक हांवें वाडयल्ल्यान ताका भुरग्याची जापसालकी कशी घेवप खबर नासली आनी अकस्मात एक दीस ताणेच म्हाका सांगिल्लें,

"जयेश वॉज ए अनवॉंटेड बेबी."

आपलो फॉर्म वचत ह्या भंयान तें भुरग्यांक पयसच दवरतालें. नरेश तसो सभावान बरो पुण नीनाचे पिरपीरीक लागून तोय पिकार उरतालो. दोगांय आपली तिडक व्हडल्या सुमूचेर चड काडटाली. एक – दोनदां म्हज्या ध्यानात तें आयिल्लें आनी त्या दिसा दोळ्यांनी पळयलें.

सुटी आशिल्ल्यान हांव नीनागेर गेल्लें.

पुस्तकांचो छापणावळ
हो आमचो
अपुरबायेचो वावर

अपुरबाय
प्रिंटर्स
वळवय, फोंडें,गोंय

छापणावळीचीं
बारीक मोटीं कामां
आमी करतात

सांजवेळचीं साडे चार वरां जायत आयिल्लीं. सोपणां चडून नीनाच्या फ्लॅटामुखार कांपीण वाजोवंक उभे राव्लां मात "नाका ऽऽ गे मम्मी, मारू नाका गे, हांवें मुद्दम करूं ना गे. फकत वन मार्क बाय मिस्टेक गेला गे" अशीं सुमूची रडकुन्या आवाजांतलीं उतरां आयकूंक आयलीं. फाटल्यान नीनाचो आवाज आनी उपरांत तिडिल्ल्या नरेशान सुमूचेर मारूंक काडिल्लो आपल्या कमराचो पटो. नरेशाचो हो अवतार हांवें जनेलांतल्यान पळे नाका, म्हजे हात भिरांतीन आपसुक कांपीणीर गेले. नीनान दार उक्तें केलें मात, सुमू धांवत आयलो तोच म्हजे कमरेक वेंग माल्ली आनी "मावशे म्हाका तुगेर व्हर गे" ह्या उतराचो जप सुरू केलो.

सुमूचीं उतरां आयकना फुडें नीना आनीक तिडलें आनी म्हजेर ती तिडक मायर सल्ली.

"बरो आयला मावशेगेर वचपाक. चड लाड जाल्यात तुजे. मावशी फुक्या पोसपाक ना तुका. प्लॅनींग करतात खंय तीं घोव – बायलां, तूं कित्याक आडखळ तांकां. सर, पयलीं कुशीक. कोण व्हरचो ना तुका आं."

नीनाच्या ह्या उतरांनी हांव, नरेशच न्हय जाल्यार सुमूय अजाप जालो जावंक जाय. पुण ताची वेंग मातूय सदळ जालीना. वयल्यान तो पर्यून "मावशे म्हाका व्हर गे" म्हणत आशिल्लो. हरशीं हांव ताका घेवन सरळ चलूंक लागपी आसलें. पण त्या दिसा नीनाचो अवतार पळोवन हांव भियेलें आनी बेगीं – बेगीं सुमूची वेंग सोडोवन गेल्ल्या पावलांनी हुमरो हुपलो. दुसऱ्या दिसा सुमू दर्यांत बुडिल्ल्याची खबर कळळी आनी म्हजें हांवच पिसावलें.

"आय एम डॅम शुवर, त्या दिसा नीना नरेशाचें व्हड झगडें जावन ताचो परिणाम सुमूच्या मरणांत जाला. सुमूचो खून केला ताणी. सुमूचो म्हज्या सुमूचो खून केला ताणी!"

हांव व्हडान आडुलें आसपाक जाय. इतलो वेळ तंद्री लावन म्हजें उलोवणे आयकुपी मोहन आनी उमेश म्हाका दोनी वटेनी खांदे धरून हालोवंक लागले. 'मीनू, मीनू, उठ! जालां तें जालां, चल च्या घेवन फिरूंक या आमी!' मोहन म्हाका म्हणटालों पुण हांव खंयतरी शेणील्लें. खंयची तरी सुप्त शक्त म्हाका आपयताली, म्हणटाली, "यो, मगे, मावशे, म्हाका तुगेर व्हर मगे! मावशे, म्हाका तुगेर व्हर मगे!"

**

अपुरबाय प्रकाशन

'गोवा कोंकणी अकादेमी' च्या पयलें पुस्तक अनुदान येवजणेचो लाव मेळिल्लीं पुस्तकां

नवत

कथा संग्रह – शशांक सीताराम - रू. ३०/-

काळजाची भरती

कविता संग्रह - नीला तेलंग - रू. १८/-

रोकडींच उजवाडाक येता

मळबरंगमाची

कविता संग्रह आर. रामनाथ

वनमहोत्सव

अेकांकी संग्रह दत्ताराम बांबोळकार

अशे आशिल्ले राजाजी

चरित्र रामचंद्र ग. रामाणी

गर्जन

कथा संग्रह जयंती नायक

तुमची इमारत सजोवपाक
आनी बरेतरेन उरपाक
सुपरस्नोसेम वापरात

गोंयचे वितरक :

एस. एन. एन्टरप्रायजिस

राधा बिल्डींग
बाजाराकडेन, पणजी – गोंय.

उत्पादन करपी :

स्नोसेम इंडीया लिमिटेड
अ किलीक सबसिडीयरी
किलीक हावस, चरणजित राय मार्ग
पोष्ट बॉक्स १०९
मुंबय ४०० ००१

दुसरें अिनाम :

कमलादेवी राव देशपांडे

पणजेच्यो. गोयांत तांकां 'ताई' म्हण वळखतात. आकाशवाणी, पणजीचेर ताणी खूब तेप काम केलां. 'खळार मळार' ह्या मुरग्यांच्या विभागांत ताणी कार्यावळी सादर केल्यात. 'बाल्यो काणयो,' 'चिरमुल्यो,' 'गिजबिजलें' आनी 'गोंयकाराले पडवेर' अशीं तांगेलीं पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत.

पत्तो – कमलादेवी राव देशपांडे
टोंक, करंजाळें गोंय.

तिसरें अिनाम :

शर्मिला केळेकार

म्हापशेचें. म्हापशेंच्या सेंट झेवियर्स कॉलेजींत शिकता. एस. एस. सी. परीक्षेंत कोंकणीत सगळ्यांत चड गूण मेळोवन अिनामा मेळयिल्लीं. कविता रचपाचो छंद. आकाशवाणीचेर कार्यावळिनी वांटो घेतला. वाचनाची आवड आसा.

पत्तो – शर्मिला शशिकर केळेकार
खोर्ली, म्हापशें गोंय.

चवथें अिनाम :

अमिता सुर्लकार

वास्कोचें. वास्कोच्या एम. इ. एस. कॉलेजींत शिकता. कॉलेजींत सांस्कृतिक कार्यावळिनी सक्रीय वांटो घेता. कथा, कविता, निबंधांक अिनामां लाबल्यांत. नाटकांत कामां करपाक आवडटा. अभिनयाचीं इनामां मेळळ्यांत.

पत्तो – अमिता सुर्लकार
बायणा, वास्को गोंय.

With Best Wishes From :

GOA PAINTS & ALLIED PRODUCTS

Prop : Dempo Sons Pvt. Ltd.

Manufacturers of :

' Galaxite " & " Galaxy " Brand of Paints, Enamels Varnishes & Marine Paints

Regd. Office

DEMPO HOUSE - PANJIM - GOA

Cable : DEMPO
Telex : 0194 - 217
Phones : 6281 to 6287



दुसऱ्या इनामाची कविता

व्हंकलेचें मन

सोडून कशें वचून आई
जिवार म्हज्या आयलां
हांगचीं मुळां तुटचीं कशीं
जड जाल्यांत पावलां –

सुख कशें लागचें घरा
हांगा म्हजीं वासरां
दामून धल्लीं दुखां आई
कुशींत जालीं किसरां –

ल्हान व्हड केलें तुमी
जालें आतां परकी
दिल्ल्या घरा जावचें पडटा
घरचे सुने सारकी –

पोरसूं आतां पारखें जालें
भोवती पडली वंय
दोन गांवांमदीं आतां
हुंवाराची न्हंय –

कमलादेवी राव देशपांडे

तिसऱ्या इनामाची कविता

दर्या गाजलो

भरतेचो वेग
काळाक ना थार
तरणो भार
सोंसना जावन
दर्या गाजलो . . .

उफेता ल्हार
उब्या धडार
फातरार सूर
लय सादयत
दर्या गाजलो . . .

काळजांत मोग
मनांत मोड
कुडीक वेध
उमाळे ओंकत
दर्या गाजलो . . .

शर्मिला केळेकार

चवथ्या इनामाची कविता

लक्षीम

लक्षीमे घोवा गे,
सोन्यान लायली वाळटी
लक्षीमे घोवा गे,
जुगारान लायली कट्टी.
लक्षीमे घोवा गे
नायकिणीची गोडसाण
लक्षीमे घोवा गे
नालायकाची हिमसाण.
लक्षीम बाबडी भोळी गाय,
दुख सोसता न करशी हाय.
आयज लुवणी, फाल्यां कापणी
ना अन्न, ना वस्त्र,
ना ताळचार पाणी.
लक्षीमेक घोवान,
ना केन्ना नंदयली
आपल्या पोटापसत
झर झर झरयली.
आयज ना लावणी
ना कोणाची कापणी
वांदून भोरो लाकडाचो,
लक्षीमेन वाट धरली वाजाराची.
इतल्यान आयली मगा धांवत शेवतू,
पदराक पुसत दुकां, आयली रडत.
लक्षीमे, विकट घडलां लक्षीमे,
तुजो धनी तुकां,
सोडून मगे गेला.
लक्षीमे भोरो पडलो गळूनी,
कुसकी दोरी तुटूनी,
शिरपुटां वाऱ्यार पडिली.
मन निस्तब्ध, रूप निस्तेज.
लक्षीमे दोळचाफुडचांत,
तिच्या रूपाचें चीत्र उबें
भव्य उजाड कपाळ,
जशें पसरलां धुकें.
कोणी तोडिली गे
कांकणां हातीचीं,
कोणी ओडोली गे
माथ्यां फांती.
कानां - नाकांत ना नग,
मन काळें - काळें कूप.
लक्षीम दांत - ओंठ चावत
नाक वाडलें फुलत,
लक्षीम आड्डली व्हडान
ना जावचें अशें कदापीत.
म्हाका कुकूम जाय गा,
म्हाका कुकूम जाय गा.
म्हाका रांड जावचेलेना.
लक्षीमेन घातली घोवा गाळ,
कोणापसत तोडूं माळ ?
कशा पासत तोडूं माळ ?
लक्षीमेन घातली घोवा गाळ.
शेवतू समजायता लक्षीमेक
शेवतू समजायता लक्षीमेक
जाणा, तुजो मोगाचो
गा धनी.
तुज्या कुकमाचो गे धनी.
पुण काळार मात
ना कोणाची
पुण काळार मात
ना कोणाची.

अमिता सुर्लकार



अुत्तेजनार्थ कविता

म्हाका दिसता

केन्ना केन्ना म्हाका दिसता
हांवें एक व्हडलो रूख जांवचो
आनी जण एकल्याक म्हजी
शितळ सांवळी दिवची

केन्ना केन्ना म्हाका दिसता
हांवें एक अथांग दर्या जांवचो
आनी जण एकल्या तानेल्ल्याक
म्हज्या निर्मळ उदकान धादोस करचें.

केन्ना केन्ना म्हाका दिसता
हांवें एक असीम मळब जावचें
आनी जण एकल्याक, रात - दिसाच्या
घुंवत्या चक्राची जाण दिवची.

केन्ना केन्ना म्हाका दिसता
सुर्याची शक्त म्हज्या आंगान हाडची
आनी जग प्रकाशमय करून
विकासाची वाट दाखोवची

केन्ना केन्ना म्हाका दिसता
हांवें एक प्रेमळ भूंय जांवची
आनी ह्या जगाक
दानत शिकोवची.

केन्ना केन्ना म्हाका दिसता
हांवें एक विशाल घर जांवचें
आनी जिणेची रीत शिकून
आसऱ्याचें म्हत्व जगाक पटोवन दिवचें.

केन्ना केन्ना म्हाका दिसता
म्हजे हे सगळे विचार मनांतले
हांवें कवितेन मांडचे आनी
हातूंतल्यान म्हजे समाज-सेवेक वाट मेकळी करचीं

सुधा च्यारी

वजें

सुंदर सोबीत रंगयत सपन
गळ्यांत तुज्या घातली माळ
हातांत तुज्या दिवन हात
म्हळो तुकां म्हजो 'नाथ.'
भुरगीं देवाचीं फुलां म्हणत
फुलांक तुवें जल्मूंक लायलीं
एकाफाटल्यान एक फूल
हांव मात वावोन गेलें
सात फुलांचें वजें दिवन
जीण म्हजी कुड्डी केली
वारो वादळ नासतनाच
तन्नी पानां गळूंक लागलीं
सुख दुखाचे सर्तित
फकत दुखांच वाटचाक आयलीं
अदर्ध्या पोटार फुलां म्हजीं
भूक भूक करूंक लागलीं
उदक तांकां घालतां घालतां
म्हाका हावें सुकोन घेतलें
करून काळोख म्हजे भोंवतणी
उजवाड तांकां दित रावलें
येदें वजें दिवन माथ्यार
मांग तुकां मेळ्ळें कितें ?

शोभा फुलकार

अुत्तेजनार्थ कविता

शापित अहिल्या

हांव एक शापित अहिल्या,
रामाचो पांय म्हाका आजून लागूंक ना.
राम वनवासांतल्यान हेच वाटेन येतलो,
पांय लावन म्हाका मुक्त करतलो.
नवजिविताची वाट दाखयतलो,
मेल्ल्या झाडार कोमरी फुलयतलो.
अनंत काळ वाट पळयतां हांव ताची,
काळजान घेवन ठिपकी, जिविताचे आशेची.
वसंत आयलो, शरद आयलो !
म्हाका बहरपाचो यत्न करून गेलो.
शीळा जालें मन म्हजें,
कित्याक आजून हांसूक ना ?
रडटा काळीज म्हजें आजून,
कित्याक खीणभर थांबना ?
काळचा काळचा आंगान लिपलां,
मन एक नीतळ भोळें.
तळचांतल्या साळकावरी दोन दोळे !
अनंत काळ वाट पळय.
सवण्यानो, वनवासांतल्यान राम
केन्ना येतलो पळय
रुखांनो, रामाच्या स्वागताक
केन्ना धरतलें तुमी कळे ?
कोगिळे, केन्ना गायतली तूं
गीत तुजें हळवें ?
मोरा, केन्ना नाचतलो तूं
धरतरेक तेंकयनास्तना तळवे ?

शर्मिला प्रभूदेसाय

विसरूं नाका

ओंठावेल्या उतरा,
ओंठारूच रावू नाका
कल्पनेचे रेंवे किल्ले
वाऱ्यार हुबोंव नाका

आळस काडूं नाका
घाम आंगात जिरोवं नाका
धरतरेक तिश्टोवन
दोन थेंब्यांक तानेवं नाका

शेणांतल्या किडचा,
शेणांत रावूं नाका
कल्पनेचे मेरूपर्वत
कल्पनेंत पळोंव नाका
केन्नातरी मायेमोगाची तंवरां तुज्या
उतरा उतरान जल्मतली
केन्ना विसरूं नाका
केन्ना विसरूं नाका

ज्योती कवठणकार

काळांतरांतलें झाड

एक झाड ताड माड
मुळां ताचीं गांवां भायर
आसरो घेवंक सवणी-सुकणी
भोंवतणी ताच्या दाट.
काळांतरांतलें झाड
तोखणायेच्या मळावेलें.
एक दीस अशें जालें
भोंवतणच्या नेणार तन्न्या रुखान
पिसोवन सवण्यां - सुकण्यांक
दाखोवन तांबडीं फुलां
दिवन तन्नी फळां
सांगून,
म्हज्या झाडाचीं पोकोळ मुळां
ओडलीं आपल्या जाळां.
ताड माड झाड
पळोवन ताच्यो कळा
जमनीर कोसळें त्याच फारा.

चंद्रलेखा नायक

कोंकणी पुस्तकांची वळेरी

१९८८

कविता

१.	गा आमी राखणे	पुंडलीक नायक	रु. ६/-
२.	उजवाडाचीं पावलां (आवृत्ती सोंपली)	प्रकाश पाडगांवकार	रु. ५/-
३.	अप्रूप	बायलांचो प्रातिनिधीक संग्रह	रु. १२/-
४.	चान्न्याचे राती	अुदय भेंब्रो	रु. २०/-
५.	काळजाची भरती	नीला तेलंग	रु. १८/-
६.	वंशकुळाचें देणें	नागेश करमली	रु.

कथा/नवलिका

१.	भिंगर	गुरुदास बांबोळकार	रु. ६/-
२.	पसय	हेमा नायक	रु. १०/-
३.	अंतरपाट	शांता खांडेपारकार	रु. ५/-
४.	वसंतोत्सव आनी दायज	पुंडलीक नायक	रु. १५/-
५.	रूद्र	गजानन जोग	रु. २५/-
६.	नवत	शशांक सीताराम	रु. ३०/-
७.	अर्धूक	पुंडलीक नायक	रु.

अेकांकी संग्रह

१.	आळशांक वाग खातलो	पुंडलीक नायक	रु. ६/-
२.	गांवधनो गांवकार	पुंडलीक नायक	रु. ३/-
३.	चौरंग (आवृत्ती सोंपली)	पुंडलीक नायक	रु. १२/-
४.	हांसोळ (आवृत्ती सोंपली)	मधुसुदन बोरकार	रु. ५/-
५.	भायली गोडी	हेमा नायक	रु. ५/-
६.	छप्पन्न थिगळी येसवंत	पुंडलीक नायक	रु. ४/-
७.	आकाशमंच	पुंडलीक नायक	रु. १५/-
८.	तीन खेतीं शाणी सुरतीं	प्रकाश थळी	रु २०/-
९.	सुणे माजर हासता	चा. फ्रा. दिकॉस्ता	रु.

लेख संग्रह

१.	सहजीवन : संघर्श, समन्वय आनी प्रतिमा	संपादक : हेमा नायक	रु.

नाटकां

१.	राखण	पुंडलीक नायक	रु. १०/-
२.	सूर्यसांवट	,, ,,	रु. १०/-
३.	देमान्द	,, ,,	रु. १५/-
४.	मुक्ततोय	,, ,,	रु. १५/-
५.	शबै शबै भौजनसमाज	,, ,,	रु. १५/-
६.	पिंपळ पेटला	,, ,,	रु. १५/-
७.	श्री विचित्राची जात्रा	,, ,,	रु. १५/-

पुंडलीक नारायण नायक

हांगेलीं आमचेकडेन विक्रेक आशिल्लीं हेर प्रकाशन संस्थांची पुस्तकां

१.	मुठय	कथासंग्रह	रु. १०/-
२.	रक्तखेव	नाटक	रु. ५/-
३.	अच्छेव	नवलकथा	रु. १५/-
४.	खण खण माती	नाटक	रु. ५/-
५.	बांबर	नवलिका	रु. ५/-
६.	सुरींग	नाटक	रु. ६/-
७.	काजी नजरूल इस्लाम	अणकारीत	रु. ४/-
८.	नानालाल	अणकारीत	रु. ७/-

विक्रेक आसात

१.	जोरगत (कविता)	नागेश करमली	रु. १२/-
२.	महाभारत (२ खंड)	रवीन्द्र केळेकार	रु. २५०/-

त्याभायर

आमचेकडेन 'जाग' प्रकाशनाची हेर सगळीं पुस्तकां विक्रेक आसात.

अपुरबाय प्रकाशन

वळवय

फोंडे, गोंय ४०३ ४०१

कविता

उल्लां खंय मनीसपण ?

केन्ना केन्नाय दिसता म्हाका
जावचें अशें जनावर
सगळ्या गांवांत भोवन भोवन
खावचो चारो पोटभर
असले आमचे जिणेंत आतां
उल्लां खंय मनीसपण ?

केन्ना केन्नाय दिसता म्हाका
जावची अशी एक मूय
आवाज-बोवाळ करिनासताना
चलत रावचें खंय खंय
मेळ्ळो एक साखरे-कण
जाल्यार हांसरे करचें तोंड
असले आमचे जिणेंत आता
उल्लां खंय मनीसपण ?

केन्ना केन्नाय दिसता म्हाका
जावचें अशें पावसा थेंब
वयल्यान सकल पडून असोच
वरव-गोटो पिकोवचो
आनी असोच सरळ वचून त्या
मातये कणांक भिजोवचो
असले आमचे जिणेंत आतां
उल्लां खंय मनीसपण ?

केन्नाय केन्ना दिसता म्हाका
जावचें हावें एक सुकणे
भूर्र करून उडचें हावें
वयर त्या मळबांत
जावन मेकळें ह्या सगळ्या कटकटींतल्यान
असले आमचे जिणेंत आतां
उल्लां खंय मनोसपण ?

लिंदा शेणवी केरकार

आमचो बुटी

आमचो सोबीत असो सुणो
नांव ताचें बुटी
घरांत येतल्या-वतल्यांचेर
नदर ताची मोटी !

ल्हंव ताची दाट धवो
धुता तितली दिसता नवी
ताका दांताचे आसा सुळे
तातूंत चाबडायता मासा-गुळे

परकी मनीस येत जाल्यार
रावना बुटी आपल्या जाग्यार
भोकून भोकून घेता तो सगळें
घर आपल्या माथ्यार.

म्हऱ्यान ताच्या वचत जाल्यार
फाटल्यान आमच्या लागता
फाटीर बडयो माल्ल्यो जाल्यार
फुगार जावन वसता.

अंजू वांयगणकार

सैमाची देवी

काम करून थकिल्ले-भागिल्ले लोक
निद्रादेवीच्या सपनांत रंगून वतात
अशावेळार सैमाची देवी जागी जाता
आनी आपल्या वावराक लागता.

न्हिदिल्ल्या लोकांची जतनाय घेता,
फुलां-झाडांक परमळायता,
कळचांक फुलयता,
तांचे आवडिचो रंग तांचेर शिवरायता.

हें सगळें काम करताना तिका घाम येता,
तो दंवाच्या रुपान झाडांचेर शिंपडटा
आनी झाडांचेर जशीं काय,
मोतयांच शिवरायल्ल्या सारखीं दिसपाक लागता.

इतल्यान खंयच्यान तरी कोंबो साद घालता,
आनी सैमादेवी आपलें काम सोपयता.

प्रमिला होबळे

सपन

आसूं, आसूं नाका करूंक खेळ
नाका, म्हज्या मनाक करूंक खेद
फाट म्हजी सोडिना, मन मेकळें जायना.
कितें हावें करचें तें
कांयच म्हाका समजना,
कांयच म्हाका समजना.

हावेंन तुका समजायलें
पुण तुवेंच समजावन घेतलें ना.
कित्याक म्हज्या जिवार येता ?
जेन्ना तुजी म्हजी पडटा गांठ.

मनांत याद जातकच, काळजांत कच् जाता.
दोळे पाजरूंक लागता; काळजांत झरे फुट्टा.
पुण सगळें हें, एका खिणांत
धडपूंक सोदता, लिपोक सोदता.

पळयशी जाल्यार कांयच नासता
तें एक सपनूच आसता
एक सपनूच आसता.

नूतन शां. सुर्लकार

हुस्को

– मांय ओ मांय
ह्यांव केन्ना व्हडलीं जातलीं गे ?
तुज्या सारखी साडी न्हेसून
लिपस्टीक लावन, बॅग घेवन
केन्ना ऑफीसांत वेतली गे ?
– वाय ओ वाय
असलीं पिशेपणां तूं उस्कीनाकाय
तुजें शिकप करून तूं व्हडलें जा
तुज्या इश्कोलाच्या जिवितांत सुख आसा
तें तुकां ऑफीसांत वचून मेळपाचें ना

फ्रान्सीस्का मित्रा

अपुरबाय
प्रकाशन

बायलांचे साहित्य मेळ

नियाळ

भास आनी साहित्याच्या आदारान बायलांमदीं जागृताय निर्माण करून तांचे प्रश्न सुटावे करप आनी सामाजीक एकचार वाडीक लावप हो हावेस नदरे मुखार दवरून गोयांत वेगवेगळ्या वाठारांनी बायलांचे साहित्य मेळ घडोवन हाडपाची येवजण अपुरबाय प्रकाशनान आंखली. हे येवजणेंतलो पयलो मेळावो फाटल्या वर्सा म्हळयार ३ आनी ४ ऑक्टोंबर १९८७ ह्या दिसांनी सादोळशें, काणकोण हांगासर घडोवन हाडलो.

दुसरो मेळावो संजगिरी फार्म, काकोडें हांगा १२ आनी १३ डिसेंबर १९८७ ह्या दिसांनी जालो.

काकोडें मेळ

१२ तारकेक मांजवेळा बालभवनाच्यो संचालिका भौ. आयरीन बार्रूश हांचे हस्तुकीं दिवली पेटोवन मेळाव्याचें उक्तावण जालें. आपल्या उक्तावणेच्या उलोवपांत ताणी सांगलें, दादल्याक शिकोवप म्हळ्यार एकल्याच मनशाक शिकोवप थरता, पुण एके बायलेक शिकोवप म्हळयार सबंद कुटूंबाक शिकोवप जाता. मेळाव्याच्यो निमंत्रक रजनी भेंब्रे हाणी येवकार दिल्या उपरांत मेळाव्याच्यो संयोजक हेमा नायक हाणी मेळाव्याचें प्रयोजन सांगलें. मागीर कथालेखिकांची कथा कथन कार्यावळ जाली. हातूंत शांता कंटक आनी जयंती नायक हाणी आपणाल्यो कथा सांगल्यो. रातची एक सांस्कृतीक कार्यावळ जाली तातूंत थळाव्या आनी हेर बायलांनी नाच, गीतां, आपउलोवपां सादर केलीं. अमिता अडणेकार आनी शकुंतल आरसेकार हांची गीतांची कार्यावळ जाली.

बायलांनी रचिल्लें कोंकणी साहित्य

१३ तारकेक सकाळीं "बायलांनी रचिल्लें कोंकणी साहित्य" ह्या विशयाचेर एक परिसंवाद जालो. संध्या शेटये हाणी पेपर वाचलो. बायलांनी कोंकणी साहित्यांत जी भर घाल्या ताचो ताणी नियाळ केलो आनी बायलांमदीं नाटक, कादंबरी, चिंतन, प्रवासवर्णना आदी साहित्यप्रकार हाताळपी समर्थ बायलो तयार जावंक नात म्हण खंत परगटायली.

मेरी मेकार्थीची कथा

दुसऱ्या परिसंवादाचो पेपर माधवी सरदेसाय हाणी वाचलो. "मेरी मेकार्थी" हे अमेरीकन कथा लेखिकेच्या एके कथेचो सारांश घेवन ताचेर आपले विचार मांडले. घोव, लग्न आनी संवसार ह्या बंधनाणसून मुक्त जावन निखळ मोगाची अपेक्षा करून

मेकळीक सोदपी एके बायलमनशंची ती कथा आशिल्ली.

कार्यावळिचें सूत्रसंचालन वैजयंती प्रभू हाणी केलें गोंय सरकारच्या ग्रामीण विकास यंत्रणेच्यो पालवी प्रकल्प अधिकारी भौ. आशा सावर्डेकार ह्यो ह्या मेळाव्याक खास निमत्रीत म्हण हाजीर आसल्यो. बायलांच्या विकासा खातीर ज्यो वेगवेगळ्यो येवजण्यो आंखिल्ल्यो आसात तांची ताणी हाजीर आशिल्ल्या बायलांक माहिती दिली.

निरिक्षकांचे नदरेंतल्यान

मेळाव्याक दोनूय दीस हाजीर आशिल्ले निरीक्षक म्हण लेखक श्री. तुकाराम शेट हाणी म्हळें, "बायलांनी फकत आपणाचेर जातल्या अन्यायाचेर बरोवप असो समज करून घेवंचो न्हय. वेगवेगळ्या विशयांचेर, अनुभवांचेर ताणी बरोवंक जाय." कथालेखक आनी नाटककार श्री. एन. शिवदास हाणी म्हळें, "मेळाव्यांक लागून बायलो आपणामदीं मेकळेपणान उलोवंक लागल्यात आनी चर्चेंत वांटो घेवपाची तांकां जी संद मेळटा ती गजाल खोशयेची."

समारोपाचे अध्यक्ष

कोंकणीतले जेष्ठ साहित्यिक आनी मडगांवचे आमदार ॲड. उदय भेंब्रो हे समारोप समारंभाचे अध्यक्ष आसले. आपल्या उलोवपांत ताणी म्हळें, "दादले आनी बायलो हांचेभीतर एक अंतर आसा तें भरून काडपाक असले मेळावे गरजेचे. पुण ज्या दिसा दिसतलें हें अंतर सोपलें म्हण त्यावेळार ह्या मेळाव्यांचो अंत जावंक जाय." ताणी फुडें म्हळें, "कोंकणी साहित्यांत बायलांक कोणे फाटीं दवरूंक ना तर परिस्थितीन त्यो फाटीं उल्ल्यात. फाटले संस्कार बायलांक फाटीं दवरतात, तांच्या आड झगडपाक जाय." अशें सांगून ताणी म्हळें," निसर्गानूव बायलांक शारीरीक शक्त उणी आसा आनी दादले आपणाली ती शक्त दाखयतात देखून तांचेखातीर कांय राखीव जागे गरजेचे आसात. शेवटाक रजनी भेंब्रे हाणी मेळाव्याक जमिल्ल्यांचे आनी सहकार्य लाबिल्ल्यांचे उपकार मानले. श्री. शैलेश संजगिरी हाणी आपल्या फार्मांत हो मेळावो घेवपाक दिलो आनी लागता तें सगळें सहकार्य केलें.

सत्तरी मेळ

६ आनी ७ फेब्रुवारी १९८८ ह्या दिसांनी खोडयें सत्तरी हांगा बायलांचो तिसरो साहित्य मेळ जालो.

६ तारकेक सांजवेळा ह्या मेळाचें उक्तावण प्रा. नलीनी पालेकार हांचे हस्तुकीं दिवली पेटोवन जालें. आपणाल्या उलोवपांत ताणी सांगलें, "म्हजी कोंकणी ही कारवारची शैली आसली तरी लेगीत तो कोंकणी भाशेचोच एक भाग. गोयांत कोंकणी भाशेक मोमान मेळोवन दिवपाखातीर जाणी त्याग केला तांचेविशीं म्हाका उपाट आदर आसा." मेळाव्याच्यो निमंत्रक शांती स. प्रभू तेंडूलकार हाणी सगळ्यांक येवकार दिलो. कथाकथन कार्यक्रमांत माया शेळडेकार हाणी आपणाली कथा सादर केली. रातचे सांस्कृतीक कार्यावळींत थळाव्या कलाकरांनी मांडो, कांतारां आनी ओंवयो आदी लोकगीतां सादर केलीं

महाभारतांतल्यो स्त्री व्यक्तिरेखा

७ तारकेक सकाळीं "महाभारतांतल्यो स्त्रीव्यक्तिरेखा" ह्या विशयाचेर परिसंवाद जालो. कल्याणी नायक आनी संध्या भांडारी हाणी आपणाले पेपर वाचले. आपणाल्या पेपरांत ताणी महाभारतांतल्या मुखेल बायलांच्या गुण दोशांची खोलायेन विस्कटावणी केली. कोंकणीतल्या महाभारताचे अनुसर्जनकार भौ. रवीन्द्रबाब केळेकार खास निमंत्रीत म्हण हाजीर आसले. परिसंवादांत महाभारतांतल्या बायलांसंबंदी निर्माण जाल्ल्या प्रश्नांक ताणी योग्य अशो जापो दिल्यो आनी सांगलें, "महाभारतांतल्यो स्त्रीव्यक्तिरेखा ह्यो आदर्श बायलो म्हण कोणे पळोवंचो न्हय कारण आदर्श बायल ही कशी आसची हें आजून निश्चित जावंना. नितिच्यो कल्पना काळाप्रमाण बदलत आसतात.

अध्यक्ष – श्री काकोडकार

मेळाव्याक निरीक्षक म्हण हाजीर आशिल्ले श्री. सदानंद काणेकार आनी श्री. कृष्णनाथ फोंगेरी हाणी

मेळाव्याच्या आयोजनाची आनी बायलांच्या कार्याची तोखणाय केली. गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष आनी राज्यसभेचे वांगडी श्री. पुरुषोत्तम काकोडकार हे समारोप समारंभाचे अध्यक्ष आशिल्ले. अध्यक्षपदावयल्यान उलयताना ताणी म्हळें, "भारतीय संविधानात दादले आनी बायलो असो वेगळोचार ना. अशा वेळार बायलांनी आपणाल्या विकासाखातीर निर्धारान मुखार येवपाक जाय." ताणी मुखार म्हळें, "आजवेर दादल्यांनी बायलांचेर अधिकार गाजयला आनी बायलांनी आपूण जावन तो गाजोवन घेतला. ही अनिश्ट परंपरा मोडपाखातीर बायलांनी दादल्यांच्या आदाराची वाट पळयनासताना आपल्या आपूण फुडें सरपाची गरज आसा." कार्यावळिचें संचालन कांचन शेळडेकार हाणी केलें. हो मेळावो सत्तरीचे नागरीक आनी कोंकणी चळवळिचे वावुरपी श्री. सदानंद तेंडूलकार हांच्या घरालागी जालो. हो मेळ जैतिवंत करपाक ते आनी तांची घरकान्न सुहासिनीबाय हाणी बरेच कश्ट घेतले.

वळवय मेळ

ह्या वर्साचो बायलांचो चवथो साहित्य मेळ वळवय हांगां १२ आनी १३ मार्च १९८८ ह्या दिसांनी घडोवन हाडलो.

१२ तारकेक सांजवेळा ह्या मेळाचें उक्तावण जेश्ट सुटकेझुजारी आनी समाजसेविका शरद वि. गुडे हांचे हस्तुकीं जालें. आपल्या उक्तावणेच्या भाशणांत बरोवप्यांक उद्देशून ताणी म्हळें, "आमकां नवे विळगेचो हुस्को आसा. व्यसनां आनी वायट प्रवृत्तींक लागून समाज किडेता. हो किडेल्लो समाज सुदारचो हाची जाणीव दवरून साहित्यिकांनी लिखाण करूंक जांय." शकुंतल आरसेकार हाणी सगळ्यांक येवकार दिलो. उपरांत शांता कंटक, रजनी भेंब्रे आनी माया शेळडेकार ह्या कथालेखिकांच्या कथाकथनाची कार्यावळ जाली.

रातीकडेन जाल्ले सांस्कृतीक कार्यावळींत नाच, गीतां, आपउलोवपां, प्रहसन, विनोद, वाक्टीका आदींचो आसपाव आसलो. संध्या भांडारी हाणी सांस्कृतीक कार्यावळिचें संचलन केलें.

हिंदु धर्म आनी आमचो हिंदु बायलमनीस

१३ तारकेक सकाळच्या आदेसाक तीन परिसंवाद जाले. पयल्या परिसंवादांत प्रा. सुमंत केळेकार हाणी "हिंदु धर्म आनी आयची हिंदु बायलमनीस" ह्या विशया वयलो पेपर वाचलो. आपल्या भाशणांत ताणी म्हळें, "लग्न म्हळचार आतां संस्कार उरूंक ना जाल्यार तो करार जाल्लो आसा. पुनर्विवाहाक मान्यताय आसा तशेंच लग्नाक जातिचें बंधन ना. कायदचांत घटस्फोटाचीय वेवस्था केल्ली आसा. धूव जाल्ल्यान बायलेक हिंदु कुटूंबांत कसलोच अधिकार नाशिल्लो तो तिका आतां मेळळा. घटनेन तिका राजकी आनी अर्थिक हक दिल्ले आसात. भारतीय बायलवर्गाचें तें खूब मोटें जैत आसा." अशें सांगून मुखार म्हळें, "अर्थिक नदरेन स्वयंभू जाल्ले आयचे घोवाचे बायलेन कुटूंबांत दुसऱ्या स्थानाचेर रावपांत धन्यताय माननासतना सारकी वांटेकारी जावपाचो हावेस धरूंक जाय."

दादले – बायलो संबध

दुसऱ्या परिसंवादांतलो "दादले – बायलो संबंध : संघर्श कांय समन्वय ?" ह्या विशयावेलो पेपर डॉ. तानाजी हळर्णकार हाणी वाचलो. तांच्या भाशणाचो आपरोस असो आसलो – "बायलो जी कितें सुवात मागतात ती दिवपाक समाज मेकळो ना. ती सुवात आडावन बसला समाज. ह्या समाजाक हालोवपाची गरज आसा. ताका हालयतलो जाल्यार दादले आनी बय्यल ह्या दोगांनीय एकामेकाकडेन बोट दाखयनासताना, एकामेकाचेर आरोप करिनासताना, एकामेकाच्या खांदाक खांदो लावन दोगांच्या एकठायिल्ल्या बळग्यान समाजाची अन्यायी फास्की बागोवपाच्या कामाक लागचें पडटलें."

राजकारण आनी बायलो

"राजकारण आनी बायलो" हो तिसऱ्या परिसंवादाचो पेपर निर्मला सावंत हाणी वाचलो. आपल्या पेपरांतल्यान ताणी, "बायलमनीस जें करता तें काळजांतल्यान करता. तिचें काम वैलेचाराचें

आसना. तिका थांबनासतना काम करपाची संद मेळत जाल्यार सध्याच्या राजकारणाक दुसरी दिशा मेळटली." अशें प्रतिपादन करून म्हळें, राज़कारणांत बायलांचो आसपाव जावपाखातीर राजकीय पक्षांनी वेंचणुकांच्या वेळार २० टक्के जागे उमेदवार बायलांखातीर राखून दवरुंक जाय.

मेळाक हाजिर राविल्ले निरीक्षक प्रा. हरिश्चंद्र नागवेंकार हाणी मेळांत हिंदू, किरीस्तांव, मुसलमान ह्या धर्माच्यो बायलो एकठांय जाल्यो पळोवन तोखणाय केली आनी म्हळें, साहित्याबरोबर समाजकारण, संस्कृतीकरण आनी राजकारण ह्योवूय गजाली जर बायलांकडेन सोंपयल्यो जाल्यार खूब बरें जातलें. दुसरे निरीक्षक श्री. भरत नायक हाणी मेळाचेर आपणालीं मतां उक्तावन कांय मोलादीक सुचोवण्यो केल्यो.

मुखेल सोयरे – मनोहरराय

गोवा कोंकणी अकादेमीचे उपाध्यक्ष आनी जेष्ठ कविवर्य डॉ. मनोहरराय सरदेसाय मुखेल सोयरे म्हण हाजीर आसले. जमिल्ल्या बायलांक मार्गदर्शन करताना ताणी सांगलें, "हांगासल्ल्या बायलांचो विकास सादता आसतना विदेशांत बायलांची जी चळवळ चल्ल्या तिचो अभ्यास करपाखातीर हांगच्या कांय बायलांनी अमेरीका, रशिया सारक्या प्रगत देशांक भेट दिवंची आनी हे अभ्यासभोंवडेक गोवा कोंकणी अकादेमीसारक्या संस्थांचो आदार मेळपाक कोणाची हरकत आसूंनये."

अध्यक्ष – श्री. चंद्रकांत केणी

कोंकणीतले जेष्ठ लेखक आनी 'सुनापरान्त' आनी 'राष्ट्रमत' चे संपादक श्री. चंद्रकांत केणी हे समारोप समारंभाचे अध्यक्ष आशिल्ले. ताणी म्हळें, "आयची बायल दोन गजाली सोदता : मुक्ती आनी समानता. समानता मेळोवचेखातीर कायदे बदलचे अशें कांय बायलो मागतात. पुण कायदयाची एक मर्यादा आसता. तो आपल्या पांयार उबो रावना. ताका लोकमताचो आदार जाय आसता." आपल्या उलोवपांत ताणी फुडें म्हळें, "स्त्री मुक्ती आंदोलन हें निमाणे दादलो आनी बायल हांचें सहजीवन सादपाखातीर आमी चलयतात. हे चळवळींत बायलेवरी दादल्याचीय मुक्ती आसपाविल्ली आसता हें आमी वळखलें जाल्यार सामाजीक परिस्थिती बदलतली, नाजाल्यार कायदो जावनय सहजीवन उरचें ना."

कार्याविळिचें संचलन शैलजा धारवाटकार हाणी केलें जाल्यार विनंती कांसार हाणी उपकार मानले.

कवयित्री संमेलनां

काकोडें, सत्तरी आनी वळवय हांगासर जाल्ल्या ह्या तिनूय मेळांत दनपारचीं कवयित्री संमेलनां जालीं आनी तांतूंत ज्येष्ठ आनी नवोदीतांनीय वांटो घेतलो. विजयाबाय सरमळकार, नूतन साखरदांडे. शांती तेंडुलकार, ज्योती जोशी, सविता नायक मंगेशकार, नीता म्हांबरे, प्रमिला होबळे, विजया नायक कोमारपंत, शोभा नायक, सोनीया शहा, ललन देसाय, अलका नायक, शोभा नायक, शैलेजा धारवाटकार, हर्षा कुडचडकार, मिता करमली, अमिता सुर्लकार, यशवंती वळवयकार, सुषमा कामत चंद्रलेखा नायक, सुलोचना नायक हाणी आपल्यो कविता सादर केल्यो.

दर मेळाव्यांत शंभर ते देडशें बायलो प्रतिनिधी हाजिर आसतालो. दोनूय दिसांची रावपाची आनी जेवणा खाणाची वेवस्था आयोजकांचे वतीन केल्ली.

कोंकणी भास आनी साहित्य ह्या वावराखातीर घेतिल्ल्या ह्या मेळांक गोवा कोंकणी अकादेमीन अर्थिक सहाय्य दिलें आनी ताका लागून अपुरबाय प्रकाशनाक हे मेळावे बरेतरेन घडोवन हाडपाक शक्य जालें.

**

दिवाळेचीं परबीं !

श्याम बालाजी बोडके

सांखळी गोंय

अपुरबाय प्रकाशन

आमचीं अुजवाडाक येवपाचीं पुस्तकां

सुणे माजर हासता

अेकांकी संग्रह — चा. फ्रा. दिकॉश्ता

वंशकुळाचें देणें

कविता संग्रह — नागेश करमली

सहजीवन : संघर्श, समन्वय आनी प्रतिमा

लेख संग्रह — संपा. हेमा नायक

अर्धूक

कथा संग्रह — पुंडलीक नायक

सावुलगोरी

कविता संग्रह — रमेश वेळुस्कार

अस्तुरीमृग

लेख संग्रह — हेमा नायक

कोंकणीच्या मळावयल्या सगळ्या बावुरप्यांक दिवाळी आनी नवें वर्स खूब खोशयेचें आनी समाधानाचें लाबूं अशें आमी आंवडेता.

'चित्रंगी' क परबी !

बाप्पा लवंदो आनी घरचीं

सांखळी - गोंय
४०३५०५

हांसयाळी

राजू आपल्या बापायबरोबर पासयेक वतालो. वाटेर तांकां एक मनीस मेळ्ळो. ताचें पोट बरेंच मोटें आशिल्लें. राजूक ताची मजा दिसली. ताणे बापायक विचाल्लें,

– पप्पा, तो कोण रे ?

– तो मरे उद्योगपती.

बापायन म्हळें.

आनीक फुडें वतकच तांकां मोटेल्या पोटाची बायल मेळ्ळी. राजून आतांय विचाल्लें,

– पप्पा, ती कोण रे ?

बापूय मातसो गोंदळ्ळो. पुण रोकडेंच ताणे सांगलें,

– तो पतिउद्योग.

□

तीन भुरगे आपल्या बापायच्यो व्हडविको सांगून एकामेकाकडेन झगडटाले. एकटयान म्हळें,

– म्हजो बापूय लखपती.

दुसऱ्यान म्हळें,

– म्हजो बापूय करोडपती.

तिसऱ्यान म्हळें,

– म्हजो बापूय गणपती.

□

तीगां भुरग्यांच्यो गजाली चलताल्यो.

एकटयान म्हळें,

– म्हाका ह्या जगांत एकूच गजाल आवडटा आनी ती म्हळ्यार म्हजी मां.

दुसऱ्यान म्हळें,

– म्हाका दोन गजाली आवडटात. एक म्हजी मां आनी दुसरी धरती मां.

तिसऱ्यान म्हळें,

– म्हाका तीन गजाली आवडटात, अेक म्हजी मां, दुसरी धरती मां आनी तिसरी सिनेमा.

□

एके जाणटेलेन दुसरे जाणटेलेक सांगलें,

– आमच्या शेजरा तो तरनाटो रावंक आयला ना ही, ताणे म्हाका 'चाँद' म्हळें.

दुसरे जाणटेलेन अजापून विचाल्लें,

– वो कैसे ?

पयले जाणटेलेन सांगलें,

– म्हजी बेटी सलमा थंयच्यान वताली, तिका पळोवन ताणे म्हळें, 'चाँदका टुकडा'

□

गावांत रावपी एक मनीस दिल्ली गेलो. आठ मजली बिल्डींगेच्या ग्रावंड फ्लोरार तो उबो आशिल्लो. एक जाणटेली बायल लिफ्टींत चडली, लिफ्ट वयर गेली. लिफ्ट परत सकयल येतना एक तरनाटी देंवली. तो मनीस अजापून पळयत रावलो आनी ताणे म्हळें,

– आरे. दिल्लीत अशेंय घडटा ! पयलींच कळिल्लें जाल्यार हांव म्हजे जाणटेले बायलेक तरी घेवन येतलों आशिल्लों !

□

अेक ऑफिसर समावान खूब कंजूश आशिल्लो पुण घमेंड चड ! बेल वाजयतकच प्यूनाक येवपाक मातसो उशीर जाल्यार रोकडो तिडकतालो. एक दीस ताणे प्यूनाक म्हळें,

– दर एकल्यान आपल्या कामाक हुशार आसपाक जाय. वेळ वगडावंक फावना. नाजाल्यार तूं हांगां म्हज्या जाग्यार बस आनी बेल मार, हांव पळय तुजो. प्यून जावन कितल्या बेगीन येतां तो.

हय-ना करुन प्यून थंय बसलो. ऑफिसर भायर गेलो. प्यूनान बेल माल्ली. तो धांवत कॅबीनांत आयलो. प्यूनान बेगीबेगीन बोल्सांतल्यान पांच रुपयांची नोट काडली आनी म्हळें,

– चल वचून च्या पी आनी कितेंय खावन यो.

□

मालीचो घोव ऑफिसांतल्यान पुरो जावन रातचो घराकडेन आयलो. तो येनाफुडें माली रडपाक लागलें.

– रडपाक कितें जालें गो तुका ?

घोवान विचाल्लें.

– तुगेले आवयन म्हजो अपमान केलो.

मालीन रडतरडत सांगलें.

– म्हजे आवयन तुजो अपमान केलो ? कसो ? ती हांगां खंय आयली ? ती आसा गांवांत.

घोवान अजापून म्हळें.

– तिगेलें आज पत्र आयलां.

– तातूंत कितें तुका गाळी घाल्यात ?

– ना.

– मागीर तुजो अपमान कसो जालो ? तुका आशीर्वाद बरोवंक ना ?

– बरयल्यात.

– मागीर ?

– पत्राच्या शेवटाक तिणे बरयलां, 'सुनबाय हें पत्र घोवाक दिवंक विसरुं नाका आं.'

□

INSTITUTE OF PUBLIC ASSISTANCE

(PROVEDORIA DA ASSISTANCIA PUBLICA)

PANAJI - GOA.

The most popular lottery to-day, which is 4 decades old is sold everywhere.

It offers more prizes than any other lottery.

The drawing of the lottery is the most unique feature You have got to see it to believe it.

Get a Goa Lottery Ticket. The good fortune may be yours.

Remember that every ticket you buy goes towards a good cause.

The Goa Lottery run by the Provedoria helps to meet the various social welfare schemes like assistance to poor families and individuals. Immediate Relief to victims of fire, flood and other calamities, to the disabled persons for family planning, financial assistance to poor students, for runnjng of its homes for the Aged and orphans in Goa.

It's your generosity that counts. Give a hand to the Provedoria.

Buy a ticket-help the poor win a prize.

दिपावली शुभचिंतन

१९८८

तिमिराचा नाश करू ...
तेजोमय वाट धरू ...

अज्ञान, दारिद्र्य संकुचित विचार,
विद्रोह, असहिष्णुता अन् हिंसाचार
ही सारी तिमिराचीच रुपे ।
हा तिमिर दूर सारण्यासाठी
आतंरिक ऐक्य, एकात्मभाव,
प्रेम आणि सौहार्द ह्यांची
तेजोमय कवाडे उघडू या ।
अंतरीचे मांगल्य अन् शुचिता
ठायीठायी पसरुन
महाराष्ट्र शक्तिशाली बनवू या ।
महापुरुषांच्या कर्तृत्वशाली
वारशाच्या प्रकाशात
सर्वकष विकासाची वाट चोखाळीत
राष्ट्राची प्रमिता उंचावू या ।

कृतिशील शासन :
महाराष्ट्र शासन

द्वारा : **महाराष्ट्र परिचय केंद्र.**
पणजी गोवा

डीजीआयपीआर

'चित्रंगी' क परबी !

वसंत रघुनाथ सावैकार

किराणा मालाचे व्यापारी
अडवय - सत्तरी
गोंय

' चित्रंगी 'क परबीं !

भोलानाथ सॉ मिल

निरंकाल रोड
फोंडें - गोंय

रुचीच्या जगांतली बारावडी

ब्रिटानिया बिस्कुत्यांतली 'ब'
कॅडबरी चाकलेटींतली 'क'
ड्यूक्स थंड पेयांतली 'ड'

भुरग्यांच्यो आवडट्यो

ब्रिटानिया { ग्लुकोज, मारी, बोर्बोन, नायस,
ओरेंजक्रीम, गुड डे बिस्कुत्यो,

कॅडबरी { डेरी मिल्क, फायव्ह स्टार,
जेम्स, टिफिन्स, इक्लेर्स चाकलेटी

ड्यूक्स { मॅंगोला, टँगो, लेमोनेड, ओरेंजोला,
किंगकोला थंड पेयां

— o —

सगळ्यांक दिवाळेचीं परबीं

काशिनाथ दामोदर नायक

देविका बिवरेजस प्रायव्हेट लिमिटड

। दिवाळेचें अभिष्टचिंतन ।

सगळ्यांक मेळूं सुख-शांतीचें, समृद्धीचें दान सदां ।
काळखाची ही माया नाका, उजळ उजवाड जाय सदां ॥

ह्या वर्साचे दिवाळेक गोंयकारांचे नदरेन अदीक अर्थपूर्णताय आसा. ग्रामीण कारागिरी ते संगणक विज्ञानांतले प्रगतीची आनी तीय सैमाच्या सांगातांत, गोंयच्या लक्ष ओडून घेवपी प्रवासाच्या जैताचें गीत ती गायता.

गोंय

संगणक युगांत प्रवेश करपाखातीर गरूड झेप घेवपाक तयार आसा, उद्योगिक प्रशिक्षण संस्था ते विद्यापीठांतले जायते व्यवसायिक अभ्यासक्रम आनी अभियांत्रीकी वेवसायान प्रशिक्षीत मनीस बळाची फळी उबी आसा.

वेर्णा इलेक्ट्रॉनिक नगरांत आकाराक येवपी इलेक्ट्रॉनिक प्रकल्पाक लागून लोकांक भरभराटीचो उजळ फुडार

ह्या वर्साची दिवाळी अदीक खोशयेन मनयतना गोंय, भूतकाळाक फाटीं दवरून उजळ फुडाराकडेन वाटचाल करूंक तयार आसा.

गोंय सरकाराचें

माहिती अनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय,

हांचेवतीन अुजवाडायल्या.

मुखपृष्ठ छापणावळ : अपुरबाय प्रिंटर्स, वळवय - गोंय.